


जाग

दिवाळी २०००

संपादपी
रवीन्द्र केळेकार

वावुरपी संपादपी
माधवी सरदेसाय

उजवाडावपी
सुमन्त केळेकार



जाग

दिवाळी २०००

वर्स २७ ◇ आंक ३

अक्षर जुळणी
तन्वी ग्राफिक्स, मडगांव

छापपी
प्रिंटआर्ट ऑफसेट् प्रिंटर्स,
कुंडय इंडस्ट्रियल इस्टेट, कुंडय

भायलें चित्र
एक शिल्प: डॉ. सुबोध केरकार

भितरलीं चित्रां
एकनाथ, मिलन खानोलकार, डॉ. सुबोध केरकार

वर्सुकी पटी : रू. १००/-
आंकाचें मोल: रू. ५०/-

जाग म्हयनाळें
२०१-बी, सालदेल अपार्टमेन्ट्स
रूअ द साउदादिश, पाजीफोंड,
मडगांव – गोंय ४०३ ६०१.

ह्या खाशेल्या आंका निमतान –

दर वर्सा वरी अंदूय बी तरेकवार बरपांनी भरिल्लो एक भंरीव दिवाळी आंक वाचप्यांक भेटयतना आमकां आगळी वेगळी खोस भोगता.

फकत आगस्टाच्या आंकांतल्यान आमी आमगेल्या बरोवप्यांक दिवाळी आंकाचो उगडास करून दिलो आनी, खाशेल्या चिटींक राव नासतना तांणी आमकां आपणालें बऱ्यांतलें बरें बरप वेळार धाडून दिलें म्हूण आमी तांगेल्या भोव उपकारांत आसात. 'जागा' वयलो तांगेलो हो मोग सदांच असो उरचो म्हूण आमी मागतात.

ह्या आंका सावन सुमन्त केळेकारांली 'उगडास भोंवडी' सुरू जाता. बरें बरप हाताक लागतकच, तें उजवाडा हाडपाची संद मेळटकच खुशालभरीत जावपी सुमन्तबाबान, ना म्हळ्यार, आपणा भितरल्या बरोवप्याची उवेखणीच केल्या. हे 'उगडास भोंवडे' निमतान हो 'अन्याय' इल्लो तरी पयस जातलो अशी आस्त आमी बाळगितात.

'जागा'न अणकाराच्या वावराक सदांच म्हत्व दिलां. ह्याय वर्साच्या दिवाळी आंकांत आमी अणकारा खातीर एक खाशेलो कोनसो राखून दवरला. अणकारांत रस घेतल्यांक डॉ. अशोक केळकरांलो लेख वैचारीक खावड दिले बगर रावचोना. सुमार पांच वर्सां फाटीं पुणें विद्यापिठान घडोवन हाडिल्ल्या परिसंवादांत केल्लें हें अध्यक्षीय उलोवप. भारतांतले अणकाराचे स्थितिचो नियाळ घेवपी आनी आमच्या समाजांत अणकाराची प्रतिष्ठा वाडोवपा खातीर कितें करूं येता ताचेर विचार मांडपी हें उलोवप आयजूय इल्लेंय पोरणें जावंक ना. 'अणकाराची आलोचना' आनी 'अणकाराची समिक्षा' वेगळी (कशी, तें समजून घेवपाक लेखूच वाचचो); अणकाराची समिक्षा उबी जाले बगर अणकार-कार्याक पुरायेन न्याय मेळूंक पावचो ना हो विचार दिवपी डॉ. केळकरांलो हो लेख ह्या मळार वावुरतल्यांक कितें तरी नवें दिले बगर रावचो ना.

आमी खूब खेपो म्हळां – वेगळ्या वेगळ्या भासां कडेन संबंद आयिल्ल्या कोंकणी भाशिकांनी, मनार घेतल्यार, अणकाराच्या मळार खाशेलें योगदान दिवं येता. मराठी, गुजराथी, हिन्दी, कन्नड, मलयाळम, इंग्लीश, पुर्तुगेज, फ्रेंच – कितल्योश्यो, थळाव्यो तश्यो भायल्यो भासो कोंकणी भाशिकांक आपणाले आवय भाशे इतल्योच बऱ्यो येतात. ह्या भासांतलें साहित्य कोंकणींत हाडटना आमकां तिसरे भाशेचो पालव घेवपाची लेगीत गरज पडना. आमच्या देशांतल्या भोव थोड्या भाशीक समाजांक इतिहासान हें 'भाग्य' दिलां. फकत लिपयांच्यो वणटी आमी मोडूंक पावलीं आनी अणकारा वरवीं वेगळ्या वेगळ्या भासांचीं कितलिंशीं हीं जनेलां उकतीं करूंक पावलीं जाल्यार कोंकणी साहित्य आनी कोंकणी साहित्यकारूय केदे उंचायेर पावं येतले, अदमासूच केल्लो बरो...

बरोवप्यांचे उपकार सुरवेक आमी मानल्यातूच. चित्रकारांचेय उपकार मानूंक जाय. डॉ. सुबोध केरकार, एकनाथ आनी मिलनबाय खानोलकार हांगेल्या चित्रां बगर आंक इतलो सोबीत जावंक पावचोच नाशिल्लो. आमकां जायराती दितल्यांचेय काळजा सावन उपकार. तांणी पालव दिल्ल्यानूच 'जाग' आमकां वजें जायना...

आमचो हो वर्सुकी आंक वाचप्यांक मानवतलो अशी आस्त बाळगितात आनी ही दिवाळी आनी नवें वर्स सगळ्यांक खोशयेचें आनी समाधानाचें वचूं अशें मागतात.

— वावुरपी संपादपी


ह्या आंकांत

वैचारीक / ललीत लेख / निबंद

कथा

कविता

अणकार



अमेरिकेच्यान कितें घेवन आयलों?

रवीन्द्र केळेकार

जें गोंय गोंयांत आयज पळोवंक मेळना, सोदूंक गेल्यारूय मेळना, तें म्हाका अमेरिकेंत पळोवंक मेळ्ळें... युरोपाचे तडी वयल्यान कोलम्बस भायर सरिल्लो हिन्दुस्तानाक वतलो अशें येवजून, आनी पाविल्लो अमेरिकेंत. हांव मुम्बयंत विमानार बशिल्लों अमेरिका पळोवन येतलों अशें येवजून. पावलों म्हज्या भांगराच्या गोंयांत...








'अमेरिकेच्यान कितें हाडलें तुवें?' मेळटा तो विचारता. आनी हांव ताका 'बदाम, पिस्ते आनी खिसमीस' हीच एक जाप दितां. 'थंय सवाय मेळटात त्यो ह्योच तीन वस्तू... हेर सगळें म्हारग, उजो... सिगरेट लेगीत कोंता येवपाची न्हय.'


खंयूय पावूं, येतना चार पुस्तकां घेवन येतां. चाल म्हजी ही, कितल्याश्या वर्सांची. एक दोन घेवन वतलों अशें येवजून कांय बुकस्टॉलांर गेल्लों. पुणून भितर एक भोंवडी मारून जातासर गोंदळांत पडलों. एक तर हजारांनी लेखक. एकूय वळखिचो न्हय. कोणाचें म्हूण घेतलों? आनी दुसरें म्हळ्यार, एका एका पुस्तकाचें मोल हजार हजार, देड देड हजार रुपये. म्हाका लेगीत विकूंक काडिल्लो जाल्यार इतलें मोल दिवन कोण घेवचो नाशिल्लो. म्हूण पुस्तकांक फकत हातूच लावन परतलों. तरी आसतना, अमेरिकेच्यान घरा येवपाक भायर सरलां तेन्ना बॅगांत कांय पुस्तकां जागो आडावन बशिल्लीं. विकतीं घेतिल्लीं न्हय. थंयच्या नव्या इश्टांनी भेट म्हूण दिल्लीं. तांतलें एक पळोवन मात्सो उचांबळीत जावन आयलों. आपणागेर पाविल्ल्याची याद म्हूण एकल्यान तें दिल्लें – Autobiography of Martin Luther King Jr. नांवाचें.

एके नदरेन हांव एक भाग्यवंत गोंयकार. खूब व्हडले व्हडले लोक लागिंच्यान पळोवंक मेळ्ळ्यात म्हाका. कांय जाणांच्या म्हऱ्यांतूय पावलां









तांच्यांतलो मार्टिन ल्युथर एक. चार दीस ताका घेवन हांव मुम्बयंत भोंवलां. १९५८/५९तली गजाल ही. काकासायब अमेरिकेची भोंवडी करून आयिल्ले. येतकूच अमेरिकेंत आपणें कितें पळेलें तें मेळूंक आयिल्ल्या आपल्या कांय तरण्या इश्टांक तांणी सांगिल्लें – 'नायगराचो घसघसो एक पळेलो आनी तिर्शी भितरलो एक निग्रो वीर पळेलो... दक्षीण आफ्रिकेंत बापू काम करताले तांचोच आर्विल्लो अवतार कसो दिसलो... तागेर वचून रावलों. बापूंचेच प्रेरणेन तो थंय निग्रो मजगतीं काम करता.'

काकासायबांनी ताची खबर जवाहरलालांक सांगली आनी गांधी निधिचे वतीन ताका, ताचे घरकान्नीक आनी ताच्या एका सांगात्याक येत्यो-वेत्यो तिकेटी धाडून दिल्यो. ते प्रमाण मार्टिन घरकान्नीक आनी सांगात्याक घेवन हिन्दुस्तानांत आयलो. खूब कडेन भोंवलो, खूब जाणांक मेळ्ळो. मुम्बयंत ताचो राबितो मणिभुवनाच्या गेस्ट हावसांत आशिल्लो. म्हजे 'गोमंत भारती'चें ऑफिस थंयच. गेस्ट हावसाक तेंकून. हांव आनी म्हजो एक बंगाली इश्ट ताका घेवन मुम्बयंत भोंविल्ले.

अमेरिकेंतल्या निग्रोंनी गोऱ्यां कडल्यान खूब छळ सोंसल्यात. आमच्या दलितांनी सोंसल्यात तांचेकूय इल्लेय उणे न्हय, चडूच म्हळ्यार जाता. आनी मार्टिन ल्युथराच्या नेतृत्वा खाला ह्या लोकांनी अन्यायाचो प्रतिकार गांधींच्या मार्गान केला. मार्टिनाचे आत्मकथेंत तांच्या ह्या छळांचीं वर्णनां आयल्यांत. आनी तांच्या प्रतिकारा खातीर तांणी केल्ल्या वावराची खबरूय आयल्या. आंगार कांटो फुलून येता वाचतकूच. इतलेंय आसून, अन्याय करतल्यां विशीं मार्टिनाचे लिखणेंतल्यान एक्क लेगीत वांकडें उतर येवंक पावूंक ना. गांधींचेच वाटेन तो आपणाल्या सांगात्यांक घेवन एका फुडलीं एक जैतां जोडीत मुखार गेला. आनी गांधीं भाशेनूच आंगार गुळी झेलून एक दीस ताका मरणाक वेंग मारची पडल्या.

पळेलें खूब. पंदरा दिसांत पळोवंक येता तितलें. अमेरिका आमच्या देशा परस तिपेटीन व्हड देश. आनी हांव पावलां तो फकत कालिफोर्नियांत. थोडोसो नेवाडांत आनी मात्सो-सो आरिझोनांत. कोंकणा येदो वाटार हो. पंदरा दिसांचे भोंवडेंत इतलेंच हें पळोवन हांवें अमेरिका पळेली अशें म्हणपाचें काळीज म्हाका जावपाचें ना. सैमाचीं दोन विस्मितां पळेलीं, रॅड इण्डियन्सांच्या 'राज्यांत'लें एक – ग्रँड कॅनयन. आनी सान-फ्रांसिस्को लागसारचें शिश्याच्या रुखांचें रान एक. मुइर्स व्हुडस. धर्तरे वयल्या पोरण्यांतल्या पोरण्या रानां मजगतचें एक हें.

आनीक एक 'नवल' पळेलें, आइन्स्टायन रावतालो तें घर. फकत भायल्यान. पुणून एका पवित्र तीर्थांत न्हावन आयिल्ले वरी दिसलें. येदो व्हड मनीस हो, शिकोवंक युनिव्हर्सिटींत वतालो तेन्ना खंय सायकलीर बसून वतालो!

जें पळेलें ताचीं वर्णनां केन्नाय तरी बरोवंक जाय. अजून तीं तकलेंत सारकीं शिजून येवंक नात. म्हूण बरोवंक पावूंक ना. पुणून ते पयलीं एक गजाल म्हज्यान सांगूं येता —

[२]

हांव विमानांतल्यान देंवलां तो लॉस-एँजल्साक. लॉस-एँजल्स अमेरिकेंतलें एक व्हड शार म्हूण आयकल्लें. आनी शार म्हणिनाफुडें म्हज्या दोळ्यां मुखार मुम्बय, कलकत्ता, दिल्ली हीं शारां उबीं राविल्लीं. व्हडल्यो व्हडल्यो मळबाक तेंकपी बिल्डिंगो आसत[illegible]ो अशें दिशिल्लें. असल्यो बिल्डिंगो लॉस-एँजल्सांत आ[illegible] विमानतळा लागसारच्या वाटारांत. हांव रातचो [illegible] म्हण त्यो म्हाका दिश्टी पडूंक नाशिल्ल्यो. येतना दिश्टी प[illegible]ो पुणून ह्या बिल्डिंगांनी कोण राविनात म्हूण कळ्ळें. थंय आसात तीं व्हडल्या व्हडल्या कंपन्यांचीं फकत ऑफिसां. लोक रावतात तो वाटार ह्या वाटारा भायर.

ह्या वाटाराक शार म्हणचें काय गांव होच प्रस्न म्हाका पडलो. पुराय लॉस-एँजल्स ल्हान ल्हान बंगल्यांचें. एक एक बंगलो खेरीत अस्मिताय आशिल्लो. एका बंगल्या सारको दुसरो न्हय. एकान एक बंगल्या मुखार एक एक बगिचो. तशें, घरा फाटल्यान एक लॉन, एक बगिचो. मुखावयलो फुलांचो, तर फाटलो रुखांचो. फुलां गंध नाशिल्लीं. फकत रंगान नटिल्लीं; रूख कुचकुचीत पानांनी भरिल्ले. रस्ते रुंद. पुणून रस्त्यार पांयांनी चलपी एकलोय मनीस ह्या शारांत दिश्टी पडलो ना. सकाळच्या वेळार कोण वयस्क 'मॉर्निंग वॉका'क वतात, तशे कांय तरणाटे (आनी तरणाट्यो) 'जॉगिंगा'क वतात, इतले हे लोक सोडीत जाल्यार वाटसूर – पॅडेस्ट्रियन – कोणूच दिश्टी पडलो ना. म्हूण, क्रॉसिंग ना. कोण मोटारीक आपटून पडना, मरना. ऍक्सिडेंट ना. सगळे आपापल्यो गाडयो घेवन वतात. घरांत जितलीं मनशां तितल्यो गाडयो. पुणून खंयच 'ट्रॅफिक जॅम' जाल्लो पळोवंक मेळना. खंयच पाँक पाँक, पँक पँक आयकूंक मेळना. कोण काळो धुंवर सोडिना. कोण कोणाक 'ओव्हरटेक' करिना. कोणूच थारायल्ले स्पिडी वयर गाडी चलयना. खंयच मोटार मोटारीक तेंकिल्ली पळेली ना. 'पार्किंगू'य खंयूय करिनात. (पार्किंगाचे जागे थारायल्ले आसतात.) अंतर दवरुनूच सगळे चलयतात.

लॉस-एँजल्स जितलें शांत तितलो शांत म्हजो पिरवळ गांव लेगीत उरूंक ना. गोंयचो खंयचोच गांव इतलो शांत पळोवंक मेळचो ना. एकूच आवाज आयकूंक येता, दीसरात. झुळू झुळू करून व्हांवतल्या एखादऱ्या व्हाळा सारको. तो शिमिटाच्या रस्त्यां वयल्यान धांवतल्या गाडयांचो.

लॉस-एँजल्सच्या रस्त्यांक बावड्यांक एका खिणाचो लेगीत 'सुसेग' मेळना.

असलें 'शार' आसूं येता हाचो अदमासूच नाशिल्लो म्हाका. अमेरिका म्हळ्यार उद्देगीकरणाचे तेंगशेर पाविल्लो देश. व्हडले व्हडले उद्देगधंदे थंय चलतात. पुणून जंय लोकांचीं रावपाचीं घरां आसात थंय एकूय फॅक्टरी ना. फॅक्टऱ्यांची कितलीय गरज आसूं देशाक, लोकांक स्वास घेवपाक नितळ हवा मेळूंक जाय हो दंडक. हाका लागून हवेचें प्रदूशण ना, उदकाचें ना, भुंयेचें ना. घरांत लेगीत कोण सिगरेट ओडिना. हवा सुकी. म्हजें नाक जें सदां चोंदिल्लें उरतालें तें लॉस-एँजल्साक पावतकूच उकतें जालें. थंडी ना जाली, खांक आयली ना, खर्शेणीय आयली ना.

[३]

अमेरिकेंत सुमार दोन अडेज हजार गोंयकार राबितो करून आसात. तांगेली 'गोअन ऑर्गनायझेशन इन अमेरिका' (GOA) नांवाची एक संस्था थंय आसा. दोन दोन वर्सांनी ती गोंयकारांचें एक सम्मेलन घडोवन हाडटा. ह्या सम्मेलनाचें पांचवें अधिवेशन ह्या वर्सा कालिफोर्नियांतल्या इरवीन शारांत भरिल्लें. १-२-३ जुलैक – तीन दीस. ह्या अधिवेशनाक गेल्लों. गोंयकार खंयूय वचून रावूं, आसता सदांच गोंयांत, हाची खोलायेन जाणवीक म्हाका हांगा जाली. सुमार तीनशें साडेतीनशें गोंयकार आयिल्ले. सगळे 'होम सिक्.' गोंयची आयज कितली धूळदशा जाल्या, बावड्यांक खबर ना. गोंयच्यान हांगा आयिल्ले त्या वेळार जें गोंय तांणी पळेल्लें तेंच तांच्या दोळ्यां मुखार आयजूय आसा. सुक्या सुंगटांची किसमोर, दाळचो कांद्या रोस आनी लसणिची कडी जेवणाक मेळत जाल्यार 'झक माल्ली आमरस-पुरी' अशें म्हणून हेंच जेवण जेवपाक मोटे उमेदीन येवपी लोक हो.

बाकीबाब पंदरा वर्सां पुण्यांत उरलो. पुणून, 'खंय आसतात तुमी' म्हूण विचारल्यार 'गोंयांत' म्हणटालो. आपूण परतो गोंयांत वतलों म्हणपाची ताका आस्त तरी आशिल्ली. अमेरिकेंतल्या गोंयकारां मजगतचो कोण्ण गोंयांत परतो येवपाची म्हाका तरी आस्त ना. जांच्या जिवितांत गोंय मुरलां तांची गोंयची ओड – 'होम सिकनेस' कितली खोल आसतली हाचो अदमासूच केल्लो बरो. जें गोंय गोंयांत आयज पळोवंक मेळना, सोदूंक गेल्यारूय मेळना, तें म्हाका अमेरिकेंत पळोवंक मेळ्ळें. हांवें म्हळें लेगीत, युरोपाचे तडी वयल्यान कोलम्बस भायर सरिल्लो हिन्दुस्तानाक वतलो अशें येवजून, आनी पाविल्लो अमेरिकेंत. हांव मुम्बयंत विमानार बशिल्लों अमेरिका पळोवन येतलों अशें येवजून. पावलों म्हज्या भांगराच्या गोंयांत.

असलो कसलोय अणभव आयलो म्हणटकूच म्हजी तकली खंयचे खंय वता. अमेरिकेंत म्हाका पुतुगिजांची चडांत चड भिरभिरी मारपाक लागली. म्हळें, आमच्या वांट्याक हे अर्दुकुटे लोक राज्यकर्ते म्हूण कित्याक आयले काय देवा! तांणी गोंय घेतलें. सगळें घेतलें ना. थोडेंच घेतलें. लोकांक किरिस्तांव केले. सगळ्यांक केले नात, थोड्यांकूच केले. आनी घुसपा-गोंदळाचे हजार प्रस्न आमकां दायजान दिवन गेले. पयलो तांणी तिसवाडी, बार्देस, साश्ट आनी मुरगांव येदोच वाटार घेतिल्लो. गोंयच्या इकरा म्हालांतले फकत चार म्हाल हे. उरिल्ले सात दोनशें वर्सां उपरांत आयच्या गोंयांत आयल्यात. त्याच वेळार सिंधुदुर्ग आनी कारवार हेवूय वाटार घेवन उडयल्ले जाल्यार आमच्या हक्काचें, खरें, निजाचें गोंय एकठांय उरिल्लें मेळटलें आशिल्लें. आंबोलेचो घाटूय ह्या गोंयांत येतलो आशिल्लो आनी जोगचो घसघसोय आसतलो आशिल्लो. दळड्रियांनी अर्दकुटींच कामां केलीं. तांणी गोंयची भूंय खंडीत केली ती केली, गोंयकारपणूय खंडीत केलें. जें गोंय आपणा हातांत घेतलें तें तरी एक जावंक दिलां व्हय? ना. ताचींय दोन गोंयां केलीं. (मडगांवकारांक समजता ते भाशेंत सांगचें जाल्यार) एक बड्डेकारांलें, दुसरें कोंबकारांलें. दोगांकूय वेगळावपी मर्दी एकूच रस्तो – आबाद फारीय रोड. हरशीं, दोगांयची भूंय एक, फोफसांत दोगूय घेतात ती हवा एक, रगत एक, म्हालगडे एक, पुतुगिजां आदलो हजारांनी वर्सांचो इतिहास दोगांयचो एक. पुणून भेस वेगळे. जेवण-खाण वेगळें, चालि-रिती वेगळ्यो, धर्मसंस्कार वेगळे, एकामेकां कडेन पळोवपाच्यो नदरोय वेगळ्यो. येद्याश्या ह्या गोंयांत दोन स्वायत्त autonomous गोंयां एकामेकां शेजरा मर्दी उदासीनतायेचो एक म्हालसागर घालून एकामेकां पसून पयस जियेत आयल्यांत. हो म्हालसागर आटोवचो म्हूण कोंकणी भक्त मुखार सरिल्ले, अगस्ती भाशेन. मराठीवादी आड आयले. 'ना, दोनूय गोंयां वेगळींच रावंक जाय. ना जाल्यार पुण्यांतलो शनिवारवाडो कोंसळटलो आमचो हो तांकां भंय.

आयज आमची गत्त विचित्र जाल्या. गोंयांत गोंय खंयशें येता, कोणाक सारकी खबर ना. काणकोणचो कोणूय मडगांवां वता तेन्ना 'मात्सो गोंयां

वचून येतां आं' अशें आयजूय घरच्यांक सांगून वता. पेडणेचो कोणूय म्हापश्यां वचून येता तेन्ना 'गोंयां गेल्लों' म्हूण सांगता. हाचो अर्थ काणकोण गोंयांत ना, तशें पेडणेंय ना, असो धरपाचो? ना. काणकोणकारांचें गोंय काणकोणांतूच आसा आनी पेडणेकारालें गोंय पेडण्यांतूच आसा. दोनींच्यो अस्मितायो वेगळ्यो. मंगळुरी किरिस्तांव इंकिझिसांवाच्या छळांक भियेवन पळून गेल्ले मुदलांतले गोंयकार. तीन साडे तीन शतमानां जालीं, ते मंगळुरांत रावनूय आपणाक गोंयकार मानीत आयल्यात. बाटाबाटिच्या काळार जे हिन्दू पळून दक्षीण कॅनरांत पातळ्ळे तेवूय कुळदेवांक आनी मठांक दसून राविल्ल्यान गोंयकारूच उरल्यात. तें कित्याक, कोची पाविल्ल्या गोंयकारांच्या (लोकगितांत) भुरग्यांचो मामा आयजूय गोंयांतूच आसता.

गोंयकारां सारको कुडके कुडके जावन हजार कडेन शिंपडिल्लो विघटीत – disintegrated समाज दुसरो खंयच पळोवंक मेळपाचो ना.

पुर्तुगेजांनी सगळ्यांत चड लुक्सान केलें तें किरिस्तांव जाल्ल्या गोंयकारांचें. तांकां तांच्याच गोंयांत तांणी 'परकी' करून उडयले. कांय जाणांक तांणी संस्कृतायेची भास म्हूण पुर्तुगेज भास दिली. तांकां पुर्तुगेज करपाचो यत्न केलो. पुणून सगळ्या किरिस्तांवांक ते पुर्तुगेक करूंक पावले नात. परिणामी, जे पुर्तुगेज जावंक पावले नात त्या किरिस्तांवांनी पोटाची भास म्हूण इंग्रजी घेतली आनी जॉब सोदीत सोदीत ते संवसारभर पातळ्ळे. तांणी आपणालें अशें एक वेगळें 'कल्चर' उबें केलें – emigrant culture. एका कुडक्याची वाड 'पुर्तुगेज कल्चरां'त जाली. दुसऱ्या कुडक्याची ह्या 'एमिग्रंट कल्चरां'त जाली. हांचींय दोन वेगळीं जगां जालीं. एकामेकां कडेन संबंद नाशिल्लीं आनी संस्कृतायेचे नदरेन गोंया पसून पयस गेल्लीं. म्हत्वाची गजाल म्हळ्यार, गोंया विशिंची ओड दोगांयची खोल. पुर्तुगेज कल्चरांत जांची वाड जाली तांकां पुर्तुगेज भाशेन पुर्तुगाला कडेन जोडल्यात जातले. पुणून भावनीक नदरेन ती तांकां गोंया पसून इल्लीय तोडूंक पावूंक ना. तांकां भारताची ओड नासत (हिन्दूंक तरी ती कितली आसा, प्रस्नूच आसा) पुणून गोंयची तांकां ओड ना अशें मानप समा जावचें ना. आमचे इतलीच तांकांय ओड आसा. 'एमिग्रंट कल्चरां'त जांची वाड जाल्या तांचीय गोंया विशिंची ओड तेदीच. पोटा खातीर ते संवसाराचे फाटीर खंयूय वचून रावूं, आयुश्यांतले निमाणे दीस गोंयांत सारूंक मेळचे म्हूण आनी आपणाली कूड गोंयचे मातयेंत एकरूप जावची म्हूण ते सदांच आंवडेल्यात. विघटीत गोंयांतले खंयचेय सिमेतेरींतलीं थडीं नियाळून पळोवचीं. कोण मोंबासांत आयुश्य सारून, कोण केनियांत, कोण तांझानियांत कोण कराचीक, क्वेटाक तर कोण आनी खंय रावन आपणाल्या गांवांत आयला आनी गांवचे मातयेंत एकरूप जाला.

असल्या ह्या समाजाक 'एक भास, एक लिपी, एक साहित्य' ह्या सुतान गुथून ताचो 'एक संघटीत कोंकणी समाज' घडोवन हाडचो म्हूण कोंकणी चळवळ आमी सुरू केल्ली.

कोंकणी चळवळिची ही फाटभूंय अधिवेशनाक जमिल्ल्या गोंयकारां मजगतच्या खूबश्या जाणांक खबर नाशिल्ली. कोंकणीचो वावर भावनीक पावंड्या वयल्यान – emotional level वयल्यान चलता असो तांचो समज आशिल्लो. ताका ते फकत साहित्यीक वावर धरताले. विघटीत कोंकणी समाजाक संघटीत करपाचो हो एक बुन्यादी — constructive वावर – जो दुसरे खंयचेच भाशेक जमपाचो ना, मराठीक ना, कन्नडाक ना, आनी 'आंतरराष्ट्रीय' इंग्रजीकूय जमपाचो ना हें पयलेच फावट तांच्या लक्षांत आयलां.

कोंकणींत कितें आसा हेंवूय खूब जाण नकळ आशिल्ले. हांवें म्हळें, हांव ह्या मळार देंवलां त्या वेळार थोडें भोव साहित्य रोमी कोंकणींत आशिल्लें. ज्योकीं आंतोन फेर्नांण्डिसाचें 'आमचो सोडवणदार' आनी असलींच एक दोन पुस्तकां सोडीत जाल्यार रोमी कोंकणींतलें बाकिचें चडशें साहित्य नवसाक्षरां खातीर बरयल्लें आशिल्लें कन्नड लिपींत नांव घेवपा सारकें **आब्रावांचें यज्ञदान** सारकें – थोडें भोव मेळटालें. पुणून तें कन्नड लिपिच्या कोटांत बंदिस्त उरिल्लें. नागरी लिपींत शणै गोंयबाबाचीं आठ धा पुस्तकां, प्रो. राणू नायकालीं तीन चार नाटकुलीं, बयाभाव आनी शां.वि. कामत हांचे एक एक मेळून दोन कवितां झेले आनी 'वोंवळां' नांवाचें एक कथेचें पुस्तक सोडून कितेंच नाशिल्लें. आयज? कविता, कथा, नवलकथा, नाटकां, समीक्षा, निबंध – वेगळ्या वेगळ्या साहित्य प्रकारांतलीं सुमार पावणे दोन हजार पुस्तकां आसात. सगळीं फाटल्या चार दसकांत उजवाडा आयिल्लीं. **गीते**चे सात अणकार आसात, **धम्मपदा**चो एक आसा, **महाभारता**चें एक अनुसर्जन दोन भागांनी मेळटा. पुस्तकां उजवाडावपी सात आठ संस्था आसात. कोंकणीचे उदरगती खातीर वावुरपी स स्वयंसेवी संस्था आसात. एक दिसाळें चलता, एक म्हयनाळें, एक सप्तकी नेमाळें, पांच स वर्सुकी नेमाळींय चलतात. कोश आसात, विश्वकोश आसा, एक शब्दसागर तयार जावंक लागला. दोन खंड आयल्यात. भुरग्यांच्या मनाशास्त्राचेर, भासविज्ञानाचेर, काव्यशास्त्राचेर, नक्षत्रविद्येचेर, लोकवेदाचेर पुस्तकां आसात. सोळाव्या सतराव्या शतमानाची बरपावळ जी पुर्तुगालांत ब्राग्राच्या संग्रहालयांत बंदिस्त उरिल्ली तिवूय आतां देवनागरींत येवन लोकांच्या हातांत पडपाक लागल्या.

जिका काल पयर मेरेन कोण भासूच मानूंक तयार नाशिल्ले ती कोंकणी साहित्य अकादेमीची 'भारतांतली एक म्हत्वाची साहित्यीक भास' म्हूण मान्यताय जोडूंक पावल्या. भारतीय घटनेचे आठवे वळेरेंत हिन्दी, बंगाली, मराठी, तमीळ, तेलुगू सारकेल्या व्हड भासांचे पंगतीक वचून बसल्या. गोंयचे युनिव्हर्सिटींत एम्.ए. मेरेनचें शिक्षण दिवपाक लागल्या. रेडियोचें एक केन्द्र मुखेलपणान कोंकणी भाशेंतल्यान चलता. कोंकणी टेलिविजनारूय पावल्या. तिणें आपणालें अशें एक राज्यूय जोडलां आनी ह्या राज्याची ती राज्यभासूय जाल्या.

जीं पावणे दोन हजार पुस्तकां तिच्यांत आयज मेळटात तांतलीं देड हजारा वयर पुस्तकां 'किरकोळ', 'रद्दी' म्हूणून भायर उडयलीं जाल्यार उरिल्लीं दोनशीं तीनशीं पुस्तकां खंयचेय भाशेक अभिमान दिसचो हे तरेचीं तुमकां मेळटलीं.

ल्हान समानांतली सिद्धी न्हय ही.

हांवें हेंवूय सांगून उडयलें —

जालां ताचे परस जायतें जावपाचें अजून उरलां हाची आनीक कोणाय परस चड जाणवीक आमकां – ह्या मळार वावुरतल्यांक – आसा. अजून आमी आमचे मजगतच्यो रुढी-दास्यतेच्यो बेडयो तोडूंक पावूंक नात. 'एक भास, एक लिपी, एक साहित्य' ह्या सुतान पुराय समाज अजून गुंथूंक पावूंक नात. लिपिंच्यो वणटी मोडूंक पावूंक नात. पुणून इतलें आत्मविस्वासान सांगूं येता, येता त्या वीस-पंचवीस वर्सां भितर आमी आयज आसात ताचे परस कितलेशे मुखार पाविल्ले तुमकां दिश्टी पडटले. शणै गोंयबाबां उपरांतच्यो पांच पिळग्यो तांणी पेटयल्ले दिवलेंत तेल घालपाचो आनी वात फुडें सारपाचो वावर करीत रावल्यो. नव्यो पिळग्यो मुखार येत आसात, येत रावतल्यो.

तांकां हेंवूय सगळें नवें.

हांवें म्हळें, भाशे कडेन फकत संपर्काचें एक साधन – a means of communication म्हूण पळोवप समा न्हय. भास खरेपणानशीं एक माध्यम, सांस्कृतीक उक्तावणेचें – a medium of cultural expression. भास मनशाक identity दिता. ताची वळख तींचे ताकाच आनी

संवसाराक करून दिता. हांव पंजाबी, बंगाली, मराठी असले कसलेच वेगळेचार मानिना. हांव भारतीय म्हूण हांवें कितल्याय मोट्यान आइड्रन सांगूं, 'तूं कोंकणी' म्हूण म्हजी भास म्हाका सांगता आनी 'हो कोंकणी' म्हूण संवसाराकूय ती म्हजी वळख करून दिता. भाशेची identity धर्माचे identity परस अदीक खोल. फ्रांस, इटली आनी स्पेन धर्माचे नदरेन एक : रोमन कॅथलिक ख्रिस्ती. भाशेचे नदरेन एकामेकां पसून वेगळे. धर्माक लागून बंगाल प्रांताचो एक कुडको हिन्दुस्ताना पसून वेगळो सरलो आनी 'उदेंत पाकिस्तान' जालो. भाशेन ताका पाकिस्ताना पसून वेगळो काडलो आनी ताचो 'बांगला देश' केलो.

खंयचोय रोपो खंयूय व्हरून लायलो म्हूण तो मूळ धरूंक पावना. तशी खंयचीय भास खंयूय व्हरून रोयली म्हूण थंय ती मूळ धरूंक पावना. दर एके भाशेची एक भूंय आसता आनी ही भूंय मनशाच्या मेंदवांत आसता. मेंदू लाखांनी वर्सांच्या संस्कारांनी घडिल्लो आमकां मेळटा. खंयचीय भास लोकीक नदरेन कितलीय फाटीं पडिल्ली आसूं, ती उलयतल्याची वाड तेच भाशेंत सारकी जावंक पावता. गोंयकारांचो मेंदू कोंकणी. ह्या मेंदवांत इंग्रजी भास मुळां धरूंक केन्नाच पावपाची ना. ती मरूं नाका, पुणून वाडूंक पावपाची ना. ती transplanted भास. म्हूण कशी बशी 'जीव धरून' उरतली. फुलपाची फळपाची ना. तिका पाळां आसचीं नात.

पाळां मुळां कातरून झाडांक ल्हान आकार दिवपाची एक कला जपान्यांनी विकसावन दाखयल्या. येदो ऊंच माड एके कुंडेंत दवरपा येदो ल्हान करून ते दाखयतात. तो माड-सो दिसता. पुणून माड नासता. तो नाल्ल दिना.दिवाणखानो सोबोवपाकूच तो उपकारा पडटा. हाका **बोन्साय माड** म्हणटात. इंग्रजी भास 'घेवन' वाडिल्लो भारतीय दिसतलो भारतीय कसो. पुणून तो भारतीय आसचो ना. तो **बोन्साय भारतीय** जातलो. सभा संमेलनां परिसंवाद सोबोवपाकूच उपकारा पडटलो. इंग्रजींत बरोवन नांव जोडिल्ले कांय भारतीय लेखक आसात; खूब रॉयल्टी मेळटा तांकां. पुणून हांचे मजगतच्या एकल्याकूय प्रेमचंद, शरतचंद्र, ताराशंकर बंडोपाध्याय, तघळी शिवशंकर पिल्ले, वायकम मुहम्मद बशीर, शिवराम कारंथ हांच्या पांयां कडेन बसपाची योग्यताय ना. सगळे उखलापे. सगळे **बोन्साय लेखक.** गिड्डे. आपणाक केदेय व्हड मानूं मागीर ते.

हालिंसाराक **बोन्साय गोंयकारूय** खूब पळोवंक मेळटात. तांकां पळोवन म्हजें आंग सदां शिरशिरून आयलां. 'काकूळट बावड्यांची' अशेंच दिसत रावलां. म्हाका गोंयकार हो गोंयकारूच उरिल्लो जाय. तो गोंयकार कसो दिसुंकूय जाय, आसुंकूय जाय – माडा येदो ऊंच, म्होंवाळ नाल्ल दिवपी.

इंग्रजीची आमकां कितलीय गरज आसूं, ती केदीय 'आंतर-राष्ट्रीय भास' आसूं, इंग्रजी 'घेवन' खंयचोच गोंयकार 'व्हड' जावंक पावपाचो ना. Out of place everywhere, at home nowhere जावन उरतलो. गिड्डो केन्ना धिप्पाड जायना. आंतर-राष्ट्रीय जावपाक आपणाली भास सोडून दिवंक जाय अशें ना. टॉलस्टॉयान सोडूंक नाशिल्ली, रोमां रोलांन सोडूंक नाशिल्ली. रवीन्द्रनाथांनी सोडूंक नाशिल्ली. हे सगळे आपणाले भाशेक व्हड करुनूच 'आंतर-राष्ट्रीय' जाल्ले. फकत 'स्टेचरा'नूच न्हय, विचारानूय जाल्ले. गोंयकार जेन्ना आपणा वांगडा आपणाले भाशेक व्हड करतलो तेन्नाच तो आंतर-राष्ट्रीय आकाराचो जावंक पावतलो.

अमेरिकेच्यान हांव कितें घेवन आयलों? बदाम, पिस्ते, खिसमीस तर खरेंच. ते भायर, काल पयर मेरेन जांचें नांव लेगीत आयकूंक नाशिल्लें असल्या कितल्याश्या गोंयकारांची इश्टागत जोडून आयलों. अमेरिकेंत लोक वतात डॉलर जोडपाक. हांव मोग जोडून आयलां – डॉलरां परस लाख वांट्यांनी मोलाचो.

आनी, वांगडाच, एक हुस्कोय घेवन आयलां —

ज्या संमेलनाक हांव गेल्लों, तें गोंयांत जल्मा आयिल्ल्या, गोंयांत शिक्षण घेतिल्ल्या, पुणून जांचे बुद्‌दिचो, कुशलतायेचो, क्षमतेचो स्वतंत्र गोंय कसलोच उपेग करूंक पावलें ना त्या गोंयकारांचें आशिल्लें. 'गोंयांत आमकां फुडार ना' हें पळोवन फुडाराचो सोद घेत घेत हांगा येवन थीर जाल्ले गोंयकार हे. गोंयचे यादीन तळमळपी 'होमसिक्' लोक. पुणून, हांकां आसा ती गोंयची ओड तांच्या भुरग्यांक आसतली व्हय? खरेपण ना. पावल्यांत कांय भुरगीं आवय-बापाय सांगातांत गोंयांत. आजो, आजी, सोयरे धायरे, घर कुळदेव, पळेलां सगळें तांणी. पुणून ह्या सगळ्या गजालीं विशीं तांकां आपलेपण दिसलां जातलें? म्हाका दिसना.

संमेलनांत सांजच्या आदेसाक दोन दीस सांस्कृतीक कार्यावळी जाल्यो त्यो पळोवन म्हजे तकलेंत हो दुबाव रिगलो. कांय चलयांनी भरत नाट्यम् करून दाखयलें, भांगडा नाच केलो. कांय हिन्दी पदां म्हळीं, कांय प्रहसनांय करून दाखयलीं. एकल्याचो एक मोनोलॉग आयकलो – आपूण विमानांतल्यान देंवलों तेन्ना टॅक्सीवाले कशे आपणा फाटल्यान लागले – भायल्यान आयिल्ल्यांक ते कशे फटयतात, नाडटात बी सगळें नकलां सयत सांगून जातकूच लोक परसाकडेक पायखिळ्यांत कशे बसतात, पायखिळ्याचो 'बुराक' कसो आसता, कुले कशे धुतात, हेंवूय नक्कल करून ताणें सांगलें. लोक हांसले. म्हजें मन खंतीन भरून आयलें. म्हळें, हो भुरगो मनान लेगीत गोंया पसून पयस गेला. हो गोंयकार उरूंक ना. तो गोंयाक 'फिल्दी, डर्टी' मानता जालो जाल्यार म्हाका अजाप जावचें ना.

संमेलन घडोवन हाडपी 'होमसिक्' गोंयकारांची नवी पिळगी ह्या भुरग्या भाशेनूच गोंया पसून मनान पयस गेल्या, खूब खूब पयस गेल्या. गोंयां पसून तुटल्या. एक दोन पिळग्यां मेरेन हाची खंत तांकां जावची ना. पुणून उपरांत 'आमच्यांत कितें तरी उणें आसा... आमी हांगासर 'उपरे'च उरल्यात आनी गोंयचे निखालूस उरूंक नात, आमकां पाळां-मुळां नात' हाची जाणवीक तांकां जाले बगर रावपाची ना. ते उपरांत, धरुंया, आपणालीं roots सोदीत ते गोंयांत आयले जाल्यार, ते वेळचें गोंय आयचे परस हजार वांट्यांनी चड 'फिल्दी', 'डर्टी' जाल्लें तांकां दिश्टी पडटलें आनी ह्या गोंयाकडेन ते कशेच एकजीव जावंक पावपाचे नात.

मनांत आयलें, ह्या 'होमसिक्' गोंयकारांनी धर्म सांबाळून दवरला तशी कोंकणीय दवरूंक जाय आशिल्ली. ती तांगेल्या अमेरिकन प्रभावाक कसलीच आडखळ हाडची नाशिल्ली. पुणून हांणी कोंकणी घरांत उरूंकच दिली ना. भुरग्यांचो कोंकणी कडलो संबंदूच तोडून उडयलो. परिणामी, गोंया कडलो संबंदूय तोडून उडयलो.

म्हाका भंय जालो, ज्यूं सारकी एक दीस हांची गत्त जावची ना मू? कोणाच्या तरी श्रापाक लागून ज्यूंक आपणालो मायदेस सोडून संवसारभर शिंपडचें पडिल्लें. पुणून जंय गेले थंय त्या त्या समाजाच्यो भासो घेतल्यो. त्या त्या समाजाचे जावन रावले, त्या त्या समाजाक ते कितें-न्हय-कितें दितूय राविल्ले. पुणून सदांच थंय **उपरे**च उरले. खंयच्याच समाजांतल्या लोकांक ते आपले कशे दिसले नात. परिणामी, वचत थंय तांचो छळ जालो. आनी तांकां तो तो समाज सोडून दिवचो पडलो. ल्हाना समानांतलो लोक न्हय हो. जीझस्, मार्क्स, फ्रॉयड्, आइन्स्टाइना सारके युगप्रवर्तक लोक तांणी संवसाराक दिल्यात. पुणून वचत थंय तांकां मारूच खावचो पडला.

दोन तीन पिळग्यां उपरांत अमेरिकेंतल्या गोंयकारांची गत्त अशी जावची ना मू, हो हुस्को घेवन परतलां.

आनी हो हुस्को म्हजी न्हीद आतां खळोवपाक लागला.

❀ ❀



GOVERNMENT OF GOA

PUBLIC WORKS DEPARTMENT

Contributes to the development of this State through major development activities like:

A) Public Buildings and Institutional Complexes.

B) Roads & Bridges - including Highways, Major Roadlinks and Rural Roads.

C) Public Health Engineering Projects - with Urban and Rural Water Supply / Sewerage Schemes and Sanitation Works.

D) Ports and Navigation Projects - Through Hydraulic Works, Construction of Jetties and Minor Ports.

E) Rural Development Works.

and all other Civil Works involved in the Developmental Works of this State.

" PROGRESS AND PROSPERITY THROUGH DEVELOPMENT "

नंदालो पोर हो...

सुमन्त केळेकार

त्या काळार खंयचेच मार्ग डांबरी नाशिल्ले. प्रियोळ सारक्या ल्हान गांवांतलो सोडाच, पूण पणजे-मडगांवचो ऑब्राचो म्हा-मार्ग लेगीत डांबरी जावंक नाशिल्लो. तांबडेगुंज मातयेन भरिल्ले ते मार्ग. तसल्या मार्गा वयल्यान सायकल जावं मोटारिचें रोद गेलें जाल्यार त्या रोदांच्या टायरांचे दाग मातयेचेर बेस बरे उदेताले. आनी त्यो खुणो पळोवंक एके तरेची खोस भोगताली. हांवूच ते सायकल जावं मोटारींतल्यान गेलां म्हणटकच म्हज्याय अस्तित्वाचो ते खुणेंत वांटो आसा अशिशी कितें जाणवीक जावन मन तृप्त जातालें...

पणजे कसलें तरी काम आशिल्लें. तें करून सवरून घरा वचपा खातीर हांव बस स्टँडार आयलों. येता जाल्यार बस सुटपाचे तयारेंत आसा. तसोच भितर सरून जनेला कडेनचो सीट सांपडायलो. म्हजी ती सदचीच संवंय. बस चलता आसतना भायलो वाठार पळेत रावपाची. इतल्यांत कोण तरी भायल्यान म्हऱ्यांत येवन म्हाका विचारतालो, ''खंय वता ही बस ?''

''मडगांवां.''

''मडगांवां ?'' तो येवजणुकेंत पडलो.


''पूण तुमकां खंय वचूंक जाय ?''

''मंगेशीं - देवकार्याक...''

''तशें जाल्यार तूं हेच बसींत बस.'' हांवें हांसून म्हळें. तोय परत्याक हांसलो. आनी इतल्यान तो विशय थंयच सोंपलो.

खंयच्याय वाहनांत बसलों की म्हजी नदर भायर भोंवऱ्यो काडीत रावता. मागीर हांव मोटारींत आसूं, ट्रेनींतल्यान वचूं नाजाल्यार दुसऱ्या कित्यांत. आंगवळणींच पडलां तें म्हज्या. गोंया भायले भोंवडेर आसतां तेन्ना नदरेक पडटा त्या त्या वाठाराची वळख करून घेवपा खातीर एका सारकें मन म्हजें आंवडेता. दोळे सामके आशेतात. गोंयच्या गोंयांत भोंवता तेन्ना म्हजे दोळे भोंवत आसतात ते भायले दिकेन. भायर पळेत रावतां तेन्ना म्हाका रुतूमानांचें दर्शन घडूंक पावता. एक्का सारको कितलोय वेळ पळेत रावलों तरी पुरो म्हणटा तें जायना, धादोसकायेन पोट भरना आनी तेच तनेरेंत वरांचीं वरां कशीं वतात हाची सुलुसूय म्हाका लागूंक पावना. हें अशें म्हजें भुरगेपणांत सावन चलत आयलां. पावशे दीस आसले जाल्यार पावसाचो अच्छेव केन्ना केन्ना भिरांत दाखोवन दटावणी करता जाल्यार मदीं मदीं भुलभुलैयाचो खेळ करून भावनांच्या खेळांत रंगत हाडटा. आनी वोताचो रखरख सुरू जाता तेन्ना हारशा-म्हालांत बशिल्ले वरी दिसून आपल्याच रुपाची तोखणाय करपाचो हुरूप येता. रखरखत्या वोताची हूनसाणच तळतळट्या जिवाक उबेचो शेक दिता.

शिंया दिसांतले खोशयेक तर तोड ना. शिंया कुडकुडो सोंसना ताका रसीक कोण म्हणटलो ? बसिच्या जनेला कडेक बसला आनी बसिचीं आदुफां घट बरीं धांपल्यांत असल्याक सैमाची कदर आसा अशें कशें म्हणूं येत ? पावशे दीस सोंपतात आनी शिंयाळो सुरू जाता, ह्या असल्या परिवर्तनाच्या काळार झाडांपेडांचेर जाची नदर पावना ताका जिविताची गोम कशी कळटली ? हुमेच्या पांवळ्यांनी भिजोवपी रखरख्या गिमाच्या सोंपत्या काळार कोगळींक कंठ फुट्टा आनी रुखांपेडांक लुसलुशीत पालय फुटून वनश्रीची काया एका आगळ्याच रंगरुपांत नट्टा; तेच परी थंडेची सुलूस लागली काय ना झाडांझोपांचेर चंवराचो शिंवोर जाता तो असो



तसो न्हय. आसमंतांतली पुराय वनराजी शिरंगार करून हांसत खेळत नाचता अशेंच नीज दृश्टी आशिल्ल्याक दिसले बगर रावचेंना.

बारा म्हयन्यांचें, ३६० दिसांचें आनी स रुतुंचें हें चक्र कितल्या तरांच्या रंगरुपांचें दर्शन घडयता ताचो अणभव सगळ्यांनी घेवंकूच जाय. मनशाचे दोळे म्हळ्यार ताचें म्हत्वाचें एक आंग – तें आंग निटायेन बरे भशेन काम करीत जाल्यार ज्ञानाचो लोट आडावप शक्ती भायरें जातलें. दोळे आशिल्लोच, जायत्या फावटी दोळे फुटको आसता. दोळे फुटक्याकच, केन्ना केन्ना अर्तयामी सगळें ज्ञान मेळूंक पावता.

प्रासा वयल्यान भायर सरिल्ली बस खंयच चड वेळ थारलिना. नीट वाटेक लागली. पणजे-रायबंदरचो पाटो काडून ती गोंयां इगर्जींच्या वाठारांत पावली. कांय वेळ थंय रावन तिणें भाणस्तार गांठली. भाणस्तारीच्या पुला वयल्यान फुडें सरून म्हणटां म्हणटां ती भोमच्या तिठ्यार आयली. थंय कांय पॅसिंजर देंवले. मागीर बद्द ती थांबली ती कुंडयच्या थांब्यार. कुंडयची चडटी काडटना जायतीं मोडणां येतात. तीं काडकाडत एकदांची ती माथ्यार पावली. थंय एक दोन पॅसिंजर घेवन ती देंवती काडपाक फुडें सरली. हे देंवतेचेर एक घातकी अशें मोडण आसा. थंयच्यान सकयल्या वाठाराचो सोबीत असो देखाव दिसूं लागता. पाचवोचार परिसर आनी रुखावळी मर्दी मंगेश देवळाचो घूड – हो घूड दिसनाफुडें वातावरणाक अपूप अशें एक वलय आयिल्ल्याचो भास जाता. कित्याक कोण जाणा, पूण मंगेशीच्या ह्या देवळा-प्राकारांत आनी त्या आसमंताक जायते व्हड मनीस जावन गेले. चड करून कलाकार. ह्या सगळ्यांचे पुण्यायेन मंगेशीच्या वाठाराची सयाच बदलून गेल्या अशें दिसूंक लागता.

मोडणां काडीत काडीत बसीन देंवती पार केली आनी ती सकयल्ल्या सांकवा कडेन पावली. मंगेशीचो वाडो प्रियोळ गांवांतच एके व्हटेनच्या तेमकार आसा. म्हणटां म्हणटां सांकव आनी मंगेश देवळा कडेन वचूंक केल्ले वाटेच्या तोंडारच उबारिल्लें चिऱ्यांचें आर्क हांचे मर्दी एके सुवातेर म्हजी थंयचे वालेतीर नदर पडली. ''आरेऽच्या!'' हीच ती वालेत. पणजेच्यान येता आसतना दावे वटेन आशिल्ली ती वालेत पयलीं म्हज्या भुरगेपणांत खूब ल्हान आशिल्ली. आनी केन्ना तरी वर्सांतल्यान एक फावट पावसाळ्या पयलीं ऑब्राचो मनीस कांय मानांयांक हाडून मुखेल मार्गा वयल्यो ह्यो वालेती निवळ करतालो, उसपून घेतालो, हाची म्हाका घट याद आसा.

* * *

भाद्रपदांतली शुद्ध पक्षांतली चवथ म्हळ्यार चार चवगांच्या व्हडा घरांत बोवाळच बोवाळ. चाकरे निमतान गोंयांतच हेर कडेन बिराडां करून राविल्लीं कुटुंबां चवथी कडेन मात घरा आयले बगर कशींच रावनाशिल्लीं. खंयचोय दुसरो सण चुकल्यार जाता पूण मूळ घरांत पुजिल्ल्या गणपतीक पायां पडूंक येवप ना म्हळ्यार देवाचें रागणें जावपाचें हो भावार्त. आमच्या घरांत मडगांव पणजेच्यान चवथी खातीर येवपी बिराडां आशिल्लीं तशींच गांवांतल्या गांवांत दुसरे कडेन रावपीय कुटुंबां आशिल्लीं.

ही गणपती पुजपाची चवथ म्हळ्यार सगळ्या भुरग्यांक एक व्हड पर्वणी. तशें पळेल्यार तो काळच तसो आशिल्लो. खंयचोय सण जायना, भुरग्यांचो उत्साह उपाट भरून व्हांवतालो. तेन्ना मन रिझोवणेचीं साधनां खुबूच उणीं आशिल्लीं. येता तो सण उर्बेचो. नवराती म्हळ्यार कितें? पूण त्या णव दिसांनी खंयच्या खंयच्या देवळांनी वचपाचें, खंय खंय बरे हरदास आयल्यात – कोण बरो गायता, कोण आख्यान बरें सांगता बी सगळी खबर पयलींच काडून आमी त्या णव दिसांची कार्यावळ पयलींच थारावन दवरताले. तो काळय मोटरगाडयांचो नाशिल्लो. पांयांनी चलत देवळांत वचपाचें आनी कीर्तन जावन मखर नाचोवन जालें कीं प्रसाद बी खावन

रातचें घरा परतुपाचें. कितली रात जाताली ताची नातच उरनासली. इतलें हें जागरण जावनय फांतोडेर उठून शाळेक वचपाचें. जागरण जालां म्हणपाचें लेगीत दिसनासलें. कीर्तनांतले काणयेचो प्रभाव दुसऱ्या दिसाची काणी आयकसर तसोच उरतालो. आमची नवरातीची रात बांदोड्या महालक्ष्मीच्या देवळांत, तिसऱ्या दिसा आसता. ताचोच बोवाळ कितें थोडो नासतालो आमकां भुरग्यांक! आज रातचो जाफरालो ना जाल्यार सय्यदालो कामिन्यांव सांगला. तो दिस्त आठ वरांचेर येतलो. ताचे पयलीं जेवणां बी करून मुस्तायकी घालून तयार रावंक जाय. कळाव जायत जाल्यार कीर्तन चुकत हाचोच हुसको. णव रातीं भितरली, मोटारीन वचून येवपाची आमची ही एकूच रात. ह्या दिसांनी केन्ना केन्ना पावस पडटालो. गडगडून, लखलखून बी... पूण ताचो हुसको आमकां केन्नाच दिसलोना. सैमाचे खंयचेच करामतिचो म्हाका केन्ना भंय दिसलोना.

नवराती सोंपतकच दुसऱ्या दिसा आमच्या ग्रामदेवाचेर दसऱ्याचो भार येता. फांतोडेर तरंगावणी बी जाताली. त्या वेळार वाजतल्या डुबूक-डुबूक-डुबूक-डब ह्या धोलक्याच्या बोलांचो आवाज अजूनय म्हज्या कानांत घुंवता. मध्यानरातीच्यान फांतोड जाय मेरेन ह्या आवाजान आनी शें-दोनशें लोकांनी एकसाथ केल्ल्या 'हर हर'च्या गजरान गुरवाचेर अवसर येतालो आनी तो लांब लांब उडक्यो मारून नाचतालो तो देखाव पळोवपा सारको आसतालो. उपरान्त कौलां दिवपाक आनी बिबूत लावपाक सुरवात जाताली. खंयचोय कोण कसलेंय नॉत आशिल्लो – म्हळ्यार देहाचो जावं तकलेचो रोगी – जाल्यार ताका कुरार करूंक देव बेतकाट्यो मारतालो. शाळेंत शिकता आसतना मास्तर बडयेन जावं पावतेन कित्याक मारता ताचें कारण म्हाका बेताळाचे हे करणेंत दिशिल्लें. ही दसऱ्याची रात आमी आख्खी जागून काडटाले. एका वर्सा फांतोडे वयलो भार काडपाचो बोवाळ चलिल्लो आसतनाच दुसरो एक बोवाळ सुरू जालो. एका बोकड्याक एकल्यान ओडीत ओडीत भायर हाडलो आनी ताका फुडल्या पूर्वार दवरून ताचे म्हऱ्यांत लुसलुशीत पालय खावपाक घाली. आख्खो दीस उपाशीं दवरिल्ल्यान त्या बोकड्यान अधाशा वरी ते पालयेक तोंड लायलें आनी इतल्यांत घो करून एके धारेचे कोयतेचो वार ताचे मानेर पडलो. एका घावान शीर आनी धड तुटून वेगळीं जाल्लीं. कांय भक्तांनी त्या धडाक धरून रगताचे पाट फुडल्या पूर्वार सोडले. धड असहाय्य जावन कितलो वेळ तरी धडपडटालें. म्हज्यान तें दृश्य पळोवं नज जालें आनी हांवें घरची वाट धरली. देवाच्या नांवार हें क्रूर कर्म चलत आयलां आनी फुडेंय चलतलें हें सांगूंक नाका. त्या वर्सा सावन दसऱ्या दिसा बेताळाच्या देवळा कडेन वचपाचे म्हजे कार्यावळींत खंड पडलो.

दसऱ्याच्या ह्या दोन दिसांत देव गांवच्यो शिमो गांठून, येतना वतना सगळ्यांक राखणेचो कौल दिता. वाटेर बिबूत लावपाक घेवपाक गांवचो, वाड्या वयलो लोक देवा म्हऱ्यांत येत आसता. थांबता थंय खावचीं पानां चिरून उडयल्लीं आसतात. गांवच्या शिमांचेर वचून थंयच्या सगळ्या लोकाक राखणे प्रसाद दिवन देवळांत परततासर भाराक दुसऱ्या दिसाची मध्यान रात जाता.

म्हज्या भुरगेपणांत राया गुरवाचेर हो दसऱ्याचो अवसर येतालो. मध्यम पिरायेची मोटवीच अशी ही मूर्त खरी, पूण साक्षात बेताळाचीच सया ताका मारताली, अशें सांगतात. अवसर येता त्या वेळार जाल्यार ताका पळोवन आंगार शिरशिरो येतालो. थंड नदरेन, गरजे पुरतेंच उलोवन खावचीं पानां तोडून शिंपडावप आनी बिबूत लावप हीं दोन कामां थांबयनासतना तो करीत आसतालो. हे ग्राम देवतेक जातपात लागनाशिल्ली. भटां बामणां पासून म्हारा चामारा मेरेन सगळ्यांगेर तो अनवाणी वतालो. समानतायेचो हो आदर्श, भुरगेपणांत सावन आमच्या दोळ्यां दिश्टी पडत आशिल्लो. दसऱ्याचें हें एक म्हान फळीत आशिल्लें अशें मुजरत म्हणीन दिसता.

दसऱ्या उपरान्त येताली धाकली दिवाळी. पन्नास साठ वर्सां आदीं तिका व्हडलेंशें म्हत्व नाशिल्लें. वैशणव कुटुंबांगेर खाणा-बिणाचो – वर्जी धाडपाचो बोवाळ नासतालो. पूण स्माथगेर मात हे दिवाळेक वर्जी धाडपाची परंपरा आशिल्ली आनी अजून आसा. धाकले दिवाळे दिसा फांतोडेर उठून, आंगाक बरें तेल रगडून आमी हुनहुनीत न्हाण करताले. भुरग्यांक तेल रगडूंक एक कोण तरी मानाय येतालो. अर्द पाऊण वर तो जण एकाक रगडटालो ताची म्हाका घट्ट याद आसा. आंगांतल्यान हून हून कालोर भायर सरता अशें आमकां जाणटेलीं सांगतालीं. न्हाणोवपाचें काम आवय करताली. घमघमीत वासाचो शाबू लावन आनी तायखिळ्याच्या बियांचें आमी तयार केल्लें वणटें आंगाक सारोवन हो न्हाणाचो कार्यभाग सोंपतालो. मागीर आमी धुल्ली घडये वयली मुस्तायकी घालताले. घरांतल्या सगळ्यांचीं न्हाणां सोंपता म्हळ्यार सकाळचीं आठ जातालीं. मागीर दिव्यांक उबे रावपाचो प्रोग्राम. घरच्यो जाणट्यो बायलो ओंवाळप, राट दाखोवप, कपलाक तिबो लावप बी कामां आपणां भितर वांटून घेवन करतालीं. मागीर आसतालें ताटांत ओंवाळणी घालपाचें काम. ते खातीर बापूय आमकां १-१ रुपया दितालो. तो आमी ताटांत उडोवप आनी मागीर मुखार दवरेल्लीं काट्टां पांयांनी चिड्डून फोडीत तीं चवखीभर शिंपडावप. हें इतलें जायनाफुडें मागीर फोव खावपाची तयारी. म्हाका घट्ट याद आसा, आमच्या घरांत त्या वेळार हे सण घरच्या कुटुंबांनी वांटून घेतिल्ले. त्या त्या सणाची जापसालदारकी थरिल्ल्या कुटुंबाची आशिल्ल्यान खाणाची एकूच पंगत चवखेर घालताले. आनी जाण्टीं-भुरगीं सगळीं जाणां एकदमच खावंक बसतालीं. दिवाळेचो फराळ म्हळ्यार – रोसांतले फोव, सुके फोव, आंबाड्यां करम, चण्याची उसळ आनी दुदांतले फोव – सुकें खाण कसलेंच नासतालें. इतल्यान सोंपताली आमची दिवाळी. ना म्हणपाक दिवाळेचे फोव खावपाक प्रियोळकारांगेर सावन धर्मेबाब आनी भालीबाब हांचें आनी शेटींल्यांतल्यान विठ्ठल शेटीलें आमंत्रण येतालें. जाणटेले ऑर्द सोडटाले भुरग्यांक आनी आमी सगळ्यांगेर वचून इतले फोव खाताले की ते जिरूंक जाय म्हण निमाण्या घरांत – म्हळ्यार विठ्ठल शेटीगेर फोवां उपरान्त आमकां गंजनाचो च्या मेळटालो. फोव खावन करून परते येतासर सांजचीं चार वाजतालीं. परते येतना आमकां चिंचांनी नाल्ल फोडपाचे आनी लगोऱ्यांचे खेळ पळोवंक मेळटाले. गांवचो गावडो लोक थंय एकठांय जातालो आनी तांचे मदीं नाल्ल फोडपाची जी सर्त लागताली ती पळोवपाक शें शंबर लोक थंय जमतालो.

धाकले दिवाळे दिसा सांजचें लक्षुमी पुजन आसतालें. ते निमतान म्हाड्डोळा वचून दर पसऱ्यार वांट्टाले त्यो चिरमुल्यो पुंजावन खावपांत एके तरेची मजाच दिसताली. आमच्या घरा कडल्यान मैलभर पयस आशिल्ल्या म्हाड्डोळा दिसांतल्यान आठ धा फावटी धाडल्यार लेगीत कांय न्हय करून आमी पांयांनी वचून येताले.

धाकली दिवाळी जाता म्हणसर व्हडली दिवाळी तेंकताली. तिका आमी दिवाळी म्हणिनासतना 'तुळशी लग्न' म्हणटाले. ताचो थोडो भोव घरांत बोवाळ आसतालो. सोयऱ्यांगेर वर्जी धाडपाचीं म्हळ्यार खाणां करूं नाका? लाडू, तिखशे फोव, चिवडो-शेव सारकीं खाणां घाल्ले डबे, वांगडा कापिल्ल्या उशेकाण्यांची एक मोवळी, एक दुदी, चिंचेची एक ल्हानशी ताळी, आंवाळ्यांची ताळी आनी सुक्या फोवांचें एक फोलीण इतलें हें सामान घाल्लें वजें दिवाळे पयले दीस सोयऱ्यांगेर रवाना जातालें.

तुळशी लग्ना दिसा दनपरां लग्नाचें शिवराक जेवण आसतालें. तातूंत एक भाजी मुजरत केल्ली आसताली. ती आसताली दुदयाची. आनी तातूंत घाल्ले आसताले उशेकाण्याचे करवे. सांज जाता म्हणसर थरिल्ल कुळागरांतले भागेली माथ्यार एक एक केळ घेवन येताले. ते केळीक एक ल्हानसो घडायूय आसतालो. ते येवन रोखडेच कामाक लागताले. आंगण

निवळ करून तुळशी भोंवतणीं कोंड्याची आरास बांदताले. चार कोनशांनी चार केळी बांदून आरासेच्या कामट्यांचेर पणट्यो दवरताले. इतले म्हणसर काळोख पडटालो आनी पेटिल्ल्या पणट्यांच्या उजवाडान आंगणाचे भोंवतणी एक लकलकीत आवरण निर्माण जातालें. तो काळ विजे-दिव्यांचो नाशिल्लो. येद्द्या व्हडल्या घरांत पेट्टाल्यो त्यो चड करून दिवल्यो आनी लामणदिवे. घराच्या फुडल्या दारांत चवखेचेर एक दोन पेट्रोमॅक्स त्या दिसा पेटयल्ले आसताले. असल्या ह्या वातावरणांत पेटिल्ल्यो त्यो पणट्यो चवखे कडल्या वाटाराक एक मृदूल, तेजिश्ट आनी तितलेंच संथ रूप प्राप्त करून दिताल्यो. कांय वेळान भटमाम येतालो. पुजेची तयारी चलताली. बायलांचो व्रता सण जाल्ल्यान तांकांय उसरपत नासताली. हांगा वच, थंय वच, तें हाड, हें दवर हेच तरेची भास. भटपणा उपरांत आरतिचो आटाप. मागीर तुळशी म्हन्यांत व्हौंटी भरपाचें बायलांचें काम. ताकाच वर भर मोडटालें. चातुर्मास हे परबेन सोंपता म्हणटकच लग्नकार्यां मुजी बी मंगलकार्यां हे फुडें सुरू जावपाचीं. ते खातीर तुळशी मुखार गाराणें घालतना भटाक मुजरत शिटकावण्यो वताल्यो. मागीर प्रसाद वांटपाचें काम. तुळशी लग्नाक 'जागर' नांवाचो प्रसाद म्हत्वाचो. सुक्या फोवांत नाल्ला कातल्यो, चिंचे कुडके, उशेकाण्याचे करवे बी घालून तयार केल्लें तें मिस्रण. इतलें हें सगळें जातकच निमाणें फोव खावपा खातीर पंगती बसताल्यो. तुळशीक आरास बांदूक आयिल्ल्या मानायांक मानाचो पाट. धाकले दिवाळेक केल्ले तसलेच फोवांचे पनवार. ना म्हणपाक फोवांचे एक दोन पनवार वेगळे आसताले. पुरत्यांत दुदाचे ताकाचे बी... इतल्यान तुळशी लग्नाची वर्सासनाची परब सोंपताली.

चातुर्मास सोंपनाफुडें वचत थंय काल्यांचो आनी जात्रांचो फोव. आमच्या अंत्रुजेच्या वाठारांत जाल्यार ताचो हिशेबच लागपाचो ना. म्हाका बेस बरी याद आसा, भुरगे आसतना आमच्या बापायन आमकां काल्याक म्हण केन्ना धाडलें ना. पूण गवळण कालो मात आमी केन्नाच चुकयलो ना. तो दिसाचो जाल्ल्यान बापाय कडल्यान ताका बंदी नाशिल्ली. ते भायर काल्याचे निमतान तरेकवार सामानाचे माण – खाणाचे धरून खेळण्याचे – थंय येताले. तांचेर आमची भिस्त आसताली. गवळण कालो म्हळ्यार 'श्रीकृष्णाच्यो भुरगेपणांतल्यो लीला'. त्यो पळेता आसतना पेंद्र्यान केल्लीं फकाणां आमचो हांसोवन गुळो करतालीं. कृष्णा परस पेंद्र्याक लागून गवळण काल्याक अदीक मजा येताली. पेटयेच्या आनी तबल्याच्या तालार कृष्ण-राधेन गायल्लीं जोड-गितांय मनाक धादोसकाय हाडटालीं. आनी दिसा धवळ्या कालो सोंपोवन खाज्या पुडे, भाजिल्ले चणे, रेवड्यो आनी बोंबाडे, पिल्लुको बी खेळणीं घेवन आमी घरा परतताले.

फोणे तालुक्यांत वता थंय देवळां. ह्या देवळांनी त्या त्या तिथींक जात्रा जातात. म्हाजनांक आपणाल्या देवाचे जात्रेक वचपाचें सुटनासलें. मात्रे पुनवेक माशेलांतल्या देवकीकृष्णाचे जात्रेक, मडकयचे नवदुर्गेचे जात्रेक, थळावे लोक गर्दी करतालेच पूण तातूंत भर पडटाली म्हाजनांची. मंगेशीची माघांतली जात्रा, म्हाड्डोळची म्हाळशेची जात्रा, ते भायर कवळेंची शांतादुर्गा, रामनाथ, नागेश-म्हालक्ष्मी हांच्यो जात्रा म्हळ्यार वैशाखांतली वसंतपुजा जायसर सगळ्यो जात्रोच जात्रो. हाचे भायर ग्रामदेवळांतल्यो जात्रा. एका शिगम्या म्हयन्यांत एकाच वेळार अंत्रुजेंत पांच कडेन नाटकां जातालीं आनी जातात म्हूण सांगल्यार लेगीत कोणाक खरें दिसचेंना. अशे भशेन नाटकांच्या आनी जात्रांच्या ह्या जंवजाळांत खंयचो गोंयचो, पुरत्यांत अंत्रुजेंतलो भुरगो नाटकां-पिसो जावचोना? वातावरणच अशें की नाटकाचें आनी गाण्याचें पिशें लागपाचें! म्हजे सारक्या भुरग्याच्या जिविताचेर जें कितें बरें वायट हे कळेचे संस्कार घडले ताचें कारण म्हजे भोंवतणची ही परिस्थितीच आशिल्ली अशें म्हळे बगर रावं नज. भुरगो आसतना सगळ्योच जात्रा कितें म्हाका करूंक मेळनाशिल्ल्यो. पूण लागिंच्या बांदोडेंच्या देवळांत एकाद्रें नाटक पळोवपाक बापूय धाडटालो. रामनमीक म्हालक्ष्मीचे जात्रेक बांदोड्या रावपाचीय वेवस्ता जाताली. भुरगेपणांत नाटकांतलीं पदां म्हाका पिशें लायतालीं तीं अशीं तशीं न्हय. घरांत आयिल्ले कडेन आमचे सोयरे "म्हण मरे एक नाटकांतलें पद" म्हणून म्हजे कडल्यान पदां म्हणून घेताले हें म्हजे घट्ट यादींत आसा.

म्हणटां म्हणटां पावसाळ्याचे दीस सुरू जाताले. आशाढी एकादशीच्यान चातुर्मास सुरू जातालो आनी मागीर वचत थंय सप्ताह आनी भजनां. पणजेच्या सप्ताहाक हांव मावळणीगेर आज्या बरोबर वतालों. हेर कडलो खंयचोच सप्ताह हांवें केन्ना पळेलो ना. स्रावण सोमार सोंपताले आनी तांचेच वांगडा टाळ-पखवाजाचो भार आपशींच उणो जातालो.

चवथ येता म्हळ्यार आठ दीस पयलीं घरांत खाणां करपाचीच ताकतीक. सोयऱ्यांगेर धाडपाचीं वजीं वेळार तयार जावंक जाय हाची हुसको. खाणांचे कितले नग म्हणटा ताका हिशेब ना. तातूंत लग्ना उपरांतचें पयलेंच वजें आसत जाल्यार पनवार धाडटा तितले थोडे अशें आवय-बापायक दिसतालें. खाणां म्हणटा तीं सगळीं घरांतच घरचीं मनशां करतालीं. लाडवां भितर बेसन लाडू, साखरे लाडू, खाजी लाडू, बुंदी लाडू, शेवयां लाडू, कापां म्हळीं जाल्यार खोबऱ्या कापां, बटाटा कापां, चण्या हालव्या कापां, ते भायर शेव, चिवडो, तिखशे फोव, चुरमो, चकल्यो, अनरशे आनी ह्या सगळ्यांचेर ताणी करपी असो चवथीचो खाशेलो पनवार म्हळ्यार नेवऱ्यो – पिठाच्यो, खिशिच्यो, चुन्नाच्यो. ह्या खाणा-जिनसांनी भरिल्लीं लातां ना जाल्यार डबे, वांगडा एक बेड्यां-शिपटें, एक केळ्यां घडाय, तोरींग, सोलनारींग, जगमां घोस, तवशें आनी माटोळेक बांदपा खातीर कांय रानवटी फळां हे भशेन हें चवथीचें वजें तयार जातालें. ह्या खाणां वांगडा वज्यांत आनीक एक गजाल आसताली आनी ती म्हळ्यार माराणांची पुडी. जण एका सोयऱ्यागेर वजें घेवन वचपी मानाय वर्सासनाचो थरिल्लो आसतालो. ताका वजें केन्ना व्हरपाचें, तितलेंच कळोवप. तो त्या दिसा येतालो, खाणा सामान आनी फळफळावळ माण्णेन वज्यांत मांडटालो आनी तें उखलून तडक त्या त्या गांवांत चलूंक लागतालो. तेन्ना पॅसिंजरां खातीर कामिन्यांव चलताले, आनी तेय थोड्याच मुखेल मार्गांचेर भोंवताले. पणजे वतलो जाल्यार पयलीं प्रियोळची पाटी – मुखेल मार्गा वयलो लागिंचो थांबो, ना जाल्यार तडक म्हाड्डोळा – वजें माथ्यार मारून घेवन वचप आनी मागीर कामिन्यांवांतल्यान पणजी गांठप. ह्या प्रवासाक दोन तीन वरां तरी लागतालीं. पूण दोंगरेर जावं गावण्यां वतलो जाल्यार आड वाटेन पांयांनीच वजें घेवन मानाय वताले. सकाळीं भायर सरिल्लो मानाय लागीं गेल्लो आसत जाल्यार सांजवेळ जायसर परततालो. परतो पावपाक खुबूच रात जाल्ली आसत जाल्यार दुसऱ्या दिसा सक्काळीं तो येतालो. ह्या मानायांची आमी दोळे लावन वाट पळेत बसताले. वजें सकयल देवता थंय आसा, हात भितर पडटाले ते माराणांची पोटली सोदूंक. ती मेळ्ळी की आमचें काम जालें. मानाया कडेन सोयऱ्यांनी दिल्ली चीट आजो घेतालो. तातूंत सगळ्यांचें कुशळ बरयल्लें आसतालें. कितेंय तशीच नविदाद बी आसल्यार ती सुनेच्या जावं पुताच्या कानार घालपाक बशिल्लो थंयचो तो उठ्ठालो. इतले म्हणसर आमची आवय मानायाक दिवंक नेवऱ्यो, लाडू बी घाल्ली एक पुडी आनी ४ माराण ताच्या भुरग्यां खातीर म्हण मुजरत हाडून दिताली. तो वचपाक पावल घालता म्हणसर जाणटेलो हळूच ताका विचारतालो, "सोयऱ्यान खर्चा खातीर दिल्ले पावले मरे तुका?" "शेऽऽ शेऽऽ! हें कितें धनया?" अशें म्हणत लजेन तो थंयच्यान पिटाळ मारतालो.

चवथीच्या आदल्या दिसा तयेची परब म्हळ्यार गौरी आनी म्हादेव

हांची पुजा आसता. केन्ना केन्ना तय आनी चवथ एकाच दिसा येतात. सणाचे दीस तिनां वयल्यान दोनांचेर येतकर आमकां खूब वायट दिसतालें. गौरी पुजन म्हळ्यार शंकर पार्वतीचीं चित्रां हाडून तांचें पांयजल आसा ताका गोमान दसोवपाचीं आनी ताका भोंवतणीं चकचकीत फोल लावन सोबा हाडपाची. तये दिसा तांची पुजा. त्या कामाक भट येतालो. घरच्या बायलांचें वायणां बी दवरुपाचें काम भट नासतना जायना. त्या दिसा शंकराक आनी पार्वतीक दोगांकय प्रसाद दाखोवपाचो. दोगांयचीं दोन पानां. गौरीक पातोळ्यो खावपाचे दुवाळे जाल्ल्यान त्या दिसा पक्वान्न म्हण पातोळ्यो करताले. भुरगे आसतना आमकां जाणट्यांनी जें सांगिल्लें ताची याद करून हांव हें सांगतां. मागीर जाताल्यो आरत्यो. शंकराची आनी पार्वतीची. म्हज्या आज्यान भुरगेपणांत म्हाका सगळ्यो आरत्यो, प्रार्थना आनी मंत्रपुष्प शिकोवन तरबेज केल्लो. ताका लागून म्हाका ते म्हणपाक पटयेची गरज लागनाशिल्ली. त्या वेळार आमगेर तबलें तर आशिल्लेंच पूण ते भायर पेटयेचीय वेवस्था केल्ली. आमच्यो आरत्यो म्हळ्यार त्यो सामक्यो संगीत-तालाचेर. टाळां परस तबल्याच्या ठेक्यांचेर म्हळ्यार जाता. आरत्यो बी जावन मागीर जेवणां. घरांतलीं सगळीं मनशां एके पंगतीर जेवतालीं. रातच्यो आरत्यो जायनाफुडें प्रसाद वांट्टाले. इतलें हें करून मागीर न्हिदूंक वचप. आमच्या घरांतच न्हय जाल्यार आख्या गांवांत साडे आठ णव जालीं की सगळें किण्ण. ताका लागून बेगीन न्हिदपाची सगळ्यांकच संवंय. उठपूय सामकें सकाळीं – वोताचो शिडकाव जावचे पयलींच. फांतोडेरच पुराय गांवाक जाग येताली. त्या दिसा आमच्यांतले कांय भुरगे गौरी-म्हादेवाक सांगात दिवंक भायर चवखेरूच शेनरी पातळावन न्हिदताले.

सकाळ जायनाफुडें सगळ्या भुरग्यांक गणपतीची म्हूर्त हाडपाची ताकतीक.

गांवांतल्या लोकां खातीर गणपतीच्यो मुर्ती चेडो गुरवागेर तयार जाताल्यो. ह्यो मुर्ती तयार करतना आमच्यो भुरग्यांच्यो गणपतीचे साळेंत आठ-धा फावटी तरी जाताल्योच. परतें परतें वचून त्यो पळोवपांत आनी दुसऱ्यांक दाखोवपांत मजा दिसताली. इतले भितर आमची मूर्त आमी सोदून काडून ती कडेक दवरूंक सांगताले. चवथी दिसा सकाळीं आमी सगळे भुरगे आनी दर वर्सा मूर्त हाडपी मनीस, एक पाट आनी मुर्तीचेर घालपा खातीर एक धवोफुल्ल चादर घेवन थाटान देवळा कडेन वताले. आमचे बरोबर बापूय येतालो. कांय जाण बोल्सांत माराण घेवन येताले. गणपतीची मूर्त घेवन घरा येता आसतना 'गणपती बाप्पा मोरया' अशो हालेटी घरा पावसर आमी दीत रावताले. दारांत पावनाफुडें फुगेट्यांचो गडगड सुरू जातालो. घरांतली जाणटी बायल राट घेवन दारांत येताली आनी देवाक दाखयताली. मागीर देव भितर येतालो आनी आपणाल्या आसनाचेर बसका मारतालो. ''गणपती हाडलो, गणपती हाडलो'' म्हण सांगनाफुडें उट्टा तो ताका पळोवंक भायर येतालो. अप्रूप कितें तरी हाडलां अशी सगळ्यांची भावना जाताली. गणपती घरांत येनाफुडें घरच्या वातावरणांत उर्बा भरताली. गरज नासतना मदीं मदीं ताळ वाजताले. फुगेट्यो पेट्टाल्यो. ल्हान भुरगीं फुलवाती पेटोवन दी म्हण जाणट्यां फाटल्यान लागतालीं. बोवाळाक एक वेगळेंच रूप येतालें. उमेद, उमळशीक, भुल्लुसो हांचें मिश्रण जालां अशेंच दिसतालें. इतलें हें चलतासर साडेबारांच्या सुमाराक भट येतालो. आनी पुजेक बसपी जाणटेलो न्हावपाक वतालो. न्हाण बी करून येतकच भटपणाक सुरवात जाताली. गणपती पुजेचो पयलोच दीस जाल्ल्यान ती खूब वेळ मेरेन लांबताली. मागीर प्रसाद हाडात म्हण इशारो जायनाफुडें अनवाळीं बायलां वाडिल्लीं प्रसादाचीं केळी पानां देवा मुखार मांडटालीं. उपरान्तची कार्यावळ म्हळ्यार आरत्यो. पेटी-तबलें-झांजी हांच्या ताला-सुरार आरत्यो खूब वेळ मेरेन चलताल्यो. दुसरे वटेन माराणांचो गडगड. गडगडांत आरत्यो चल्ल्यात तें आयकून आंगांत उमेदिचीं ल्हारां घुंवघुंवतालीं. आमच्यो आरत्यो आयकुपाक शेजारचो लोकूय पुंजा जातालो. पुजेचें कार्य सोंपतकच जेवणाचो आटाप. आज जेवणाक पुरणाच्यो नेवऱ्यो, मोदक बी. ते भायर केळ्यांच्यो फोडी, मुगां गांठी आनी खतखतें. नेवऱ्यो आनी पुरणाच्यो म्हळ्यार म्हजे सारक्याची रगड. कितल्यो खाता ताका सुमार नासतालो. जेवणां जाले उपरान्त देड-दोन वरां इल्लो विसव मेळटालो. तितल्यांत जाणटेले इल्लो दोळो लावन उठ्ठाले. पूण भुरग्यांक खंय आसा उसरपत! तीं शेजाऱ्यांगेर गणपती पळोवपाक वतालीं. गणपतीक पांयां पडले उपरान्त आमच्यांतले कांय जाण बारीकसाणेन माटोळेचेर नदर मारताले. तांचे माटोळेक बांदल्यांत आनी आमचे माटोळेक मात नात तीं फळां खंयचीं हाचो हिशेब लायत ते घरा येताले. आनी सांज जाय मेरेन खंयच्यान तरी फारावन तीं ते हाडटाले आनी माटोळेक बांदूंक लायताले. मागीर भायर बल्कांवार बसून एकोड्यो फुगेट्यो मारून हांसत रावताले. तेन्ना माराण येताले ते माकाव ह्या चीन देशाचे लागसार आशिल्ल्या एका जुंव्या कडल्यान. हो जुंवो पुर्तुगीजांची एक वसणूक आसली. थंयच्यान माराण आनी फस्कां गोंयांत येतालीं. माराणांतली एकान एक फुगेट पेट्टाली हें तांचें खाशेलेपण.

काळोख पडूं लागलो की आमी भुरगीं घरांत भितरच रावतालीं. भायर वचपाचें मनांत लेगीत हाडनासलीं. भायर गेलीं आनी घाळपणान कोणाचेय सांगणे वरसून वयर मळबार पळेलें आनी चंद्रीम नदरेक पडलो जाल्यार घातच जावपाचो. चवथीचो चंद्रीम पळेल्यार कांयच करिनासतना बेश्टोच आळ येता अशें जाणटीं सांगतालीं. आमकां कित्याक जाय ही नस्ती कटकट म्हण आमी ते भानगडींतच पडनासलीं. आठ-साडेआठ जावपाक आरत्यांचो वेळ जातालो. सगळे जाण देवा मुखार येवन आरत्यो म्हणटाले. प्रसाद वांटले उपरांत जेवणां जातालीं. ह्याच वळार फाटले चवखेर कांय वावराड्यो बशिल्ले कडेन दुसऱ्या दिसाच्या हिटां खातीर पणसा पानांचे दोणे करतात तें दिसतालें. त्या वासाची विसर म्हाका अजून पडिल्ली ना. इतले म्हणसर रातचीं साडेणव-धा जातालीं, आनी जण एकलो आपणाले कुडींत जावं न्हिदपाचे सुवातेर वचून न्हिदेचे आधीन जातालो. ना म्हणपाक शंकर पार्वती बरोबर गणपतीक सांगात करूंक चवखेर न्हिदतल्यांचो आंकडो मात दसक्या वयर पावतालो. चवथीचे दीस म्हळ्यार तिनीत्रिकाळ गणपतीचो विचार. म्हणटां म्हणटां पंचम उदेता. पयल्या दिसा जाल्ल्यो तश्योच पुजेच्यो सगळ्यो बाबी पार पडटात. आयच्या दिसा हीट आनी दुदा पायस हे पनवार. हीट हे पिक्या केळ्यांच्यो फोडी घालून केल्ल्या नाल्ला रोसांत बुडोवन खावपाचे. ना जाल्यार तोंडाकाक लावन. आयचें जेवण जाता करतासर वोत मोव जाल्लें आसता. पंचमी दिसा गणपती पळोवंक येवपी लोकांचो आंकडो वाडटा. सांजच्या स वरांच्या सुमाराक घरांतल्यो जाणटेल्यो बायलो अचकीत गणपती लागसार आशिल्ल्या आमकां भायर धांवडायतात. कित्याक तें आमकां सांगनात, पूण कितेंय तरी देवस्पण आसा अशें म्हणून तीं आमकां थंयचे पिटाळून लायतात. फकत पांच धा मिनटां. मागीर परतें पयले वरी. आमचे सारक्या भुरग्यांच्या मनांत मात हे गजालिचें कुवाडें घर करून बसता, तें जाणटे जायसर. फुडें केन्ना तरी तो फोड फुट्टा आनी खरी गजाल भायर सरता. घरच्या कोणा भुरग्या खातीर पयल्या वरसा गणपती मुखार आंगवणी केल्ली, तिची फेड करपा खातीर कोणा बायलांक नागड्यो फुगड्यो घालपाक मुजरत हाडिल्ल्यो आनी पांच-धा मिनटां भितर नागड्यो नाचून त्यो थंयच्यो उठून गेल्ल्यो. नंदाल्या पोराक नागड्यो गोपी पळोवपाची गोडी आशिल्ली ती शंकराल्या पुताक केन्ना आनी कशी सोदूंक आयली हें कुवाडें केन्नाच सुटूंक पावलेंना.

रातच्या आठ-साडे आठां सुमाराक भटाची स्वारी येता. आनी पुजा करपी यजमान न्हावंक मान्न्यांत वता. घरांतल्यो बायलो देवा म्हऱ्यांत रावन वातिंचीं जोडवीं तेलांत बुडोवन आरते ताटांत दवरुपाचें तेच भशेन प्रसादाचीं आयदनां हाडून मांडपाचें काम करतात. आज देवाचें विसर्जन करपाचें म्हणटकच पुजेचो वावरय वाडटा. आरत्यो म्हणूंक सुरवात जाता म्हळ्यार रातचीं धा जातात. चवथी दिसा ३-४ आरत्यो म्हणून वावर काडिल्लो जाल्यार आज ८-१० आरत्यो म्हणुंकूच जाय म्हणपाचो आमचो भुरग्यांचो आग्रो. फाल्यां त्यो म्हणपाक मेळपाच्यो नात हाची खंत. आज आरत्यांक एक आगळोच नेट येता. भायर माराण पेट्टात. एके वटेन वातिंचीं जोडवीं ताटांत घालून पेटिल्ली आरत यजमानाच्या हातांत वता जाल्यार दुसरे वटेन एक नवी आरत म्हणूंक भुरगीं सुरवात करतात. करतां करतां आठ-णव आरत्यो म्हणून जातात आनी निमाणी प्रार्थना. तेन्नासर कापरा आरत जावन ती भोंवडायल्ली आसता. उपरान्त मंत्रपुष्पांजली जाता आनी निमाणें गाराणें सांगपाक भटा सयत सगळीं उबीं रावतात. गाराणें सांगतना जांच्यो कितें अडी अडचणी आसात त्यो देवा कानार घालपा खातीर भटाक सुचोवण्यो दिवपाचें काम केदो वेळ चलता. तें सगळें निटायेर पडल्यार फुडल्या वरसा ५ दीस ७ दीस गणपती दवरुपाचें उतरूय थंयचे थंय दिवपाक कोणूच अनमनना. कसलोच वेगळो भाव धरिनासतना देवा कडलो हो वेव्हार संवसारांतल्या हेर वेव्हारां वरी जाता अशें म्हणपाक हरकत ना. हें इतलें जातकूच हेर कांय भोगावळी उरल्यात त्यो सोंपोवपाचें काम भट करता आनी विसर्जन करपा खातीर आसनावेले मुर्तीक मातशे हालयतात. तें पळेनाफुडें भुरग्यांक रडें फुट्टा तें अशें तशें न्हय. घुस्पटून सगळे जाण रडत आसतात. तांतले तातूंत 'गणपतीबाप्पा मोरया, फुडल्या वरसा बेगीन येया' ही हालेट आयकून 'बाप्पा फुडल्या वर्सा बेगीन येतलो' हाचें आश्वासन भुरग्यांक मेळिल्ल्यान तांच्या रडपाच्या वोगाक आडावण पडटा आनी मुर्तीक पावोवपाचे तयारेंत तीं गुल्ल जातात. गणपतीचें विसर्जन लागींच आशिल्ल्या व्हाळाचे कोणींत करताले. मूर्त व्हरता आसतना ताच्या नांवाचो एके कडेन गजर आनी दुसरे कडेन माराणांचो गडगड करीत ताका व्हरून पावयताले. देड-दोन दिसां खातीर आयिल्ल्या ह्या गणपतीचो जो विरह भुरग्यांक जातालो ताचें गंभीरपण जाणट्यांक दिसनाशिल्लें पूण भुरग्यांच्या मनाचेर मात ताच्या प्रयाणाक लागून एक भोवच परिणामकारी आघात जातालो.

घरांतले कांय भुरगे दुसऱ्या दिसा सकाळीं फुडें उठून व्हाळार वताले आनी कोणयेंत बुडयल्ले ते तुटिल्ले मुर्तीक पळयत दुकां गळयत हळहळटाले. असो हो आमचो चवथीचो सण! मुर्तिच्या स्वरुपांत जायना पूण देवाची ओड लावपी, घरच्या सगळ्या लोकांक एकठांय हाडपी, तांचे भितर मोग वाडोवपी, सगळ्यां मदीं सवस्तकाय हाडटलो हाचो भावार्थ निर्माण करपी हो समस्तांक बलायकी दिवपी देव! हाचें म्हानपण आमी केन्नाच उणें लेखूंक जायना.

चवथ पंचम येवन गेल्ली. सस्टीचो दीस आयिल्लो. दोन तीन दीस एक्का सारकें शिवराक जेवण जाल्ल्यान कितेंय तरी नुस्तें हाडपाचे तयारेक घरांतले जाणटेले लागिल्ले. पयल्या दिसा केल्ल्या हिटांचीं सान्नां बरीं खोबरेलान तळून खावपाची सगळ्यांकूच रूच आयिल्ली. ताका लावपाक तोंडाक म्हळ्यार मसूरचें आनी तेंय सुंगटां घाल्लें. तीं हातासतलो जाल्यार बाजारांत वचूंकच जाय. ते भायर आनीक कितें तरी नुसत्याक जाय.

चवगांच्या घरांतलीं बिराडाक हेर कडेन आशिल्ल्या मनशांनी सस्टी दिसा भायर सरचें न्हय अशें जायतीं जाणां म्हणटालीं. ताका लागून चडशीं जाणां त्या दिसा परतीं वचनाशिल्लीं. आनी सप्तमी दिसा सकाळींच उठून बिराडाक वचूंक भायर सरतालीं.

इतलें हें सांगपाचें कारण दुसरेंच आसा. त्या दिसांनी म्हाका एके गजालिचो सामको ध्यास लागिल्लो. उठ्टा-बसताना म्हाका सायकल घेवन भोंवपाची हुक्की येताली. इकरा-बारा वर्सांचो हांव, निकतोच सायकल चलोवंक शिकिल्लों. आनी ती चलयतलो जाल्यार येद्या व्हडल्या घरांत एकूय सायकल नाशिल्ली. म्हजो बापूय एका काळार सायकलीन भोंवतालो. पूण आज ती सायकल मोडिल्ले स्थितींत लॉजांत कळमेत पडिल्ली. ना म्हणपाक, चलोवपाची आसत जाल्यार भाड्याक ती मेळटाली. म्हाड्डोळा तर मेळटालीच पूण आमच्या वाड्यारूय दनपारच्या वेळार शेटीगेर सोदल्यार मेळटाली. दनपारचें वोत रखरखतालें तरीय हांव शेटीगेर गेलों आनी सायकल भाड्याक घेवन हांवें म्हाड्डोळची वाट गांठली.

त्या काळार खंयचेच मार्ग डांबरी नाशिल्ले. प्रियोळ सारक्या ल्हान गांवांतलो सोडाच, पूण पणजे-मडगांवचो ऑब्राचो म्हा-मार्ग लेगीत डांबरी जावंक नाशिल्लो. तांबडेगुंज मातयेन भरिल्ले ते मार्ग. तसल्या मार्गा वयल्यान सायकल जावं मोटारिचें रोद गेलें जाल्यार त्या रोदांच्या टायरांचे दाग मातयेचेर बेस बरे उदेताले. आनी त्यो खुणो पळोवंक एके तरेची खोस भोगताली. हांवूच ते सायकल जावं मोटारींतल्यान गेलां म्हणटकच म्हज्याय अस्तित्वाचो ते खुणेंत वांटो आसा अशिशी कितें जाणवीक जावन मन तृप्त जातालें.

पणजेच्यान म्हाड्डोळा बर्शींतल्यान येता आसतना मंगेशीं लागसार दोळ्यां-दिश्टी पडिल्ले ते वालेतीक पळेनाफुडें साठेक वर्सांफाटीं घडिल्ली ती घटना जशाक तशी नदरे मुखार उबी रावली.

चवथीक लागून चार-पांच दीस सायकलीन खंयच भोवंक मेळूंक नाशिल्लें. आज ही संद आयिल्ली. सायकलीन म्हाड्डोळा पावनाफुडें तशेंच फुडें वचचें अशें दिसलें आनी मंगेशीचे वाटेन पिटाळ मारली. जाता जाल्यार फुडेंय वचून कुंडय लेगीत पावन आशिल्लों. सायकलीर एक फावट सवार जातकच खंय वचपाचें तें थारावचेलें जाणट्यांनी; आमकां भुरग्यांक ताचें कितें लागता? सायकल व्हरता थंय वचप इतलेंच ध्यानांत दवरुपाचें. म्हजे पिरायेच्या इकराव्या वर्सा घडिल्ले ते घटनेची याद आज निवळ बरी झळकना; पूण कितें जालें कोण जाणा, बरे भशेन धांवताली ती सायकल अचकीत वळ्ळी आनी उजवे वटेनचे वालेतींत हांव घबायंच करून शेंवटलों.

हांव फाटीन वालेतींतल्या शेंकऱ्यांचेर आपटलों आनी सायकलीचें अरिश्ट म्हजेर पडलें. नशीब इतलेंच म्हणपाचें की तकली हांवें बरे भशेन सांवरिल्ली. जल्मा पासून हांव कितल्या फावटीं कसो ना कसो पडलां ताचो हिशेब लागचो ना. पूण पडटा आसतना तकली सांबाळूंक जाय, ती आपटूंक दिवंक जायना हाचें शिक्षण आपशींच मेळिल्लें. हेय फावटी तशेंच जालें. तकलेक कांयच मार बसलोना. हांव मोट्यान आड्डलों, ''कोणूय तरी म्हजे वयली सायकल काडात रे!' पूण तें आयकुपाक लागसाराक आसा कोण? साठेक वर्सां आदीं त्या वाठाराच्या दोनूय कडांनी कांटेकणेरिचें दाट रान आनी मदीं मातयेचो मार्ग. वरा अर्द वरान हे वटच्यान जावं ते वटच्यान एकाद्रो कामिन्यांव थंयच्यान पासार जातालो. मदल्या वेळार वाट चुकून म्हणिना तशे सामानसुमानान भरिल्ले एक दोन ट्रक थंयच्यान वताले आनी ते भायर थोड्यो भोव सायकली. इतलें सोडलें जाल्यार थंय दुसरो आसा कोण? सगळें सामसूम! इतल्यान जावंक ना. रस्त्याचे दावे वटेन वीस-पंचवीस धेंपाच्या अंतरार झाडांझुटपां मदीं भितर मसंड आसा म्हणपाचें सगळेच जाणा आशिल्ले. म्हयन्याकांठे चुकनासतना एक फावट तरी थंय धुंवराचे लोट दिसतात हें कोणेंच पळोवंक नाशिल्लें शें ना. हें सगळें येवजिले उपरान्त म्हजें कितें जावपाचें तें एका मंगेशाकच

खबर अशें म्हाका दिसलें. घा एक मिनटां वाट पळोवन निमाणें हांवेंच इल्ली इल्ली करून सायकल कडेक सारली आनी म्हजी सुटका करून घेतली. सायकल माड्याची आनी तिका कितेंय जालें जाल्यार शेट करंदाय करतलो आनी घडिल्लें सगळें बापायच्या कानार पावतलें. हें इतलेंच जाल्लें म्हाका नाका आशिल्लें. देव खऱ्यांनीच पावलो. सायकलीक कांयच जावंक नाशिल्लें. खंयच कितें लागूंक नाशिल्लें. लागिल्लें तें फकत म्हजे फाटीक. नेटान आपटल्ल्यान वालेर्तीतले कुपादरी फातर फाटीक तोंपिल्ले आनी अर्दी मर्दी रगत आयिल्ल्यान फाट सुमारा भायर दुखताली. कुल्या कडेन आनी एका जांगडा फाटल्यान खरचटल्ल्यान तोय कुडको तांबडोगुंज जाल्लो. तशेंच, एक पांय खुबच दुखावल्ल्यान कांय वेळ चलप लेगीत कश्टाचें जातालें.

झुजामळाचेर दुखावल्ल्या शिपायका वरी हांव कसोबसो उबो रावलों. कांय वेळ विसव घेवपाच्या निमतान एका फातरार बसलों आनी मागीर तसोच उठून सायकल हातांत घेवन म्हाड्डोळचे वाटेन चलूंक लागलों. मंगेशीच्या देवळांत वचपाचे वाटेरच पयलीं एक आर्क लागता. ताका 'बंगल्याकडेन' अशें म्हणटात. थंय एक दोन पसरे आशिल्ले. थंयच्या मनशांक कूस मारून हांव फुडें वचूंक सोदतालों पूण तांणी म्हाका हटकयलोच. ''बाब, लंगडटा कित्याक? कितें जालें सायकलीक?'' बी विचारून म्हजी चवकशी केलीच. ''कांय ना, कांय ना'' अशी वयलेचाराची जाप दिवन हांवें एक फावट थंयच्यान कूस मारली. सायकल माड्यान घेतिल्ली प्रियोळा, शेटीगेर; ती हाडून म्हाड्डोळा शेटील्या शापाचेर दिली आनी भाड्याचे ताचे चार आणे दिवन बद्द घरची वाट धरली. घरा पावतकच म्हजो अवतार पळेनाफुडें जी रडारड सुरू जाली ती कितलो वेळ थांबून थांबना. म्हजी सोलिल्ली रगतबंबाळ फाट पळोवन आवय हुडक्यार हुडको दिवन रडूंक लागली. चवथी खातीर आयिल्ल्या सगळ्या जाणांक एकच विशय मेळिल्लो. आनी तो म्हळ्यार, सश्टी दिसा म्हाका भायर वचूंक दिलें कशें? ही सश्ट म्हळ्यार सामको घातवार. ह्या दिसा कोणेंच खंय भायर सरपाक जायना, अशें आसून हांव भायर सरलोंच कसो? भायलीं भितरलीं, सगळीं-जाणटीं मनशां म्हज्या आवयबापायक बोल दितालीं. आनी तीं बावडीं, ''तो भुरगोच पयलीं आप्सुलाद! तो आमचें केन्ना आयकता? मागीर आमी तरी कितें करपाचें? ताका खरो राखपाचो तो देवानच, आमी न्हय'' अशें म्हणून आपणाल्या नशिबाकच दोश दिवंक लागिल्लीं.

हे भशेन हो विशय इतलो गाजलो की गांवभर ही खबर फांकपाक कळाव लागलो ना. म्हणटां म्हणटां गांव भरून सोयऱ्यांधायऱ्यांकूय म्हजे प्रताप कळपाक चड वेळ गेलोना. ''देवानच ताका राखलो. मंगेशाक सांगणी करात, तुज्या कुळारचें मगे तें दैवत!'' म्हण म्हजे आवयक एक्कासारके निरोपाचेर निरोप येवंक लागले. ''भटाक विचारून सोळा सोमार, प्रदोष बी करपाचे ते जाता तितले बेगीन करून उडयात. ना जाल्यार तुमी वाडट्या उडट्या तुमचे अपुरबायेच्या भुरग्याक मात वगडायतलीं.''

(चलत








आगळें वेगळें कोंकणी

लोकरामायण

जयंती नायक

ह्या लोकरामायणाचें स्वरूप आगळें वेगळें. प्रचलीत विचारांक आनी कल्पनांक धक्को दिवपी अशें....

रामायणाचो नायक राम. तो आदर्श, पराक्रमी, संयमी पुरुषोत्तम... रामायण हें नांवूच रामा वयल्यान घडलां, हो आजवेरचो समज... पूण कोंकणी लोकरामायण एक वेगळेंच चित्र पितारता. ह्या रामायणांतलो लक्ष्मण रामा परस चड पराक्रमी, संयमी, विचारी.



कसंस्कृताय ही साद्या लोकांची, जनसामान्यांची संस्कृताय. सैमाच्या भुजांचेर उब्या आशिल्ल्या, साद्या आनी सोंप्या तंत्रविज्ञानाच्या आधारार हे संस्कृतायेंतल्या लोकांचे सगळे जिणे वेव्हार चलतात. आपली आदीम, हेडगी आनी शिकारी जीवन-अवस्था हुपून मनशान जेन्ना स्थीर आनी गांवकेंद्रीत शेतीप्रधान जीवन-अवस्थेंत पावल घालें, तेन्ना हे संस्कृतायेचे बुन्यादिचेर हे संस्कृतायेचें मुळावण पडिल्ल्यान, तिचेमदीं कितलेशे आदीम जीवनावशेश पळोवंक मेळटात.

लोकसंस्कृतायेंतले जीवन-अवस्थेंतल्यान आपणालो आर्थीक, तांत्रीक आनी बौद्धीक नदरेन विकास सादून मनीस वयल्या पांवड्यार पावलो तेन्ना अभिजन संस्कृताय जल्माक आयली. हे संस्कृतायेचो जल्म जाणीवपूर्वक जालो. तिका विचारपूर्वक आकार दिलो. लोकसंस्कृताये परस ही संस्कृताय अदीक विकसीत. हे संस्कृतायेंतलीं सगळीं देव-दैवतां, लोकसंस्कृतायेंतल्या देव-दैवतांच्या उदात्तीकरणांतल्यान आनी उन्नयनांतल्यान रुपकाराक आयल्यांत. देखुनच लोकसंस्कृतायेंतल्यो कितल्योश्यो कथा, आख्यायिका, कितलिंशीं काव्यां-म्हाकाव्यां आज अभिजन संस्कृतायेंतय दिश्टी पडटात. मात तांच्या जल्मथळ रुपांत आनी थळांतरीत रुपांत बरोच फरक जाणवता. हे विशिंची एक म्हत्वाची देख म्हळ्यार आमगेलें 'रामायण' म्हाकाव्य.

'रामायण' म्हळ्यार इक्ष्वाकु कुळांतल्या दशरथपुत्र रामचंद्राची जिवी कथा. भारतीय आदर्शांचें आनी मुल्यांचें भोव प्रभावी कथानक म्हूण आ हे कथे कडेन पळयतात. फाटलीं शेंकड्यांनी वर्सां सावन ही कथा भारतीय समाज मनाचेर आपलो प्रभाव घालीत आयल्या. केन्ना कथेच् केन्ना गिताच्या तर केन्ना नाटकाच्या रुपान ही कथा मुखार आयल्या. तिणें केन्ना उतरांचें माध्यम स्विकारलां, केन्ना रंगांचें, तर केन्ना शिल्पकलेचें. एके वटेन अविकसीत लोकतंत्राच्या आदारान आज ही क सादर जाता तर दुसरे वटेन अत्याधुनीक तंत्र-साधनांच्या माध्यमांतल् ती लोकां मुखार येता. आज हे कथेचेर शेंकड्यांनी पुस्तकां आनी ग्रंथ रचिल्ले मेळटात.

'वाल्मीकि रामायण' हो रामकथे वयलो पयलो लिखीत ग्रंथ. ते उपरांत, 'अद्भुत रामायण', 'आनंद रामायण', 'कंब रामायण', 'तुल रामायण', 'कौशिक रामायण' अशा कितल्याश्या म्हत्वाच्या रामायणां रचणूक संस्कृत आनी हेर भारतीय भासांनी जाल्या.

वाल्मीकि रामायणाच्या रचना-काळा विशीं जायते मतभेद आसात. मूळ वाल्मीकि रामायणाची रचणूक बुद्धा आदीं म्हळ्यार ख्रिस्ता आद पांचव्या शतमाना पयलीं जाल्ली आसूंक जाय अशें फा. कामिल बुल्के हांचें मत्त. याकोबी, मॅक्डोनेल, विंटरनिट्झ, मोनियर विल्यम्स आनी

चि.वि. वैद्य हांणी तांचें मत उखलून धरलां. तर कीथ हो विद्वान मूळ रामायण ख्रिस्ता आदल्या चवथ्या शतमानांत रचलां अशें मानता. डॉ. शांतिकुमार नानुराम व्यास हांच्या मत्तान वाल्मीकिचें मूळ रामायण पाणिनि आदीं, म्हळ्यार, ख्रिस्ता आदल्या ८०० वर्सां पयलीं रचलां.

वाल्मीकि रामायणाच्या रचना काळा विशीं तरेकवार मत्तां आसलीं तरी ताची रचणूक, समाजांत परंपरेन घोळणुकेंत आशिल्ल्या 'लोकगाथां'च्या आधारार जाली, ह्या मत्ताक मात आज मान्यताय मेळ्ळ्या.

वाल्मीकि रामायणा आदीं भारतांत रामा विशिंच्यो कांय 'लोकगाथा' घोळणुकेंत आशिल्ल्याची म्हायती मेळटा. बौद्ध त्रिपिटकां तांचें प्रमाण दितात. 'कुशीलव' वा 'सूत' हे गाथा गायक. राजवंशांतल्या कर्तुत्ववान पुरुशांचे जिणेंतल्या प्रसंगांचेर गाथा रचून त्यो राजघराण्यांतल्या लोकांक सांगप वा गावप आनी हे तरेन आपलो चरितार्थ चलोवप ही तांची परंपरा. हेच परंपरेक धरून रामा विशिंच्यो गाथा इक्ष्वाकु वंशांत निर्माण जाल्यात अशें मानतात. खासा वाल्मीकि रामायणांतल्या 'बालकांडां'त तांचो उल्लेख आशिल्ल्याची म्हायती मेळटा.

आदीं 'गाथा' (गानकथा) जल्माक आयल्यो. तांचे वयल्यान मागीर स्फूट आख्यानां घडलीं. तीं संकलीत करून एकाच कथासुत्रांत ग्रंथीत करपाचें आनी ताका म्हाकाव्याचें रूप दिवपाचें कार्य वाल्मीकिन केलें, तेंच मुखार 'वाल्मीकि रामायण' जावंक पावलें, असो विचार आज मुखार आयला. ह्या विचाराक धरून 'कुशी-लव गाथा' होच रामकथेचो उगमस्त्रोत मानतात. थंयच्यान ही कथा भारतभर, आनी भारताच्या आशी-कुशिच्या राज्यांनी पावली.

कुशी-लव परंपरेंतल्यान, भारताचे उत्तर दिकेक जल्माक आयिल्ली ही रामकथा, आपली भोंवडी करीत करीत, जशी भारताच्या हेर वाटारांनी पावली, तशी ती कोंकणी वाटारांनीय पावली. कोंकणी समाजान उपरांत तिका आपली म्हण स्विकारली. हो काळ निश्चितपणान दोन हजार वर्सां आदलो तरी आसूंक जाय. गोंयांत शिगम्याच्या मांडार घोळणुकेंत आशिल्ली कुळंबी समाजा मदली 'गड्यां रामायणा'ची प्रथा ह्या विधानाक आदार दिता.

गड्यां रामायण म्हळ्यार, गड्यांचे होरावणेक गायिल्लें रामायण. ह्या रामायण गायनाच्या अमक्याच एका भागार पाबतकच मांडार गडे उबे जातात.

कुळंबी गोंयचे मूळ वसाहतकार. सुमार दोन-अडेज हजार वर्सां आदीं तरी तांणी गोंयची भूंय वसयली अशें सांस्कृतीक इतिहासतज्ञांचें मत्त. हेच कुळंबी जमातीन आपले वसणुकेच्या सुरवेच्या काळांतच गोंयांत मांडांची स्थापना केली आनी शिगमो रचलो. 'गडे पडप' हो शिगम्याच्या उत्सवांतलो एक म्हत्वाचो भाग. तेच बरोबर तो खूब आदिमय. संवसारांतल्या अदृश्य शक्तींक होरावन, तांचें अंवसर (गडे) आपल्या आंगार उबे करपाचें जादूतंत्र मनशान खूब आदीम काळार, म्हळ्यार, ज्या काळार यात्विकतंत्रच ताचें धार्मीक तंत्र आशिल्लें, त्या काळार आपणायल्लें. अशा ह्या गड्यांच्या उत्सवा कडेन 'गड्यां रामायण' संबंदीत आसा. 'गड्यांक होरावपाचें गीत' म्हूण कोंकणी लोकसंस्कृतायेंत ताका सुवात आसा, ही गजालच ताचे आदिमतायेची वळख सांगता.

गड्यां रामायणांत तर एके कडेन खासा रामान, 'लिंबू' वापरून यात्वीक शक्त हाताशिल्ल्याचें नदरेक येता.

''दास्यो उजया रे हातीन रामान बाण मारिला
दास्यो ताटकेच्या रे हड्ड्या-कमळी बाण झोमिला
दास्यो राम राम म्हुणून ताटका भुमेर पडला
दास्यो ताटकेचो रे साद-गडगड जुंव्यार पडला
दास्यो अस्ताची रे न्हंय-नदी व्हावूंक लागला
दास्यो भाव तरी नायी तर नदी पार नायी
दास्यो कंबरीचो लिंबू रामान हातां काडिलो
दास्यो मावळ्या सुयरेन रामान लिंबू कापिलो
दास्यो दोन धडां कोन्न रामान नदिर ठेविले
दास्यो दोनूय धडार रामान दोन चरणां ठेविलीं
दास्यो अस्ताची रे न्हंय-नदी गुप्त जाली
दास्यो थंड-शितळ सावळेक बसून घेतिलें.''



ह्यो गड्यां रामायणांतल्यो वळी, ताटकेक मारले उपरांत तिच्या 'अस्ताची' (रगताची) व्हांवतली थाव-पार नाशिल्ली न्हंय गुप्त करपा खातीर रामान 'लिंबू केलो' म्हणपाचें सांगतात.

लिंबू, तांती, काळे कोंबयेचें पांख, काळें कुकडा पील, केंस, फडकी हे सारकेल्यो वस्तू वापरून जादू करपाचें आनी आपल्या मनांतलें फळ मेळोवपाचें तंत्र खूब पोरणें. लोकधर्माचो उदेव जावचे आदलें. ताचो उल्लेख कोंकणी लोकरामायणांत मेळटा. ही गजालच ताचें कोंकणी समाजांतलें आदिनत्व सिद्ध करता.

कोळकर्ण गांवच्या गड्यां रामायणा विशिंची एक गजाल अभ्यासकांक मुजरत विचार करूंक लायता. ती म्हळ्यार, हांगा शिगम्याचो मांड कुळंबी जमातिचो आसता, पूण रामायणाचें गायन करपाची जापसांलदारकी मात खाशेल्या 'गाणेल' घराण्याची. 'नायक' आडनांव लावपी हें घराणें आज 'गोमंतक मराठा समाजांत'त मोडटा. पुर्विल्ले गांवगाडे पद्धतीन ह्या घराण्याचेर सोंपयिल्ली रामायण गावपाची परंपरा पळयल्यार, हें घराणें एके तरेन, वेवसायीक नदरेन रामायणाचें गायन करतल्यांचें म्हणपाचें जाणवता. ही परंपरा पळयल्यार, मुळाक ह्या घराण्याचो 'कुशीलव' परंपरे कडेन कितेंच संबंद नाशिल्लो मू? ह्याच घराण्या वरवीं वा ह्याच मांडा वरवीं अतिप्राचीन काळार केन्ना तरी रामकथा गोंयचे शिमेंत भितर सरून उपरांत गोंयभर लोकमानसाक प्रभावीत करूंक पावली ना मू?... अशे तरेचे जायते प्रश्न मनांत उबे रावतात. ह्या प्रस्नांची जाप सोदतलीं जाल्यार ह्या विशयाचो खोलायेन अभ्यास करपाची गरज आसा. गोंयच्या गांवां गांवांनी वचून थंय हे तरेचीं रामायण गावपाची परंपरा आशिल्लीं खाशेलीं घराणीं आसात काय कितें, हाचो सोद घेवपाची गरज आसा.

गड्यां रामायणा भायर 'रणमालें' ह्या लोकनाट्य प्रकारा वरवीं रामायणाचें कथानक कोंकणी लोकसंस्कृतायेंत घोळणुकेंत आशिल्लें दिसता. हातूंत काव्याच्या रुपान पुराय रामायणाचें कथानक उबें करतात. मदले कांय प्रसंग नाट्य रुपान सादर जातात. दोन प्रसंगां मदीं सूत जुळोवपाचें काम गीत वा काव्य करता. सत्तरी आनी सांगें ह्या गोंयच्या दोन तालुक्यांनीच रणमालें सादर जाता अशी अजून मेरेनची म्हायती आसा. सत्तरींतलें रणमालें शिगम्याच्या उत्सवा कडेन जोडिल्लें मेळटा तर सांग्या वयलें कार्तिक पुनवेक जाता.

नाट्यरुपान सादर जावपी हो लोकरामायण प्रकारय कुळंबी जमाती कडेनच संबंदीत आसा. गड्यां रामायणाचोच हो खरो सुधारीत प्रकार. गड्यां रामायण आनी रणमालें ह्या दोन प्रकारां भायर फुगडी आनी शिगम्याच्यो जती, ह्या रुपांत रामायणांतल्या कथानकाचो इल्लो इल्लो भाग मेळटा. गड्यां रामायण आनी रणमाल्यांतल्यो होंवयो, हांचो इल्लो इल्लो भाग केन्ना तरी सुटून, ताणें उपरांत फुगडी आनी जतींचें रूप घेतलां म्हणपाचें स्पश्टपणान दिसता.

गड्यां रामायणाचो जो भाग आतां मेरेन हाताक लागला तो संपूर्ण ना. ताका लागून ह्या रामायणांतले रामकथेचो मुखावळो सुस्पश्ट जायना. कोळकर्ण गांवचें जें गड्यां रामायण हांवें गाणेल श्री. मुकूंद नायक हांचे कडल्यान संकलीत केलां, तातूंत फकत 'अरण्यकांडा'चोच थोडो भाग मेळटा. होवूय भाग ग्रांथीक रामायणा परस वेगळो आसा. हातूंत, *तपीं बशिल्ल्या इश्वामित्र, गुरुबाप्पाक, राम-लक्षुमण चले जल्माक* आयिल्ल्याचो भास जाता आनी तो *कौंसुल्येच्या* राज्यांत येवन तिचे कडल्यान तांकां मागून व्हरता. थंयच्यान तो तांकां घेवन *शितेच्या संयवराक* वता. वतना *जनकाच्या राज्यां वाटेर राम लिंबीण रचता* आनी लक्ष्मणाक तिचो एक लिंबू काडूंक लायता. त्या वेळार आपलो हात पावना म्हूण लक्षुमण बाण मारून सगळेच लिंबू सकल उडयता. तेन्ना राम ताका *लक्षुमण बंधवा तुवें घात केलो* म्हणटा. मागीर लिंबीणिचो एकूच लिंबू काडून *आपल्या कमरी खोयता.* नंतर आशिल्ले तशे सगळे लिंबू, लिंबिणीक लावन *आपले मायेक कौंसुलेक उलो करून ते लिंबिणीक साकरेचें आळें आनी दुदाचें शिंपणें लावन* तिची जतनाय घेवपाचें सांगून तो आपल्या गुरू आनी बंधवा बरोबर मुखार वता. मुखार संयवराच्या मार्गार रावणाची भयण ताटका तांची वाट आडायता. तो *ताटकेच्या हड्ड्या कमळी* बाण मारून तो तिचो वध करता. तिच्या अस्ताची व्हांवतली न्हंय तो लिंबू करून गुप्त करता. आनी थंड सावळे बसून विसव घेता. हांगा मेरेनचेंच कथानक ह्या गड्यां रामायणांत मेळटा.

कोंकणी लोकरामायणाचें स्वरूप जाणून घेवपाक सद्‌ह्याचे घडयेक 'रणमालें' हो एकूच योग्य आदार आसा. हातूंत श्रावण बाळ जल्माक येता ते धरून शितेचे सुटके खातीर रावणा कडेन जाल्ल्या युद्धा मेरेनच भाग मेळटा.

ह्या लोकरामायणाचें स्वरूप आगळें वेगळें. प्रचलीत विचारांक आनी कल्पनांक धक्को दिवपी अशें. आदीम संस्कृतायेंतलीं कितलिशीं प्रतिकां आनी संकेत ही कथा आपलेमदीं केळ्यतन्ना दिसता.

रामायणाचो नायक राम. तो आदर्श, पराक्रमी, संयमी पुरुषोत्तम. फाटल्या शेंकड्यांनी वर्सां साकून शिक्षीत-अशिक्षीत दोनूय समाजांचेर आपलो प्रभाव घालून आशिल्ल्या ह्या महाकाव्याचें रामायण हें नांवूच रामा वयल्यान घडलां, हो आजवेरचो समज. हें एक ग्रांथीक सत्य. पूण कोंकणी लोकरामायण एक वेगळेंच चित्र पितारता. ह्या रामायणांतलो लक्ष्मण रामा परस चड पराक्रमी, संयमी, विचारी. *शितेचें संयवराचें धोणसू दाया हाताचे किरांगळे बोटान* लक्ष्मण वचून उखलता आनी संयवराचो पण जिखता. पूण आपले परस व्हड भाव लग्नाचो उ.ासतना आपूण संयवराची माळ कशी घेवं, म्हणून तो लग्नाक तयार जायना. तेन्ना *'संयवराचें धोणसू तुवें उखल्लां म्हणटकच तुवेंच माळ घेवूंक जाय, नात जल्मोजल्मी तूं व्होर न्हावूं नाका,* असो शिता ताका श्राप दिवपाक वता तेन्ना तो धोणशा कोनशार माळा घेता आनी संयवराची रीत राखता. उपरान्त शितेचें खरें लग्न रामा कडेन लावन दिता. ह्या आशयाची एक चौरंगय गोंयांत मेळटा. *'नको व्हावूं माळा शिते आमच्या गळी बा, नको व्हावूं माळा शिते आमच्या गळी!'* अशें म्हणत हे चौरंगींतय लक्ष्मण शितेची माळा नाकारता.

ग्रांथीक रामायणांत, मेघनाद वा रावणपुत्र इंद्रजीत 'ब्रह्मास्त्र' सोडून लक्ष्मणाक मूर्च्छित करता तेन्ना राम ताची तकली आपले मांडयेर घेवन शोक करता. उपरान्त हनुमान गिरी पर्वतार वचून 'संजीवनि' मुळी हाडू ताका जिवो करता असो एक प्रसंग येता. पूण कोंकणी रामायण वेगळीच कथा सांगता. ह्या रामायणांत लक्ष्मण न्हय तर राम 'विंद्रजुता'चो बाण लागून 'रणांत' पडटा. तेन्ना हनुमानाक गिरी पर्वतार धाडून, थंयची वखदी हाडून, लक्षुमण ताका जिवो करता.

कोंकणी लोकरामायणांत लक्ष्मणाचो पराक्रम आनीक एका प्रसंगांतल्यान दाखयला. दाखयला म्हणचे परस, कोंकणी लोकमानसान ह्या प्रसंगा वरवींच ताका आपल्या रामायणाचो 'हिरो' केला. ह्या रामायणांत शितेचे सुटके खातीर केल्ल्या युद्धाची सांगता, रामान केल्ल्या रावणाच्या वधान जायना तर लक्ष्मणान केल्ल्या विंद्रजूताच्या वधान जाता. विंद्रजूत हो आपल्या बापाय परस चड पराक्रमी. रामाचेर ब्रह्मास्त्र सोडून तो ताका रणांत आड घालता. ताचेर जैत मेळोवप रामाक शक्य नासता. हांगा राम रावणाचो वध आदीं करता. पूण ताच्या वधान युद्ध सोंपना. वयल्यान बापायच्या वधान विंद्रजूत चंड खुबळटा तेन्ना विभुशणाच्या (बिभीशणाच्या) आधारान तकली लडोवन, विंद्रजूताचें सत्व हरण करून, ताचो वध करपाचें महापराक्रमी कार्य लक्ष्मण करता आनी युद्ध जिकता.



रामा परस लक्ष्मण चड पराक्रमी कित्याक म्हणपाची जापूय हांगा मेळटा. लक्ष्मण हो शेशावतार. शेश देवान आपल्या वर्णाचो बाळ रचून तो कौंसुल्येच्या तुमार सोडिल्लो आसता, जाचो कौंसुली आपलो भुरगो म्हणून प्रतिपाळ करता, अशें वर्णन ह्या लोकरामायणांत मेळटा. ताच्या आंगांत चड पराक्रम आनी दैवी गूण आसप सभावीक. राम विष्णू अवतार. तो अवतार घेता म्हूण शेश लक्ष्मण म्हण जल्माक येता, अशें ग्रांथीक रामायणांतलें कथानक हांगा मेळना. हांगा राम 'शिंरगा रुशी' (शृंगऋषी)न रचिल्ल्या तीन पिंडां पैकीं, तिसऱ्या पिंडांतल्यान जल्माक आयिल्लो भुरगो म्हण मेळटा.

अयोध्येचें राज्य मांडिल्ल्या दसरंथागेर (दशरथागेर) भुरगें ना म्हणपाचें गिन्यान वालमि (वाल्मीकि) रुशीक जाता. तो शिरंगा रुशीक आपोवन तीन पिंड रचूंक लायता. पयलो पिंड घोण व्हरून अंजनीक दिता, तिगेर मारुती जल्माक येता. दुसरो पिंड तो कैकयीक दिता, तिगेर 'सर्त-भर्त' (शत्रुघ्न-भरत) चले जातात. तिसरो पिंड कौंसुलेक भकसूंक लायतात. तिगेर राम जाता. कोंकणी लोकरामायणांत राम दशरथागेलो तिसरो चलो म्हण मेळटा. मात लक्ष्मणाचो जल्म ताचे उपरांत जाल्ल्यान तो ताचे परस व्हड थारता.

लोकरामायणांत कैकयीन आपल्याक दशरथान दिल्ले वचनपुर्ती खातीर रामाक वनवासाक धाडिल्ल्याचें वर्णन खंयच येना. हांगा बरम्या देवाक भोंवतना पांयांक कांटो तोंपता. तो म्हादेवान काडटकच तांतल्यान अचूत (रगत) व्हांवता. तो तें एका दोण्यांत धरता आनी मळा-मैदानार सोडटा. ताची 'कुमडोळी' जाता. ती शेतांत जोत कोंसतना पांडवांच्या नांगराचे अळयेक लागता. ती व्हरून ते जनक राजाक दितात. ताची कन्या – 'शिता' जल्माक येता. ती नेण्टेपणी धुल्लार खेळटना तिका धोणसूं मेळटा. तें धोणसूं उखलतलो ताकाच शिता माळ घालतली म्हूण जनकराजा तिचें संयवर रचता. तिच्या संयवराचें आमंत्रण गुरूबाप्पाक (विश्वामित्राक?) वता. तो संयवराक व्हरूंक दशरथा कडेन ताचे चले मागता. तेन्ना तो सर्त-भर्त चले ताका दिता. ह्या चल्यांक पारखुवपा खातीर गुरूबाप्पा वाघ्र्यांचें रूप घेता, तेन्ना ते पळून मागीलदारांतल्यान घरांत भितर सरतात. गुरूपाबाप्पा दुसरे फावट वचून दशरथा कडेन चले मागता. तो राम-लक्ष्मण चले ताका दिता. हे चले गुरूबाप्पाचे परिक्षेक उतरतात.

ते संयवराक वतना वाटेर तापशा मठार, होमाचो भंग करतल्या मयकावंत दैत्याचो, पाताळीच्या दैत्याचो वध करतात. मुखार दंडुकेच्या वनांत वाट आडोवन आशिल्ले ताटकेचोय राम वध करता. उपरान्त ते संयवराचे सभेक पावतात. थंय लक्ष्मण धोणसूं उखलता. मागीर रितीक धरून राम-शितेचें लग्न जाता. थंयच्यान गुरूबाप्पा आपल्या मार्गान वता जाल्यार राम-शिता आनी लक्ष्मण अयोध्येच्या राज्याक येवंक येतात. येतना राम-शितेक वाटेर खेळ खेळपाचें येवजता. तेन्ना तीं गुंफा बांदून, गुंफेंत खेळ खेळटात. वांगडा आशिल्लो लक्ष्मण आपल्याक 'दिण्याचो मठ' बांदता आनी तातूंत रावता. त्या वेळार संयवरांत अपमान जाल्लो रावण मायेचें हरण रचता. शिता पयलीं रामाक आनी उपरांत लक्ष्मणाक त्या हरणाक धरूंक धाडटा. तसो रावण थंय येता. लक्ष्मण गुंफेच्या दारांत मारिल्ल्यो तीन 'सत्वाच्यो रेगो' शितेक हुंपूंक लावन, तिका कपटान थंयच्यान उखलून लंकेंत घेवन वता. मागीर राम-लक्ष्मण लंकेंत वतात आनी शितेचे सुटकेक रावणा कडेन युद्ध खेळटात. ह्या युद्धाची अखेर लक्ष्मणा कडल्यान 'विंद्रजूता'चो वध जावन जाता. रावण हांगा एकवीस मुखांचो आनी बावीस भुजांचो म्हण वर्णन मेळटा.

ह्या रामायणांत राम आनी रावणाचें एक विचित्र नातें दाखयलां. एका अर्थान रावण रामाचो आजो जाता आनी राम ताचो नातू. रावणाची आवय कौंसुली आनी सवती आवय कैकयी, ह्यो रावणाच्या तळटाक आयिल्ल्या फोडांतल्यान जल्माक येतात. म्हणजे त्यो रावणाच्यो धुवो

जातात. शिता रावणाची नातसून जाता. हे विशीं बरें मजेदार वर्णन मेळटा.

दशरथा कडल्यान श्रावणाचो वध जाता तेन्ना ताचीं आवय-बापूय, आनकी-जानकी ताका तुगेर जल्मो-जल्मीं पुत्र जल्माक येवं नाका म्हुणून श्राप दितात. तेन्ना दुख्खान आनी पश्चातापान दशरथ उठून लंकेच्या राज्यांत वता. लंकेचो राजा जो रावण, तागेर तो मानायपणाक रावता. दशरथ मानायपणाक रावता आनी सकाळीं उठून रावणान पळयल्यार ताच्या हाताक दोन फोड आयिल्ले आसतात. ते फोडल्यार तातुंतल्यान 'कैकयी' आनी 'कौंसुली' जल्माक येतात. रावण तांकां दोगांयकय दोन पेटांनी भरता आनी व्हरून समुद्रार उडयता. थंय तांकां तिळामाशाक राखपाक सांगता. तिळामासो कैकयेची पेट रेंवेंत पुरता आनी कौंसुलेची मळपेंत. नंतर रावण दशरथाक सांगता, 'तूं पातकी, तूं आपल्यागेर मानायपणाक नाका. आपूण तुका एक अमृताची मुदी दितां, ती गुप्त जाल्यार तुजीं पातकां निवारण जायत.' तर ती मुदी खऱ्यांनीच उडून वता आनी कैकयेची पेट फोडटा. तसो दशरथ *कैकयीडेन व्होर न्हावता* (लग्न जाता). तिळामासो वता आनी ती पेट गिळटा. तेन्ना म्हादेव आपल्या वर्णाचो एक मासो तयार करून थंय धाडटा. त्या वर्णा माशाक आनी तिळामाशाक 'विद्धां' जातात. तिळामासो कैकयेची पेट वोंकून घालता. खबर करून रावण थंय येता आनी पेट उगडटा. तर भितर खऱ्यांनीच व्होंवर रचलां. त्या व्होंवराक मारतलो जाल्यार तिसालान मारचें पडटा म्हूण तो तांकां सोडून दिता. हेच पद्धतीन कौंसुलेची मुदयेन पेट फोडून दशरथ तिचे कडेन व्होर न्हाता. अशे तरेन दशरथाक दोन बायलो मेळटात. (ताची 'सुमित्रा' नांवाची बायल कोंकणी लोकरामायणांत मेळना.) रावण दशरथाक आनी तांच्या बायलांक आपल्या राज्यांतल्यान धांवडायता. तेन्ना दशरथ आपल्या बायलां वांगडा घरा येता आनी अयोध्येचें राज्य 'मांडटा'.

कोंकणी लोकरामायणाची कथा ग्रांथीक रामायणा परस वेगळी आसली तरी ती कोणें चुकून घडयल्या अशें म्हणप समा जावचेंना. कारण, ही कथा पिळग्यां संकिनी चलत आयिल्ल्या लोकमनान आपणायल्या. तातूंत कोंकणी जीवनावशेश सांपडटात, प्रतिकां-संकेत मेळटात. हे कथे मर्दी सत्याचो थोडो तरी अंश आसूंकच जाय. घडये गाथारुपांत कोंकणी समाजा मेरेन पाविल्लें मूळ कथानक अशेच तरेचें आसता.

समाजाचो जेन्ना मानसीक विकास जाता, तेन्ना ताचे आदर्श, मुल्यां बदलतात. ताच्यो कल्पना वाडीक लागतात. रामायण कथेचेंय अशेंच जालां आसत. वाल्मीकिन जेन्ना रामायण रचलें तेन्ना मूळ गाथांचेर ताणें त्या काळचे बदलिल्ले सामाजीक परिस्थिती प्रमाण बदल केल्ले आसतले, जेच मूळ म्हण अभिजन समाजान उपरान्त घेतिल्ले आसतले.

ह्या संबंदान कोंकणी लोकरामायणांत चितारिल्ल्या लक्ष्मणाच्या व्यक्तिमत्वाचो मुजरत विचार करूंक जाय. रामा परस चड पराक्रमी, संयमी, विचारी म्हणून लक्ष्मणाचें जें व्यक्तिमत्व कोंकणी लोकरामायणांत पिंतारिल्लें मेळटा तशें तें हेर कांय भासांतल्या लोकरामायणांनी मेळटा. महाराष्ट्रांतल्या आदिवासी जमातिच्या मौखीक रामायणांनी तर रावणाचो वध रामान न्हय तर लक्ष्मणान केल्ल्याची म्हायती आसा. रामायणाच्या अभ्यासकांनी ह्या मुद्द्यांचेर आज मुजरत विचार करूंक जाय.

कोंकणी समाजाच्या अभ्यासाचें एक भोव म्हत्वाचें साधन म्हूण 'लोकरामायण' आज आमचे मुखार आसा. हातूंत उबीं जाल्लीं पात्रां, वर्णनां, आदर्श सगळेच म्हत्वाचे.

ह्या रामायणांत *शिता धुल्लार खेळटा* (धुल्ल कांडटा), कैकयी राणी आसूनय आपल्या पुताक खासा आपूण न्हाणयता धुणयता, ब्रह्मा (बरमो), विष्णू (इश्णू) आनी महादेव (म्हादेव) हे देव आसूनय शेमीच बेलयांनी पांयांनी भोंवतात. हातूंत पांडवय मेळटात. ते आपणालें शेत आपुणूच कसतात. तांचे नांगराचे अळयेक पाताळांत गेल्ली कुंमडोळी लागता, जांतल्यान शितेचो जल्म जाता. कोंकणी लोककथांनी जे तरेन राजा-राणी, देव सामान्यां सारके वेव्हार करतात तशींच रामायणांतलीं राजवंशांतलीं पात्रांय करतना दिसतात.

गिरेस्तकायेचो चकचक झगझग, म्हाल-प्रासाद, उंची वस्त्रां-अळंकार, मोठें मोठें सैन्य, अस्त्रां हांगा मेळनात. तर साद्या कोंकणी लोकमानसा पेलपी कल्पना आनी वर्णनां मेळटात.

हातूंत *कुंमडोळी, तिळामासो, अमृतमुदी,* पेट सारकीं प्रतिकां मेळटा *व्होर न्हावप, रणां पडप, कोळशे खावन इंगळे हागप, सत्वां घेवन रसातळाक वचप,* हे सारके नीज कोंकणी पूण आयचे नवे पिळगेक अज्ञात आशिल्ले वाक्प्रचार मेळटात. *अचूत, दावणें, दळ, होंवरी, घु-कुचो* हे सारकी भासशास्त्र्यांक आकर्शीत करपी, गोंयच्या सांस्कृतीक इतिहासाचेर उजवाड घालपी उतरावळय मेळटा.

कोंकणींतलें हें आगळें वेगळें लोकरामायण म्हळ्यार, सांस्कृतीक अभ्यासकां खातीर आशिल्ली भोव मोलादीक खण. ती वेवस्थीत रितीन खणून, तांतल्या रत्न-माणकांचें सारकें मोल करूंक जाय.



लिपी — एक सोद

पंढरीनाथ सुरसुरे

भारतीय लेखनकला आनी लिपी हांचें पोरणेपण दाखोवपी साबार उल्लेख मेळटात. महाभारताच्या आदिपर्वांत महामुनी व्यासान गणपतीक महाभारत रचपाक लेखनिक केल्ल्याचो उल्लेख मेळटा... ऋग्वेदांत लेखनकलेच्या साबार छंदांचो म्हळ्यार शैलिंचो उल्लेख येता.... भाशाशास्त्र्यांक आजवेर मेळिल्ले सगळ्यांत पोरणे शिलालेख खिस्ता आदल्या ५व्या शेंकड्यांतले आसात. ते सम्राट अशोकाच्या काळा आदले लेखनकलेची व्हडवीक सांगतात... हे सगळे पुरावे भारतीय आर्य खिरस्ता आदल्या ५व्या शेंकड्यांत लेखनकला जाणा आशिल्ले हेंच सिद्ध करतात.

मनीस जात ज्या दिसा जल्माक आयली त्या दिसा भाशेचो जल्म जालो अशें म्हळ्यार अतिताय जायना. पयलो मनीस हांसला आसत, रडला आसत वा भावनावश जावन उस्वास सोडीत रावला आसत – ज्यो क्रिया त्या वेळार घडल्यो तीं भाशेचीं पयलींवयलीं लक्षणां. भावनेच्या ओगांत मनशाच्या तोंडांतल्यान जें कितें उतर भायर सरलां तें भाशेचें पयलें वयलें उतर आसूंक जाय. आजवेर विज्ञानाक मनशाचे उत्पत्तिचो अचूक काळ सोदून काडप शक्य जावंक ना. ताका लागून भाशेचे उत्पत्तिचो काळूय काळखांत आसा.

मनशाचे भाशेची प्रक्रिया सुरवेक उलोवपा-आयकुपा पुरती मर्यादीत आसली. तिका लिखीत रूप दिवचें अशें मनशाक दिसलें तेन्ना ३०,००० वर्सांचो काळ उलगलो अशें आर्विल्ले भाशाशास्त्री मानतात. चित्रां, प्रतिकचित्रां वा कुरवांच्या रुपांतल्यान हें घडलें. देखीक, मनीस दाखोवंक मनशाच्या आकाराचें चित्र, जनावर दाखोवंक जनावराच्या आकाराचें चित्र, न्हंय दाखोवंक व्हांवत्या उदकाचें चित्र. अशे तरेन लेखनाचें पयलें वयलें कर्तव्य मनशाच्या अनामीक पुर्वजान केलें. हीं चित्रां तांणी फातरांचेर, जनावरांच्या हाडांचेर, शिपयांचेर, भाजिल्ल्या मातयेच्या कुडक्यांचेर वा झाडांच्या सालिंचेर काडलीं. १९९३ वर्साच्या मे म्हयन्यांत गोंयांतूय सांगें म्हालांतल्या उसगाळीमळ वाठारांत असलीं पाशाण युगांतलीं चित्रां मेळिल्ल्याचो सोद लागलो. हीं शंबर-एक चित्रां म्हळ्यार, जाणकारांच्या मत्तान पुर्विल्ले भारतीय लिपयेचीं संकेत चिन्नां. तातूंत तत्कालीन सामाजीक संकेत मेळटात. देखीक, मनीस जनावरांच्या सांगातान चड वावुरतालो वा ते संबंधिच्या वावरांत आपलो चडांत चड वेळ काडटालो, तेच परी शिकार करून जगतालो म्हणपाचें होलमता.

मनशाच्या अस्तित्वाचो पयलो पुरावो चीन देशांत मेळटा. सुमार पांच लाख वर्सां पयलीं चिनाच्या उत्तर वाठारात मनशा वरी दिसपी प्राणी रावताले. ताका मानववंशशास्त्र्यांनी 'पिकींग मानव' हें नांव दिलें. उदरगतिच्या सोपणार आसतना (खिरस्ता आदीं सुमार ३०,००० वर्सां) ही 'जमात' उदेंत चीन, मंगोलिया, मंचुरिया, सायबेरिया ह्या वाठारांत आयली अशें म्हणटात. ही पयलीं वयलीं चित्रां वा चित्रलिपी घडोवपी जमात. आयजूय चीन देशांत आर्विल्ल्या रुपांत अप्रूप अशी चित्रलिपी घोळटा.

१९९९तल्या आगस्ट म्हयन्यांत सत्तरी म्हालांतल्या मावशी गांवांत पाशाण शिळेचेर घांसून काडिल्लें बैलाचें चित्र मेळ्ळें. हें चित्र खिरस्ता आदल्या १०,००० वर्सां पयलिंचें आसून उसगाळीमळार मेळिल्ल्या चित्रा परस विकसीत जाल्लें आसा अशें म्हणटात. गोंयांत हालीं दिसांनी मेळिल्लीं चित्रां पाशाण युगांत हे भुंयेर विकसीत जाल्ले पूण अज्ञात उरिल्ले चित्रलिपये कडेन संकेत करतात. फुडारांत हाचेर आनीक उजवाड पडुंये.

चित्रलिपी वर्णलिपयेंत केन्ना बदल्ली हाचो निश्चित कालखंड मेळना. मेळटा तो एक अदमास. चित्रलिपी वर्णलिपयेंत बदलुपी तत्कालीन संस्कृताय भोवच गिरेस्त आसली हे विशीं भासशास्त्र्यां मदीं दुबाव ना.







संवसाराच्या इतिहासांत चार गिरेस्त संस्कृतायांचो उल्लेख येता. – १) सुमेरियन संस्कृताय, २) इजिप्ताची संस्कृताय, ३) ग्रीक संस्कृताय आनी ४) सिंधू संस्कृताय.

सुमेरियन संस्कृताय खिस्ता आदीं ४००० वर्सां पयलीं तरतरताली म्हणपाचे उल्लेख मेळटात. हे संस्कृतायेंत मातयेच्या आयदनाचेर अक्षरां बरयल्ल्याचे पुरावे मेळटात. इजिप्त देशांत इजिप्शियन हिरोग्लिफीक (काळ: खिस्ता आदलीं सुमार ३००० वर्सां) लिपयेचो सोद लागलो. सिंधू न्हंयेच्या देगणांत मोहेंजोदडो आनी हडप्पा म्हळ्यार प्रोटो इंडीक लिपयेचो सोद लागलो (काळ: खिस्ता आदलीं २००० ते २५०० वर्सां) ग्रीसांत खिस्ता आदल्या सुमार १००० वर्सां फाटीं ग्रीक लिपी जल्मा आयली.

पुर्विल्ल्या लिपयांचे स वांटे घालतात:

	नांव	थळ	काळ
१.	क्यूनिफॉर्म लिपी	मेसोपोटेमिया	खि.आ. ३००० वर्सां
२.	प्रोटो ॲलमायट	ॲलम, मेसोपोटेमिया	खि.आ. ३००० वर्सा.
३.	इजिप्शियन हिरोग्लिफीक	इजिप्त	खि.आ. ३००० वर्सा.
४.	प्रोटो इंडीक	सिंधू न्हंयेचें देगण	खि.आ. २५०० वर्सा.
५.	क्रेटन	क्रेट / ग्रीस	खि.आ. १००० वर्सा.
६.	हिटायट आनी लूवियन	आनातोलिया/सिरिया	खि.आ. ७००-१५०० वर्सा.

वेल्या लिपयां मदल्यो प्रोटो ॲलमायट, प्रोटो इंडीक आनी क्रेटन लिपयेची एक तरा वाचूंक जाणकारांक अजून यश येवंक ना.

भारतीय लिपयेचें पुर्विल्लेंपण

नामनेचे भाशाशास्त्री बर्नेल भारतीय फिनीशियन लोकां कडल्यान बरोवंक शिकले अशें म्हणटात. खिस्ता आदल्या चवथ्या शेंकड्यांत पाणिनिचे पारिभाशीक उतरावळींत भारतीय लेखनकलेचें दायज दाखोवपी एकूय उतर मेळना अशें सांगून मॅक्सम्युल्लरूय भारतीय लेखनकलेची व्हडलिशी दखल घेनात. चडशे येवरोपी विद्वान भारतीय आर्यांक बरोवंक कळनासलें, ते फकत वेदपठन करताले, तांणी विदेशी लोकां कडल्यान लेखनकला आत्मसात केली अशें मानतात.


नामनेचे भारतीय लिपीतज्ञ सर्गेस्त पं. गौरीशंकर ओझा आपल्या अखंड अभ्यासान सगळ्यांत पयलीं विदेशी भाशातज्ञांचीं मतां खोडून काडटात. तांचो **प्राचीन भारतीय वर्णमाला** हो ग्रंथ म्हळ्यार लिपयेचो विश्वकोश. १९१८त उजवाडाक आयिल्लो हो ग्रंथ आर्विल्ले भाशाशास्त्री आयजूय प्रमाण मानतात. तांचो ग्रंथ उजवाडाक आयलो तेन्ना सिंधू संस्कृतायेचो सोद लागूंक नासलो. १९७७ वर्सा वेल्या ग्रंथाचो डॉ. लक्ष्मीनारायण भारतीय हांणी मराठींत अणकार केलो. डॉ. भारतीय हांणी ग्रंथाचे प्रस्तावनेंत सिंधू लिपी आनी संस्कृताय हांचें पुर्विल्लेपण जोखपाचो यत्न केला. तांचे प्रस्तावनेचो थोडे भितर आपरोस असो—

सिंधू संस्कृतायेच्या काळांतल्यो मुद्रा, आयदनां, इष्टिका ज्यो आजवेर मेळ्ळ्यात तांचो आंकडो १५०० इतलो जाता. तांचेर २८८ संकेत मेळटात. हे संकेत चित्रात्मक आसात तशे वर्णात्मकूय आसात. चित्रलिपयेंतल्यान वर्णलिपी घडली हो हाचो पुरावो. ध्वन्यात्मकता हे प्रक्रियेचें आंग. ब्राह्मी लिपी पूर्ण अवस्थेंत पावचे आदीं सिंधू लिपी उदरगतीक पाविल्ली हाचो हो दाखलो. वर्णमाळे उपरांत लिपयेचो विकास ही भारतीय पद्धत तर लिपये उपरांत वर्णमालेचो विकास ही अस्तमते कडली पद्धत अशें भौ. टी.पी. वर्माचो सोद सांगता. डी. मंडल हांणी रेडियो कार्बन पद्धतिचो आधार घेवन खिस्ता आदल्या २४०० ते १५०० वर्सांत भारतीय संस्कृतायेचो दक्षीण आनी उत्तर नेओटिक संस्कृताये कडेन संबंध आयिल्लो म्हणपाचें दाखयलां. ह्याच काळांत सिंधू संस्कृताय तरतरताली म्हणपाचें भौ. डब्ल्यू ए. फेअर सर्विस (ज्यु.) 'रुट्स ऑफ एन्शंट इंडिया' पुस्तकांत म्हणटात. वेल्या कालखंडांत साबार संस्कृत ग्रंथाची रचना जाली अशें श्री. सुनितीकुमार चटर्जी आपल्या 'भारतीय अनुशीलन ग्रंथ' ह्या पुस्तकांत बरयतात.

हडप्पाचे लोक वेदकालीन आसले. सिंधू आनी वैदीक संस्कृतायेचो काळूय एकूच. सिंधू संस्कृतायेच्या अवशेषांत आर्य देव-देवतांचीं नांवां मेळटात अशें भौ. एस्. आर. राव 'लोथल एण्ड इंडस सिव्हिलायझेशन' ह्या पुस्तकांत म्हणटात. हाचे वेल्यान दोन गजाली सिद्ध जातात – १) सिंधू आनी वैदीक संस्कृताये मदीं खिस्ता आदल्या २५०० वर्सां आदीं लागिंचे संबंद आसले. २) भारतीय लेखनकला खिस्ता आदल्या २५०० वर्सां आदीं भारतीय आर्यां मदीं तरतरताली. सैमीक अपघाताक लागून ही संस्कृताय धर्तरेच्या पोटांत गेली.

भारतीय लेखनकला आनी लिपी हांचें पोरणेपण दाखोवपी साबार उल्लेख मेळटात. महाभारताच्या आदिपर्वांत (१.११२) महामुनी व्यासान गणपतीक महाभारत रचपाक लेखनिक केल्ल्याचो उल्लेख मेळटा. वैदिक ग्रंथां मदल्या सगळ्यांत पोरण्या ऋग्वेदांत लेखनकलेच्या साबार छंदांचो म्हळ्यार शैलिंचो उल्लेख येता. तांचीं नांवां अशीं: द्विपदा, त्रिपदा, चतुष्पदा, षटपदा, गायत्री, उष्णिह, अनुष्टुभ, बृहती, विराज, त्रिष्टुभ आनी जगती [ऋग्वेद सं. १०.१४.१६; १०.१३२.३.४.] भाशाशास्त्र्यांक आजवेर मेळिल्ले सगळ्यांत पोरणे शिलालेख खिस्ता आदल्या ५व्या शेंकड्यांतले आसात. ते सम्राट अशोकाच्या काळा आदले लेखनकलेची व्हडवीक सांगतात. तातुंतलो एक शिलालेख नेपाळांतल्या 'प्रिपावा' हे




सुवातेर आसून ताचेर चतुरासिति आनी [स] कोरांतला. दुसरो शिलालेख अजमेर गांवांतल्या 'वडली' गांवांत मेळ्ळा. ताचेर *वीर (।) य - भगव (त)* अशें कोरांतलां. हे सगळे पुरावे भारतीय आर्य ख्रिस्ता आदल्या ५व्या शेंकड्यांत लेखनकला जाणा आशिल्ले हेंच सिद्ध करतात.

ब्राह्मी लिपयेची उत्पत्ती

ही सगळ्यांत पुर्विल्ली भारतीय लिपी अशें चडशे जाणकार मानतात. ब्राह्मी लिपये विशीं जायतीं मतां आसात: बर्नेल म्हणटा, फिनीशियन अक्षरां वेल्यान घडिल्ल्या अरमईक अक्षरांतल्यान ब्राह्मी अक्षरां घडलीं. प्रिन्सेप आनी सेनार्ट हांच्या मतान ब्राह्मी ग्रीस देशाचे लिपये वेल्यान आयली. फिनीशियन अक्षरां वेल्यान अरबस्तानांतली हिमिअरेटिक अक्षरां घडलीं आनी तातुंतल्यान ब्राह्मी तयार जाली अशें लेनोर्मंट म्हणटा. असिरियाच्या क्युनिफॉर्म लिपयेच्या एकाद्र्या पोरण्या दक्षिणी सेमेटिक लिपयेच्या पालवान ब्राह्मी घडली अशें डिके मानता. फिनीशियन सावन सेबियन (हिमिअरेटिक) आनी सेबियन सावन ब्राह्मी लिपयेची उत्पत्ती जाली अशें मत एडवर्ड क्लॉड आपल्या 'द स्टोरी ऑफ दी आल्फाबेट' पुस्तकांत मांडटा.

ख्रिस्ता आदल्या चवथ्या शेंकड्या सावन ब्राह्मी लिपये विशिंचे उल्लेख मेळटात. जैनाच्या 'पन्नवणा' सूत्रांत आनी 'समवायांग' सूत्रांत अठरा लिपयांचीं नांवां मेळटात. तातुंतलें पयलें नांव बंभी (ब्राह्मी) अशें आसा. भगवती सूत्रांत 'बंभी' लिपयेक नमस्कार करून 'नमो बंभीए लिविए' अशें म्हणून सुत्रारंभ केला. बौद्धांच्या 'ललीतविस्तार' ग्रंथांत (संस्कृत भाशेंतलो) ६४ लिपयांचीं नांवां दिल्यांत. तातूंत पयलो उल्लेख ब्राह्मीचो तर दुसरो खरोष्टी लिपयेचो आसा. ह्या ग्रंथाचो काळसंदर्भ मेळना, पूण ताचो चिनी अणकार ख्रि.आ. ३०८ वर्सा जाल्लो.

जी लिपी दावे वटेन सावन उजवे वटेन बरयतात ती 'ब्राह्मी', तर जी लिपी उजवे वटेन सावन दावे वटेन बरयतात ती 'खरोष्टी' अशें ख्रि.आ. ८६६ वर्साच्या चिनी बौद्ध विश्वकोशांत म्हळां. ब्राह्मी देशाची मुखेल लिपी जाल्ल्यान तत्कालीन बौद्ध आनी जैन ग्रंथ हे लिपयेंत बरयिल्ले मेळटात. युरोपियन विद्वानांनी तिका 'पाली' हें नांव दिलें. ब्राह्मी लिपी आयचे देवनागरी लिपयेचें पुर्विल्लें रूप. नागरी लिपयेचो निश्चितपणान उत्पत्तीकाळ सांगूंक मेळना तरी तांत्रीक काळांत नागर (नागरी) नांव प्रचारांत आसलें. भास्करानंदाच्या 'सेतूबंध' टिकेंत 'नागर' हें नांव मेळटा.

ब्राह्मी लिपयेचीं अक्षरां फिनीशियन वा हेर खंयचेय लिपये सावन येवंक नात वा दावे वटेन सावन उजवे वटेन बरयताले म्हूण तिचें लिपी रूप बदलूंक ना. तिचें पुर्विल्लेपण, गूण आनी रूप पळोवन भारतीय आर्यांनी ब्रह्मदेवाक तिचो कर्तो मानलो वा ब्राह्मणाची लिपी म्हूण तिका 'ब्राह्मी' हें नांव पडलां आसूं येता अशें पं. ओझा म्हणटात. तांच्या मतान ब्राह्मी आनी सेमेटिक लिपयें भितर खूब अंतर आसा. ब्राह्मी लिपयेंत स्वर आनी व्यंजनां पू[illegible] आसून स्वरांत ऱ्हस्व दीर्घा खातीर आनी अनुस्वार विसर्गा खातीर खाशेलीं चिन्नां आसात. मात्रेच्या चिन्नां वरवीं संयोग परगटावपाचें तिचें खाशेलेपण हेर खंयचेच लिपयेंत दिसना. साहित्य आनी संस्कृताय उदरगतिच्या तेमकार पावता तेन्ना अशें घडटा. वैदिक आनी पुर्विल्ले संस्कृत भाशेंतले ६४ उच्चार दाखोवंक निखटे १८ उच्चार आनी २२ संकेत दाखोवपी सेमेटिक लिपी केन्नाच उपेगाची नासली अशें म्हणून प[illegible] ओझा विद्वानांचीं मतां खोडून काडटात. तांणी सेमेटिक ब्राह्मी, खरोष्टी तेच परी पुर्विल्ल्या अक्षरांचो अक्षरपट मांडून ब्राह्मी लिपी आनी हेर लिपयांच्या अक्षरां मदलो फरक दाखयला (आकृताय १ पळोवची).

सेमेटिक वर्णमालांचो अक्षर-पट

समान उच्चार आशिल्ल्या खरोष्टी आनी ब्राह्मी अक्षरां सयत

(आकृताय १)

सेमेटिक अक्षरांचीं नांवां/ उच्चार	हिपुरेटिक	फिनिशियन: पुर्विल्लीं अक्षरां	फिनिशियन: मोआबच्या लेखांत	हिमिअरिटिक सेबियन	अरमईक: सक्कारा/टीमा/हेर लेख	अरमईक: पपायरस वेल्यान	अरमईक: तक्षशिला हंगाचो लेख	समान उच्चार आ[सपी] खरोष्टी आनी ब्राह्मी अक्षरां: खरोष्टी	समान उच्चार आ[सपी] खरोष्टी आनी ब्राह्मी अक्षरां: ब्राह्मी
अलेफ् (अ)	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]
बेथ् (ब)	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]
गिमेल् (ग)	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]
दालेथ् (द)	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]
हे (ह)	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]
वाव् (व)	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]
झाईन (झ़)	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]
हेथ् (ह)	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]		[illegible]	[illegible]
तेथ् (त)	[illegible]	[illegible]		[illegible]				[illegible]	[illegible]
योध् (य)	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]
काफ् (क)	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]
लामेध (ल)	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]
मेम् (म)	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]
नून् (न)	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]
सामेख् (स)	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]		[illegible]	[illegible]
आइन् (पु)		[illegible]	[illegible]	[illegible]			[illegible]	[illegible]	[illegible]
पे (प)	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]
त्साधे (स)	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]
कॉफ (क)	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]
रेश् (र)	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]
शिन् (श)	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]
ताव् (त)	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]	[illegible]

फिनीशियन अक्षरांत वेलो भाग मोठो तर सकलो भाग उब्या आनी तिरप्या रेगट्यांनी घडयल्लो आसता. ब्राह्मी अक्षराचो वेलो भाग बारीक रेकटेन सुरू जाता आनी सकल येवन मोठो जाता अशें ओझा म्हणटात. तांचें मत पुरायेन खोडून काडूंक आजवेर खंयच्याच देशी वा विदेशी जाणकाराक जमूंक ना.

सिंधू / ब्राह्मी लिपयेचो संबंध

सिंधू लिपयेच्या सोदा आदीं ब्राह्मी लिपयेक एकली एकसुरी पुर्विल्ली भारतीय लिपी मानताले. ब्राह्मी लिपी सिंधू लिपयेची वंशज अशें कांय भाशाशास्त्री मानतात पूण तें सिद्ध जावंक ना. ब्राह्मी लिपयेचे उत्पत्तिचो काळ ख्रिस्ता आदलीं ५००० वर्सां तर सिंधू लिपयेचो काळ ख्रिस्ता आदलीं २५०० वर्सां असो आसून मदल्या काळांत दोनूय लिपयांक जोडपी पुरावे भोव उण्या प्रमाणांत मेळटात. तातुंतलो एक असो.

ख्रिस्ता आदल्या चवथ्या-पांचव्या शेंकड्यांत जावन गेल्ल्या पाणिनी ह्या संस्कृत व्याकरणकारा आदीं तीन म्हान व्याकरणकारांचो उल्लेख संस्कृत साहित्यांत येता. १) महेश्वर, २) बृहस्पति आनी ३) इंद्र. हातुंतल्या महेश्वरान **माहेश्वरी शिवसूत्र** म्हळ्यार **ध्वनिचे गण** हांची रचना केल्ली. तांचें आरेखन चंद्राकृतीन केल्लें मेळटा. ताचो उल्लेख 'इदं गणश कीलकं कथितं ते प्रजापते। शिवप्रोक्तं तु मंत्राणाम उत्कीलन करं परम' ह्या श्लोकांत मेळटा. सर्गेस्त अ.व. वालावलकार हांणी तांचे इश्ट वाकणकर हांच्या पालवान माहेश्वरी सुत्रांतलीं ध्वनिस्थानां आनी वर्णस्थानां हांची व्युत्पत्ति लायल्या. (आकृताय २)

आकृताय २चें स्पश्टीकरण

१) पयल्या मुळाव्या स्वरगणांतल्या चंद्राच्या आंकड्यांत फरक दिसता (सूत्र १/२); २) संध्याक्षरांत दर एकी २ चंद्र आसात. (सूत्र ३/४); ३) अर्दस्वरांत दर एकी २ चंद्र आसात. (सूत्र ५/६); ४) अनुनासिकांत (सूत्र ७) आनी १२व्या सूत्रांतल्या मूलचंद्राक १ शून्य विंगड विंगड सुवातेर आसा; ५) मृदूवर्णांतल्या मृदूमहाप्राणाक (सूत्र ८/९) आनी सूत्र (१०)तल्या मृदू व्यंजनाक दर एकी ३ आनी २ चंद्र; ६) कठोर वर्णांत (सूत्र ११) आनी कठोर महाप्राणवर्णांत दर एकी २ चंद्र; ७) कठोर वर्णाच्या मूलवर्णांत १ चंद्र (सूत्र १२); ८) उष्माणांत आनी ह मर्दी दर एकी २ चंद्र (सूत्र १३/१४). वेल्या सूत्रांत माहेश्वरीची देवलिपी आनी देवनागरी लिपयेचो भेद स्पश्ट करपाचो यत्न जाला.

माहेश्वरी सूत्रांतल्या ध्वनिगणा प्रमाण 'अर्धेंदुलसित' वर्णाची उत्पत्ति (सा एबां गणेशविद्य) आनी पाणिनिच्या ध्वनिसप्तकाची रचना अशी (आकृताय ३).

आकृताय ३चें स्पश्टीकरण

वेले आकृतायेच्या आरंभाक 'ॐ'चें वैदीक रूप आनी सध्याच्या रुपाची तुळा केल्या. निमणे वळींत मिश्र व्यंजनां आसात.

पाणिनीय सूत्रा प्रमाण 'कप'(य) आनी 'चटत'(व) ह्या सूत्रा प्रमाण एक अखंड मंडळ द्विभाजित (दोन कडेन वांटून) आनी त्रिभाजित (तीन कडेन वांटून) करतकच जे चंद्र (अर्धेंदु) मेळटात, ते कंठय, तालव्य,


माहेश्वरी देवलिपी (आकृताय २)

माहेश्वरी शिवसूत्र वा ध्वनिचे गण

माहेश्वरी देवलिपी

[illegible]	अइउ (ण्)
[illegible]	ऋ ऌ (क्)
[illegible]	ए ओ (ङ्)
[illegible] ⟷	ऐ औ (च्)
[illegible]	हयवर(ट्)
[illegible]	ल (ण्)
[illegible]	[illegible](म्)
[illegible]	[illegible] (ञ्)
[illegible]	[illegible](ष्)
[illegible]	[illegible](श्)
[illegible]	[illegible](व्)
[illegible]	[illegible]
[illegible]	[illegible]
[illegible]	[illegible]

पाणिनीय ध्वनिसप्तक (आकृताय ३)



CATAGORIES/ संज्ञा

O I II III IV V VI VII VIII

पाणिनी — PHONETIC CLASS

अकुह विसर्जनीयानां कंठ — GUTTURALS: अA, कKa, खKha, गGa, घGha, ङN, हHa, Ah, क्षKsha

इचुयशा नां तालु — PALATALS: इ, चCha, छChha, जJa, झJha, ञN, यYa, शSha, ज्ञJna

ऋटुरषाणां मूर्धा — LINGUALS: ऋR, टT, ठTha, डDa, ढDha, णN, रRA, षS, श्रShra

लृतुलसानां दंताः — DENTALS: लृ, तT, थTha, दDa, धDha, नNA, लLa, सSa, त्रTRA

उपु उपध्मानीयानां ओष्ठौ — LABIALS: उU, पPa, फPha, बBa, भBha, मMa, वVa

Chart Made by: L. S. WAKANKER, 1967.

O – VOWEL
I – HARD
II – HARD ASPIRATES
III – SOFT
IV – SOFT ASPIRATES
V – NASALS
VI – SEMI-VOWEL
VII – SIBILANTS
VIII – CONJUCTION

मूर्धन्य, दंत्य आनी ओष्ठ्य वर्णां खातीर वापरल्यात. पयलो वांटो (०) शरीरस्थानां वेगळीं देखून स्वर चिन्नां वेगळीं वेगळीं. दुसरो वांटो (I) – ही वर्णदर्शक एक चंद्र 'माहेश्वरी अक्षरां'. तांकां स्पश्ट अकार दर्शक आडी लागून देवनागरी कठोर वर्ण तयार जाता. वांटो (II) – हातूंत (I) गटांतल्या चंद्राक महाप्राणचंद्र लावन कठोर महाप्राण वर्ण डटात. वांटो (III) – हातूंत वांटो (I) गटांतल्या चंद्राक दोट्टी करतकच मृदवर्ण घडटात. वांटो (IV) मृदवर्णाक महाप्राण चंद्र लागतकच मृदूमहाप्राणवर्ण तयार जातात. वांटो (V) – हातूंत वांटो (I) च्या वर्णाक (मूलचंद्राक) शून्य लागतकच अनुनासिकवर्ण तयार जाता. वांटो (VI) – दोन चंद्रांची विंगड विंगड रचना जावन अर्धस्वर य, र, ल आनी व तयार जातात. वांटो (VII) – हातूंत उष्माण वर्णांचो आसपाव जाता.

वयर आयिल्लें माहेश्वरी शिवसूत्र आनी पाणिनीय ध्वनिसप्तक हांचो पुर्विल्ले लेखनविद्ये कडेन खूब लागिंचो संबंध दिसता. सिंधु संस्कृताये विशीं जेन्ना आनिकय संशोधन जातलें तेन्ना सिंधू आनी ब्राह्मी लिपयेच्या संबंदांचेर चड उजवाड पडटलो.

ब्राह्मी लिपयेचे मुखेल फांटे

ख्रि.आ. ५०० वर्सां ते ख्रि.आ. ३५० वर्सां मेरेन ब्राह्मी लिपयेचो पुराय भारतांत शेक चलतालो. ते उपरांत हे लिपयेन मोडण घेतलें आनी तातुंतल्यान दोन शैली भायर सरल्यो. १) उत्तरी शैली आनी २) दक्षिणी शैली. उत्तरी शैलिच्यो लिपयो अश्यो – १) गुप्त लिपी, २) कुटिल लिपी, ३) नागरी लिपी, ४) शारदा लिपी आनी ५) बंगाली लिपी.

दक्षिणी शैलिच्यो लिपयो अशो – १) पश्चिमी लिपी, २) मध्यप्रदेशी लिपी, ३) तेलुगु-कानडी लिपी, ४) ग्रंथ लिपी, ५) कलींग लिपी आनी ६) तमिळ लिपी.

वेल्या लिपयांची थोडे भितर खाशेलपणां अशीं:

गुप्त लिपी: ही लिपी पुराय भारतांत गुप्तवंशीय राजाच्या काळांतल्या लेखांत वापरताले. देखून तिका 'गुप्त लिपी' म्हणटात. चवथ्या आनी पांचव्या शेंकड्यांत तिचो भारतांत प्रसार जालो.

कुटिल लिपी: हे लिपयेच्या अक्षरांक लागून, खास करून स्वरांच्या मात्रांच्या कुटिल (वांकड्या) आकृतींक लागून हिचें नांव कुटिल लिपी पडलें. ही लिपी गुप्त लिपयेंतल्यान भायर सरली. तिचो प्रसार ६व्या शेंकड्या सावन ९व्या शेंकड्या मेरेन जालो. नागरी आनी शारदा लिपी हे तिचे दोन फांटे.

नागरी लिपी: ८व्या शेंकड्या सावन ही लिपी प्रसारांत आयली. नागरींतलो सगळ्यांत पोरणो शिलालेख राष्ट्रकूट वंशीय राजा दंतिदुर्ग हाच्या सामनगडांत (कोल्हापूर संस्थान) [ख्रि.आ. ७५४ शक. ६७४] मेळ्ळा. नागरीच्या पोरण्या फांट्यांतल्यान बंगाली तर नव्या फांट्यांतल्यान कैथी, महाजनी, गुजराती, राजस्थानी लिपयो घडल्यो.

शारदा लिपी: ८व्या शेंकड्यांत राजा मेरूवर्माच्या शिलालेखांत ही लिपी दिसता. तिचो प्रसार काश्मीर आनी पंजाबांत जालो. ही लिपी कुटिल लिपये सावन घडली, तर शारदा लिपयेंतल्यान काश्मिरी, टाकरी आनी गुरुमुखी (पंजाबी) लिपयो घडल्यो.

पोरणी बंगाली लिपी: १०व्या शेंकड्यांत जल्मा आयिल्ली ही लिपी नागरीच्या उदेंत फांट्यांतल्यान विकसीत जाली. नारायणपालाचे राजवटींत बदाल हांगा खांब्यार कोंरातिल्ल्या अक्षरांत तिची देख मेळटा हे लिपयेंतल्यान आयची बंगाली, नेपाळी, मैथिली आनी उडिया लिपी घडल्या.

ब्राह्मीचे दक्षिणी शैलिच्यो लिपयो अश्यो —

पश्चिमी: ५वो ते ९वो शेंकडो मेरेन ही लिपी काठेवाड, गुजरात, नाशिक, खानदेश, सातारा, हैदराबाद संस्थानाचो कांय वाठार, बुंदेलखंडचो कांय वाठार हांगा घोळटाली. हे लिपयेचे चडशे लेख तांब्य पट्यार मेळटात.

तेलुगू/कानडी: ५वो ते ८वो शेंकडो हे मजगतीं लिपयेच्या मळार जाय बदल घडले. तांतुंतल्यान तेलुगू आनी कानडी लिपयो घडल्यो. ह्यो लिपयो दक्षिण महाराष्ट्र, सोलापूर, विजापूर, धारवाड, आयचें कर्नाटक आनी आयच्या आंध्रांत प्रसारांत आसल्यो.

ग्रंथ लिपी: ७व्या शेंकड्या सावन १५व्या शेंकड्या मेरेन हे लिपयेंत जायते बदल घडले आनी तातुंतल्यान ग्रंथ लिपी घडली. हे लिपयेंतल्यान तुळू आनी मलयाळम लिपयो जल्माक आयल्यो. आयच्य तमिळनाडूंत ही लिपी भोव घोळटाली. थंय संस्कृत भास त्या काळांत लिपयेंत बरयताले देखून तिका 'ग्रंथ लिपी' हें नांव पडलां आसुंये अशे कांय जाणकार मानतात.

कलिंग लिपी: तमिळनाडूंतल्या चिकाकोल सावन गंजाम मेरेन ७व्या शेंकड्या सावन ११व्या शेंकड्या मेरेन ही लिपी घोळटाली. हे लिपयेचं उपेग गंगावंशीय राजाच्या दानपत्रांत केल्लो दिसता. ही लिपी मध्यप्रदे लिपये वरी आसली तरी तातूंत नागरी, तेलुगू, कन्नड, ग्रंथ लिपी हांची भरसण जाल्या.

तमिळ लिपी: आयच्या केरळ आनी तमिळनाडूंत ७व्या शेंकड्या साव ही लिपी प्रसारांत आसली. हे लिपयेचीं चडशीं अक्षरां ग्रंथ लिपयेंतल्या घेतल्यांत तर 'क', 'र' सारकीं अक्षरां सरळ ब्राह्मींतल्यान घेतल्यांत

वट्टेलुतू लिपी: ही तमिळ लिपयेची खाशेली शैली. तमिळनाडूच्या दर्यादिगे वेल्या वाठारांत आनी दक्षिणे कडल्या कांय वाठारांत ही लिपी प्रसारांत आशिल्ल्याचें दानपत्रांनी आनी लेखांत दिसता. उपरांत तिचें अस्तित्व दिसना.

खरोष्टी लिपी

सम्राट अशोकाच्या कालखंडा सावन हे लिपयेचे उल्लेख मेळटात. ३र शेंकड्यांत शहबाजगढी आनी मान्सेरा हांगा मेळिल्ल्या सम्राट अशोकाच्या शिलालेखांत ही लिपी दिश्टी पडटा. आज भारत-पाकिस्तानांत वांटून गेल्ल्या पंजाब प्रांतांत ही लिपी घोळटाली. ख्रि.आ. ४थ्या शेंकड्यांत इराणी लोक रुप्याचीं नाणीं वापरताले. ताचेर हे लिपयेंतलीं कांय अक्ष वाचूंक मेळटात. सिकंदाराच्या जैताक लागून पंजाबांतलो इराणी लोक पंजाबावेली सत्ता सोडून इराणांत गेले. ताची ती गवाय आसुंये.

पुर्विल्ल्या काळांत खरोष्टी लिपयेचो प्रसार आनी प्रभाव ब्राह्मी लि इतलो जाणवना तरी ते मुस्तींत तिका खाशेली सुवात आसली. ही लि उजव्यान दावे वटेन बरयताले. देखून ती सेमेटिक वर्गांतली अशें पं. ओझा म्हणटात. खरोष्टी लिपयेचीं ११ अक्षरां, देखीक क, ज, द, न ब, य, र, ल, व, ष, स आनी ह हीं समान उच्चार आशिल्ल्या अरमई

अक्षरां कडेन लागिंचो संबंध दाखयतात.

ख्रि.आ. ६व्या शेंकड्यांत, अरमईक ही इराणांतली मुखेल सरकारी भास आनी लिपी आसली. तातूंत निखटीं २२ अक्षरां आसलीं. स्वर पूर्ण नासले: न्हस्व-दिर्घाचो भेद नासलो. स्वराक मात्रा नासली. देखून ही लिपी खरोष्टी लिपयेक खूब लागिंची अशें पं. ओझा मानतात. खरोष्टी लिपयेचीं खाशेलेपणां अशीं: तातूंत आ, इ, ऊ, ऋ, ऐ आनी औ हे स्वर आनी तांच्यो मात्रा नात. जोडाक्षरी व्यंजनां खूब उणीं आसात. बऱ्याच घटक व्यंजनांचीं रुपां विंगड विंगड आनी घुस्पागोंदळाचीं आशिल्ल्यान तांचें वाचन करप आयजूय शक्य जावंक ना.

ही लिपी खरोष्ट नांवाच्या आचार्यान घडयली अशें ओझा चिनी फातरपट्याच्या आधारान म्हणटात.

लिपयांचें वाचन

पुर्विल्ल्या लिपयांचें वाचन हो व्हड कश्टाचो वावर. ६व्या शेंकड्या मेरेनच्या लिपयांचें वाचन करपी एकूय विद्वान १४व्या शेंकड्या मेरेन भारतांत नासलो. ६व्या शेंकड्या उपरांतच्या लिपयांचें वाचन संस्कृत/प्राकृत भासांचे पंडित भोव कश्टान करताले. १३५६ वर्सा दिल्लीचो सुलतान फिरोजशहा तुघलक हाणें अशोकाचे दोन लेख मेरठ सावन दिल्लींत हाडले. बादशहाक लेखांतल्या बरपाचो अर्थ जाणा जावन घेवपाची भोव इत्सा आसली. त्या वेळार भारतांतलो एकूय विद्वान ताची ही इत्सा पुराय करूंक पावलोना. तेन्नाचें लोकमानस एक तर शिलालेखावेलीं अक्षरां देवालीं अक्षरां मानतालें वा शिलालेख आडखळ लेखून ते मोडून फोडून उडयतालें. शिलालेख आनी ताचेवेलीं अक्षरां हांचें म्हत्व १७८३ मेरेन भारतियांक कळूंक ना.

१५ जानेवारी १७८४ ह्या दिसा सर विलियम जोन्ज हांच्या फुडारपणा खाला कलकत्त्यांत एशियाटिक सोसायटिची थापणूक जाली. ही संस्था आशिया खंडांतले पुर्विल्ले शिलालेख, तांब्या पटे, नाणीं, इतिहास, भुगोल, शास्त्रां, परंपरा, शिल्पकला आनी पुर्विल्ल्या दायजाचो अभ्यास करताली. हांगाच लिपयेच्या अभ्यासाक आनी संशोधनाक बळगें मेळ्ळें. १७८५त चार्लस् विल्किन्स हाणें दिनजापूर जिल्ह्यांतल्या 'बदाल' गांवांत एका खांब्यार बरयिल्लो लेख वाचलो. आर्विल्ल्या काळांत लिपयांचें वाचन करपी हो पयलो विद्वान. हो लेख बंगालचो राजा नारायणपाल हाच्या काळांतलो आसलो. अतिपुर्विल्ल्या काळांतले गुप्त लिपयेचें वाचन करपाचें श्रेय चार्लस् विल्किन्स हाकाच वता. ताणें नागार्जुनी आनी बराबर हांगासल्ले व्होंवरेंत मेळिल्ले वैखरी वंशाचो राजा अनंतवर्मन हाचे तीन लेख १७८५ ते ८९ वर्सांच्या काळांत व्हड कश्टान वाचून काडले. ताका लागून गुप्त लिपयेचे अर्दे वर्णमालेचें गिन्यान संवसाराक जालें. बी.जी. बॅबिग्टन हाणें मामल्लपूर हांगासल्ले संस्कृत आनी तमिळ भासांतल्या लेखांचें वाचन केलें. आपल्या संशोधना वरवीं १८२८ वर्सा ह्या भासांच्यो वर्णमाला तयार केल्यो. १८३५त डब्ल्यू.एच. वॉथन हाणें वल्लभीच्या दानपत्रांचें वाचन केलें. गुप्त लिपयेचे उरिल्ले वर्णमालेचें गिन्यान कॅप्टन ट्रायर, डॉ. मिल आनी जेम्स प्रिन्सेप हांच्या वावरा वरवीं पुर्णत्वाक पावलें.

ब्राह्मी लिपयेचें वाचन करतना भाशाशास्त्र्यांक खूब आडखळी आयल्यो. जेम्स प्रिन्सेप हाणें १८३४-३५त ब्राह्मीचें वाचन करपाचो पयलो यत्न केलो. ताणें ब्राह्मी लिपयेंतलीं स्वरचित्रां सगळ्यांत पयलीं वळखलीं. पाद्री जेम्स स्टीवन्सन हांणी ब्राह्मी लिपयेंतली क, ज, प आनी ब हीं अक्षरां वेगळीं काडलीं. तरी आपणें सोदून काडिल्लीं अक्षरां संस्कृत अशें तांकां दिशिल्ल्यान तांचो यत्न फुकट गेलो. उपरांत लॅसन नांवाच्या विद्वानान साबार ब्राह्मी लिपयांच्या शिलालेखांचो सोद घेतलो. ताणें 'द' आनी 'न' अक्षरां सोदून काडलीं. ब्राह्मी लिपयेची वर्णमाळ तयार करून ती लिपी संस्कृत नासून ते मुस्तींत प्रसारांत आशिल्ली प्राकृत म्हणपाचें सिद्ध केलें. ते उपरांत दिल्ली, अलाहाबाद, सांची, मथिआ, राहिआ, गिरनार, धौली हांगासल्ल्या शिलालेखांचें वाचन जालें. ब्राह्मी लिपयेचें वाचन हें लिपयेच्या इतिहासांतलें एक म्हत्वाचें प्रकरण.

खरोष्टी लिपयेचें वाचन करपाचो पयलो यत्न भौ. मेसन हाणें केलो. ताणें बॅक्ट्रीयन, ग्रीक, शक, पर्शिनय आनी कुशन वंशांतलीं नाणीं तपासून नाण्यांचे एके वटेन बरयिल्लें ग्रीक नांव वाचून काडलें. त्याच अर्थाचीं नाण्याचे दुसरे वटेन बरयिल्लीं खरोष्टी उतरां वाचून काडलीं. ताणें नाण्यांचेर बरयिल्लीं १२ राजांचीं नांवां आनी ६ पदव्यो वाचल्यो. ही लिपी उजव्यान सावन दाव्यान बरयतात म्हणपाचें ताका कळून आयलें. ही लिपी सेमेटिक वर्गांतली हें जाणा जावन लेगीत ती खरोष्टी म्हूण तो वळखलो. १८३८ मेरेन तो हे लिपयेक 'पहलवी' समजतालो. देखून ताचें संशोधन अडून उरलें. एक फावट अचकीत ताका ग्रीक नाण्यांचेर प्राकृत (पाली) लेख दिसले. उपरांत ताणें प्राकृताच्या नेमा प्रमाण अभ्यास करून १७ खरोष्टी उतरां सोदून काडलीं. उपरांत नॉरीस ६ अक्षरां वळखलो. जनरल कनिंगहॅम हाणें उरिल्लीं अक्षरां वळखून, खरोष्टीचीं जोडाक्षरांय समजून घेतलीं. अशे तरेन खरोष्टीची वर्णमाळ तयार जाली.

पुर्विल्ल्या काळांतलें लिपी लेखनाचें साहित्य (वस्तू)

ताडपत्र: पुर्विल्ल्या काळांत ग्रंथलेखनाच्या वावरा खातीर ताडपत्राचो उपेग करताले. ताडपत्राचेर शायेन बरयिल्लें आनी आजवेर उपलब्ध आशिल्लें पुस्तक म्हळ्यार 'सयुक्तागम' नांवाचें बौद्धसूक्त. तें संस्कृत भाशेंत आसून ताचो काळ ख्रि.आ. ४थो शेंकडो आसा. डॉ. स्टाइन हाका खोतान वाठारांतल्या खडलिक गांवांत हें पुस्तक मेळ्ळें. ख्रि.आ.२ऱ्या शेंकड्यांत ताडपत्राचेर बरयिल्ल्या नाटकाचे कांय कुडके मेळ्ळ्यात पूण ताचें नांव कळूंक ना.

दक्षिण वा दर्या देगेच्या वाठारांनी ताड जातात. पुर्विल्ल्या काळांत बरोवपाक ताडाच्या पानांचो फावो तितलो कुडको काडून सुकयताले. उपरांत उदकांत भिजोवन वा गरम उदकांत शिजोवन तो परत सुकयताले. ताडपत्र सुकयतकच तें गुळगुळीत फातर वा शंखाच्या आधारान घोटून काडटाले. निमाणें हीं पानां बरोवपा खातीर योग्य जातालीं. ताडपत्राचेर लेखन करूंक तीक्ष्ण तोंक आशिल्ली कणखर लाकडाची बडी वापरताले. तिच्या तोंकाक काजळा वरी काळखी लावन ती नेटान ताडपत्राचेर दामून बरयताले. कागदाच्या प्रसारा उपरांत ताडपत्राचें म्हत्व ल्हवू ल्हवू कमी जालें.

भूर्जपत्र (भोजपत्र): भूर्जपत्र म्हळ्यार भूर्जु नांवाच्या झाडाची भितरली साल. हिमालय, काश्मीर बी वाठारांत ताडपत्रां मेळनाशिल्ल्यान पुर्विल्ल्या काळांत भूर्जपत्रांचेर बरयताले. भूर्जपत्रां लांब आनी रुंद आसतालीं. ताचो फावो तितलो कुडको काडून तांचेर शायेन बरयताले. 'धम्मपद' (प्राकृत ग्रंथाचो कांय भाग) हें भूर्जपत्राचेर बरयिल्लें सगळ्यांत पुर्विल्लें पुस्तक. तें खोतान हे सुवातेर मेळ्ळें. ताचो काळ ख्रि.आ. दुसरो शेंकडो अशें मानतात.

कागद: चिनी लोकांनी ख्रि.आ. १०५ वर्सा पयलीं कागद तयार केलो अशें सामान्यतायेन मानतात आसलें तरी ख्रि.आ. ३२७ वर्सा सिकंदरा वांगडा आयिल्ल्या निआर्कस हाणें ''हिंदुस्तानचे लोक कापसाच्या लगद्या वरवीं कागद तयार करताले'' अशें बरोवन दवरलां. मॅक्स

मुल्लरानय निआर्कस हाचें म्हणणें मान्य करून भारतीय लोकांक कागद करपाची प्रक्रिया कळटाली अशें म्हळां. बुलर हाणें संकलीत केल्ले यादींत कागदाचेर बरयिल्लें सगळ्यांत पोरणें पुस्तक १२२३-२४ वर्साचें आसा अशें म्हळां. भौ. वेबर हाणें मध्य आशियांतल्या यास्कंद (ताश्कंद) शाराचे दक्षिणेक ६० मैल अंतराचेर 'कुगिअर' नांवाचे सुवातेर जमनींत पुरून दवरिल्ल्या गुप्त लिपींतल्या चार भारतीय पुस्तकांचो सोद लायलो. तीं पुस्तकां खि.आ. ५व्या शेंकड्यांतलीं अशें म्हणटात. ह्याच शेंकड्यांतलो कागदाचेर बरयिल्लो संस्कृत ग्रंथ मध्य आशियेंतल्या काशगर आनी हेर सुवातिंनी मेळ्ळा.

शिळा / शिल्पपत्र / ताम्रपत्र : भूर्जपत्र, ताडपत्रां आनी कागद चड काळ तगून उरनाशिल्ल्यान म्हत्वाचें लेखन खूब काळ मेरेन तगून उरचें देखून फातराचेर बरोवपाची चाल पुर्विल्ल्या भारतांत आसली. फातराचेर बरोवंक खऱ्या लेखका परस शिल्पी वा कारागिरांची गरज पडटाली. ताका लागून खूब शिलालेखांत चुकिल्ले संदर्भ दिश्टी पडटात. तरी हे शिलालेख हजारांनी वर्सां हवामानाक तोंड दीत तगून उरिल्ल्यान भारताचो व्हडा प्रमाणांत काळखांत उरिल्लो इतिहास उकतो जायत आसा. ११७०त प्राग्वार श्रेष्ठी लोलिक हाणें मेवाडलागीं जैन मंदिराचे कुशीक आशिल्ल्या तळपाचेर **उन्नत शिखर पुराण** नांवाचें जैन पुस्तक कोरांतिल्लें. आयजूय तें पळोवंक मेळटा. आजवेर मेळिल्ले सगळ्यांत पोरणे शिलालेख सम्राट अशोकाच्या कालखंडांतले आसून ते तिसऱ्या-चवथ्या शेंकड्यांतले आसात. हातूंत अशोकाचो गिरनारा मेळिल्लो लेख [आज हो लेख राजस्थान म्युझियम, अजमेर, हांगा आसा], अशोकाचो दिल्लींतलो खांब, सारनाथचो लेख हांचो आसपाव जाता.

वेल्या वस्तूं भायर विटो, चामडें, रसमी कपडो, सुती कपडो, लाकडाचे पाट, भांगर, रुपें, तांबें, पितूळ, लोखण हांचे पटे, हांचेर लेखन केल्लें मेळटा. गोंयांत सांगें म्हालांत उसगाळीमळार मेळिल्लीं चित्रां थंयसावन व्हांवपी व्हाळांतल्या फातरां वरवीं तळप कोरांतून काडल्यांत अशें डॉ. नंदकुमार कामत म्हणटात.

देवनागरी लिपी

आयचे घटकेक संस्कृत, हिंदी, मराठी, कोंकणी, नेपाळी ह्या भासांनी ही लिपी आपणायल्या. कांय भेदभाव सोडल्यार गुजराती आनी बंगाली लिपी नागरीक लागिंच्यो दिसतात. १०व्या शेंकड्या सावन ही लिपी नदरेक पडटा. विक्रम संवत ९५५ वर्साच्या एका दानपत्रांत ही लिपी सगळ्यांत पयली नदरेक आयली. विजयनगर राजाच्या दानपत्रांत बरयिल्ले हे लिपयेक 'नंदीनागरी' म्हळां. नागरी लिपयेक सगळ्यांत लागीं आशिल्ली एक लिपी ७०६ वर्सा गुजरातचो राजा जयभट (तिसरो) हाणें दक्षिण शैलिचे पश्चिमी लिपयेच्या दानपत्रांत नागरी लिपयेंत सय केल्ली मेळटा. नागरी आनी नागरी कडेन लागिंचें नातें दाखोवपी दुसरी लिपी हांचो खि.आ. ८व्या शेंकड्यांत मोठो प्रसार जाल्लो.

पुर्विल्ल्या काळांतली देवनागरी लिपी
(आकृताय ४)

मोरवी हांगासल्ल्या राजा जाइंकदेव हाच्या दानपत्रावेल्यान गुप्त संवत् ५८५ - ई.स. ९०४)

अ आ इ ई क क ख ग घ च छ ज ट ड ण ण

ण त त थ द ध ध न प फ भ म म य र र ल ल

व श शं ष स ह ह त ज्ञा पु हृ गों क्ष क्कं र्लं ह्म

प्रतिहार राजा विजयपाल हाच्या काळांतल्या अलवरच्या लेखावेल्यान (विक्रम संवत् १०१६ - ई.स. ९

अ आ उ ऐ ख ग घ च छ ठ ड थ थ झ का क्ष क्ष ओं

नेपाळ हांगासल्ल्या हातबरपी पुस्तकांवेल्यान (अदमास - ई.स. १०वो शेंकडो)

आ इ ई ऊ ऋ ॠ लृ ल ऐ ओ औ ख ग घ ङ च छ झ

अ ट ठ उ त थ ध न फ ब भ म य ल व श ष स ह

कोंकणी आनी लिपी

कोंकण वाठारांतली उलोवपाची आनी वेव्हाराची मुखेल भास म्हळ्यार कोंकणी. कांय भाशाशास्त्री महाराष्ट्री प्राकृत आनी महाराष्ट्री अपभ्रंश भासांतल्यान कोंकणी घडली अशें मानतात. कोंकणी कोशकार श्रीपाद देसाय हांच्या मताप्रमाण १०व्या ते १२व्या शेंकड्याच्या अदमासाक घोळपी अपभ्रंश भाशेंतल्यान कोंकणी घडली. तांच्या मतान राजस्थानी, कोंकणी आनी गुजराती ह्यो एका कुटुंबांतल्यो भासो.

कोंकणी लेखनाची पयली वयली कुरू कर्नाटकांतल्या श्रवणबेळगोळाच्या गोमटेश्वरा (बाहुबली)च्या मुळसांत एका शिलालेखाचेर मेळटा. ताचेर देवनागरी लिपयेंतलीं दोन वाक्यां आसात तीं अशीं:

'श्री चावुण्डराजें करवियलें'

'श्री गंगराजे सुत्ताले'

वेल्या शिलालेखाचो काळ इ.सन १११६-१७ असो मानतात. वेले तरेचीं 'करवियलें' सारकीं प्रयोजक उतरां वेल्या वाठारांत रावपी कोंकणी मनीस आज लेगीत उपकारायतात. देखून हो कोंकणीचो पयलो वयलो शिलालेख अशें जाणकार म्हणटात. डॉ. सु.बा. कुलकर्णी हे मराठी जाणकार हे संबंदान कोंकणीची बाजू घेतात. वेले गजालींतल्यान कोंकणी मनशान देवनागरी कोंकणीची सभावीक लिपी म्हूण मानून घेतिल्ल्याचें सिद्धध जाता. वेलो शिलालेख कोंकणी न्हय, तो मराठी अशें कांय मराठी विद्वानांचें मत्त आसा. 'संशोधक' ह्या तीन-म्हयनाळ्या मार्च-जून १९९९च्या जोडआंकांत डॉ. ब्रह्मानंद देशपांडे हें मत मांडटात.

कोंकणी मनशाक कोंकणी भास आनी लिपी हो प्रस्न भावनीक तितलोच्च प्रतिष्ठेचो. १९७५ वर्सा साहित्य अकादेमीन देवनागरी ही कोंकणीची सभावीक लिपी म्हूण मानून घेतली तरी रोमी, कन्नड, मलयाळम आनी थोड्याभोव प्रमाणांत अरबी लिपयेंत कोंकणीची साहित्यनिर्मणी जाता.

पुर्विल्ल्या काळांत दर्या देगेक लागून अरबी लोकांचो संबंध कोंकणा कडेन आयलो. हे लोक वेपार धंद्या निमतान कोंकणांत येताले. ह्या लोकांची 'पर्सो-अरेबिक लिपी' कोंकणी मनशांनी आपणायली. कर्नाटकांतले नवायत मुस्लीम कोंकणी भास बरोवंक ही लिपी आयजूय वापरता. इकराव्या शेंकड्यांत कदंब राजवटींत कोंकणींतलीं कांय कुटुंबां कर्नाटकांत पावलीं तेन्ना तांणी कन्नड लिपयेचो कोंकणी खातीर पयलो वयलो वापर केलो. तेराव्या शेंकड्यांत उद्देग धंद्या निमतान केरळांत पाविल्ल्या कोंकणी मनशांनी कोंकणी भाशे खातीर मलयाळम लिपी आपणायली.

१५१० वर्सा पुतुगेजांनी गोंय घेतकच, जेज्वीत धर्मगुरूंनी कोंकणीचो साबार आंगांनी अभ्यास केलो. तांच्या यत्नांक लागून आशिया खंडांतलो पयलो वयलो छापखानो रायतूरा ६ सप्टेंबर १५५६ दिसा सुरू जालो. हो छापखानो सुरू करतना तांकां देवनागरी लिपयेचे खिळे घडोवपी एकूय जाणकार मेळ्ळो ना देखून तांणी ही भास बरोवंक रोमी लिपयेचो वापर केलो.

कोंकणींतलें पयलें वयलें पुस्तक 'दौत्रीन क्रिस्तां' १५५६ वर्सा उजवाडाक आयलें. रोमी लिपयेंतल्या ह्या पुस्तकांत खिस्ती धर्मतत्त्वाची शिकवण सांगल्या. हाचो लेखक आंद्रे वाझ आसुंये अशें त्या काळांतले विद्वान मानतात. आज ही प्रत मेळना. आज उपलब्ध आशिल्ली प्रत फादर थॉमस स्टीफन्साची आसून ती रायतूरच्या छापखान्यांत १६२२ वर्सा छापिल्ली. देवनागरी लिपयेंतली कोंकणी स्वामी चक्रधरांच्या 'लिळाचरित्रां'त खूब प्रमाणांत दिश्टी पडटा. मो. दालगादान १९व्या शेंकड्यांत देवनागरीचो वापर कोंकणी-पुतुगेज शब्दकोशांत केला. आर्विल्ल्या काळांत (२०वो शेंकडो) देवनागरी लिपयेंत भरींव बरप करून तिका प्रतिष्ठा जोडून दिवपाचें श्रेय शणै गोंयबाबांक वता. तांचें 'गोंयकारांलो मुंबैकार' १९१० वर्सा उजवाडाक आयलें. तांच्या प्रभावान पुराय विसाव्या शेंकड्यांत कोंकणी साहित्यिकांनी देवनागरी लिपयेंत भोव मोलाची भर घाल्या.

लिपी आनी नाद

लिपयो तीन तरांच्यो आसतात:

१) एका उतराक एक कुरू दिवपी **शब्दीक** लिपयो.

२) एका अक्षराक – नादा पुंजुल्याक एक कुरू दिवपी **अक्षरीक** लिपयो.

३) एका नादाक एक कुरू दिवपी **वर्णीक** लिपयो.

पुर्विल्ल्यो चित्रलिपयो शब्दीक लिपीगटांत मोडटात. असले लिपयेंत एका उतराक एक कुरू (चित्र) आसताली. पुर्विल्ले चिनी लिपयेंत ८००० कुरवो आसल्यो. तातुंतल्यो १५०० सामान्य वेव्हारा खातीर गरजेच्यो. सद्द्या ह्यो कुरवो चिनी लोकांनीं साद्यो आनी सोंप्यो केल्यात तरी आर्विल्ल्या लिपयां भितर तिका सगळ्यांत कठीण मानतात.

नागरी लिपी अक्षरी लिपी. तिच्या एका अक्षरांत एक वा एका परस अदीक नाद आसपावतात. देखीक, क, ख, ग, घ ही एक एक कुरू म्हळ्यार दोन दोन नादांचें एक एक अक्षर – क् + अ = क; ख् + अ = ख; ग् + अ = ग; घ् + अ = घ आदी.

रोमी लिपी वर्णीक लिपी. वर्णीक लिपयेंत एक कुरू एकूच नाद दाखयता. देखीक आशा हें उतर देवनागरींत दोन अक्षरी पूण तें रोमी लिपयेंत बरोवंक Asha अश्यो चार कुरवो लागतात.

आर्विल्ली स्वन लिपी: नादविज्ञानाचो सोद

१८८६ वर्सा फ्रान्स, जर्मनी, ब्रिटन आनी डॅनमार्कच्या नादविज्ञानिकांनी International Phonetic Association (IPA) ही संस्था स्थापली. हे संस्थेन मुखार भासविज्ञानाक अंतरराष्ट्रीय स्वनलिपी – International Phonetic Alphabet ही 'एक नाद – एक कुरू' ह्या तत्त्वाचेर उबी आशिल्ली लिपी दिली. आज हे लिपये भितर संवसाराच्या सगळ्या भासांचे नाद अचूकपणान चितारपाची तांक आसा.

संगणक आनी लिपी

सुरवेचे संगणक निखटे रोमी वर्णमाळ आनी लिपी वापरताले. आतांचे संगणक खंयचीय भारतीय भास आनी लिपी वापरूंक शकतात. प्रत्येक भारतीय भाशेक वेगळी वेगळी लिपी आशिल्ल्यान दर एक फावट नवी लिपी हाताळटना नव्या प्रोग्रामांत वचचें पडटा. ही अडचण कडेक काडूंक भौ. शरद स. जोशी हांणी 'एकस्तरीय देवनागरी लिपये'ची नवी कल्पना मांडल्या. तांचे कल्पने प्रमाण देवनागरी लिपी आशिल्ल्यो संस्कृत, मराठी, हिंदी, कोंकणी, नेपाळी ह्यो भासो, देवनागरीक खूब लागीं आशिल्ली गुजराती आनी देवनागरी लिपये कडेन लागिंचें नातें दाखोवपी बंगाली बी लिपयो एकाच 'की बोर्डा'र बसोवं येतात. ताका लागून ह्या भासांच्या लिपयांक कांय बंधनां आपणावचीं पडटलीं तीं अशीं—

१) देवनागरीच्या ३६ व्यंजनां मदलीं ख, ग, ण, श आनी र हीं व्यंजनां रुपां बदलून बरोवप. देखीक, 'ख' व्यंजनांत 'र' आनी 'व' हीं दोनूय रुपां आशिल्ल्यान तातूंतलें अशास्त्रीयपण तोडून 'ख' 'ब' वरी बरोवप.

२) ग, ण आनी श हीं अक्षरां [illegible] , [illegible] आनी [illegible] अशीं बरोवप. र हें व्यंजन [illegible] अशें बरोवप.

३) ङ, ञ, ऋ, लृ हीं स्वर-व्यंजनां संगणका पुरतीं काडून उडोवप.

४) सद्याची देवनागरी लिपी त्रिस्तरीय आसा. देखीक, पुणें हें उतर बरोवंक 'प'क सकयल उकार लागता, तर 'णें' बरोवंक 'ण'चेर आडी लागता. हेंच रोमी लिपयेंत 'Pune' एकाच स्तरांत चार कुरवांनी बरोवन पुराय जाता. एकस्तरीय देवनागरी लिपयेंत 'पुणें' हें उतर प३णॅ३ ह्या स्वरुपांत बरयतले. एकस्तरीय रुपाक लागून देवनागरींत उतरांचें रूप आनी वळिंची संख्या वाडटली. इंग्लेज भाशेंतूय अशेंच घडटा. देखीक, 'Rough' हें पांच कुरवांचें इंग्लेज उतर 'रफ' ह्या दोन देवनागरी कुरवांत बरोवन पुराय जाता.

एकस्तरीय देवनागरी लिपी खातीर श्री. शरद जोशी हांणी जी बाराखडी रचल्या तातूंत क ची बाराखडी अशी आसा: क (क) का (का) का\ (कि) क१ (की) क६ (कु) कw (कू) क३ (के) कए (कै) कL (को) कE (कौ) .क (कं) कः (कः) (आकृताय ५).

एकस्तरीय देवनागरी लिपींतली
'क'चे बाराखडिची एक देख
(आकृताय ५)

क(क), का(का), का(कि), कन(की), कळ(कु), कw(कू), का(के), कए(कै), कL(को), कE(कौ), .क(कं), कः(कः)

५) देवनागरींत क्ष, ज्ञ, ऋ, श्र, त्र आनी ॐ हीं स्वतंत्र अस्तित्व आशिल्लीं व्यंजनां आसात तशीं बरोवप.

६) क्र, कृ, र्क, कॅ, क्क आनी हे तरेचीं जोडाक्षरां उतरांत येतात तेन्ना क, ϲक, ∩क, ∪क, व्क हे तरेन बरोवप.

७) 'ष्टा' हे धर्तेचें जोडाक्षर '.ष्टा' अशें बरोवप.

८) त्र हें अक्षर त्त अशें बरोवप.

वयले लिपयेची कल्पना घडयतना भौ. शरद स. जोशी हांचे मुखार मराठी भास आसली. कोंकणीची सभावीक लिपी देवनागरी आशिल्ल्यान कोंकणी एकस्तरीय देवनागरी लिपयेंत बरोवप व्हडलेंशें कठीण न्हय. ताची देख म्हूण फुडलें वाक्य घेवं येता.

''गणपतिचो आंकडो दर वर्सा वाडत गेला, पूण भटांचो वाडूंक ना. देखून कोण शीण काडिनात.''

[illegible]
[illegible]

वेले लिपयेंत मुळावे अवस्थेंत जायतीं उणेपणां आसात. देखीक 'ख' 'ब' वरी बरयलें तर 'ब' कशें बरोवप हाची फोड भौ. जोशी हांणी करूंक ना. तरी तांच्या यत्नांक दाद दिवंक जाय. वेली तजवीज देवनागरी लिपयेचे समर्थक मानून घेत व्हय? तशें घडना जाल्यार गिरेस्त परंपरा आशिल्ली लिपी काळाच्या पड्ड्या आड वचपाची शक्यताय चड आसा. कारण २१व्या शेंकड्यांतलें बरोवप पेन, कागद आनी पुस्तका परस संगणका भितर चड बंदिस्त उरतलें.

[गोंय विद्यापिठाच्या एम्.ए.च्या अभ्यासक्रमाचो वांटो म्हूण भासविज्ञानाच्या पेपरांत भेटयल्लो निबंध.]

आदारावळ

१. प्राचीन भारतीय लिपीमाला – रायबहादूर पंडीत गौरीशंकर हिराचंद ओ (मराठी अणकार १९७७) साहित्य अकादेमी प्रकाशन. अणकारपी: डॉ लक्ष्मीनारायण भारतीय.
२. कोंकणी विश्वकोश, खंड १ आनी २, गोवा विद्यापीठ, ताळगांव.
३. भासाभास, माधवी सरदेसाय, जाग प्रकाशन, १९९४.
४. कोंकणी नादशास्त्र, शणै गोंयबाब, गोमंतक छापखानो.
५. कोंकणिची व्याकरणी बांदावळ, शणै गोंयबाब, गोमंतक छापखानो.
६. कोंकणी सरस्पतिचो इतिहास, डॉ. ओलीविन्यू गॉमीश, कोंकणी सरस्प प्रकाशन.

ते भायर, संशोधक, मार्च-जून जोडअंक, १९९९, अमृत, नवहिंद टायम्स, मे १९९३ आनी २० ऑगॅस्ट १९९९, तरूण भारत, मे १९९३, महाराष्ट्र टायम्स, २३ ऑगस्ट, १९९९.

❀ ❀

☐ एकलो विचारता —

म्हाका एक धूव आसा. अपुर्बायेची. तिचें घर खंयचें? म्हगेर ती दुसऱ्यांलें धन म्हूण जल्माक आयल्या. फाल्यां लग्न ज दुसऱ्यागेर वतली. तागेर तरी ती तिगेल्या घरांतली जातली? ही दुसऱ्या घरांतल्यान आयिल्ली अशें घोव आनी ताचे घरचीं स म्हणटलीं. फुडें पुतागेर वचून रावपाचो प्रसंग तिचेर येवं येता. तेन्ना, पुताच्या घरांत तरी ती 'आपणाल्या घरांत' पावतली? बा घरूच ना. बापायगेर परकी. घोवागेर परकी. पुतागेर परकी. चली मनीस खंयूय वचूं, सगळे कडेन परकी. तिचें घर खंयचें, सांग व्हय म्हाका?

☐ दुदाचें सारतत्त्व तुपांत येता. पुणून तूप म्हळ्यार दूद न्हय. फुलाचें सारतत्त्व अत्तरांत येता. पुणून अत्तर म्हळ्यार फूल न्हय.

जिणेंत कुडी परस प्राणाक म्हत्व चड. प्राणा परस चड चित्ताक म्हत्व. चित्ताचें सारतत्त्व बुद्दींत येता आनी आत्मो तर बु पेल्यानचो. पुणून, एक विसरूंक फावना —

जिविताचें सारतत्त्व आत्म्यांत आयिल्लें आसलें, आत्म्याक लागून परमात्मो आमच्या काळजांत येवन बसूंक पावता जालो जिवीत म्हळ्यार आत्मोय न्हय, परमात्मोय न्हय. आत्मो होगडावन जियेवप म्हळ्यार 'महत हानि', 'महती विनष्टि'. खरें. निखट्या आत्म्यांत पुराय जिवीत येना.

— काकासाहेब काले

पांथस्थ कांय प्रस्न

अना म्हांबरो

> रवीन्द्रबाब फोंड्यांत तीन वर्सां उरले. तांकां ते 'भांगराचीं वर्सां' म्हणटात.
>
> – रुप्याचीं वा पितुळचीं कित्याक म्हणिनात ? भांगर, रुपें आनी पितूळ हांचे त्या वेळा वयले दर सांगात.
>
> 'कोंकणी भाशेचें जैत' पुस्तक हातांत पडनाफुडें रवीन्द्रबाबांच्या तोंडांतल्यान 'हे राम' हीं उतरां आयलीं.
>
> – कित्याक आयलीं ?
>
> – 'गांधी' सिनेमांत हीं उतरां कोणाच्या तोंडांतल्यान केन्ना आयकूंक येतात ?

रवीन्द्रबाब केळेकार हे एक ...चारवंत.
... ते सतत चिंतन करतात आनी ...यतात. बरपांत ते आपले विचार ...डटात. केन्ना केन्नाय डायरेच्या ...यांत, केन्ना केन्नाय मुलाखतिच्या ...ान, केन्ना केन्नाय निबंधाच्या वा ...पणाच्या रुपान.

... एके वटेन पळेल्यार विचारवंतांचें बरें ...सता. विचार मांडटना तांकां धरबंध ...सता. ते विचार मांडीत आसतात ...नी ते समजून घेवप्याक आपले ...वती प्रमाणें समजून घेवचे पडटात. ...का लागून विचारवंतांचे सगले विचार ...ल्यांक सारके समजतातूच अशें ना.

... नाय जाल्यार विचारवंतांचो पांवडो खूब ऊंच आसता. तांची विचार ...डपाची शैलीय तांचे कालेतीक सोबशी आसता.

... रवीन्द्रबाबांची विचार मांडपाची शैली सुरबूस. गोपाळ कृष्ण गोखले जे ...धतीन गणितां सोडयताले अशें म्हणटात, ते पद्धतीन रवीन्द्रबाब विचार ...डटात.

... रवीन्द्रबाबांली कांय श्रद्धास्थानां आसात. तातूंत गांधी, टागोर, ...हेया, काकासायब कालेलकार बी येतात. हांचेर ते आदरान, आनी वेळ ...ल्यार, भक्तिभावान बरयतात. निदान वाचप्यांक तसो भास जावं येता. ... तर ह्या मनशांचे दोश तांकां दिसनात, वा दिसलेय जाल्यार ते ...नात. ही गजाल अदीक करून गांधींचे बाबतींत जाता.

...वीन्द्रबाबांलो एक विशेश म्हळ्यार, विचार मांडटना ते वाचप्यां परस ... सपणां वयर बसून आपणाले विचार मांडटात. हेर गोंयकारां वरी ते ... सांगतां तें तूं आयक' अशें वाचप्यांक सांगनात. पूण तांगेल्या बरपाचो ... असो की ते विचार मांडटना अशे तरेन मांडटात की तांगेल्या कागदा ... उतरांतल्यान वाचप्याक – बारीक कान लायल्यार – 'हाचेर तुका ... सांगूंक वाव ना' असो आवाज आयकूंक येतलो.

...र एका विचारवंताचे आवडिचे म्हूण कांय विशय आसतात. ताचेर तो ...कारवाणीन बरयता. हेर विशयांचेर तो आपणाक त्या त्या वेळार जें ... दिसता तें बरयता. रवीन्द्रबाबांक तुमी अशें कित्याक करतात अशें विचारशात जाल्यार ते आपली आपूण मुलाखत घेवन तांतल्यान जाप दितले, ''हांव जीवनवादी !'' तात्पर्य कितें ? जिणेक स्पर्श करता त्या सगल्या विशयांचेर ते बरयतात.

दुसरें तात्पर्य अशें : खंयच्याय विचारवंताक आपले विचार मांडपाचें जें स्वातंत्र्य आसता तें तांकांय आसा आनी ते तें पुरायेन घेतात.

हालीं रवीन्द्रबाबांलीं तीन पुस्तकां हातांत पडलीं. १) **घुस्पल्लें जानवें,** २) **ओथांबे,** आनी ३) **पांथस्थ.** हांतलें पयलें पुस्तक म्हाका बरें लागलें ना. दुसरें सुरबूस लागलें – तांतले कांय विचार पटले नात तरीय. तिसरें पुस्तक – **पांथस्थ** – अदीक बरें लागलें. कारण ती आत्मकथा दिसली जाल्यार आत्मकथा न्हय म्हूण आनी तातूंत गोंयचे सुटकेच्या झुजाचो इतिहास आसलो तरीय तो झुजाचो इतिहास न्हय म्हूण (हीं उतरां रवीन्द्रबाबांलींच). ह्या पुस्तकांत खुबशा लोकांचीं नांवां आयल्यांत तांणी वा त्या काळा वयल्यो घडणुको जांकां खबर आसात तांणी तांतले माहितिचे गूण-दोश दाखोवपाचे. तें काम आमचें पामरांचें न्हय.

'पांथस्थ' वाचून म्हज्या मनांत कांय प्रस्न उप्रासले. कांय अर्थ नाशिल्ले (अमिताभ बच्चन टी.व्ही. वयले 'कौन बनेगा करोडपती' हे कार्यावळींत वांटो घेवपी लोकांक विचारता तसले), कांय, भुरगे फेल जावंचे म्हूण शाळा मास्तर परिक्षेक कठीण पेपर काडटात आनी तातूंत घालतात तसले.

ह्या लेखांत हे प्रस्न म्हजे पद्धतीन मांडपाचो यत्न केला. आदीं रवीन्द्रबाबांलें म्हणणें मांडटां. उपरांत म्हज्या मनांत उपराशिल्लो प्रस्न मांडटां. जापो वाचप्यांनी दिवपाच्यो.


रवीन्द्रबाब म्हणटात, तांगेल्या जाण्टेल्यांचो 'केळमे रोवप, घडावलीं काडप, गांवांतलीं हेरांलीं घडावलीं विकतीं घेवप आनी तीं भाणस्तारे व्हरून विकप हो मुखेल धंदो.' म्हूण लोक तांकां केळेकार म्हूण पाचारपाक लागले. कांय काळान केळेकार हेंच आडनांव तांकां दसलें.

हाचेर प्रस्न उपरासता तो असो की केळेकारांनी केळ्यां बदला आंब्यांचो धंदो केल्लो जाल्यार तांकां आंबेकार हें आडनांव पडटलें आसलें? पणसांचो धंदो केल्लो जाल्यार लोक तांकां पणसांकार म्हणटले आसले? (अशें जाल्लें जाल्यार कोंकणी साहित्यांत जळींमळीं केळेकार दिसतात ते बदला आंबेकार, तोरांकार, घोंटांकार, आंबलेकार, पणसांकार, कुंवलेकार दिसतले आसले.)

रवीन्द्रबाब मुखार म्हणटात, 'म्हज्या आज्याचे पिळगेंतल्या कांय केळेकारांक जे छंद लागिल्ले ते खावन पिवन सुखी भाटकाराच्या भुरग्यांक लागतात तसले आसले.'

वाचप्यांक प्रस्न: खावन पिवन सुखी भाटकारांच्या भुरग्यांक कसले छंद लागतात? ह्या छंदांची म्हायती आमसाण तिखसाण लावन दियात.

रवीन्द्रबाबांक तांगेल्या बापायन 'चंद्रकान्त' नांव दवरिल्लें. तांच्या आज्यान (लिंगुबाब दळवी हांणी) चंद्रकान्ता बदला तांकां रवीन्द्र नांव दवरलें. आनी तेंच तांकां दसलें.



– रवीन्द्रबाबांक रवीन्द्रा बदला चंद्रकान्त नांव पडिल्लें जाल्यार कोंकणीवाद्यां भितर सध्या जीं धुमशेणां चल्ल्यांत तीं वाडटलीं आसलीं काय उणीं जातलीं आसलीं?

– चंद्रकान्त नांव आशिल्ल्या मनशांचे गूण आनी दुर्गूण सांगात.

दीवाक आसतनाच्यो खबरो सांगतना रवीन्द्रबाब दोतोर शिकीत कार्दोझ आनी तेनेन्त एंर्रिकीश् हांच्या खडेगांत झगड्याचें वर्णन करतात. तेनेन्त दोतोराच्या पोल्यार सणसणीत थापटां फुलयता आनी दोतोर दर खेपेक दुसरो पोलो मुखार करता. निमाणे कडेन तेनेन्तिची गाळ आयकतूच तो 'मूयतु ओब्रिगादु' म्हणटा. ही खबर सांगून रवीन्द्रबाब म्हणटात: 'शिकीत कार्दोझ त्या दिसा म्हज्या दोळ्यां मुखार गरगर करून वाडून मळबाक तेंकिल्लो.'

– मनीस खरोच असो गरगर करून वाडून मळबाक तेंकूंक शकता? काय रवीन्द्रबाबांक तसो भास जाल्लो?

– 'हात मळबाक तेंकले' हे म्हणणेचो अर्थ सांगात.

उपरांत रवीन्द्रबाब गोंयां परततात. त्या वेळच्या गोंयचें हें वर्णन वाचात: 'पांचवोचार वाटार, तांबडी गूंज माती, निळेंशार मळब, धवींफुल्ल कुपां.'

– हें वर्णन गोंयच्या खंयच्या वाटाराक लागू पडटा?

– रवीन्द्रबाबांनी केल्यांत तसलीं उतरांचीं गांठवलां करात. 'हळडुवो ताल्ल बेबो' पद्धतिचीं...

ते आदीं एके कडेन रवीन्द्रबाब म्हणटात: 'त्या वेळचे म्हजे उगडास... चुन्नां, चारां, काण्णांचे, बिब्यां म्हुट्ट्यांचे, आंब्या पणसांचे, तोरंगां अनसांचे. गोंयच्या सैमा कडेन त्या वेळार लक्ष वचूंक नाशिल्लें.'

– ह्या बरपांतलो विरोधाभास दाखयात. चुन्नां चारां काण्णां हो सैमाचो वांटो हय काय न्हय? न्हय जाल्यार कारणां सांगात.

उपरांत रवीन्द्रबाब फोंड्यां आल्मैद कुलेजींत शिक्षणा खातीर वतात. त्या वेळच्या फोंड्याचें वर्णन करतना म्हणटात: 'गोंयांत सत्ययुग चलतालें मुस्तींतलें हें फोंडें.'

– रवीन्द्रबाबांलो जल्म सत्ययुगांत जाल्लो हाचेर तुमचो विस्वास बसता

– तसो तो जाल्लो अशें गृहीत धरलें जाल्यार रवीन्द्रबाबांची सध्या पिराय कितली आसतली?

त्या वेळच्या फोंड्याच्यो खबरी सांगतना रवीन्द्रबाब म्हणटात: '...दे रुपयांक शंबर मानकुराद आंबे आनी एका आण्याक बारा बांगडे मेळटाले. खानावळींत जेवंक वतालों. म्हयन्या सात रुपये. दोनूय वेळचें जेवण. जा तितलें जेव.'

– रवीन्द्रबाब तेन्ना दिसपट्टे कि बांगडे खाताले हें अदमासान सांगात

रवीन्द्रबाब तेन्ना बव्यांले ब्राह्मणां च्या घेताले. थंय कितें मेळटालें? 'दोन पयशांचो शिरो, दोन पयशांची भजीं, दोन पयशांचो च्या... रुपयो खर्चून खर्चनासलो.'

– रवीन्द्रबाबांच्या त्या वेळच्या म्हयन्याच्या खर्चाचो हिशेब दियात

रवीन्द्रबाब फोंड्यांत तीन वर्सां उरले. तांकां ते 'भांगराचीं वर्सां' म्हणटात.

– रुप्याचीं वा पितुळचीं कित्याक म्हणिनात? भांगर, रुपें आनी पि हांचे त्या वेळा वयले दर सांगात.

'कोंकणी भाशेचें जैत' पुस्तक हातांत पडनाफुडें रवीन्द्रबाबांच्या तोंडांतल्यान 'हे राम' हीं उतरां आयलीं.

– कित्याक आयलीं?

– 'गांधी' सिनेमांत हीं उतरां कोणाच्या तोंडांतल्यान केन्ना आयकूं येतात?

रवीन्द्रबाबांलो एक इश्ट दत्तारामबाब सुखठणकार. तांचे विशीं बरय ते म्हणटात: 'दत्ताराम पिरायेच्या हिसपान मॅच्युअर, 'दत्तारामाची तक एकाच वांगडा धा दिकांनी धांवपी', 'असल्या प्रसंगार दत्तारामाची तक बरी काम करताली.'

– 'दत्तारामबाब आनी तांची तकली' ह्या विशयाचेर साडे-सतरा वळिंचो एक वैचारीक निबंध बरयात. पयल्या परिच्छेदांत तांचे तकले लांबाय, रुंदाय आनी खोलाय हांचेर भर दियात.

– गोंयांत मॅच्युअर तकल्यो कितल्यो आसूं येतात हें निमाणें खानेसुमारिच्या आधारान सांगात.

रवीन्द्रबाबांलो दुसरो इश्ट नर्सुबाब सुखठणकार. तांचें हें वर्णन: 'मोटवो, नाजूक, शिडशिडीत, चारचौगांत दिश्टी लेगीत पडनाशिल्लो

– ह्या वर्णनाच्या आधारान नर्सुबाबाचें चित्र काडात.

उपरांत रवीन्द्रबाब म्हणटात: '...एक दीस ताणें शरतचंद्र चटर्जीचें **श्रीकांत** हाडून म्हाका वाचूंक दिलें. **श्रीकान्तान** म्हाका पिशें लायलें.

– 'श्रीकांत' आनी 'श्रीकान्त' हांतलें खंयचें स्पेलींग तुमकां बरें लागता?

भारताचो उदात्त ध्येयवाद समजून घेवपा खातीर रवीन्द्रबाबांनी

पॉंडेचेरीच्या अरविंदांच्या आश्रमाक भेट दिवपाची केली. बापाय कडेन पर्‍ मागले. तांणी ३०० रुपयांची मनीऑर्डर धाडली. ती पळोवन घारुदादान (बापोलयान) म्हळें, 'हो बापुयूच ह्या भुरग्याची वाट लायतलो.'

- रवीन्द्रबाबांले सध्याचे व्याप पळेत जाल्यार घारुदादालीं उतरां खरीं जालीं, अशें तुमकां दिसता?

एक फावट रवीन्द्रबाब विवेकानन्द वाचतात. तांगेलें बरप वाचतकूच 'सचो प्राणवान भुरगो हिमालय मोखून मारपाक फुरफुरून येवंचो ना?' अशें ते प्रस्न करतात.

- 'प्राणवान' आनी 'हिमालय मोखून मारप' ह्या कठीण उतरांचे अर्थ सांगात.

- तुमचे कडेन कोणेंय हिमालय दिलो जाल्यार तुमी तो खंय आनी कसो मोखून मारतले?

शरतचंद्रांचें **विप्रदास** पुस्तक रवीन्द्रबाबांनी २५ खेपो वाचलें आनी ते २ खेपो रडले.

- तांच्या २५वे खेपेच्या रडपाचें प्रात्यक्षीक करून दाखयात.

रवीन्द्रबाबांलीं हीं वाक्यां वाचात:

१. म्हज्यांत भितर **विजेची करंट** सुर्रर करून वचची तशेंशें कितें जातें.

२. पणजेंत दत्तारामाचो रूम **आमचें हेडक्वार्टर.**

- करंट आनी हेडक्वार्टर ह्या उतरांचीं लिंगां सांगात. रवीन्द्रबाबांनी तीं जीं लिंगां दिल्यांत तीं व्याकरणांत बसतात?

रवीन्द्रबाबान एके कडेन एकल्याचें वर्णन केलां: 'ऊंच, बारीक, शिडशिडीत, रुंद कपल, तेजस्वी दोळे आनी मुमुरखो हांसो.'

- हें वर्णन हांचे भितरल्या कोणाक लागता? - १) दत्ताराम सुखठणकार, २) दयानंद बांदोडकार, ३) नर्सू सुखठणकार, ४) विसू लवंदो, ५) सूर्या वाघ.

१९४७ वर्सा रवीन्द्रबाब आशियाई परिशदेक हाजीर रावपा खातीर दिल्लीक गेले. सरोजिनी नायडू अध्यक्षाच्या कदेलार बशिल्ल्यो. तांगेलें आंग सुटिल्लें. 'अध्यक्षाच्या कदेलार आशिया खंडाचो नक्सो जाल्लेवरी त्यो सोबताल्यो', ते बरयतात.

- ॲटलस काडून आशिया खंडाचो नक्सो पळेयात. तातूंत आनी सरोजिनी नायडूंत साम्य कितें आसा तें दोंगर, न्हंयो, तळीं, जंगलां हांचो आधार घेवन सांगात.

केळेकार गोंयचे सुटकेच्या वावरांत घुस्पल्ले आसतना एके कडेन बरयतात: 'घरा गेलों. पुस्तकाच्यो (त्रिशतांव ब्रागांझाच्या) प्रेस कॉपयो बॅगांत पोंदा घाल्यो. वयर म्हजीं खोमसां कालसांवां दाळ्ळीं (सदरो लेंगो अजून घालूंक लागूं नाशिल्लों.)

- रवीन्द्रबाबांलें हें वर्णन वाचून ताच्या आधारान तांचें खोमीस कालसांव आनी वयर घुस्पल्लें जानवें घाल्लें तीन-रंगी चित्र काडात.

सूर्या वाघा संदर्भांत रवीन्द्रबाब एके कडेन बरयतात: कांय जाणां कडेन खिणा पुरतोय संबंद आयलो तरूय तांची छाप काळजांत उरता... अंतरमनांत खंय तरी ते सुवात घेवन बसतात. म्हज्या जिवितांत असले चार-स जाण आयल्यात.

- रवीन्द्रबाबांल्या अंतरमनाचें क्षेत्रफळ (लांबाय x रुंदाय) सांगात.

भुरगेपणांत रवीन्द्रबाबांक घारुदादान 'वाळेस' म्हणिल्लो. आतां तांकां लोक 'गांधीवादी' म्हणटात. खासा ते आपणाक 'जीवनवादी' म्हणटात.

- वाळेस ते गांधीवादी ते जीवनवादी... रवीन्द्रबाबांचे जिणेच्या ह्या प्रवासाचें वर्णन करात.

- वाल्याचो वाल्मीकी जालो तसो वाळेसाचो गांधीवादी जालो अशें दाखोवन एक दोन अंकी संगीत नाटक बरयात. ❀ ❀ ❀



गोंयचो कोंकणी मनीस

नव्या सहस्त्रका निमतान एक खाशेलो म्हायतीपट




संशोधन-पटकथा-दिग्दर्शन आनी निर्मिती


दिलीप बोरकार

जेन्ना संवसार बुट्टी जावपाची आसली, तेन्ना देवान धतरिवेल्या दरेका जिवाचें मोस्त्र बोटीर घालून दवरलें आनी उपरांत पुनरनिर्माण केलें हें तुमकां खबर आसतलें... गोंयचो बाकिचो जीव सुगूर करपाची गरज ना. गोंयकार मनीस सोडलो जाल्यार बाकिचे जिवावळीक आपल्या फुडाराची चिंता आसा. हुसको तो गोंयकारांचो...

देखून आमी म्हळ्यार आमची कंपनी 'गोंयचो कोंकणी मनीस' ह्या विशयाचेर म्हायतीपट तयार करपाचो प्रस्ताव तुमचे मुखार दवरतात.



प्रती
मानादीक मुखेलमंत्री
(ह्या खिणाक जो कोण आसा तो)
गोंय सरकार
सचिवालय (खंयचेंय नवें वो पोरणें)
पणजी / पर्वरी – गोंय



विशय : 'गोंयचो कोंकणी मनीस' हाचेर म्हायतीपट

नमस्कार,

गोंय हे धतरिवेलो एक सोबीत, सुंदर आनी सुपुल्लो वाटार म्हणपाचें तुमकां खबर आसाच. कित्याक तर तुमी आमदार-मंत्री-मुखेलमंत्री जायत सावन धतरिवेले जायते हेर वाटार पळोवन आयल्यात.

हें गोंय पुतुगिज म्हणटात त्या लोकांनी साडे चारशीं वर्सां चलोवपा खातीर आपले कडेन दवरिल्लें. आमचे लेखक जावं हेर बुदवंत साहित्यीक वो कलात्मक भाशेंत उलयतना म्हणटात की गोंय साडेचारशीं वर्सां पुतुगिजांच्या शेकातळा उरलें. म्हळ्यार कितें हें म्हाकाय बरेंऽ खबर ना. कित्याक, इतले शुद्ध कोंकणीची हेर गोंयकारां वांगडाच म्हाकाय संवंय ना. पूण साडेचारशीं म्हणटात तो आंकडो म्हाका कळटा. कित्याक, आयजच न्हय तर मटको सुरू जाल्ल्याक पांच रुपयांचो रेट इतलीं वर्सां सरलीं तरी तितलोच आसा. तेन्ना पांच रुपयांक मेळटाली ती बियर पंचेचाळीस रुपया जाली. पूण म्हारगाय वाडुनय पांच रुपयांक आजून साडेचारशीं रुपया?

सगळ्या गोंयकारांनी साडेचारशीं वर्सां हेंच घट बरें गांठीक मारलां. तें जेन्ना सुट्टलें तेन्ना आपशींच मटक्याचोय रेट बदलतलो. तो बदलना हाचे वेल्यान साडेचारशीं वर्सां हो काळ म्हाका समा दिसना.

गोंयकार तसो पळोवंक गेल्यार कोंतां करपांत फ्राक. इतिहासकार्न डॉ. कुमारी प्रतिमा कामत हांच्या 'फारार फार' ह्या पुस्तकांतल्या आंकड्या प्रमाण तो काळ साडे चारशीं न्हय तर चारशीं वर्सां आनी कितले म्हयने आनी कितले दीस अशें कितें तरी म्हणपाचें कळटा. पूण सर्गेस्त झोतिको द सौज हांणी दिल्लीं वर्सां म्हळ्यार चारशीं पस्तीस वर्सां, स म्हयने आनी चोवीस दीस हो काळ अचूक दिसता. कित्याक तर ह्या काळाक डॉ. नंदकुमार कामत हांणी सोडाच खुद्द सुटके झुजाऱ्यांनी लेगीत आजून आक्षेप घेवंक ना. ते भायर गोंयचो कारभार सारकींच मेजून साडेचारशीं वर्सां चलोवंक पुतुगिज म्हळ्यार गोंयचे पसरकार न्हय.

खरें सांगपाचें म्हळ्यार गोंयकारांक कोंत जमना. देखून तांणी साडेचारशीं वर्सांचो काळ दाडेक धरला. तरी हालींसराक गोंयकार मटक्याच्या धर्मान कोंतां जुळोवंक लागल्यात. सत्तरींतलो शामळू लेगीत आतां तो काळ कितलो हाची अचूक जाप दिवंक लागला.

इतलो काळ पुतुगिजांनी चलोवंक घेतिल्लें आमचें गोंय, कोणें तरी तें पुतुगिजांच्या शेकातळा उरलां अशें म्हणिल्ल्यान ताचो वेगळोच अर्थ काडून, सुटके झुजारी वा स्वातंत्र्य सैनीक वा फ्रिडम फायटर अशा वेगवेगळ्या नांवांनी फामाद आशिल्ले थळावे जमातीन पुतुगिजां कडल्यान मागून घेतलें आनी तें तुमचे कडेन सोंपयलें.

खरें म्हळ्यार हे जमातींतल्या कांय फुटिरांनी तें महाराष्ट्रा कडेन सुपूर्द करपाचो निर्णय घेवन तशी तयारी दाखयली. तेन्ना कांय बुदवंतांनी 'तांचे कडेन नाका, तांचे कडेन नाका' म्हूण बोब मारली. (आयजूय ते आत्र्या मयन्यान तशीच बोब मारतात. मागीर ती सरकार चलोवंक सोदतल्यां आड आसूं वो खंयचीय संस्था चलयतल्यां आड आसूं.)

महाराष्ट्रांतल्या चव्हाण, पवार, नाईक बी लोकांलागीं गोंय चलोवंक दिवचे परस तें तुमचे कडेन चलोवंक दिल्यार सुगूर उरतलें असो हांकां दिस्टावो जाल्ल्यान ते वचून नेहरूक मेळ्ळे आनी नेहरून जनमत कौल दिलो. आतां तुमी गोंय कौलाक काडलां.

उपरांत फाटल्या चाळीस वर्सां मदलीं कांय वर्सां बांदोडकारान आनी शशिकलेन गोंय महाराष्ट्रा कडेन दिवपाचें सपन भंगलें म्हूण महाराष्ट्रांतले लोक हाडून गोंय चलोवंक सुरवात केली. तेन्ना तुमी गोंय आमी चलयतले म्हूण मुखार सरून शशिकले कडल्यान गोंय काडून घेतलें. आनी मागीर तुमी तें आलटून पालटून समर्थपणान चलयलें. आजून चलयतात. पूण हातूंत एक गजाल घडली ती म्हळ्यार, शशिकलेच्या आनी बांदोडकाराच्या रागान, तांणी महाराष्ट्रांतले लोक हाडले म्हूण तुमी आंध्र, केरळ, कर्नाटक, उडिसा हांगच्यान लोक हाडले. हाका लागून तुमकां गोंय चलोवंक मेळचें म्हूण ज्या मुळाव्या गोंयकारांनी म्हळ्यार कोंकणी मनशांनी तें सुगूर दवरलें तो गोंयचो मनीस मात इल्लो इल्लो ना जायत चल्ला. राष्ट्रीय प्रवाहांत गेल्ल्या गोंयांत ताका आतांच सोदचो पडटा. फुडाराकूय ही गती अशीच चालू उरतली आनी कांय दिसांनी कोंकणी मनीस आनी ताची भास मोस्त्राक आनी वखदाक मेळचिंनात. तेन्ना असलो हो मनीस कसो आशिल्लो आनी ताची भास कशी आशिल्ली हें कांय वर्सांनी फुडले पिळगेक कळप कठीण वतलें.

हाचें म्हत्व तुमकां आतां कळ्ळेंना तरी पन्नास वर्सां उपरांत तरी कळटलेंच. इंग्लेज उलोवन उलोवन गोंयकार थकतलो आनी ताका मागीर आपले मायभाशे खातीर झगडचेंशें दिसतलें. गोंयकार हो मुळांत चळवळी म्हळ्यार झगडाळ जाल्ल्यान आनी झगडपा खातीर ताका भास सोडून आनी दुसरो खंयचोच विशय नाशिल्ल्यान तो कोंकणी खातीर रस्त्यार येतलोच येतलो. तेच वांगडा आंध्र, केरळ, कर्नाटक, पंजाब, महाराष्ट्र, यु.पी. हांगाच्यान आयिल्ले लोक आनी तांची संस्कृताय हांचे मदीं गोंयकार मुळांत कसो दिसतालो हें पळोवपाची आनी ते प्रमाण 'फॅन्सी ड्रॅस' सर्तींत 'गोंयकार' जावपाची कूय एखाद्र्या गोंयकाराक येवं येता.

ह्यो सगळ्यो फुडाराच्यो गरजो तुमी मुखेलमंत्री आशिल्ल्यान सुगूर करून दवरप गरजेचें. जेन्ना संवसार बुट्टी जावपाची आसली तेन्ना देवान धतरिवेल्या दरेका जिवाचें मोस्त्र बोटीर घालून दवरलें आनी उपरांत पुनरनिर्माण केलें हें तुमकां खबर आसतलें. हांगा तुमकां गोंयचो बाकिचो जीव सुगूर करपाची गरज ना. गोंयकार मनीस सोडलो जाल्यार बाकिचे जिवावळीक आपल्या फुडाराची चिंता आसा. हुसको तो गोंयकारांचो. तातुंतले मोस्त्र सांबाळप तुमकां कठीण पडपाचें ना. कित्याक, आमचे

सारके म्हायतीपट तयार करपी चतुर निर्मति गोंयांत तयार जायत आसात.

देखून आमी म्हळ्यार आमची कंपनी 'गोंयचो कोंकणी मनीस' ह्या विशयाचेर म्हायतीपट तयार करपाचो प्रस्ताव तुमचे मुखार दवरतात. ह्या म्हायतीपटाक येवपी खर्च मारियो काब्राल वो बोनिफास डायस ह्या निर्मात्यांनी आयजवेर व्हेल्ल्या दुडवां परस कितलोसो उणो आसा. हांवें ह्या प्रस्तावा वांगडा दिल्ल्या खर्चांत धा टक्के वाड केल्या ती अधिकारी, मंत्री आनी हेरांच्या विड्यां खातीर हाची नोंद घेवंची.

आमी तुमकां थोड्या खर्चांत एक बऱ्या पांवड्याचो म्हायतीपट तयार करून दिवं. जो तुमी गरज पडल्यार म्हायती खात्याच्या फिल्म फेस्टिवलांत दाखोवंक शकतले. दर दोन वर्सांनी गोंय सरकार चित्रपट महोत्सव घडोवन हाडटा. तातूंत फाव तितल्यो प्रवेशिका येनात. तेन्ना भारताच्या राष्ट्रपतीक आपल्या दूरदर्शन केंद्रा मार्फत ह्या महोत्सवांत वांटो घेवचो पडटा. दूरदर्शन, आकाशवाणी हांची निर्मिती राष्ट्रपती वतीन जाता हें तुमी जाणाच. ना जाल्यार खंयच्याय कलाकारा कडलें करारपत्र घेवन वाचचें. ह्या महोत्सवांतले पुरस्कार राष्ट्रपतीन व्हरचे परस ते तुमकां मेळ्ळ्यार तुमचोय फायदो आनी म्हजेंय नांव जातलें.

कोंकणी मनशान केल्ल्या त्यागाक लागून तुमी सत्ता भोगूंक पावले हाचें भान तुमकां आसा. ते उपकार पावोवपाची तुमकां ह्या म्हायतीपटा वरवीं संद मेळटा. तेन्ना हाचेर बेगोबेग निर्णय घेवंचो. तुमचे म्हायती खातीर ह्या प्रस्तावा वांगडा म्हायतीपटाची थोडे भितर पटकथा जोडल्या.

बरें मागून,

तुमचो,
निर्माती

गोंयचो कोंकणी मनीस
(पटकथा)

दृश्य एक

गोंयच्या नकशाचेर पेडणें ते काणकोण आनी सत्तरी ते मुरगांव मेरेन कॅमेरो भोंवता आनी कोंकणी मनीस जंय आसा, म्हळ्यार, पोटतिडकेचो कोंकणी मनीस जंय रावता थंय तांचे पोटतिडके प्रमाण दर्जो थारावन तांबडी, पांचवी वो हळडुवी लायट दाखोवन पीक पीक करता. देखीक पेडण्यां उदय देशप्रभू, शशिकांत पुनाजी आनी जितेंद्र देशप्रभू आसात. कॅमेरो जेन्ना पेडण्यां म्हालाचेर भोंवता तेन्ना उदय देशप्रभूचे सुवातेर तांबडी पीक पीक लायट पेट्टली. शशिकांत पुनाजीचे सुवातेर पांचवी जाल्यार जितेंद्र देशप्रभूचे सुवातेर हळडुवी. तशेंच, काणकोणचे कोंकणी मनीस दाखोवंक आर.बी.एस. कोमारपंताचे सुवातेर तांबडी, उल्हास पै भाटीकाराचे सुवातेर पांचवी जाल्यार कमलाकर म्हाळशीचे सुवातेर हळडुवी. ह्यो लायटी बारीक स्वरुपांत आसतल्यो.

पोटतिडकेच्या कोंकणी मनशाचो वाटार निश्चित करपा खातीर मातशे मोठे दिवे आसतले. तांचोय रंग तांबडो, पांचवो आनी हळडुवो आसतलो आनी तेय वयर सांगिल्ले प्रमाणेंच पीक पीक जावन पेट्टले. देखीक, मडगांव, सांवड्डें बी वाटार तांबड्या दिव्याचे. काणकोण, म्हापशें बी पांचव्या आनी वास्को दिवचल बी हळडुव्या कोराचे लायटिचे. अशें दाखयल्ल्यान खंयचो वाटार कमी अदीक पोटतिडकेच्या कोंकणी मनशाचो हें फुडाराक हो म्हायतीपट पळेतल्यांक स्पश्टपणान कळून येतलें. (हांगा बजेट आनी सरकाराची अवतिकाय जाणून घेवन गोंय दाखोवपा खातीर कॅमेरो गोंयच्या मॅपाचेर भोंवडायला. खरें म्हळ्यार सरकाराचो गोंयावेलो मोग पळोवन हें चित्रण मळबांतल्यान हॅलिकॉप्टरा वेल्यान करूंक जाय आशिल्लें. असले एरियल शॉट्स आनी बर्डस् आय व्ह्यू शॉटस् घेतिल्ले जाल्यार म्हायतीपट प्रॉफेशनल जावपाचो. पूण लुइझीन फालेरोचें हॅलिकॉप्टर अजून येवंक ना आनी भाड्याचें घेतलों जाल्यार ते वराक पन्नास हजार चार्ज करतात. सरकाराची आर्थीक परिस्थिती सुधारली जाल्यार हाचेर विचार जावं येता.)

दृश्य दोन

मळबांतल्या रखरखीत सूर्याचेर कॅमेरो. कॅमेरो झूम आवट जाता. सूर्यबिंबाचें रुपांतर शणै गोंयबाबाच्या कपलावेल्या तिब्यांत जावन मागीर शणै गोंयबाबाची प्रतिमा तयार जाता. (हें कशें ताचो अदमास घेवंक दूरदर्शनाच्या सह्याद्री चॅनलावेलें दृश्य पळोवचें. महाराष्ट्राच्या नकाशाचें नथींत रुपांतर जावप, ती नथ महाराष्ट्र नारीच्या नाकांत चडप, उपरांत तिचेंच दूरदर्शनाच्या मानचिन्हांत रुपांतर जावप बी.) हो शॉट सामको म्हत्वाचो. तातूंत सौंदर्यशास्त्र लिपलां. जसो सूर्य पावरफूल तळपता तसोच शणै गोंयबाब हे गोंयचे भुंयेर तळपलो हें सोंपेपणी कळपाक हाचे परस दुसरो शॉट ना.

वण्टीवेल्या शणै गोंयबाबाच्या फोटवाचो टायट क्लोज अप. कॅमेरो झूम आवट. शणै गोंयबाबाच्या फोटवाक पांय पडत उबे आशिल्ले तीग कोंकणी म्हालगडे. हांचो शॉट फाटल्यानूच घेवंचो. फुडल्यान घेतल्यार लोकांक गांधीजीचीं माकडां दिसतले आनी गैरसमज जातलो. (कोंकणी फुडाऱ्यां विशीं आर्दींच खूब गैरसमज आसात. तातूंत म्हज्या म्हायतीपटाक लागून आनीक भर नाका.) ते ज्येष्ठ कोंकणी फुडारी म्हणपाचें दिसूंक जाय जाल्यार मातशे आदीमानव कशे दाखोवंचे. ह्या फुडाऱ्यांचे चेहरे मात चुकून लेगीत दाखोवंचे न्हय. नातर तांचे परस आमी ज्येश्ठ म्हणत जायते म्हालगडे फुडें सरतले आनी आपल्याक इतिहासांत सुवात ना म्हूण म्हजो म्हायतीपटूच जावंचो न्हय म्हूण यत्न करतले. ह्या शॉटाचें खाशेलेपण म्हळ्यार वण्टीक लायिल्लो शणै गोंयबाबाचो फोटो. फोटो शणै गोंयबाबाचे जल्मशती वेळावेलो दाखोवचो (तांचो फोटो जल्मशती वेळार काडूंक नाशिल्लो. तेन्ना ते नाशिल्ले. तो आदलोच फोटो घेवन ताचे शेंकड्यांनी प्रिंट काडिल्ले आनी ते फ्रेम करून विकिल्ले. ते विकूंक जायत्या जाणांनी व्हेल्ले खंय! पूण विकून ताचे पयशे परते केलेना अशें उलावप खुबदां कानार पडटा. खरें आसतय बी. पूण हांगा पयसो म्हत्वाचो न्हय. शणै गोंयबाबाचो फोटो घरांनी लागलो हें म्हत्वाचें. होच इतिहासीक म्हत्वाचो फोटो हांगा घेतिल्ल्यान ह्या म्हायतीपटाक खाशेली उंचाय येतली. हो फोटो काणकोणां आर.बी.एसाच्या 'घोंटेरां'त वा पणजे, भाटल्यांत अशोक भोंसलेच्या घरांतले वण्टीर मेळूं येता.)

शणै गोंयबाबाच्या फोटवालागीं पांयां पडपी तिगूय ज्येष्ठ कोंकणी फुडारी तीन दिकांनी फाफसतात. कट टू साळगांवकार हाउस.

दृश्य तीन

वास्कोचो साळगांवकाराचो बंगलो. एकलो जेष्ठ कोंकणी फुडारी बंगल्या इस्कादी चडटा. कॅमेरो फकत ताचीं पावलांच फॉलो करता. सस्पेन्स म्यूजीक. ह्या वेळार कॅमेरो इस्कादे सकयल घेवंचो आनी फुडारी वय चडटा ताचो शॉट घेवंचो, जाका लागून फुडाऱ्याचे उंचायेचो परिणाम म्हळ्यार इफॅक्ट मेळटलो. कट टू साळगांवकाराचें ऑफीस.

दृश्य चार

कोंकणी फुडारी साळगांवकारा मुखार हात करून उबो. साळगांवकार भटाक दक्षणा दिल्ले वरी फुडाऱ्याच्या हातार कितें तरी उडयता. कितें तें दाखोवप ना. सस्पेन्स म्यूजीक. कट टू मळब.

दृश्य पांच

मळबांत इंडियन एअरलायन्सचें विमान वयर चडटा तें दाखोवचें. कट टू धेंपे हाउस.

दृश्य स

दुसरो फुडारी धेंपे हाउसांतल्या लिफ्टांतल्यान सकयल देंवता. ताणें आपलो हात खोमसाच्या बोल्साचेर घट्ट दामून धरला. पळयतल्याक दिसता, ताका कुरासांवाचो आताक येता. तो हांगा थंय पळेनासतना धेंपे हावसांतल्यान भायर सरून गाडयेंत बसता. कट टू मळब.

दृश्य सात

विमान मळबांतल्यान वता ताचो शॉट. कट टू तिंबलो हाउस. तिंबलो हाउसांतल्यान तिसरो फुडारी आपल्या उजव्या हाताचीं तीन बोटां आपल्या तोंडार दवरून आनी दाव्या हातांत पास्त घेवन तुरतुरीत भायर सरता. कट टू विमानतळ.

दृश्य आठ

तिसरो फुडारी टॅक्सींतल्यान विमानतळार देंवता आनी विमानाचे दिकेन वता. डिझॉल्विंग शॉट.

दृश्य णव

कोंकणीक साहित्य अकादेमीची मान्यताय मेळ्ळ्या देखून खुशालकाय मनोवपी गोंयकारांचो शॉट. ते 'काँग्रेच्युलेशन्स', 'पाराबेंश' म्हणत एकामेकांक हात दितात. वेंगो मारतात. तांचीं खोशयेन भरिल्लीं मुखामळां. तांचो डिझॉल्विंग शॉट. शॅम्पेनचो मळबांत फवारो. कट टू देऊळवाडो.

दृश्य धा

मराठीवादी दुख्खान हड्डीं धोडायतात. कोंकणींतल्यान गाळी घालतात. गाळी घालतना फकत ओंठ हालोवचे. ते कशे तें दूरदर्शनाचेर दाखोवपी हिन्दी सिनेमांत पळोवचें. कट टू सोऱ्याची गादी.

दृश्य इकरा

दुखेस्त मराठीवादी कोप शेकयतात. कॅमेरो तांच्या दोळ्यांतल्या दुकांवेल्यान कोपा मेरेन पॅन जायत टील डावन जाता. सकयल उदकाचें कोंड. सस्पेन्स म्युजीक. मदींच करुणरसाचें संगीत. (दृश्य धा आनी दृश्य इकरा वेंगवेगळ्या एंगलांनी शॉटस् घेवन दवरचे. हेच शॉट मागीर कोंकणीक राजभाशेचो दर्जो फाव जातकच, कोंकणी आठवे वळेरेंत घालतकच जाय थंय घालूं येतात. प्रसंग वेगळे आसले तरी भावना त्योच जाल्ल्यान शुटिंगाचो खर्च आनी वेळ वाटावतलो. हे जरी मराठीवादी आसले तरी ते गोंयचे कोंकणी मनीस आशिल्ल्यान तांकां शूट करप गरजेचें. (शूट करप म्हळ्यार तुबकान न्हय. कॅमेऱ्यान.)

दृश्य बारा

ज्येष्ठ कोंकणी फुडारी पुस्तकाचें प्रकाशन करतात. पयलो फुडारी दुसऱ्या फुडाऱ्याच्या कविता झेल्याचें प्रकाशन करता. माचयेर कॅमेरो पॅन जाता. पुस्तकाचो टायट क्लोज-अप, कट टू प्रेक्षक. टाळयांचो शॉट, कट टू फुडारी. कम्पोजिट शॉट. दोगूय एकामेकांक हात दितात. कट टू पयलो फुडारी. तो दुसऱ्या फुडाऱ्याची म्हळ्यार कविची तोखणाय करपी भाशण करता. कट टू कवी. कॅमेरो झूम इन. कवी फुडारी एका दोळ्यान पयल्या फुडाऱ्याक आनी दुसऱ्या दोळ्यान प्रेक्षकांक पळेता. आपले भितर लजून मुमुरखोच हांसत लजता. वेगवेगळे भाव. कट टू कट.

(हांगा तेच माचयेर कवी फुडारी म्हळ्यार दुसरो फुडारी पयल्या फुडाऱ्याचे कथांच्या पुस्तकाचें उक्तावण करता आनी पयलो आनी दुसरो फुडारी तिसऱ्या फुडाऱ्याच्या नाटकुल्याच्या पुस्तकाचें उक्तावण करता हाचे शॉट घेवचे. फकत फाटलो बॅनर आनी पुस्तकां बदलचीं. एका कोणाचें पुस्तक दोन-चार पानांचें कुळवाड्याचें पोर कशें दिसपी दाखोवचें. हे एकेच माचयेर कोंकणी मनशाची गोंयभर विस्तारिल्ली साहित्यीक चळवळ थोड्या खर्चान शूट करूं येता हाची नोंद घेवंची.)

दृश्य तेरा

माचयेर ज्येष्ठ कोंकणी फुडारी विचारवंत कशे बसल्यात. तांचेवेल्यान कॅमेरो पॅन जाता. तांचे फाटल्यान कदेलांच्यो दोन रांको. पयले रांकेंत दोन सारस्वत, तीन भौजन, एक किरिस्तांव, एक मुसलमान आनी बायल प्रतिनिधी (जिची जात कळना आनी धर्मूय कळना. बायलमनशेची जात आनी धर्म म्हळ्यार बायलमनीस असो कोंकणी मनशाचो विस्वास हो विचार हांगा व्यक्त जावं येता.) कट टू प्रेक्षक. माचये सकयल तीन शेंबडीं भुरगीं, दोन बायलो आनी चार दादले वतांत जमनीर शेंकऱ्यार बसून कविता आयकतात. तांच्या मुखामळार तरातरांचे भाव – भुरग्यांच्या मुखामळार भिरांतेचे भाव; बायलांच्या मुखामळार रागाचे आनी दादल्यांच्या अजापांचे. हें सगळें पयलीं तांचेर कॅमेरो पॅन करून आनी उपरांत एकएकल्याचो क्लोज शॉट घेवन दाखोवं येता. हांगा माचयेर सावन प्रेक्षकां मेरेन झूम इन शॉट घेवंचो न्हय. कट टू कट घेतल्यार मदीं मदीं प्रेक्षक म्हूण भाजपाचे जाहीर सभेक आयिल्ल्या लोकांचे शॉट वापरूं येतात. कट टू माची.

दृश्य चवदा

ज्येष्ठ कोंकणी फुडारी नंबर तीन क्रांतिची कविता म्हणटा. कॅमेरा टिल्टअप जावन ताका मळबा मेरेन व्हरता. कट टू प्रेक्षक. प्रेक्षक टाळयो मारता. कट टू कविचें घर. कविची बायल ताका घरा येवंक कळाव जाल्ले खातीर खेपता. कट टू प्रेक्षक. टायट क्लोजअप. शेंबडीं पोरां. रिॲक्शन. कोण हांसता, कोण टाळयो मारता, कोण हड्डीं फुडें काडटा. कट टू कविची घरकान्न. कविची घरकान्न लाटणी घेवन उबी आसा. कट टू कट. लाटणी, दोळे, कट टू कवी संमेलन. भौजन समाजाचो कवी कविता गायता. कट टू प्रेक्षक दादले. दादले आपल्या बायलांक ओडून व्हरतात. तांचे वांगडा कॅमेरा झूम आवट जाता.

डिझॉल्विंग शॉट, कॅमेरा झूमस् इन. कविंचेर कॅमेरा एका फाटल्यान एक फोकस जाता.

पयलो फुडारी: हांवें अध्यक्षीय भाशण बरें केलें. पूण कोणाक कळ्ळेंच ना. दुसरो फुडारी: हांवें कविता वाचल्यो पूण एकल्यानूय टाळयो मारल्यो नात. तिसरो फुडारी: कोणाकूच काव्यशास्त्राचो अभ्यास ना. ह्या भुरग्यांक तर नाच ना.

कट टू तिसरी रांक. एक कवी: हे क्रांतिची कविता वाचतात. दुसरो कवी: बायलेक भितात आसतले. तिसरो कवी: तशें जाल्यार आमी मोगाच्यो कविता वाचुया. दुसरो कवी: कित्याक रे? तुका अजून कोण

मेळूंक ना? हांसो. कट टू ज्येष्ठ कवी. पयलो ज्येष्ठ: कवितेचो फुडार वायट आसा. दुसरो ज्येष्ठ: फुडाराक कितें जातलें कळना. तिसरो ज्येष्ठ: कितेंय जावं, फोटो तरी येतलो.

दृश्य पंदरा

कॅमेरा दोन पांयांक फॉलो करता. दोनूय पांय झपाझप चलतात. मर्दीच कॅमेरा वयर वचून बॅग दिश्टी पडटा. ब्रीफकेस फार्टीफुडें जाता. ब्रीफकेसिचो टायट क्लोजअप. कट टू सरकारी ऑफीस. ब्रीफकेसिचेर टायट क्लोजअप. ब्रीफकेस उगडटा. दोन हात ब्रीफकेसींत वतात. जायरातिंचें अपील भायर येता. ताची कट्टी जाता. एक हात तातूंत मोडचे पयशे उडयता. परतून कॅमेरा दोन पांयांचेर... पावलां झपाझप पडटात. हांगा ग्राफिक्स, ॲनिमेशन वापरूंक स्कोप आसा जाका लागून कोंकणी मनशान साहित्यीक वावरा खातीर कशी तकालस घेतली आनी उतळताप काडले तें कळून येता.

दृश्य सोळा

गर्दी. गोंयचीं तीन शारां. तांचेर कॅमेरा पॅन जाता आनी बाजारांतले गर्देर थिरावता. बाजारांत कोंकणी मनीस नुस्तें मोलायता. हांगा एका बाजारांत पयलो फुडारी शाकभाजी हिंदींतल्यान मोलायता. बाजाराक कसो उजो पेटला तें हेर गिरायकां वांगडा हिन्दींत उलोवन सांगता. बाजाराचो डिझॉल्विंग शॉट. दुसरें शार आनी ताचो बाजार. दुसरो कोंकणी फुडारी त्या बाजारांतूले गर्दींत भोंवता. ताका गोंया भायले लोक कुसकुटा समान करतात. तो त्या बाजारांतल्यान भायर सरूंक सोदता. पूण वाट मेळना. तो कोंकणींतल्यान वाट विचारता. ताका कन्नडांतल्यान जाप मेळटा. हांगा गोंयकार त्रासीक दाखयला. तो बाजार करपाचें सोडून पुस्तकांच्या शॉपार वता आनी कन्नड शिकपाचें पुस्तक विकतें घेता. कॅमेरो 'मराठींतून कन्नड शिका' ह्या पुस्तकाच्या नांवाचेर थीर जावन झूम-इन जाता. टायट क्लोज-अप. कट टू फुडाऱ्याचें मुखामळ. ताचें गोंयकार दिसपी मुखामळ आतां कन्नड मनशाच्या रुपांत बदलता.

दृश्य सतरा

तिसरो फुडारी नुस्त्याच्या बाजारांत बोवाळटा. गोंयचे खारविणींचेर कॅमेरो पॅन जाता. कट टू घांटी खारविणी. फुडाऱ्याक दोनूय तरांच्यो खारविणी ओडटात. ताचीं पावलां घांटी खारविणी कडेन ओडटात. पूण गोंयचे खारविणिचें सौंदर्य ताका तिचे कडेन ओडटा. हांगा ह्या फुडाऱ्याच्या मनाची चलबिचल दाखोवंक खारविणिचेर आनी फुडाऱ्याचेर कट टू कट शॉट. खारवीण फुडाऱ्याक बांगडे दिता. फुडारी बांगडे मोलायता. खारवीण पळयना अशें पळोवन फुडारी तिची नदर चुकोवन एक बांगडो आपले पोतयेंत उडयता. खारवीण पळयता पूण आपणें पळोवंक ना अशें भासयता. फुडारी बांगड्यांचे पयशे फारीक करून घुंवता. खारवीण ताची पोती ओडटा आनी भर बाजारांत लज काडटा. हांगा खारवीण, फुडारी आनी लोक हांचे तरांतरांचे शॉट.

खारवीण पोतयेंतलो चोरून काडिल्लो बांगडो काडून घेवन ताका नाका जाल्ल्यो गाळी घालता. फुडारी तिका आपूण कोण तें सांगता. आपलो त्याग सांगता. खारविणीक ताचें कांय लागना. शेवटाक फुडारी मान सकयल घालून झूज हारिल्ल्या सैनिका वरी वता. कॅमेरो तो मोडणार ना जायसर ताचे फाटल्यान वता.

दृश्य अठरा

कोंकणी राजभास जाल्या तो खीण. कोंकणी मनीस खंयच दिश्टी पडना. कन्नड, मलयाळम, तेलगू बी लोक राजभास जैत सुवाळो मनयतात.

दृश्य एकुणीस

एक बैलांचो गाडो पयसुल्ल्यान येता तो दिसता. दोन घटमूट पाडे तो गाडो ओडटात. कॅमेरो त्या गाड्याक लाँग शॉटाक घेता. झूम इन करता. पॅन शॉट घेवन झूम आवट. गाड्याक मुखार वचूंक दिता. गाड्या पोंदा चलपी एका सुण्याक कॅमेरो फॉलो करता. सुंण्याचे चालिचे फाटल्यान फुडल्यान शॉट.

कट टू एका कोंकणी फुडाऱ्याचेर. तो सभेंत भाशण करता. कोंकणी खातीर केल्ल्या त्यागाची काणी सांगता. लोक टाळयो मारतात. कट टू बैलांचो गाडो. एका मोडणार गाडो ना जाता. सुणो मात चलत रावता.

दृश्य वीस

अशोक भोंसलो शणै गोंयबाबा मुखार उबो. हात जोडून. वांगडा तागेलें चली. तेंय हात जोडून. भोंसलो ताका शणै गोंयबाब कोण तें सांगता. भोसल्याचें चली बापाय कडेन आनी शणै गोंयबाबा कडेन अजापान पळेता. अशोक भोंसल्याच्यो कविता म्हणटा.

कॅमेरो ताच्यो कविता केन्ना झूम इन तर केन्ना क्लोज-अपांत घेता. कोंकणीचे स्पश्ट उच्चार कळूंक टायट क्लोज-अपांत लिप मुव्हमेंट शॉट. कट टू अशोक भोंतलो. तागेल्या मुखामळाचो टायट क्लोज-अप. समाधानी भावना. ताचे तरातरांचे शॉट. भावना उक्तावपी हालचाल. टायटल साँग.

सोंपता





श्री गणेशाय नम:

जयमाला दणायत

...आनी घरभर सामको उत्साह संचारलो. केन्ना हाडपाचो, कसलो हाडपाचो, कितल्यांचो हाडपाचो हाचेर तांची भासाभास सुरू जाली. हातूंत मात म्हाका कांयच पार्ट नाशिल्लो. ताचे खातीर मागीर सगळी मांडामांड सुरू! घराचें मुखामळूच बदलून गेलें सगळें. बेडरुमाचो जालो सिटींग रूम, आनी सिटींग रुमाचो वेटींग रूम!... तांच्या आंगांत मात वेगळीच उमेद भरिल्ली...

...आनी आज फाल्यां, आज फाल्यां करतां करतां जाचीं सगळीं जाणां वाट पळयतालीं तो दीस एकदांचो लागीं पावलो. फोगेट्यो मारून म्हणटात तशें मोठे उमेदीन आगमन जालें ताचें.



''आ ई, पप्पा, अंदू मात हाडपाचोच आं! ते बगर कशेंच जावयचें ना.'' चल्यान निर्धारिक मत उवतायलें.

''हय, बरीं आसात! दर वर्सा आपलें 'हाडया हाडया' करप. 'अंदू नाका, फुडल्या वर्सा' करून कितलो तेंप जालो? हें बरें तुमचें, 'गणपतीबाप्पा मोरया, फुडल्या वर्सा लवकर या' चल्लां. आतां मात जायच आं हाडूंक.'' चलयेनूय हट्ट केलो.

''आगो, पूण अशें हाडूंक जाय म्हळें म्हणून, रोखडें हाडूंक थोडेंच मेळटा! आनी, हाड म्हणना फुडें हाडपाक ती कितें भाजी रे? गेलें बाजारांत आनी हाडली करूंक? ताचेर सारकें बरें चिंतूंक नाका? बेठेंच तोंडांनी म्हळें म्हणून जायना. ताचें सारकें जावंक नाका?''

''अशें कितें म्हणटा गो तूं? कितें तें फकत थारावंक जाय. मनाचो निर्धार करप! जावपाचें तशें जातलें आपशीं सगळें.''

''वा, काय तर! आपशींच जातलें खंय. जावपाचें तशें जातलें म्हळें म्हूण जायना. ते खातीर सगळी सारकी वेवस्था करूं नाका? आपलें हांथरूण पळोवन पांय पातळावचे मनशान!''

''जालें, जालो तुजो उपदेश सुरू! तुगेलें हें सदां अशेंच पळय. मेळटा त्या कामांत मोडटें घालूंक सामको पयलो नंबर तुजो!''

''तशें जाल्यार सगळेंच सोंपलें. मागीर म्हाका विचारता तरी कित्याक?''

''तशें न्हय गो. आतां भुरगीं इतलीं फाटीक लागल्यांत जाल्यार पळोवया, जमोवंया कशेंय करून.''

''ओगीच अशें म्हळें म्हूण जाता? ताचेर सारको बरो विचार करात. सगळें सारकें येवजियात आनी मागिरच हाडात.''

''आतां आनी विचार कसलो करपाचो? जातलें कशेंय! जावंदी तांच्या मना सारकें. जमतलें पळय कशेंय...''

''मम्मी, अशें कितें करता गे? आमच्या सगळ्या इश्टांगेर आसा. आमगेरच ना हें बरें दिसता? हो आमचो प्रॅस्टीज इश्यू जाला आतां.''

''व्हडलो तुजो प्रॅस्टीज इश्यू! ती कितें सामकी गरजेची वस्त तर, तांगेर आसा म्हणून आमगेर हाडूंक? तो कितें टी.वी., फ्रीज रे? ताची बरी स्पेशल वेवस्था करूंक जाय. सगळें सारकें निवळ दवरूंक जाय. ना जाल्यार 'बाकिचें जालें थोडें म्हणून वेयान धाडलां घोडें' अशी अवस्था जायत आमची.''

''आगो, तूं म्हणून पयलींच बेव्हें भियेता पळे. सगळी वेवस्था करया. पयलींच नानाकार घालुंनाका. तुवें ना म्हणटकीच भुरग्यांचीं तोंडां पळे कशीं बावल्यांत तीं! आतां इतलें सगळें करतात आमी. हेंय जावंदी.''

''हें पळयात, हांवें सांगपाचें तें सांगलें. आतां तुमी आनी तुमचीं भुरगीं – जाय तो गोंदळ घालात. हांव तातूंत ना. म्हज्यान कांय एक जावपाचें ना. पयलींच सांगून दवरतां. नाका जाल्लें लाड!''

''अशें कितें करता तूं? आगो भुरग्यां खातीर सगळें मगो. जावंदी आतां तांच्या मना सारकें. तूं असो विरस करूं नाका तांचो. इतलें सगळें करतात आमी, तांचे खातीर हेंय करूंया.''

''जालें आतां? करात जाय तें. नाय जाल्यार हांवें नाका म्हळें म्हणून तुमी भोव आयकतले!''

म्हजीं हीं उतरां आयकून सगळीं खूश!

''वाऽ ग्रेट! म्हजी मम्मी ती!'' भुरग्यानी खोशयेन म्हळें. आनी घरभर सामको उत्साह संचारलो. केन्ना हाडपाचो, कसलो हाडपाचो, कितल्यांचो



हाडपाचो हाचेर तांची भासाभास सुरू जाली. हातूंत मात म्हाका कांयच पार्ट नाशिल्लो. ताचे खातीर मागीर सगळी मांडामांड सुरू! घराचें मुखामळूच बदलून गेलें सगळें. बेडरुमाचो जालो सिटींग रूम, आनी सिटींग रुमाचो वेटींग रूम! सांगपाचें म्हळ्यार असल्यो सगळ्यो राटावळी हालीं नाकाच दिसतात. कारण एकूच – कितेंय मात्सो बदल केलो की सगळें सारकें जाग्यार पडटासर नाका जीव जाता म्हाका. पूण तांच्या आंगांत मात वेगळीच उमेद भरिल्ली.

तिगांनीय मेळून सगळी सारकी वेवस्था केली. म्हाका मात्तूय त्रास पडूंक दिलो ना. आनी आज फाल्यां, आज फाल्यां करतां करतां जाची सगळीं जाणां वाट पळयतालीं तो दीस एकदांचो लागीं पावलो. फोगेट्यो मारून म्हणटात तशें मोठे उमेदीन आगमन जालें ताचें.

हय, इतलो वेळ हांव उलयतालें तें आयकून तुमकां एखादें दिसलां जातलें की अंदू हांगेर गणपती हाडटातच! चवथीक वचपाक आनीक एक ठिकाण जालें. पूण तशें न्हय. आमगेर चवथीक गणपती हाडूंक नाशिल्लो. भुरग्यां खातीर कम्प्यूटर हाडिल्लो नवो करकरीत!

बारीकसाणेन पळेल्यार हो कम्प्यूटर जावं संगणक म्हळ्यार तसो आधुनीक गणपतीच म्हणूंक जाय. कम्प्यूटर आनी गणपती हातूंत जायतें सारकेपण आसा अशें म्हणूंक जाय. कम्प्यूटराचो अवाढव्य आनी विचित्र आकार आनी आमच्या गणपतीबाप्पाचें मोठ्ठें पोट हातूंत सारकेपण आसा. (आतां तशे सामके हातांत धरपा सारके ल्हान आकाराचे कम्प्यूटर सध्या बाजारांत आयल्यात. पूण तिळाचेर जावं तांदळाचेर गणपतीची म्हूर्त कोरांततात न्हय, तशेंच!)

दुसरें म्हळ्यार, गणपतीचें वाहन हुंदीर! तो हुंदरार बशिल्लो आसता. जावं ताच्या पांयां कडेन हुंदीरमामा आसताच. आनी आमचो हो आधुनीक गणेश तर 'मावसा'चेर (म्हळ्यार हुंदीरच न्हय?) चलता हें केदें व्हडले साम्य?

संगणक म्हळ्यार गणपतीच अशें दिसपाक म्हाका महाभारताची काणी याद जाली आनी म्हज्या मनाची खात्रीच पटली की हो कम्प्यूटर म्हळ्यार आधुनीक गणपतीच!

महाभारत हें महाकाव्य बरोवचेली कल्पना मनांत येतकीच महर्षी व्यास खंय ब्रह्मदेवा कडेन गेलो आनी ताका विनंती केली की आपल्याक अशें अशें महाकाव्य बरोवचेली स्फूर्त आयल्या. देखून आपल्याक एक बरो लेखक दी. (घडये ताचेंय बाबड्याचें अक्षर म्हज्या अक्षरा भशेन आशिल्लें जावंये.) ब्रह्मदेवान एक बरो लेखनीक म्हूण गणपतीचें नांव सुचयलें. व्यास उठून सरळ गणपती म्हऱ्यांत गेलो आनी ताणें गणपती लागीं आपलो लेखनीक जा म्हूण मागलें. गणपतीन मातशें येवजिल्ले भशेन केलें आनी जाप दिली – "बरें आसा, हांव तुजो लेखनीक जावंक तयार आसां. पूण म्हजी एक अट आसा."

"कसली ती सांग. तुजी कसलीय अट म्हाका मान्य! पूण म्हजें हें महाकाव्य तुवेंच बरोवन घेवंक जाय. कारण हातूंत तुजे सारको जाणकार कोण ना अशें साक्षात ब्रह्मदेवान म्हाका सांगलां."

आपली तुस्त आयकून गणेश सोंडेंतले सोंडेंत हांसलो. पूण तशें कांय भासयनासतना ताणें सांगलें, "हें पळे, म्हाका बरयतना मदीं खंयच आडमेळें येवंक फावना. तेन्ना, तुवें उलयतना अखंड उलयत रावचें पडटलें. कारण म्हजें बरप तशें एकदम फास्ट! हांव दोशीं वटेन बरयतां. उलयतना तूं मदीं थांबलो जाल्यार हांव म्हजें बरप थंयच सोडटलों. लेखणी मोडून उडोवन हांव थंयच्यान कुशीक सरतलों. महर्षी थोडो वेळ येवजणेंत पडलो. पूण तोय कमी बुदवंत नासलो. मात्सो विचार करून ताणें म्हळें, "बरें आसा. हांव सांगत रावतलों. पूण बरोवन घेतना हांव कितें उलयतां तें सारकें बरें मतींत घेवन, ताचो अर्थ समजून घेवन तुका बरोवचें पडटलें. बेठ्ठें घाण्याच्या बैला भशेन काम केल्लें म्हाका नाका."

गणपतीन व्यासाचें म्हणणें मानून घेतलें. ताणें मनांतल्या मनांत व्यासाक दाद दिली. व्यासान बरोवंक घाल्लें सारकें मतींत घेवन बरोवप म्हळ्यार ताचेर थोडो वेळ तरी सारको विचार करुनूच बरोवप. म्हळ्यार, गणपती येवजून बरयतासर, फुडलें कवन रचूंक व्यासाक वेळ मेळटालो. व्यासाचे बुद्दीमत्तेचेर प्रसन्न जावन गणपतीन ताचो लेखनीक जावचें मान्य केलें आनी येदे व्हडले नामनेचें महाभारत आमकां वाचूंक मेळ्ळें. सांगपाचें म्हळ्यार, गणपती भाशेनच ह्या कम्प्यूटराचो प्रिंटर दोनूय वटांनी छापपाचें काम करता, म्हळ्यार, फटाफट बरोवन घेता. आनी गणपतीच्या पोटांत जशें आख्खें त्रिभुवनाचें ज्ञान भल्लां, तशेंच ह्या कम्प्यूटरांत

लेगीत वेगळे वेगळे तरेची माहिती एकदम सांठोवंक येता आनी जाय तेन्ना तशी तशी काडून घेवन वापरूं येता.

गणपतीक खंय १४ विद्या आनी चौसश्ट कला ज्ञात आशिल्ल्यो. तशें ह्या कम्प्यूटराचें ज्ञानय अगाध. गणीत, विज्ञान, भुगोल, इतिहास, राजकारण, खेळ – कितें म्हणून ना! एकदां एके तरेचें गिन्यान 'फीड' केलें की तें पक्कें!

बरें, चवथ करपाची, गणपती पुजेक लावपाचो म्हळ्यार हजार व्यवधानां सांबाळचीं पडटात. तशेंच, एकदां कम्प्यूटर घेवपाचें ठरलें की ताचीय तशीच चोख वेवस्था दवरची पडटा. ताका A.C. नाजाल्यार वेगळी स्पेशल कॅबीन जाय. कांयच ना जाल्यार एखाद्र्या स्पेशल मेजाची तरी वेवस्था करचीच पडटा. तो खंयूय कसोय दवरूंक येना. आनी चवथीक जशें अनवाळें-भश्टें सांबाळचें पडटा (खरें तें निवळसाणी खातिरच न्हय?) तशें ह्या कम्प्यूटरा म्हऱ्यांतय परिसर एकदम निवळ-नितळ दवरचो पडटा. चवथीचे पुजेचो गणपती दर वर्सार वेगळो तशें कम्प्यूटराचें ज्ञानय वर्सा कणकणी बदलता – नव्या वर्सा नवें ज्ञान, पयलिंचें पोरणें जाता.

ते एके सांजे भौ. उपाध्येंच्या टी.वी.चेर चलतल्या गीताप्रवचनांतलीं एक दोन उतरां म्हज्या कानांर पडलीं कितें आनी आमचें पूर्वापार चलत आयिल्लें आद्ययदैवत गणपती म्हळ्यारूच हो आर्विल्लो कम्प्यूटर हे दिकेन म्हजी तकली चलूंक सुरवात जाता कितें, सगळेंच अजाप कशें! तशें पळोवंक गेल्यार आमच्या चार वेदांनी आनी पुराणांनी इतलें गिन्यान भरिल्लें आसा, पूण आमकां भारतियांक मात ताचो पत्तो ना. भायले लोक मोठे हुशार! तांणी भारतांत येवन हांगच्या वेद-पुराणांची संस्कृत भास शिकून तांतुंतलें सगळें ज्ञान आत्मसात करून घेतलें. आनी आतां पाश्चात्य संस्कृतायेचें अनुकरण करपाच्या आमच्या फॅडा प्रमाण, सदचे स्टायलीन, हेंवय पिशें अशेंच तांचे कडल्यान आमचे कडेन आयलें.

आमच्या पूर्वजांचे योगविद्येचें म्हत्व आमकां भायल्यांनीच पटोवन दिलें. उद्योगीक मळार जशी जशी चड उदरगत जायत गेली तशी अमेरिका, जर्मनी, जपान हांगासल्ल्या लोकांची जीण चड चड वेगवान जायत गेली आनी लोकांच्या मनाची शांतताय ढळूंक लागली. वाडटें टॅन्शन आळाबंदा हाडपाचे नदरेन तांकां भारतीय योगाभ्यासाचें म्हत्व पटलें. कुडिच्या, मनाच्या सगळ्या पिडांचेर खात्रिचो उपाय म्हूण तांणी योग आपणायलो. थंय खांची कोनशांनी योगशाळा सुरू जाल्यो. लोक वचत थंय योगाभ्यास करूंक लागले. आनी थंयच्यानूच हो 'योगा' भारतांत आयलो. हांगाचे लोकय योगाचो जप करूंक लागले.

आमी पयलीं एलॉपथी सगळ्या 'पथीं'नी श्रेष्ठ मानतालीं. कित्याक? अस्तंते कडलो लोक मानता, म्हूण! अस्तेंतेक एलॉपथी वखदांचे सायड-इफॅक्टस् भोगूंक लागले. आनी तांणी आमच्या आयुर्वेदांतल्या वखदांची – 'जडी बुटिं'ची तोखणाय सुरू केली. अशें जायना फुडें आमी भारतियांनी आयुर्वेदीक वखदांचेर भर दिवन तांचें मोल भरमसाट वाडयलें. एक बोकडी फोणांत उडी घेतकीच फाटलीं सगळीं बोकडां जशीं पटपटीत तातूंत उडक्यो घेतात, तेंच आमकां हांगा दिश्टी पडटा.

आतां कम्प्यूटरा बगर भायल्या जगांतलें पान हालना म्हूण भारतांतय कम्प्यूटर युग सुरू जालां. अत्याधुनीक ज्ञानाचो स्रोत म्हणून ताची तोखणाय, अपुर्बाय जावंक लागल्या. हालिंचें गतीमान युग ह्या संगणकाच्या सहाय्यान चड गतीमान जावन गेलां. जग चड चड लागीं येत गेलां.


आतां भारतांतूय पयलेक सावन न्हय, तर के.जी.च्या भुरग्यांक लेगीत कम्प्यूटरा वेल्यान खेळूंक शिकयतात खंय. सगळ्या ऑफिसांनी तर कम्प्यूटर वापरतातच. शाळांनीय पयले सावन कम्प्यूटराचो तास सुरू केला. इंटरनॅटचें जाळें आख्ख्या भारतभर पसरलां. आनीक फुडल्या चार पांच वर्सांनी तर फ्रीज आनी टी.वी. भशेन घराघरांनी कम्प्यूटर बशिल्लो दिश्टी पडटलो. ती आयच्या भुरग्यांची भोव गरजेची वस्त म्हणचे, सामकी 'नॅसेसिटी' जावन पडटली हातूंत इल्लोय दुबाव ना.

भुरग्यांक पयलीं श्रीगणेशायनमः म्हणून पाटयेर चिरूंक लावन तांच्या शिक्षणाची सुरवात करपी आमी भारतीय आनी आमची भारतीय संस्कृताय आतां ह्या आधुनीक गणेशाचे पुजेक लागल्या.



काळ-काळोख

महाबळेश्वर सैल

तोर, म्हाका कशेंय करून ताचे कडच्यान एक भुरगें जाय!''

''तुमच्या लग्नाक पांच वर्सां जालीं. इतलो तेंप एक तरी भुरगें जावंक दिवंक जाय आसलें तुमी. आतां परिस्थिति इल्लीय अनुकूल ना. केन्ना कितें जायत सांगूं नज.''

''कितें जालें जाणा दोतोर, आर्दींच आमचें लग्न इल्लें उसरां जाल्लें. हांव तेन्ना अठ्ठावीस वर्सांचें आनी तो पस्तीस वर्सांचो. तरीय दोन वर्सां भुरगीं नाकात म्हण आमी थारायल्लें. पयस पयस भोंवन येवचें, लग्न बरें ॲन्जॉय करचें आमच्या मनांत आसलें. उपरान्त देडेक वर्स ताका असायनमॅन्टाचेर जम्मू वचचें पडलें. म्हजें हांगा कॉलेज. परत येतकीर स म्हयन्यांतच ह्यो आरोग्याच्यो कटकटी सुरू जाल्यो.''

''इतलें कशें आंगार काडलें हें दुयेंस? तेन्नाच म्हजे सरीं येयल्यार कितेंय उपाव करूं येतालो.''

''कितले दोतोर केले. पयलीं लिव्हराचो त्रास म्हण सांगलें. उपरान्त हॅपटायटीसची ट्रीटमेंट दिली. आतां निमाणें हें अशें म्हण कळ्ळां.''

''लिव्हर कॅन्सर हो असोच. व्हडल्या व्हडल्या दोतोरांक गोंदळांत घालता. सदांच चुकिची ट्रीटमेंट जाता. आतां ह्या स्टेजार कांयच करूंक जावचें ना. तो ऑरगनय असो, ताचेर दोतोराक जाय तशीं शस्त्रां चलोवप शक्य नासता. हेर ट्रीटमेंटांय तितलीं फळादीक जावचीं नात.''

तें कांयच उलयलें ना. दोळ्यांत दुकां घेवन दोतोराक हताश पळयत रावलें.

''पूण तूं आतां भुरग्याचो हट घेवन कित्याक बसलां. तूं इतलें शिकिल्लें, कॉलेजांत शिकोवपी तूं.''

''दोतोर हांव तशें वांज न्ही. तरीय कित्याक नकळ, संवसारांत अस्तुरेचें सगळ्यांत व्हड दुख्ख भुरगीं जायनासतना वांज जावन रावचेलें. हे भावनेचें मूळ खंय आसा नकळ. म्हाका दिसता सैमानच हें मूळ अस्तुरेच्या मनांत रिगोवन दवरलां. आतां होच निमाणो खीण म्हज्या हातांत आसा. ताकतीक जावंक जाय. ह्या दुयेंसांत ताचे कडच्यान जाल्लें भुरगें मनाकुडीन दुबळें, पिडेस्त जातलें दोतोर?''

''ना. ती शक्यताय सामकी उणी. ह्या दुयेंसा भायर आनीक कितेंय कारण आसले बगर भुरगें दुबळें जावचें ना.''

''जालें तर. जाता तितले बेगीन भुरगें जावचेली माग्णी करात तुमी.''

''तें सैमीक पद्धतीनच जाल्लें चड बरें. तो आतां मनान खूब भावूक जाल्लो, निर्शेल्लो आसतलो. तुवें भोव हुशारकायेन ताका शरीरसंबंदाक तयार करूंक जाय. तुजी कसौटीच ती. तुजे म्हयन्याचे पाळिच्या चौदाव्या, पंदराव्या आनी सोळाव्या दिसाक सलग चुकनासतना शरीरसंबंद केल्यार गर्भ धरचेली शक्यताय खूब वाडटा. ह्याच काळांत अस्तुरेचें बीज चड सशक्त आसता. दादल्याचे शुक्राणू ग्रहण करचेली शक्त चड आसता.''

''बरें दोतोर, उपकारी आसां.'' तें उठलें. पूण ताच्या गात्रांत उमेद नासली. हेदोळ ओले जाल्ले दोळे आजून तशेच आसले.

दोळे पुसून तोंड बळयां हांसकुरें करून ताणें वाटेंत एक जायेचो सर घेतलो आनी तो केंसांत माळ्ळो. घरा येयल्यार घोव वारांदांत आराम खुर्चेचेर मान उडोवन बशिल्लो. ताच्या चेऱ्या वयलें निर्शेणेचें, चिंतेचें सांवट इतलें जाड आसलें, निर्मलाक दिसलें, हें सांवट म्हज्यान कशेंच पयस करूंक जावचें ना. जावं निर्मलाल्या पावलाच्या आवाजान, जावं ताणें माळिल्ल्या जायेच्या सराच्या सुवासान ताणें दोळे उकते केले. निर्मल फुलां माळून येयलां हाचें ताका आर्दीं बरेंच अजाप दिसलें. तरीय ताणें फुलां माळ्ळ्यांत, तें इल्लें आनंदी आसा म्हण होलमतकीर ताका बरें दिसलें.

ताचे कुशीन खुर्चीत बसत निर्मलान विचारलें, ''दिनेश, तुका कसलो त्रास बीन जाल्लो? प्रेमान वखदां दिल्लीं न्ही?''

''ना गो. आसां हांव बरो. घेतिल्लीं वखदां.''

आवाजांत हुनसाण नाशिल्ली. ''पळय, हांवें फुलां माळ्ळ्यांत. येता न्ही वास?'' ताणें आपलें माथें ताच्या हड्ड्यार दवरलें. ताणें माळिल्लीं फुलां ताच्या नाका मुखार आयलीं. तरीय तो थंड.

''म्हज्या केंसांतल्यान हात भोंवडायना?''

ताणें ल्हव ल्हव निर्मलाचें माथें पुराय आपल्या हड्ड्यार घेतलें आनी ताच्या केंसांतल्यान तो हात भोंवडावंक लागलो. निर्मलाचे दोळे दुकांनी भरून आयले. दुकां पोल्यांर देंवलीं. पूण ताचें तोंड दिनेशाचे आड दिकेक आसलें म्हण तीं दिनेशाक दिसलीं नात. आतां तें बेगिबेगीन उठलें. 'वॉश घेवन येतां आनी चाव करतां' म्हण भितर गेलें.

वॉश घेवन ताणें सदांचीं घरांतलीं वस्त्रां न्हेसलीं नात. पोन्रें पूण बरें लॅव गुलाबी रंगाचें फुलां फुलांचें पातळ तें न्हेसलें. आंगाक पोल्क घालिनासतना पदरच हड्ड्या वेल्यान घेतलो. नितळ धुयिल्ल्या तोंडार मात्सो पावडरी हात भोंवडायलो. पदरार इल्लें अत्तरय मारून घेतलें. जायांचो सर परतो माळ्ळो.

पूण हें सगळें करताना, इतलें सगळें चिंतताना, तें इल्लेंय उत्तेजीत जावंक ना. भायल्यान भितरल्यान सामकें थंड. तें चिंततालें, म्हजेंच अशें बर्फ तर ताका कितें हुनसाण दितलें हांव! तरीय ताणं थारायलें, आतां एक्कय संद सोडप ना. ताच्या न्हाणाचो आज इकरावो दीस. तरीय तें चिंततालें आतां कशेंय केन्नाय ताका आंगार ओडून घेवचें. रावप ना. ताका सांगतलेंय हांव म्हजी भुरग्याची इत्सा! ही एक इत्सा कशीय करून पुराय कर म्हणटलें!

प्रेमा रातचें रादून दवरून गेल्लें. तो हुस्को नासलो. निर्मल येवन दिनेशाचे कुशीक बसलें. ताच्या खांदार, ताचे छातयेर पडटां पडटां दोनय मांडयांर आडवें जालें. अशें करताना ताचो पदर-हड्ड्या वयलो पुराय कुशीक सरलो. मांडयेर पडिल्ले कडेन ताणें म्हळें, ''लग्न जाल्लीं तेन्ना

ताका रडचें अशें दिसलें. ताणें म्हटलें, ''तुजे उपरांत म्हाका तशेंच व्रतस्थ, पवित्र रावंक मेळचें म्हणच हो म्हजो यत्न. भुरगें जाल्ली बायल एक आवय म्हण सगळ्यो मर्यादा पाळटा असो म्हजो भावार्थ. म्हाका असो एकसुरो सोडून वतलो?''

''कसलीं कुवाडीं घालता तूं? आदींच म्हज्या मॅडिकल रिपोर्टाचीं कुवाडीं सोडयतां सोडयतां हांव तेंकलां.''

''कुवाडीं न्ही दिनेश. म्हाका तुजे कडच्यान एक भुरगें जाय. तूं जाणा, जाता तितले बेगीन तें जावंक जाय.''

''निर्मल, पिशेपणा करूं नाका! कशें शक्य आसा तें? हांव आतां मरणाक तेंकिल्लो पेशंट. म्हज्यान जावचें ना गो. म्हजी इत्सा मेल्या. कितलें सोबीत, कितलें फिशाल तूं, पूण हांवच कर्मकट्टो.''

''अशें म्हणूं नाका तूं. निमाण्या खिणा मेरेन जिवीत तर जगूंक जाय न्ही. ते तितल्याच आनंदान जियेवचें. आनी एक सांगूं, मरणा उपरान्तूय जिवंत उरची एक संजीवनी सैमान आमकां दिल्या.''

''कसली म्हणटा?'' ताणें भोव थकिल्ले वरी विचारलें.

भुरगें आशिल्ल्या मनशाक मरणच नासता. खरें म्हटल्यार आमच्या रगताचो प्रवाह, आमचो श्वास आमची काळजाची हुडी आमी भुरग्याक दिवन मरतात. आमच्याच बिजा पसून वाडिल्लीं तीं आमचीच जीण मुखार व्हरतात. फाल्यां तुजें भुरगें तुजेंच रूप घेवन म्हजे सामकार आसतलें.''

''अशें म्हणटा?''

''दिनेश, असो पुरो जाल्ले वरी कितें करता तूं?''

''खरें सांगूं, असाध्य पिडेचो पेशंट निर्शेणेन, मरणाच्या भंयानच अर्दो मरता. हांव फुडार चिंतुकूच भियेतां.''

''पायें पड्टां, उपकार मागतां, इल्ली उबारी धर दिनेश!''

''ना म्हणना. तुजो हक्क तो घोवा कडेन भोग मागचेलो, भुरगें मागचेलो. पूण म्हजी शक्त पावतली?''

''सैमान मनशाक सोताक राखून दवरचेली आनी पुनर उत्पादनाची खर शक्त दिल्या. ती सगळ्यांत बळिश्ट शक्त. थंय मनशान सोंपेपणान हार घेवंक फावना.''

''हांव यत्न करतलों. निमाण्या खिणा मेरेन यत्न करतलों निर्मल!''

ताणें ताका एकदम वेंगेंत घेयलें आनी तें रडूंक लागलें.

तो अन्न वचना जावन खूब भागिल्लो. कुडिची



म्हाका उखलून घेतालो आनी भिरभिरें कूडभर [illegible]यतालो. उखलून घेवचे आदीं कितें [illegible]णटालो याद आसा?''

''हें आज तुका कितें जालां निर्मल?''

''तूं कितें म्हणटालो जाणा, तुजे परस तुज्या [illegible]गावेल्या वस्त्रांचोच भार चड म्हाका. तीं पयस [illegible]. लग्नाचीं पयलीं दोन वर्सां खूब ॲन्जॉय [illegible]ीं न्ही?''

''आज तुका कितें जालां निर्मल?''

''यो, बेडरुमांत या. कितें जालां तें सांगतां.''

तें ताका ओडून घेवनच गेलें.

एके वटेन दुकां गळयत तरीय फिशालकायेन ताका उमेद हाडून ताणी नीट शरीरसंबंद केलो.

परत तीं भायर यवन बशिल्ले कडेन दिनेश ताका दुबावानसो पळयत रावलो. ''निर्मल, हांव असो मरणाक तेंकिल्लों दुयेंत. म्हाका हें तांकचें ना तरीय म्हजी चेश्टा केल्ले वरी हें तुवें कितें आडायलां? म्हजे फाटल्यान कशें रावतलें तूं?''

निर्मल आतां दुखावलें. ताका मिठी मारून

शक्त शेणोवन बशिल्लो. पूण निर्मलान् ताका खूब धीर दिलो, उबारी दिली. वकतार चेतयलें पेटयलें.

निर्मलाक दर फावट एक कळटालें, कुडिचें सूख खऱ्यांनीच पूर्ण आनंद दिवपी खरें, पूण मरणाच्या दारांत निर्शेणिन, हुस्क्यान मन मेल्लें आसता, मनीस दुभंगिल्लो आसता तेन्ना ती ख्यास्तच थारता.

शेवटाक निर्मलाली जिद्द, ताचे यत्न, ताची चतुरसाण फळाक येयली आनी ताका दीस गेले! ताका दीस गेले आनी घरांतलें वातावरण बदललें. लिव्हरांत कॅन्सराची पाळांमुळां खोल गेल्लीं आसूनय दिनेशाचें मन ल्हव जाल्लें. तो आतां निर्मला सरीं भुरग्या विशीं उलोवंक लागिल्लो. केन्ना पडिल्ले कडेन निर्मलालें फुलतें पोट आपल्या पोशांत घेतिल्ले वरी करून ताका आपलें तोंड लावन बसतालो. म्हणटालो, ''आतां म्हाका मरणाचें भंय दिसना जावंक लागला निर्मल! येवं दी मरण!''

निर्मल मागीर उल्हासीत जावन म्हणटालें, ''मरणच ना तर मरणाचें भंय कसलें?''

''अशें कशें म्हणटा तूं?''

''तुज्या बियाचो कोंबच वाडटा न्ही हांगा. फाल्यां तो पुराय मळब व्यापतलो. तुका आनी मरण खंयचें? आतां अजरामर तूं!''

कुडिचे ते अवतिकायेंतय दिनेश हांसलो. ''हांव जाणां निर्मल, म्हज्या कुडिच्या मरणाचें, वा म्हणुंया ती नश्ट जावचेलें उलटें मेजप सुरू जालां. तरीय हांव आतां मर मेरेन म्हजे कुडिची एकेक क्रिया तुज्या पोटांतल्या म्हज्या भुरग्याक भेटयत रावतलों. म्हजें चिंतप, पळोवप, आयकुवप, श्वास घेवप, रगताचें व्हांवप, तुजे विशिंचो म्हजो मोग एकेक करून ताका भेटयत रावतलों. शेवटाक कुडिचो काथो उरतलो मरणाचे सुवादीन करूंक.''

निर्मलान ताका वेंगेंत घेयलें आनी ताचें जिवाच्या आकांतान एक लांब चुंबन घेयलें. हांसत म्हटलें, ''अर्दो पावलो तूं ताका आनी म्हाका.''

एक दीस दिनेशान म्हटलें, ''निर्मल तूं पोटांतल्याक मिनी दिनेश म्हणटा, पूण तो दादलो भुरगोच आसतलो कशावेल्यान?''

''पिसो तूं. ती तुजी एक प्रतिकृती. जावं चलो जावं चली. जर ती चली आसत तर ती तुजें दायज चड मुखार व्हरतली. चल्या परस मानववंशीय प्रवाह चलयो चड प्रभावीपणान मुखार व्हरतात. म्हण तांकां एक गर्भाशय आसता, मोमे आसतात, चिंवां आसतात. म्हण तीं पुनर उत्पादनाक दादल्या परस चड आशेतात. आपल्या भुरग्यांचें पालनपोशण दादल्या परस चड करतात. अस्तुरी हें सैमाचें संपूर्ण स्वरूप. जावं चलो जावं चली तें तूं सामकें चिंतू नाका.''

आपणाक तुजें पटलें म्हणिल्ले वरी दिनेश ओगीच रावलो. दोगांय जल्माच्यो खबरी उलयतालीं खरीं, पूण दुसरे वटेन मनांत पातळिल्ली मरणाची भिरांत एक-दुसऱ्या पसून लिपोवंक आटोकाट यत्न करतालीं.

कणा कणान कूड पागळूंक लागिल्ली. मरण एकेक पावल मुखार घालीत आसलें. मरणाच्यो सांवळ्यो दोळ्यां मुखार हालूंक लागल्यात म्हण होलमतकीर एक दीस दिनेशान म्हटलें, ''निर्मल, तुजो हो सातवो म्हयनो. फायचे णव तारकेक सातवो सरून आठवो लागतलो. उणे म्हणटा ते अजून सव्वा दोन म्हयने. तो मेरेन हांव वांचनसो दिसना.''

ताची सामकी थकिल्ली कूड, खोल खोल गेल्लो आवाज पळोवन निर्मलाक खूब वायट दिसलें. ताका दिसलें, आपणें कितल्योय पळवाटो काडल्यो तरीय घोवालें मरण आपणाच्यान आंगार घेवंक जावचें ना. तो पयलीं पसून मेकळ्या मनाचो. हांवें ताका फटयलें बीन ना मू? आतां मात ताका राखूंक जाय. तें ताका बेठेंच थापटीत रावलें. ताणें खोल उस्वास घेत म्हटलें, ''निर्मल, म्हाका भुरग्याक पळोवपाची खूब इत्सा आसली. फाल्यांचें म्हजें अस्तित्व कशें आसतलें हें पळोवंची म्हाका उमळशीक लागल्या.''

''तुका कांयच जावंचें ना दिनेश. फकत अजून दोन म्हयने.''

''दोन म्हयन्यांची खबर सांगता तूं. म्हाका दिसना दोन म्हयने काडीन म्हण हांव.''

निर्मल ओगीच रावलें. मदीं एक दीस ताका दुखिचो खर ॲटॅक येवन गेलो. तो सारको वयर सकयल जायत दुखीन सोंशेतालो. कुडीक पिळे दितालो. डॉक्टराक आफोवन हाडून मागीर मोर्फीनिचें इंजेक्शन दिलें. बळाबळ आनीक एक म्हयनो गेलो.

''निर्मल, म्हाका म्हजें मरण आतां कळून आयलां. आठ दिसांत सगळें आटापतलें. भुरग्याक पळोवची खूब इच्छा आसली. आपलें जिवीत कशें मुखार सरलां तें म्हाका पळोवंक जाय आसलें. तुवेंच आस्त लायिल्ली.'' उलयतां उलयतां ताका घरघरो लागिल्ले वरी जालो.

''तूं मात्सो घट राव दिनेश. असो एकदमच धीर सोडूं नाका.''

''ना, आनीक कशेंच जावंचें ना. मरण खूब लागीं पावलां. निर्मल, सिझेरियन करून भुरग्याक जल्माक घालूंक जावचें ना? बेगीन, जाता तितले बेगीन.''

निर्मलान सामकें अजापान ताचे वटेन पळयलें. पूण तें ओंटां चाबून वोगीच रावलें. कांय वेळ ताणें कितें तरी चिंतलें. मागीर आपलो जड देह राखत तें उठलें. दिनेशालो धाकलो भाव आयल्लो आसलो. ताका दिनेशा सरीं दवरून तें प्रेमाक घेवन डॉक्टराक मेळूंक हॉस्पिटलांत येयलें. आपलो घोवय आपले वटेनच येयलो म्हण ताका इल्लें बरें दिसतालें.

डॉक्टर खूब कामांत आशिल्लो. भायर कितलेशेच पेशंट बशिल्ले. भितर वॉर्डांनी धांदळशी चलताली. तें आयलें आनी मुर्वत सोडून सरळ डॉक्टरा मुखार वचून बसलें. डॉक्टरान ताका नाखोशयेनच पळयलें. मगेर ताणें विचारलें, ''इतली ताकतीक कसली लागल्या? नंबर नासतानाच भितर येयलें तूं.''

''ताकतीकच आसा दोतोर. भुरग्याल्या बापायली खिणाची शाश्वती ना. ताका भुरगें पळोवची इच्छा आसा.''

दोतोर सगळें जाणा आसलो. ''मागीर, कितें करुंया म्हणटा? कितें उपाव आसा ताका?''

''दोतोर म्हाका प्रीमॅच्युअर डिलिव्हरी जाय. तुमी दिल्ले तारकेक एकुणतीस दीस उणे आसात. हांव सिझेरियन करून घेवंक सोदतां!''

''कितें?'' डॉक्टर कांय वेळ गोंधळांत पडलो.

''दोतोर, हातूंत कितली रिस्क आसा?''

''म्हयन्या आदीं डिलिव्हरी. तशी इल्ली रिस्क आसाच.''

''कितले टक्के?''

''भुरग्याक पांच ते धा टक्के. आवयक झिरो.''

निर्मल आदीं मात्शें कांचवेल्ले वरी जालें. मगेर कांय खिणांतच ताणें सांगलें, ''हांव आज सांजचेंच ॲडमीट् जातां. फाल्यां सकाळीं सिझेरियनाची व्यवस्था कराच. प्लीज दोतोर.''

''अजूनय विचार कर तूं.''

''हांवें विचार केलो दोतोर. ताणें खूब सोंसलें. म्हजें सगळें मानलें. ताची ही निमाणी इत्सा पुरी केली ना जाल्यार जल्मभर म्हज्या मनाक लागून उरतलें. ताचे खातीर कितेंय करूंक हांव तयार आसां.''

''तुमची दोगांचीय लिखीत मान्यताय जाय पडटली.''

''आमी ती दिवंक तयार आसात. उपकार करात दोतोर.''

''तशें जाल्यार यो तूं. येवन ॲडमीट जा. तपासून सगळे रिपोर्टस् सांजचेच तयार करुंया.''

तें उठलें. ''उपकारी आसां दोतोर.''

दुसऱ्या दिसा, भितर सिझेरियन चलतालें

तेन्ना दिनेश भायर आराम खुर्चेंत पडून आसलो. भाव म्हन्यांतच बसून आसलो. ताच्याच हटा वयल्यान ताका हांगा हाडिल्लो. तो मान उडोवन पडिल्ले कडेन चिंततालो. ''हांवें कित्याक हो हट धरलो? कित्याक निर्मलाक फोर्सार केलें? हांव एक इलेक्ट्रॉनिक इंजीनियर. इतलो कसो मोहाक बळी पडलों! मनशाली दर पिळगेची, जल्म जल्माची इच्छा, म्हजो वंश वाडचो, म्हजो वंश वाडिल्लो हांवें दोळ्यांनी पळयचो! काय सैमाची ही वेठबिगारी! सैमाचें सातत्य राखुंकूच आमी आमकां गोळाक लायतात काय कितें! आमी राखचें सैमाचें सातत्य, आनी ह्या निश्ठूर सैमानच म्हजेर हें अरिश्ट घातलें ना! सैमान कसल्या जंजाळांत सापडायलां आमकां! ताका अचकीत उबगण उबगण आयली जिविताची.

भितर बारीक चीं चीं सो रडिल्लो आवाज येयलो. सगळीं चिंतनां विसरून दिनेशान कान फुलयले. तो उमळशिकेन वयर सकयल जावंक लागलो.

कांय वेळान भावान आनी एके नर्सीन धरून ताका भितर व्हयलो. चलोच आसलो. भुरगें अजूनय आवयल्या पोटांतल्या जीवनरसान तशेंच लेपडायल्लें आसलें. पूण तें तितलें दुबळें नासलें. तो कोणा वरी दिसता, म्हजे वरी काय निर्मला वरी काय आनीक कोणा वरी, दिनेशाक कांयच कळ्ळें ना. ती आपली अशी एक स्वतंत्र निर्मणी अशें दिनेशाक दिसलें. आमी वोगीच थुळेवचें आपलें आपलें म्हण. खरें म्हटल्यार हें सैमसंभोगांतल्यान जल्मल्लें सैमाचेंच भुरगें. पूण निर्मलाल्या चेहऱ्या वयलो उपाट व्हांवन वचपी आनंद, हांसो पळोवन तो आदीं मात्सो कचरलो आनी मागीर ताकाय बरें दिसलें. ह्या नव्या जल्मांत तें म्हजें मरण खिणभर विसरलां म्हण कळटकीर ताका सोताचें मरण इल्लें सुखाचें दिसलें. शेवटाक जल्मानच मरणाक भरून काडचें आसता न्ही!

इतले म्हणसर तो भोव थकलो. खुर्चेचेर ताणें मान उडयली आनी दोळे धांपले. तो तसो मरण घेवन बशिल्लो आसतना निर्मलाक दिसलें, हें सगळें मनाक फटोवप. शेवटाक मरणच खरें, दुखदेणें! केदो व्हडलो काळ-काळखांतलो गोंदळ हो जल्म-मरणाचो आनी हांव पिशें तातुंतल्यान वाट काडूंक सोदतां म्हजी गर्भपिशवी सांसपीत!





आमचे वावराडेक दीस गेले आनी म्हाका दुसरी वावराडी पळोवची पडली. म्हळ्यार दोन तिनूच म्हयन्यां खातीर.

आमचे शेजान्नीकं हांवें विचारलें, ''तुमची वावराडी कशी?''

''बरी. चुकनासतना येता. येवंक मेळना जाल्यार सकाळींच फोन करून सांगता. पूण तोंडान मातशी सुबेज. पूण आपणें आपले मर्यादेंत रावतकीच जालें.''

शेजान्निगेर येवपी ही वावराडी म्हळ्यार वीस बावीस वर्सांची चली. नांव निशा. निशा बद्दल आमची वावराडी जायतें कितें कितें सांगताली. चली बरी न्हय, चड नट्टोपट्टो करपी... कोणा कोणा वांगडा नाचता... जिबेन इतली फटकळ की एके कडेन काम करता थंयचे बायलेक खंय तिणें, 'रांड, हिजडी' बी अशो गाळी घाल्यो... हांव जाल्यार भियेवन गेल्लें. पूण कितें करतलें? निमाणें हय ना, हय करत निशाकूच कामाक दवरलें एकदांचें.

निशा... वीस बावीस वर्सांचें. बदामी चेरो. गोरें. केंस पातळ. ते खांद्या मेरेन कापून वयर क्लीप लायिल्लें. दोळे मात मोटे मोटे. काजळान माखिल्ले. आमगेर आयिल्लें तेन्ना ताणें बरो पंजाबी ड्रॅस घाल्लो. ऊंच खोटांचे बुटय बी. ताका पळेल्यार ती वावराडी म्हूण कोण म्हणचो नासलो. रावप बी वेवस्थीत. ताणें सांगलें, ''हांव इकरांक येतां आनी तुमचें काम करून दिवन वतां.''

पयल्या दिसा तें आयलें. ताचे कडेन कशें वागचें तें म्हाका कळ्ळें ना. येतकीच ताणें म्हाका सांगलें, ''ते अमके अमके बिल्डिंगेंतली भाभी म्हजें काम जातकीच च्या आनी नाश्तो तयार दवरता.'' हांवें भियेवनच ताचें काम जातकीच च्याचें कोप ताचे मुखार दवरलें.

मागीर ल्हवू ल्हवू ताची म्हजी इश्टागत जावंक सुरवात जाली. निशा मूळचें कोंकणांतलें. ताचे आतेन ताका ल्हान आसतना, म्हळ्यार, पांच स वर्सांचें आसतना आपले म्हऱ्यांत मुंबय

निशा

शीला कोळंबकार

ाडलें. आतेक दोन भुरगीं. एक चलो, एक चली. दोगांय भुरगीं काळीं काळीं घस... ताच्या आतेभावाक घरचीं दारचीं 'दादा' म्हणटालीं. दादाक तिगां भुरगीं. एक चलो, दोगी चलयो. ताचो सगळ्यांत व्हडलो चलो निशा परस तीन चार वर्सांनी ल्हान. तें आतेगेर ल्हानाचें व्हड जालें. सकाळीं शाळेंत वचप. सांजेर, दनपरां, रातीं कोणा कोणालीं आयदनां घांसप. पयशे भाते कडेन दिवप. अशे तरेन तें सातवी मेरेन शेकले. ल्हवू ल्हवू कपडे धुवंक तें शिकलें. कामाक वता थंय काम बरें आनी आपूण बरें अशें वागप. "कामांत कितेंय आसल्यार सांगात. हांव आयकन. पूण चड शाणेपणां सांगशात जाल्यार आयकून घेवचें ना."

तें कोणा कडल्यान एक उतर घे नासलें. ोकडेंच ज्युरा सयत फारीक करतालें. एका मारवाड्यागेर तें काम करतालें. मारवाडीण महाखाश्ट बायल. तिणें पयले सुनेक लासून मारिल्ली म्हूण आयकल्लें. आतां दुसरी सून हायिल्ली. निशा सांगी, "तिगेर वावरूच करन दिसना. पूण तांगेर कोण वावराडी तिगना. हांवूय चिनासतना रावन जाल्यार सुनेक सगळें काम करचें पडटलें. सुनेले काकुळटेक हांव तिगेर तां."

हांवें विचारलें, "हय गो, तुवें ते म्हातारेक गाळी घाल्यो खंय?"

"घाल्यो म्हणजे? घालपाच्योच तिका गाळी. च लायकिची ती. म्हाका म्हणटा, तूं इतलें बरें पटुडेट भोंवता, इतले पयशे खंयच्यान डटा? आनी तुका वावर कित्याक जाय? त्या तराक हांवें तिका सांगलें, हांव जोडटां आनी ांव मोडटां. साली रांड, तुजे दोळे कित्याक टले? हांवें तुजे कडेन कितें पगार वाडोवन ागला? तुजें काम हांव सारकें करतां काय ना तूं पळे. बाकिचें तुका कांय लागना..."

निशाचो अवतार पळोवन, म्हातारी ळकुळ्ळी. निशा म्हाका सांगून हांसतालें. वैनी, तुका खबर ना, ह्या लोकां कडेन अशेंच वागूंक जाय. ऊं? शेण काड तूं... अशे तरेन. ना जाल्यार मनीस मोव पळोवन कोंपरान खणपी हो लोक... ही सुनेक आवयगेर वचूंक दिना. आपल्या धुवांक मात वयले वयर घरा हाडटा आनी म्हयनो म्हयनोभर दवरून घेता. सुनेचो घश्टो काडटा. तिणें केन्नाय कुळारा वतां म्हळ्यार डायरी काडून पळेता, सून केन्ना कुळारा गेल्ली, कितले दीस राविल्ली ती... हांव मात तिका बरीच शेपडायतां. तेऽ दीस हे भाभीगेर (आमचे शेजान्निगेर) ही येवन सांगता, तूं निशाले लाड करूं नाका, म्हणून. ताका जेवण बी कित्याक दिता? तें तुज्या माथ्यार बसतलें. तें कसलें तें तुका खबर ना, खंय... भाभीन म्हाका हें सांगनाफुडें हांव गेलें तिचे कडेन झगडूंक... तिका सांगलें, भाभीन म्हाका तिच्या माथ्यार बसयलां जाल्यार तुका शें तें जड लागलें? दुसरे खेपे तूं म्हजे विशीं कोणाय कडेन कितेंय उलयली म्हूण म्हज्या कानार येत जाल्यार तुज्या केश्ट्यांक धरून तुका उमथी घालून मारलिना जाल्यार, म्हजें नांवूच बदलून उडयन..."

"आवयस्स! आनी ती तुजें हें सगळें आयकून घेवन ओगी रावली गो?" हांवें ताका विचारलें.

"ओगी रावली म्हणजे... वेल्यान म्हणटा, 'म्हजे माँ ओगी राव. तुका पांयां पडटां...' आनी मागीर सुनेक तिणें सांगलें, निशाक इल्ली च्या करून दी... उलोवन ताळो सुकला जातलो."

"म्हणटा म्हूण, ही आमची शेजान्न तुका बरी करता न्हय गो?"

"बरी कसली करता?... बरी करताय जाल्यार आपल्या स्वार्थाक करता... हांव फकत तिचीं आयदनां आनी कपडे करतां... झाडूपोता तीच करता... पूण बाये बाये म्हूण उलो करून गोड गोड उलोवन आलायतें जाय तें काम ती म्हजे कडल्यान करून घेता. म्हयन्यांतले वीस दीस तरी घर अशेंच उडोवन ही भोंवंक वता. आनी हांव तुजे कडल्यान चावी घेवन सगळें काम करून वतां. सगळ्यांक सांगता म्हाका जेवण दिता म्हूण! जेवण दिता खरी... पूण कामूय तितलेंच करून घेता. आतां खाल्ल्या अन्नाक जागचें पडलें ना? आनी पगार? मागले बगर केन्नाच आपूण जावन दिना. तोय बी पंदरा तारके उपरांत... हातावेल्या पोटाचे लोक आमी... आमकां पगार वगतार नाका? केन्नाय शें देडशें रुपया मागीत, जाल्यार म्हणटा, तुजे कडेन आसल्यार तूंच म्हाका दी... शेटाणी खंय ही... हांव तुगेर काम करतां न्हय, जाल्यार म्हणटा, च्याचो घोंट तरी घालता गो ती तुज्या ताळ्यार?"

निशा अशेंय उलयतालें आनी तशेंय उलयतालें. एकेक खेपे म्हणटालें, "भाभी म्हाका चलये वरी वागयता. म्हजी अपुरबाय करता. तिगेर कितेंय करूं, म्हाका दिले बगर रावना. जाल्यार एकेक खेपे सांगी, आयज भाऊ (भाभीलो घोव) जेवंक ना. तेन्ना हिणें फकत रातचें शीत फोडणां घालून दवरलां. म्हाका जाल्यार उंडी लेगीत गिळूंक जाली ना."

आमचे पयलिंचे वावराडेन म्हाका सांगिल्लें, निशा कोणा वांगडा तरी भोंवता म्हूण! ताका लागून ताचीं आनी ताचे आतेचीं खूब झगडीं जालीं. आनी तें आतेलें घर सोडून गेलें. आनी खंय तरी पयस एक कूड भाड्याक घेवन आपल्या भावा बराबर रावता म्हूण!

पूण मागीर भाभीनूच म्हाका खरी कितें ती गजाल सांगली. – "निशा ताच्या त्या दादा बराबर भोंवता. ताची आते आमगेर आयिल्ली. ती सांगताली, हांवें हाका धुवे प्रमाण वाडयलें. जाल्यार हाणें म्हज्या पुताचेरूच नदर दवरली. आतां तो हाका नादावला. जोडिल्ली जोड हाचेर उडयता. बायले भुरग्यां कडेन, इतलेंच न्हय, म्हजे कडेन लेगीत लक्ष दिना. आमचें कांय आयकना. एका भरिल्ल्या घराचो विध्वंस हें निशा कित्याक म्हूण करता सांग पळोवंया. घर सोडटना, तुज्या घराचें घट्टण केले बगर हांव रावचेंना, अशें सांगून तें गेलां. आनी करताय बी

तशेंच. पुताच्या संवसाराची वाट लायली ती लायली, आतां धुवेलोय संवसार मोडूंक भायर सरलां. तेऽ दीस जांवयाक घेवन हें आपल्यागेर गेलें. तेंवूय बी घरा कोण नासतना. मागीर हांवें आनी म्हजे धुवेन मेळून ताका येतिश्ट बडयलें... तरी पाडा पडिल्ल्याक अक्कल ना. तुगेर तें कामाक येता तेन्ना तूं ताका मात्शें समजाय.''

भाभीन 'बरें' म्हळें, पूण तिगेलें म्हणणें, हांगेल्यो भानगडी कोणाक जाय? हें आपले आतेलें आयकना, तें म्हजें आयकतलें?

तरी निशाक म्हळें हांवें, ''काल तुजी आते आयिल्ली मगो भाभीगेर. व्हडल्या व्हडल्यान तुजे विशीं उलयताली.''

''ती आनी कित्याक आयिल्ली? तुका सांगूं वैनी, हे आते खातीर हांवें म्हजे हातपांय ग्ग्रयले. म्हजे कडेन एक पयसो दवरी नासतना तिका हांव पयशे दितालें. तिणें म्हाका हे असले संस्कार दिवप? सगळ्यांक सांगता, हांवें हिगेल्या पुताक नादाक लायलो म्हूण! ताणें म्हजी वाट लायली अशें कोण म्हणिना. वैनी, तुका हांव सांगतां, हांव तेन्ना फकत सोळा वर्सांचें आसलें. म्हाका कांय खबर नासलें. ...तुका सांगूं वैनी, केन्नाच खंयच्याच आवय बापायन आपल्या भुरग्यांक, चड करून धुवांक दुसऱ्यांल्या घरांत दवरूंक जायना. आपल्या भुरग्यांक आवय-बापायनूच सांबाळूंक जाय. तो दादा नाय जाल्यार बायजणूच. आतांची ताची बायल आसा ती ताणें लव्ह मॅरेज करून हाडल्या. ती जातींतलीय न्हय... मागीर बायल आसुनूय तो शेजारचे एके चलयेक घेवन भोंवतालो... ताचे बराबर नाच नाच नाचलो... तेन्ना ही आते कित्याक ओगी रावली? निमाणें ते चलयेक दुसरेपणांत एका म्हाताऱ्याक दिवची पडली... आतां मेल्लो म्हजे फाटल्यान लागला. आते म्हणटा, हांव तुमचीं नाटकां पळेतालीं... ही पळेताली जाल्यार ओगी कशी रावली? हिणें पुताक समजावपाचें न्हय? वैनी, ताणें म्हाका इतलो जीव लायला म्हूण सांगूं, आतां तो म्हाका सोडूंक शकना आनी हांव ताका...''

''म्हणटां म्हूण तुमचें जमलें कशें गो?''

''हो घरचो दादा न्ही... घरचो मुखेल... सगळे ताका भिताले. तशें हांवूय ताका भितालें. ताच्या वाऱ्याक उबें राव नासलें... ताची मेल्ल्याची नदरूच तसली... म्हाका थर्त भंय दिसतालो ताचो. पूण कित्याक तें कळनासलें. हांव ताच्या भुरग्यां मदीं भितरले कुडींत न्हिदतालें. एक खेपे ताणें आवयक सांगलें, निशाक रांदचे कुडींत न्हिदूंक दी. कित्याक, ताका सकाळीं देवाक दिवो लावचो आसता, तेन्ना खंय आडखळ जाताली. जालें, आतेन म्हाका रांदचे कुडींत न्हिदूंक लायलें. रांदचे कुडींतल्यान वयर माळो आसा. थंय दादा आनी ताची बायल न्हिदतालीं. त्या माळ्याच्या सोंपणा पोंदा हांव न्हिदूंक लागलें. हो येतना वतना म्हाका पांयान धोंगशितालो. मुखावेल्यान येतना बेश्टोच घश्टून वतालो. धुवेन च्या व्हरून दिली जाल्यार, नाका, मागीर घेतां म्हणटालो. आनी मागीर म्हाका उलो करून च्या हाडून दी म्हणटालो. च्या व्हरून दितकीच ओगीच हात सांसपितालो. म्हाका कळनासलें, हो अशें कित्याक करता काय म्हूण! केन्नाय दोगूय धुवां वांगडा म्हाकाय भोवंक व्हरतालो. सिनेमाक व्हरतालो... हात भोंवडायतालो... कोणाकूय सांगशीत जाल्यार मारतलों म्हणटालो... पयलीं हांव भंयान ओगी रावलें... मागीर म्हाकाय हाची सगळ्याची संवय जाली. एके खेपे ताची बायल गांवांत गेल्ली. राती कडेन हो येवन म्हाका बोटांनी धोंगसूंक लागलो. हांवें ताका कितें जाय काय म्हूण विचारलें. ताणें म्हळें, पोटांत दुखता तेन्ना ओंवो आनी उदक घेवन वयर यो. हांव भीत भीत गेलें. ताणें पोटाक तेल रगडूंक लायलें आनी अचकीत —''

— आनी तें थांबलें. मागीर भरिल्ल्या दोळ्यांनी ताणें सांगलें, ''म्हजे दुर्दशेची सुरवात जाली.''

''मागीर जाणा वैनी, रात जाली काय म्हाका भंय दिसऽ, कित्याक, हो केन्ना हांतुणांत रिगत म्हूण सांगूंक जायना आसलें. हाचें इतलेंय उणें म्हूण हाच्या पुताचीय म्हजेर नदर पडली. एके खेपे ताचो पूत आयलो. बरें म्हूण बरें. तेन्नाच दादा सकयल देंविल्लो. ताणें पुताक बाथरुमांत घालून येतिश्ट बडयलो... वेल्यान आते म्हणटा, आपलो गुन्यांव लिपोवंक दादा आपल्या नातवाक बदनाम करता... कर्मभोग न्हय हो वैनी...?''

''राव गो! दादालो हो पूत करता कितें?''

''कितें करतलो? बापूय तसो पूत. शिकूंक तयार ना. आतां ताका गांवांत दवरला. येन्नाच तो सिगरेटी ओडटा. सोरो पिता. चलयांचीं फकांडां करता. बापायन ताका मारलो म्हूण ताणें वांगडच्यांक घेवन बापायक मारची तयारी केल्ली. इतलो पाडो पोर... आनी ही आते म्हणटा, तुवें म्हज्या पुताच्या संवसाराची वाट लायली... हिका सगळें कळटालें जाल्यार हिणें म्हाका आपले बराबर न्हिदोवपाचें न्ही? ना जाल्यार म्हाका गांवांत तरी धाडून दिवपाचें... वेल्यान गांवभर म्हाका बदनाम करीत सुटल्या. सगळ्यांक हें कळटकीच म्हजे कडेन कोण म्हूण लग्न जातलो सांग पळोवया... हे आतेकूय म्हूण कितली खाज? ती पयलीं खंय तरी रावताली. थंय हिगेलो कोण तरी आसलो खंय. घोवाक तें कळटकीच घोव आताक येवन मेलो. पूत व्हड जावन ताका हें कळटकीच ताणें थंयचो जागो विकलो आनी हांगा फॅक्टरी लागीं पडटा अशें सांगून हांगा सुवात घेतली. आनी ही बायल इतली विचित्र... धुवेच्या पुताक आपले कडेन दवरून घेतला... रातीं तो उठून रडूंक लागतकच ही ताका चिंवेक धरता... कितें म्हणचें असले बायलेक?...''

निशा आमगेर कामाक येतालें. अर्द वर तरी गजाली मारतालें. गजाली ह्योच. दादान अशें केलें... दादान तशें केलें... दादा फॅक्टरिचो युनियन लिडर... दादा सेना शाखेचो प्रमूख... दादा वांगडा सिनेमाक गेल्लें... दादा वांगडा सिद्धीविनायक गेल्लें... दादान हो ड्रॅस घेवन दिलो... त्या दादालीय म्हूण हाचेर पाळत आशिल्ली. तें मात्शें फार्टी फुडें जालें काय ताचो फोन येतालो, निशा आयलां काय ना तें पळोवंक.

एक खेपे निशान म्हाका विचारलें, ''वैनी, आयज म्हाका पगार दिशीत?''

''कित्याक गो?''

''ना, म्हाका खाजूर आनी काजुबियो खावंची रूच आयल्या. तशो म्हजे कडेन त्यो अस्ताच. आयज त्यो सरल्यो.''

हांवें ताच्या हातार पगार दवरलो. दुसऱ्या दिसा ताका विचारलें, ''काजुबियो आनी खाजूर तूं दिसपट्टें खाता गो?''

''ना वैनी, केन्नाय खातां... गरम तो. तो खालो काय भायर जावंकूच जाय.''

''हें तुका कोणें सांगलें?''

''दादान...'' अशें म्हणून ताणें जीब चाबली. मागीर म्हणूंक लागलें, ''दादाक कितें कळना तें सांग म्हाका... हुशार मनीस... म्हजी भायर जावची तारिकूय ताच्या लक्षांत बरी आसता. पयर ताणेंच म्हाका याद करून दिली. ताचे कडेन पयशे नाशिल्ले. ना जाल्यार तोच हाडून दितलो आशिल्लो म्हाका खाजूर आनी काजुबियो... फाटले खेपे हांव बरें नासलें. हॉस्पिटलांत आसलें... तेन्ना ताणें कितली धांवपळ केली खबर आसा? व्हड व्हड दोतोरांक हाडून ताणें म्हाका तपासूंक लायलें. हॉस्पिटलाचो खर्चूय बी ताणेंच केलो. जाल्यार ताची बायल आनी आवय म्हणटात खंय, हो सगळी जोड निशाल्या मड्यार घालता म्हूण! आतां तूंच सांग वैनी, तो म्हजे फाटल्यान लागला ताका हांव कितें करूं?''

''तूं हॉस्पिटलांत आसलें? कितें जाल्लें तुका?''

''कितें सांगूं वैनी, ह्या दादालो भावोजी म्हळ्यार, भयणिलो घोव... ताका आमचे विशीं

कळ्ळें... तो नोकरी करता आनी उरिल्ल्या वेळांत रिक्षा चलयता. तो रस्त्यार मेळ्ळो. म्हणूंक लागलो, बस, तुका घरा सोडटां... आतां हो आपलो मनीस. ताका ना कशें म्हणूं? हांव रिक्षेंत बसलें. ताणें घरा पावयलें. मागीर ताका घरा यो, च्या घे म्हणचें पडलें ना? तो च्या घेवंक म्हूण आयलो. आनी म्हणूंक लागलो, तो काळू तुका कित्याक बरो दिसलो? ताचे परस हांव कितें वायट आसां? तुवें म्हाका सांगचें आसलें... अशें म्हणून ताणें दाराक खिळी घाली. हांव साप्प भिल्लें. पूण तेन्नाच शेजाऱ्यांनी दारार मारलें आनी हांव सुटलें. हांवें तिका बसोवन घेतली. थोड्या वेळान दादा आयलो. ताका हांवें घडिल्ली गजाल सांगली. ताणें भावोजीक वचून गाळी घाल्यो. जाल्यार ह्या भावोजीन आपले बायलेक सांगलें, ह्या निशानूच म्हाका आपोवन व्हेलो आनी म्हज्या गळ्यांत पडलें म्हूण... आनी आपूण खरो म्हूण सांगूंक पुताचे तकलेर हात दवरून सोपूत घेतलो... दुसऱ्या दिसा आवय आनी धूव म्हाका सोदीत आयलीं. आनी भर रस्त्यांत तांणी म्हाका माल्लें... म्हजे हात कितें केळीं खावंक वचूंक नाशिल्ले... पूण कितें करूं? आवय सारके आतेचेर हात कसो उबारूं म्हूण हांव ओगी रावलें. पूण जाल्लें तें इतलें विचित्र जाल्लें न्हय, म्हाका खूब त्रास जालो. म्हाका न्हिदूच येना जाली. भूक लागना जाली. तान लागना जाली. बरें वायट कांयच समजना जालें. रडूंकूय येना जालें... म्हजें हें वय वैनी असलें कितें सोंसपाचें? म्हजें वय हांसपाचें खेळपाचें... दादान मागीर म्हाका व्हडल्या दोतोराक दाखयलें. चार पांच दीस हांव हॉस्पिटलांत उरलें. मागीर हांव बरें जालें. जाणा वैनी, दादा जेवणाखाणाची पर्वा करी नासतना म्हज्या फाटल्या फुडल्यान रावलो. म्हजे तकलेर हात भोंवडावन म्हणटालो, 'सोना, म्हजे खातीर तुजी ही अशी दशा जाली न्हय? तूं बरें जा, सोना... बेगीन बरें जा... तुजे बगर म्हाका कोण आसा गो?' अशें म्हणून तो दादलो रडटालो... म्हजी अपुरबाय करतालो. ताणें म्हाका इतलो जीव लायला म्हूण सांगूं वैनी!''

निशा अशें उलयतालें. आनी राग आयलो काय ह्या दादाक गाळीय घालतालें. मेलो... काळतोंडो... म्हजी जीण बरबाद केली... हांव ल्हान आशिल्लें... हाका भितालें... ताचो हाणें फायदो घेतलो आनी म्हज्या आंगार हात घालो... झडून वचूं ताचे हात... हाचें केन्नाच बरें जावचें ना... म्हजे तळतळाट लागतले ताका... हाचे धुवे परस चार पांच वर्सांनी व्हड हांव... एकेक खेपे म्हजी तकली घुंवली न्हय वैनी, काय हांव ताका गाळीच घालतां... ताका सांगतां हांव, तुवें म्हजी वाट लायली... आतां तुजी धूव व्हडली जाली न्हय, आतां तिका घेवन न्हीद... तुजे धुवेची अशी कोणेंय वाट लायली जाल्यार तुका कितें दिसतलें? हो मार म्हजो घोव आशिल्ले वरी म्हजेर शेक गाजयता... हांव खंय वतां, कोणा कडेन उलयतां ताचेर बारीक लक्ष दवरता... वावर करतां थंय एकेक खेपे चड काम आसलें आनी वगत जालो जाल्यार इतलो वगत कितें करतालें काय म्हूण मारूंक येता. मागीर हांव ताका विचारतां, तूं कोणाचेर हक गाजयता? हांव कितें तुजी लग्नाची बायल? तरी बरें हांव हाची बिबी नंबर दोन म्हूण! पूण वैनी, हाका कितल्योय गाळी घाल्यार एक उतर काडी नासतना तो हें सगळें आयकून घेता. आनी ओगी रावता... मागीर म्हणटा, खरेंच सोना, हांवें तुजी वाट लायली. अशें म्हणटा आनी दोळे भरता. म्हणटा, तूं मामाली व्हड धूव कित्याक जालें ना? सगळे प्रस्न आपशींच सुटपाचे... मागीर वैनी, म्हाकाच ताची काकुळट दिसता.

एक दीस निशान म्हाका सांगलें, ''जाणा वैनी, आमचे थंय कैलास म्हूण एक भुरगो रावता. तो सदांच म्हजी मस्करी करता. बरो दिसता गे तो... थंयच्यो सगळ्यो चलयो ताचेर मरतात आनी हो म्हजेर... शिकला बी बरो... बारावी मेरेन... कंपनींत नोकरी करता. घरांत आवय आनी हो, दोगांच. ताणें एके चलये मार्फत म्हाका विचारलां आपले कडेन लग्न जायशीत काय म्हूण!''

''जा मगो ताचे कडेन लग्न.''

''पूण वैनी, तो आमचे जातचो न्ही.''

''जातिचें पाड पडूं... भुरगो दिसूंक आनी सभावान बरो न्ही? जालें मागीर...' हांवें म्हळें.

''...वैनी, दादान ताका म्हजे कडेन एक दोन खेपे उलयतना पळेलें. ताणें म्हाका कांय म्हणूंक ना. पूण त्या कैल्याक वचून दम माल्लो. निशाले वाटेक वचशीत जाल्यार बरें जावचें ना, म्हळें. आतां तो कैल्या म्हजे कडेन उलोवंक लेगीत बाडगता... म्हणटा, तुजो तो सीआयडी दादा आसा न्ही, खंयच्यान तुजेर तो नदर दवरून आसता म्हूण खबर ना.''

एक खेपे निशा नवो पंजाबी घालून आयिल्लें. हांवें म्हळें, ''कितें? आयज पिक्चराक वता काय कितें?''

''तुका कशें कळ्ळें?''

''तुवें नवो ड्रेंस घाला आनी उलोवचे पयलीं तूं बेगिबेगीन काम करता. हाचो अर्थ तूं खंय तरी वचपाचे गडबडींत आसा.''

जिस्तूच वळखलें वैनी... पूण तूं कोणाक सांगूं नाका आं... हांव पिक्चराक वतां.''

''दादान तिकेटी काडून हाडल्यात काय कितें?''

''दादा हांगा खंय आसा? पुताक मेळूंक तो गांवांत गेला. हांव कैल्या वांगडा वतां पिक्चराक.''

अचकीत एक दीस निशान म्हाका सांगलें, ''वैनी, आमच्या घराचो पत्तो सारको ना. पयलीं गांवच्यान म्हाका पत्रां दादागेर येतालीं. हांव तुमचो पत्तो थोड्या दिसां खातीर दिवं?''

''बरे भशेन.'' हांवें म्हळें. हांवें ताका म्हजो पत्तो दिलो. चार पांच पत्रां ताका आमच्या पत्त्यार आयलीं.

''ही भाभी म्हूण कितें कमी ना!...'' एक खेपे ताणें म्हाका म्हळें.

''कितें जालें?'' हांवें ताका विचारलें.

''ती म्हाका म्हणटा, म्हणटा म्हूण बापूय, पूत, भावोजी सगळेच तुजे फाटल्यान कशे गो? तुका कितें म्होंव लागलां? मुसा वरी बरे मगो ते तुजे फाटल्यान भोंवर मारतात... वैनी, म्हाका तिचो इतलो राग आयलो म्हूण सांगूं...''

म्हाका भाभीलीं उतरां येवजलीं. भाभी म्हणटाली, 'अशी कितें व्हडली अप्सरा ही? सगळे हाचेच फाटल्यान लागतात ते... कांय न्हय... हे सगळे पयशांचे खेळ. हें दुसरे कडेन रावंक गेलां न्हय, तेन्ना ताका जोडिल्ली जोड पावना... तेन्ना हें असले धंदे करता पयशे जोडूंक, आनीक कांय ना... सगळो पयशांचो खेळ.'

हांवें तिका म्हळें, ''भाभी, हांव तुका सगळें खरें कितें तें सांगतां आनी तूं अशें उलयता? आतां हे सगळे म्हजे फाटल्यान हात धुवन कित्याक लागल्यात हें म्हाका तरी कितें खबर?...'' ताणें म्हळें.

''हांकां दिसता हांव पयशांक लागून हें करतां म्हूण... दादालो पूत खंय कितें जोडटा? तो म्हाका खंयच्यान पयशे दितलो? ती मेली म्हातारीय तशेंच म्हणटाली. तेन्ना तिका हांवें म्हळें, तुजे भशेन लोकांच्या चलयांक मारून हुंडो एकठांय करचे परस धंदो करपी बायलां जायतीं बरीं... ताका लागून हीय तशें म्हणटा... म्हाका धंदोच करचो आसलो जाल्यार हांव हांचीं मान्नीं धुवंक कित्याक बसपाचें? हांव बरे तरेन भोंवतां हें हांच्यांनी पळोवं नज... जळटात हीं म्हजेर... वैनी, तूंच सांग, तूं कितें खाता पिता तें कोण पळेता? तूं कशें भोंवता तें सगळ्यांक दिसता न्ही... भाभीली धूव ड्रेंस शिंवन घेता न्ही, थंयच हांवूय बी ड्रेंस शिंवन घेतां... तेन्ना भाभीक राग. देडशें रुपया दर्ज्याक कित्याक दिवंक जाय, अशें तिचें म्हणणें. पूण तिका खंय खबर दादाक

लागून तो दर्जी म्हजे कडल्यान पयशे घेना म्हूण !''

''मागीर तूं भाभीक तशें कित्याक सांगिना ?''

''जालें, तशें सांगल्यार हो लोक रोखडोच म्हजो आनी दर्ज्याचो संबंध जोडटलो. सध्या हांव वंयेवेल्या कुंवाळ्या वरी जालां. धड हांगाय ना आनी थंयूय ना... म्हज्या गळ्यांत मंगळसूत्र ना आनी आवय-बापायलो आधार ना. तेन्ना सगळ्यांक दिसता हाचेर आपलोच हक. हे भाभीक कांय खबर ना. ही हिचे फामिली बराबर सुरक्षीत आसा. म्हजे वरी रस्त्यार पडिल्ली जाल्यार हिका कळपाचें कोणाच्या आधारा विणें जगप कितलें मुश्कील तें...'

त्या दिसा आमगेर आयिल्ले कडेन ताणें म्हाका सांगलें, ''वैनी, पयलीं म्हाका च्या करून दी. म्हजो ताळो सुकलो आड्डून आड्डून... आनी कितें खावंकूय बी आसल्यार दी. म्हाका खूब भूक लागल्या.''

अशें म्हणून ताणें जमनीर घालून घेतलें आनी तकली दामून धरून, दोळे धांपून तें पडून रावलें.

हांवें च्या केली. ताका व्हरून दिली. चपाती भाजी खावंक दिली. आनी विचारलें, ''कोणाचेर आड्डून आयलें ?''

''ते, ते पिडेचेर !''

''कोण पिडा ?''

''ती दादाली बायल... हांव काम करतां थंय म्हजे कडेन झगडूंक आयल्या. म्हाका म्हणटा, त्या दादाक तूंच घेवन बस. पूण तो जोडटा ती जोड म्हजे कडेन हाडून दी. तीन भुरगीं म्हाका. हांव तांचो सांबाळ कसो करूं ? हांवें तिका सांगलें, तूं म्हजे वाटेक वचूं नाका. तुवेंय बी लव्ह मॅरज केल्लें न्ही ? तूंय बी पळून आयिल्ली न्हय हाच्या नादाक लागून ? तुका तुजो घोव सांबाळूंक कळना ताका हांव कितें करूं ? हांवें तुज्या घोवाली वाट लायली, काय तुगेल्या घोवान म्हजी जिंदगी बर्बाद केली ? तूं म्हजे वाटेक वचूं नाका... उमथी घालून मारीन धरून... अशें म्हणून हांवें तिच्या केश्ल्यांक धरून तिचे सणकुटेर दोन फुलयलीं... बाकिचीं बायलां मदीं पडलीं म्हूण सुटली ती... ओगीच लोकांल्या दारांत येवन तमाशा करता. आपले बराबर म्हजीय अब्रू काडटा. आतां दाखयतांच हिका हांव निशा म्हळ्यार कितें चीज ती ! आतां दादाक वचून असो चडयतां... घरा वचून बडयतलो धरून हो तिका... तेन्ना सुधारतली... साप्प पिसांट बायल... घोव हिचेर मातूय मोग करिना... तरीय ही ताचे बराबर पडून आसा. हांव हिचे सुवातेर उरतां जाल्यार असल्या घोवाक सोडून दिवपाचें... ही मेल्ली भुरग्यांक घेवन तोंड घेवन वचय बी ना...''

निशा सगळें गोंदळून गेल्लें. वय वाडटा तशी ताची समज वाडिल्ली. आपली वाट लायली म्हूण दादालो ताका रागूय येतालो आनी तें तागेल्या मोगांतय पडिल्लें... लग्नय जावंक शकनासलें आनी 'दोन नंबरची बायल' जावनूय रावंक शकनासलें. दुसरे कडेन लग्नूय करूंक भियेतालें, कित्याक, हो परथून परथून दिल्ल्या घरा आयलो जाल्यार घोवा घरचे दुबाव घेवचे नासले ? तें म्हणटालें, ''वैनी, म्हाका लग्न करूंक जाय... म्हाका भुरगीं जाय... म्हजो संवसार जाय... मेळत काय म्हाका हें... काय हांव मदले मदीं उरतलें, हुमकळत ?...''

मागीर एक दीस निशा मुंबयचीं कामां सोडून गांवांत गेलें. हांवूय ताका विसरून गेल्लें.

खूब वर्सांनी तें म्हाका मेळ्ळें. तेन्ना ताच्या गळ्यांत मंगळसूत्र आशिल्लें. तें साडी न्हेशिल्लें. हाताक एक, कमरार एक आनी पोटांत एक अशीं ताचे कडेन भुरगीं आशिल्लीं. हांवें म्हळें,

''कितें गो ? हें कैल्यालें प्रॉडक्शन ?''

ताचे दोळे भरून आयले. ताच्या दोळ्यांतल्यान दुकां गळ्ळीं. दोळे पुसून ताणें विचारलें, ''वैनी, कैल्या तुका अजून याद आसा ? वैनी, हांवें कैल्या कडेन लग्न जावचें थारायलें. ताका हांवें सगळें सगळें सांगलें... इतलें जावनूय तो म्हजे कडेन लग्न जावंक तयार जालो. दादाक हांवें ही गजाल सांगली. जाल्यार दादान कितें करचें ? ताका बरोच मार घालो आनी ताचे हातपांय मोडून घाले. खूब तेंपान ते दुखीन तो बाबडो मेलो.''

''आनी ताची आवय गो ?''

''तिका हांवें म्हजे बराबर हाडून दवरल्या.''

''आनी मागीर हीं भुरगीं कोणालीं ? तुवें कोणा कडेन लग्न केलें ?''

''कैल्याक मारतकीच दादा कितलो नीच मनीस तें म्हाका कळ्ळें. हांवेंय बी ताका बुद्द शिकोवपाचें थारायलें. हांवें तुमचो पत्तो घेतिल्लो याद आसा ? थंयच्यान हांवें एकल्या बराबर संबंध दवरलो. ताका पत्रां बरयलीं. ताच्या मनाचो अदमास घेतलो. ताका लग्न जाता काय विचारलें. ताणें हय म्हणटकीच हांव ताच्या सांगातान गांवांत गेलें. आनी ताचे बराबर हांवें लग्न केलें...''

''कोण गो तो ? हांव ताका वळखतां ? तुवें केन्ना सांगूंक ना ?''

''तुका सांगिल्लें हांवें !''

''कोण गो तो ?''

''दादालो पूत.''



घरप्रवेश

गजानन जोग

शुमार चार वरांचेर रघूभटाले मंत्र अकस्मात थांबले तेन्ना जमिल्ले पन्नास-साठ लोक लेगीत खीणभर ओग्गी रावले. आतां जेवणाच्या वासा कडेन तांचें चडूच लक्ष गेलें आनी भूक तेंगशेर पाविल्ली.

'गणहोम शांती, पुरा कार्य जाल्लें आसा!' रघूभटान पाटारूच उठून उबो रावन आपणाल्या धरिल्ल्या कमरार मुटके मारीत म्हटलें.

'व्हय वे? कद सोडल्या अड ना नवे?' मल्ल्यामामान ल्हान भुरग्याचे ताकतिकेन विचारलें. केंसाळ दोंदार ताणें तो सकाळ सावन मोठ्या यत्नान तिगोवन दवरिल्लो.

'कद सोडका वे? अडना, अडना! आशिर्वचन मात्र वरलेलें आसा... सोडाति तुमी कदू', रघूभटालो हुकूम जालो.

गोंयांत बँक मॅनेजर आशिल्ल्या मल्ल्यामामान साउथ कॅनरांत आपणाल्या गांवांत घर बांदिल्लें. घर कसलें, बंगलोच तो. वास्तुशांती खातीर पुष्पाबायन आठ दीस रजा घेवन सगळी तयारी केल्ली. पुष्पाबाय लेगीत बँकेंत ऑफिसर आसा. दोगांयनी पैसो एकठांय करून बरो बंगलो बांदिल्लो. 'युगादि'चो म्हूर्त सादपा खातीर खटपट केल्ली. आजून इल्लें काम उरिल्लें पूण जाय तसो म्हूर्त सादिल्लो. सोयरीं आनी दोगांयल्या बँकांतले लोक. गोंयच्यान खास धा सिटर गाडी करून दोगांयच्या बँकांतले लोक आयिल्ले.


बंगलो सगळ्यांक आवडलो. ताचें 'समाधान' हें नांव लेगीत. पूण मल्ल्यामामालो व्हडलो भाव मात खॉ खॉ करून हांसत म्हणूंक लागलो,

'समाधान! कसलें समाधान? हॉटला नावशें जालें नवे? हॉटेल समाधान!'

'कसल्लें उलोवचें तुमी? शुब शुब उलोवचो समय हो!' पुष्पाबायच्या जाण्टेल्या बापायन सणसणीत आवाजांत विचारलें. मागीर चार लोकां कडेन पळोवन तांकां आयकूंक येवचें म्हूण व्हड आवाजांत म्हटलें,

'तुमगेल्या सान भावाचें कर्तुब होड! गरीब मनशाचे दोग पूत तुमी. ताणें शाळा-गिळा शिकून बँकांतु चाकरी धोन्न कडेर कालीज पुरा शिकून म्हालगडो म्यानेजर जांवचें! पूरा कर्तुब लेखिल्यारी तुमगेलें होडपण कसल्लें? बापायची आंगडी चलोवचें साध्य जालें ना नवे तुमकां?...'

'चार लोकां मुखारि हांकां अशें उलोवचें चांग



नवे? हें तुमगेलें शुभ वे? सांगाति तुमी म्हाका!' व्हडल्याचे बायलेन आपणालो टिपेचो शेनाय कसो आवाज त्या नव्या घरांत दुमदुमायलो आनी बेंगळूर प्यूअर सिल्क शालवाचो पदर खोयत ती जाण्टेल्या मुखार येवन उबी रावली. तेन्ना जाण्टेल्यान लेगीत सोप्यार सांवरून बसत म्हटलें,

'तूं... तूं... म्हाका जाप करता वे?'

आतां एक चमचमीत पक्वान्न जेवणा आर्दीच मेळटा अशें येवजून सगलो लोक सरभोंवतणी जमलो. वातावरण तापता तें पळोवन पुष्पाबाय थंय धांवत आयली.

'अण्णा, अण्णा, तुमगेलो प्रेशर समा ना... उगडास ना वे तुमकां? चिके भितर वचून ताने पिवच्या घेयाति...', ताका हाताक धरून तिणें ओडुनूचसो व्हेलो. आतां व्हडल्याचे बायलेक जल चडिल्ले भशेन जालें. तिची शेनाय द्रूत लयींत वाजपाक लागली.

'पुरो... गल्लाट नाका... पूरा जन आशिर्वचनाक येयाति', रघूभटान आपणालो आवाज पखवाजा भशेन लायलो.

'मल्ल्यामाम, तुमी हो नार्ल हांतांतु धोन्न उबे रावाति! पुष्पाबाय, तुमगेल्या बामणा लागीं उबी रावाति! तुमगेल्या चेरडुवांक आपयाति', रघूभटान फर्मायलें.

मल्ल्यान चिड्डल्ल्या आवाजांत, तिखट दोळ्यांनी भटाक पळेत म्हळें,

'आमगेलीं चेरडुवां नाति, गोत्त नावे रघुमाम?'

'गोत्त आसा कडेर उडगास ना. हांगा पूरा म्हाभारत स्टार्ट जाल्ललें नवे?... स्टार्ट कोरया', हातांत अक्षत घेवन ताणें मंत्र म्हणपाक सुरवात केली.

जेवणा वेळार पंगतींत गजालींक नेट आयिल्लो. सकाळचीं पाकिटां पळोवन कांय लोकांनी जेवण कितें आसतलें ताचो अदमास बांदिल्लो आनी थंयच्यान कडसरून गेल्ले. निखटी च्या पियेवन जे सकाळींफुडें आयिल्ले तांचे खरे हाल जाल्ले. मल्ल्यामामाले मांयन जण एकल्याच्या हातांत एकेक पाकीट आनी स्टिला पेलो दिल्लो. पाकिटांत चिरमुल्यां चिवडो, लाडवा गुळी असलें सगलें मेळून मूठभर खाण आसलें. पेल्यांत गोंयच्यान खास व्हेल्लें अमृत कोकम सरबत. तें पितना कांय जाणांनी आंबट तोंड केलां तें पळोवन हेर कांय जाणांनी नाका नाका म्हटलें.

'गोंयच्यान हाडलां तें! भारी चांग. अमृततुल्य. पिंताक बरें.' मल्ल्यामामाले मांयन सांगिल्लें तेन्ना सगले जाण खॉ खॉ हांशिल्ले.

'आगे आज्जे, गोंय फेमस आसा तें कोकमाक व्हय गे?'

'गोंयचें दुसरें सरबत हाडल्यार चिके चांग आसलें.' लोकांनी तरांतरांनी कॉमेन्ट मारिल्ले.

'मल्ल्यामामान हाडचें पुरा अस्सलेंच नवे? चीप ॲण्ड बॅस्ट!'

'आनी कितें!'

'पूण बंगलो भारी चांग बांदिला.'

'तो कॉन्ट्रेक्टर तागेलो पैशिल्लो सोयरोचि. ताका चिके लोन गीन दिवन हाणें फुडें हेल्प केल्ललें.'

'व्हय. आतां तें हेल्प कळांतरा सकट घेवचें!'

'आनी कितें! रुखार कावळो आंबो खाता तेदना मल्ल्यामाम कावळ्याक सोंवता. कोणाक कितें दिवचें म्हळ्यारि म्हापातक म्हूण लेखचें ताणें...'

'रघूभटाली आयची स्टोरी गोत आसा वे तुमकां?'

'कसल्ली स्टोरी बा?'

'रघूभटान सांगिल्लें सामान हाणें पुरा ५०% हाडलां. तागेलें तत्व म्हळ्यार, संवसारांत पूरा जन चोर आनी धंदो करपी. सेकंड हँड कार घेवच्या वेळार विकतल्यान एक लक्ष सांगिल्ले. हाणें ऐवत्तु सावेर म्हळें खैं!'

जेवणाचें कॉन्ट्रेक्ट दिल्यार म्हारग पडटा म्हूण मल्ल्यान रांदपी सांगिल्लो. जेवण पानार वाडिल्लें. जेवणाक आर्दीच उशीर जाल्लो. पूण जेवणावळ पंदरा मिनटां भितर आटापली. कोणें एकल्यान दुसऱ्याक आग्रो करपाचो यत्न केलो तेन्ना मल्ल्यामामान आपलीं बचकुलां हड्ड्या कडेन हाडून तोंडार सात्वीक संताप हाडून म्हटलें,

'पळयात, पूरा जन आपणाल्या पोटाक खाताति. जोर करचें समा न्हय. कोणाक डायबिटीस, कोणाक बी.पी., कोणाक म्हजे वरी बायपास केल्ललो आसच्या पुरो!...'

यजमान अशें म्हणपाक लागतकर वाडप्यांनी ६० स्पीड घालून पंगती वाडून काडल्यो.

रघूभट, रांदपी, कॉन्ट्रॅक्टर आनी निमाणो आयिल्लो लायटीकार हांचे वांगडा वाद आनी वाणपण करतां करतां काळोख जावपाक आयलो. त्याच वेळार खंय तरी शॉर्ट सर्किट जावन बंगल्याची लायट गेली. लायटीकार फणफणत वचपाचे तयारेंत आसलो.

'चिके पळय... लायट गेल्या नवे!' मल्ल्यामामान म्हळें.

'आर्दी नूर रुपय ॲडवान्स दियाति!'

'ॲडवान्स? शंबर? लायट घालच्या पांयशीं आनी सान फॉल्ट काडच्या नूर?'

'सान वे? सान जाल्यारि तुमीच काडा ति फॉल्ट. मिगेल्यो सिरीज काण्ण घेवन चमकत्तां हांव' अशें म्हणून तो आपणाल्यो माळो काडून गुठलावपाक लागलो.

'आरे, आरे, फाय सकाळीं काडचे नवे?'

'तुमी दुडू अर्दें दिल्यारि अर्दींच लायट मेळची!'

लायटीकारान आपणाल्यो २/३ माळो, बोर्ड लागीं करून तें सामान स्कुटरीर घालून आपणाली वाट धरली. हें सगळें आयकत नशिबाक खेपत आनी मोन्यांनी बशिल्लो कॉन्ट्रॅक्टर काळखांत खंय नाच्च जालो.

'आगे मेणवात हाडि!' मल्ल्यान पुष्पाबायक सांगलें.

'मेणवात आसा पूण उज्या पेट ना. तुमचे लागीं आसा वे?'

'मिज्या लागीं? सिगार सोण्ण दोन वर्सां जालीं!'

'आतां कसऽ करचें?' तिणें वितरागून म्हळें.

'नुतू बसचें.'

'नुतू बसचें? तुमी त्या लायटीकाराक पूरा पेमेंट किद्या करनी?'

'तागेलें काम फॉल्टी!'

'तुमी दिवचे दुडू पळयल्यारि पूरा जनांचें काम फॉल्टीच!'

'व्हय गे! गोत्त आसा. हांव कृपण आनी तूं राजा हरिश्चंद्र! पूरा जनाक दुडू दिवचो तुगेलो अभ्यास! तुगेलें कसऽ चांग जालें?'

'मिगेलें आनी तुमगेलें विंगड विंगड वे? कसल्ले तापत्रया मिगेल्या कर्मांतु गोत्त ना रे देवा!' उलयतां उलयतां पुष्पाबायचो आवाज भरून आयलो.

'आगे, हांगा होमांतु उजो आसच्या पुरो, चिके पळय!'

'तुमीच पळयाति... होमांतल्या उज्यान घरांत उजवाड कोरचें काम तुमगेलेंचि!'

'उज्जो तो उज्जो! होम किदें आनी उज्यापेट किदें!' विचित्र हांसत मल्ल्यामामान म्हटलें. 'हांव तसल्लें मानिना. हांव सायन्स ग्रॅज्युएट!'

'गोत्त आसा म्हाका... फुडें डॉक्टरान सांगिल्लें... तुमी ना म्हटलें... तुमी तेदना हय म्हटल्यारि... काळखांत पडचें नासलें हांव.'

'तो मिगेलो पूत जाता आसलो? तुगेल्या पोटांत वाडिल्लो तो तुगेलो पूत जातालो आसलो... तुगेलो आनी दान करप्यालो...'

पुष्पाबाय तिरमिरत भितर गेली. खंय तरी

तिका उजो मेळ्ळो. मेणवात एका लातार लावन तिणें भायर हाडून मल्ल्या मुखार आपटिली.

'हागूर... पालवतली ती वात!' मल्ल्यान 'ही ही' करून विचित्र हांसत म्हळें. त्या आवाजान पुष्पाबायचें आंग शिरशिरलें.

'काळखांत बसच्या सूख जाता वे? कसलें हांसचें तुमी? लायटी बील सेव जाता म्हूण?'

आतां मल्ल्यामामाक तिडक आयली आनी किरें तरी वर्मी उलोवपाक ताणें तोंड उगडलां मात, भायल्यान कोणें तरी साद घालो.

'मल्ल्यामाम... मल्ल्यामाम...'

'कोण केतन? यो रे... आमगेलो करंट गेल्ला. चिके पळयता वे?'

'गोत्त ना. इलेक्ट्रिशियन पळोवं? पूण आयज आयतार...'

'तें आसूं. त्रिविक्रम चार घंट्यार कार घेवन स्टेशनार गेलतो, आयलोना...'

'त्रिवी वे? हांवें सोडला ताका पेट्रोल बंकार! ती कार तुमगेली वे? पेट्रोल सोंपून ती बंद पडल्या.'

'सोंपचें कशें? काल दोन लिटर घातिल्लें नवे?' मल्ल्यामामान म्हटलें. बोट कॅलक्युलेटरार भोंवडावचें तशें भोंवडावन ताणें हिशोब सुरू केलो.

'ती स्कूटर वे? काराक पेट्रोल जास्ती जावका नवे! तें आसूं, कामाचें सांगतां. कुंदापुरा थावन संदेश आयिला...'

कुंदापुरा सावन रकाद म्हणना बराबर मल्ल्यामामाचें तोंड हांसकुरें जालें. बेगीबेगीन ताणें विचारलें,

'हय वे? मंजूनाथालो?'

'ना, तागेल्या म्हालगड्या भावाचो.' तो P&P कंपनींतु एरिया मॅनेजर जावन आसा नवे, तागेली ट्रान्स्फर जाल्या खंय हांगा.'

'हांगा? हांगा?'

'हांगा म्हळ्यारि मंगळूरांतु.'

'ताका कंपनी कार आसच्या पुरो. आमगेली एरिया ताका समा जातली... पुष्पा... ए पुष्पा... केतनाक लाडू-गिडू ताने पिवच्या हाड...', अकस्मात मोग उचंबळून येवन ताणें म्हळें.

'रेंट प्रकार किदें सांगिल्लां वे?'

'ना बा, कडेन कंपनीन दिवचें नवे तें? तो कसल्लो प्रोबलेम ना म्हण्णालो तो?'

'व्हय वे... पुष्पा... ताका ताने पिवच्या दी. आनी विंगड मेणवात हाडि. ही सोंपली नवे...'

पुष्पाबायन खाण हाडून केतना मुखार दवरलें. हणटा म्हणसर लख्ख करून उजवाड, फटोफाट कारिचो आवाज आयलो.

'हो पळे त्रिविक्रम आयलो!' मल्ल्यामामान म्हटलें. सरभोंवतणी उपत्या मळावयलें प्लॉट घेवन बशिल्लो तो एकटुको बंगलो खिणभर उजवाडांत न्हालो आनी मागीर किट्ट काळोख पांगरून ओग्गी बसलो.

'यो रे त्रिवी. सुमार लेट जालो मुरे!' मल्ल्यामामान म्हटलें.

'केतनान सांगूंना? तुमगेलें फ्युअल सोंपतलें म्हूण हांवें लेखूंना. भारी कश्ट जाले!'

'हय वे?' मल्ल्यामामान 'ही ही' हांसत म्हळें.

'हांवें लेकिलें टँक फूल आसच्या पुरो.'

'फूल टँक?' पुष्पाबायन त्रिवीक उदक दितना तिरकसपणान म्हळें. 'हांणी फूल टँक कोरचो येक्कूच दीस... म्हळ्यारी बडजेटांतु जावची खबर आसल्यारी...!'

'तुमगेलो फ्यूअल इंडिकेटर बंद आसा मल्ल्यामाम!'

'समा कोन्न दिता म्हूण फुडल्या ओनरान सांगिल्लें... पूण नो वर्ड... दिल्लें प्रॉमिस कीप कोरचो जमानो गेलो नवे? आतां पूरा जन दुडू खांवचे म्हण्टाति...'

'ताका बंगलो केन्ना थावन जावका केतन?'

'एप्रील फर्स्ट... म्हळ्यार परां... ताका फुडलें सांगका म्हणालो.'

'वयवे केतना, आमी आतां वोसया? कुंदापूरा?'

'आतां? आतां?'

'व्हय... आतां आठ घंट्यार या. इकरा घंट्यार वापास... पूरा फिक्स कोरया... तुगेलें स्कूटर समा आसा... न्यू नवे?'

'व्हय... पूण... तुगेलें कार आसा नवे?'

'तुका पेट्रोला दुडू हांव दितां... टू अँड फ्रो... तीन लीटर पुरो नवे?' मल्ल्यामामान विचारलें.

'स्कुटरान? रात्तीचे? तुमगेलें कार ना वे?' पुष्पान तिडकीन विचारलें. 'पेट्रोलाक दुडू ना वे?'

'पुरो पुरो... सायकलान काम जाता जाल्यार स्कूटर व्होरचें न्हय... स्कूटरान काम जाता जाल्यार कार व्होरचें न्हय... पेट्रोल सेव कोरचें आमगेलें नॅशनल एम आसका!'

'तुमगेलें एक्कूच एम... दुडू सेव कोरका! वन पॉइंट प्रोग्राम तुमगेलो...' पुष्पाबायन म्हटलें. ताचेर त्रिवी आनी केतन दोगूय हांसले.

'आमी वोसया' म्हणत मल्ल्यामाम उठलो.

'आतां खंय वताति? आठ घंट्यार? वेइकल वायट जाल्यारि? पेट्रोल सोंपल्यारि?' पुष्पाबायन मर्दी तोंड घालें.

'आगे तुगेलें तोंड धांपि! नुतू बैशि!'

'हांव नुतू बैसतां!' पुष्पाबाय फणफणत भितर गेली.

'व्हय. वेइकल वायट जाल्यारि... फोंडां तूं गेल्यारि... ओटुपुरा उलोवचें तुवें! चल या केतना. तुगेलें स्कूटर मिगेलें पेट्रोल...'

रातीं मल्ल्यामाम केन्ना तरी आयलो. पुष्पाबाय जागीच आसली. पूण तिणें तोंडांतल्यान उतर काडलेंना. रातभर ती लागीं लागीं जागीच आसली. गृहप्रवेशाच्या निमतान कांय लोक मेळ्ळे खरे पूण धड उलोवप जालें ना, धड कोणाची खबर घेतली ना. बोवाळ आनी वादावादी... गोंयच्यान बारा जाण स्टाफ आयलो तांच्या हाताक किरें लायलें? लाडवा गुळी आनी चिवड्या पाकीट!

फाटले एकेक प्रसंग अशा वेळार याद जातात. पुष्पाबायचेंय तशेंच जालें. सबंद रात यादिंची भुतां धांपिल्ल्या दोळ्यां मुखार नाचत रावलीं.

'स जालीं. च्या रेडी. उठता नवे?' मल्ल्यामामान सदचे भशेन तिका जागयली. सकाळीं उठून च्या करून तिका उठोवपाचो नेम नव्या बंगल्यांत लेगीत चुकूंक नासलो. म्हळ्यार तो वॉकाक लेगीत वचून आयला आसतलो...

'च्या थंड जाता. उठता नवे?'

'तुमी घेयाति. हांव चिके न्हिदतां. कडेर आराम घेतां.' पुष्पान म्हळें.

'आराम करच्या टायम ना!' मल्ल्यामामालो आवाज चडलो. 'सामान पॅक कोरका. णव घंट्याक वचका आमकां!'

'वचका? खंय?'

'गोंयांक.'

'आयज? आनीक आठ दीस रजा नवे? आयज वयच्या कसलें प्रयोजन?'

'ना... ना... आयजूच बंगलो खाली कोरका. फाय एक तासीक. आयज तांगेलें सामान सकट येतलें. फाय तो बंगलो ओक्युपाय करता. पुरा थरून जालें. स हजार रेंट. तीस हजार ॲडवान्स. तो घेवन जालो. राती पूरा कोन्न आमी बारा घंट्याक मागशी आयले नवे... ऊठ ऊठ आतां. आमी रजा कॅन्सल कोन्न फाय जॉयन जावचें चांग.'

'कसलें कर्म चांग! बंदलो बांदिला, म्हाका राबुका. तुमी वसाति गोंयां, हांव रजा काबार कोन्न येतां. देवारूम समा कोरका... विंगड अरेंजमेंट पुरा कोरका... तुमी वसाति.'

'ना ना... फर्स्टा सावन रेंटाक दिवन जालो नवे बंगलो?'

'माय म्हयन्या थावन दिल्यारी?' पुष्पान निमाणें लाडीगोडी लावन विचारलें. 'म्हाका भारी चांग जातलें...'

'तूं कसल्लें सांगचें? एक म्हयनो तो राबता वे? विंगड बंदले ना वे ताका?'

'हांव आठ दीस मस्त राबतां. पूरा ॲरेंजमेंट कोरतां!'

'आर यू सिरियस? तूं येवच्या सोदिना?' मल्ल्यामामान तापून विचारलें.

'व्हय व्हय. आय एम सिरियस अबाउट इट.' पुष्पान तिडकीन म्हळें. 'तुमी गोंया वचाति, जॉयन जायाति. यू आर फ्री...'

हें आयकून मल्ल्यामामाचो रगतचाप सामको वाडलो. तो उब्यां उब्यांनीच धोलपाक लागलो. दांत ओंठ चाबपाक लागलो. कदेलाचो आधार घेवन तो कसो तरी बसलो आनी मुखावयलो पेपर घेवन वारो घेवपाक लागलो.


'मिगेलो प्रेशर...' अशें म्हणत बोल्सांत हात घालून ताणें गुळी जिबे पोंदा धरली.

हें सगळें खाटीर बसून पळोवपी पुष्पाबायन कांयच बोवाळ केलो ना. हाचोच मल्ल्यामामाक चड त्रास जालो. आपूण तोल वचून पडूंक शकतां हें खबर आसून लेगीत ही जाग्या वयली हालली ना. तिडक आनी दुख्ख हांच्या माऱ्यान ताचें तोंड वांकडें तिकडें जालें. फट दांतांचो फणो जाग्या वयलो हाल्लो तो ताणें दामून परतो जाग्यार बसयलो.

आतां उठले बगर, तयार जाले बगर पुष्पाबायक दुसरो पर्याय नासलो. खाटीर लवंडपाक मल्ल्यामामाक मोन्यांनी मजत करीत ती भितर गेली. वरा भितर तिणें सगळें सामान पॅक केलें. शेवण्यांचो नवो दीस सुरू जातना तिणें मोन्यांनी बंगल्याक लॉक लायलें. त्रिविक्रम आयलो. ताणें चावी घेतली. मल्ल्यामामाक हाताक धरून रिक्शेंत व्हरून बसयलो. सामान चडयलें. पुष्पाबायन रिक्शेंत बसतना एक फावट फाटीं वळून पळयलें. मनांत आयलें... हें आनी कोणालें घर काय? परक्या अनवळखी गांवांतले सारकी एकसूरपणाची भावना तिचें मन व्यापून आसली. परती परती घडयाळ पळोवपी मल्ल्या कडेन पळोवन तिच्या मनांत आयलें, 'हो आनी कोण मनीस...?'



जनसामान्यांना देऊनी विश्वासाचा आधार
सुखी संपन्न महाराष्ट्राचे स्वप्न करु साकार



- संजय गांधी निराधार योजनेतील अनुदानात वाढ
- आदिवासींसाठी अर्थसंकल्पाच्या ९ टक्के खर्च
- अल्पसंख्याकांसाठी वैधानिक दर्जा असलेला आयोग
- मौलाना आझाद आर्थिक विकास महामंडळ
- शेतकऱ्यांना ६ टक्के दरानं कर्ज
- जिल्हा परिषदांना ज़ादा अधिकार देण्यासाठी राज्य शासनाच्या योजनांचे हस्तांतरण
- सहकारातल्या प्रकल्पांसाठी वित्त व विकास महामंडळ
- लोकसंख्यावाढीला रोखण्यासाठी थेट परिणाम करणारं लोकसंख्या धोरण
- इयत्ता पहिलीपासून इंग्रजी
- ३ वर्षात १० लाख विद्यार्थी आणि ५० हजार शिक्षक यांना तयार करणारा माहिती तंत्रज्ञान प्रमाणपत्र अभ्यासक्रम
- स्वयंरोजगारासाठी शास्त्रोक्त पद्धतीनं बेरोजगारांची निवड करून गावात चालणाऱ्या व्यवसायासाठी कर्ज देण्याची सोय असलेले नवे व्यावहारिक स्वयंरोजगार धोरण
- पाणी पुरवठा योजनांमध्ये लोकांचा सहभाग
- मागास भागांच्या विकासासाठी निर्देशांक समितीच्या अहवालाची अंमलबजावणी. अनुदानात लक्षणीय वाढ
- पोलीस दलातील कर्मचाऱ्यांना पदोन्नतीची संधी मिळावी म्हणून मोठ्या प्रमाणात श्रेणीवाढ
- ओरिसा वादळग्रस्तांना आणि गुजरात व राजस्थान दुष्काळग्रस्तांना भरीव मदत
- कोकण सागरी पर्यटन विकासावर भर
- वाड्या, तांडे, शेतरस्ते यांना जोडणाऱ्या रस्त्यांची कामं रोहयोअंतर्गत
- पिण्याच्या पाण्याची समस्या सोडविण्यासाठी ग्रामसभांना सर्वाधिकार
- नागपूर येथील दीक्षाभूमीच्या सुशोभीकरणासाठी ५० लाख रुपये
- पोलीस यंत्रणेच्या कामकाजाची माहिती सर्वसामान्य जनतेला व्हावी याकरिता गृह विभागाची 'नागरिकांची सनद'
- शाळेच्या दाखल्यावर विद्यार्थ्यांच्या आईचे नाव लिहिणे बंधनकारक

ज्योतीने ज्योत पेटवा
मनी उजळू दे दिवा
अंतरी प्रकाश घेऊन चला...



विलासराव देशमुख
मुख्यमंत्री



छगन भुजबळ
उप मुख्यमंत्री



शुभ दीपावली

महाराष्ट्र परिचय केंद्र-गोवा, माहिती व जनसंपर्क महासंचालनालयातर्फे प्रसृत-दिवाळी 2000

दू भितरल्या रुमांत बसून खेळटालें – एकटेंच! नीनीन ताका खेळपाक चिरमुल्यो दिल्ल्यो.

"हांव आतां बाजारांत वतां, नुस्तें आनी भाजी हाडपाक..." तोंडान बडबडटना ताची ॲक्शन चालूच आसली. "...कपडे बदलले, केंस वळयले, पावडर लायलो, लिप्स्टीक लायली, बुटां घालीं, पर्स घेतली, स्कुटरिची चावी घेतली..."

खेळांतले सायकलीक चावी लायिल्ले भशेन करून तें आपले सायकलिचेर बसलें आनी तोंडान स्कुटरिचो आवाज काडीत ताणें एक राउंड मारलो आनी सायकली वेल्यान देंवलें. परतीय ताची बडबड आनी ॲक्शन चालू जाली.

"बुटां काडलीं, कपडे काडले, गाउन घालो, हात पांय धुयले... नुस्तें उजरायलें, भाजी शिनली..." ताची ॲक्शन चालूच आसली. "वेळ जालो, मिकीक आनी बार्बीक भूक लागली... आतां बेगीन बेगीन रांदतां..."

खेळांतल्या गॅसार धाकटुलो तोप दवरून ताणें चिरमुल्यांचें शीत केलें; दुसऱ्या तोपांत चिरमुल्यांचे कुडके करून भाजी केली; तिसऱ्या तोपांत चिरमुल्यांचें हुमण केलें. गॅसार तवो दवरून चिरमुल्यो तळ्ळ्यो. मिकीक आनी बार्बीक म्हऱ्यांत बसोवन ताटांनी जेवण वाडलें. एक चिरमुली बार्बीच्या तोंडा कडेन व्हरप, दुसरी मिकीच्या तोंडा कडेन व्हरप... आनी दोनय चिरमुल्यो आपणेंच खावप... अशें करीत सगळ्यो चिरमुल्यो ताणें सोंपयल्यो. एके कुशीक वचून नळार आयदनां धांशिल्ले धुयिल्ले भशेन केलीं आनी मागीर आपलो तो स्टिलाचो चकचकीत खेळ भरून दवरपाक तें पांटलो सोदूंक लागलें.

पूण पांटलो रुमांत नाशिल्लो!!

"नीनीऽऽ, नीनीऽऽ!!" ताणें उलो मारलो.

"कितें जालें गो नंदू?" नलिनीन विचारलें.

"नीनी गोऽ, तुवें म्हजो पांटलो पळयला? म्हजो पांटलो गो! हांव खेळ भरून दवरतां तो! म्हाका व्हडले आईन दिल्लो तो...!"

नंदू त्या पांटल्याच्यो आनिकय कुरवो सांगपाचें; पूण इतल्यांत पप्पान घब्ब करून तो पांटलो ताचे मुखार उडयलो... उब्यांनीच!

पांटल्याची दशा पळोवन नंदूच्या पोटांत कुचमळ्ळें सामकें!

पांटल्याक माती लागिल्ली; ताचीं दोन वेळां सुटून आयिल्लीं. ताचो काय बरो सोबीत पांटलो सामको म्हेळो, बुरसो दिसतालो.

नंदून दोनूय हातांनी पोट आंवुळ्ळें आनी तें रडपाक लागलें.

"कितें जालें गो? पोटाक धरून शें रडटा?"

"नीनीऽऽ, म्हज्या पोटांत दुखताऽऽ", नंदून ओंठ परतून हिमट्यो काडल्यो.

"कितें खाल्लें आज? गोड, साखर खावंक दिवं नाका ताका, म्हूण सदांच सांगतां तुका. दंत जाल्यात जातले. चॉकलेटी तर भकता सामकें. आयच्यान चॉकलेटी खावप बंद..." राघव व्हडल्यान तापूंक लागलो.

राघव भायर गेलो. तें पळोवन नलिनीन नंदूक वेंगेंत काडलें. "शाण्या, खरेंच सांग आं. तुज्या

भुरग्यांचें मानसशास्त्र

सुधा खरंगटे

पोटांत खंय दुखता?''

नंदूच्या दोळ्यांतल्यान बुळ्ळ करून परतीं दुकां आयलीं. नीनीच्या गळ्याक वेंग मारून ताणें कानांत सांगलें, ''नीनी, म्हजो पांटलो सामको बुरसो जालो न्ही?... आनी पप्पान केद्द्या व्हडान तो जमनीर आपटिलो गो! पांटलो पळोवन म्हज्या पोटांत न्ही कितें जावंक लागलें सामकें. पोटांत दुखलें ना गो... पूण कितें तरी...''

नीनीक नंदूची भास बेस बरी समजली. त्या पांटल्याचेर नंदूचो कितलो जीव हें तें जाणा आसलें. नंदूचीं खेळणीं जळामळा पडटात तें पळोवन व्हडले आईन – नलिनीचे आवयनच – तो पांटलो मुद्दाम सांगून करून घेतिल्लो. नंदूचीं खेळणीं भरपाक. नंदूक तो पांटलो दितकच ताचें फुलून आयिल्लें तोंड पळोवनूच व्हडली आई सादोस जाल्ली.

''म्हजो पांटलो? सामको म्हाका मगे?'' नंदून व्हडले आईक विचारिल्लें...

''हय आं! तुजोच. तुजीं खेळणीं भरपाक. आनी कोण्णाचो न्ही!''

कुळारच्यान येतना नलिनीन तो पांटलो यादीन घरा हाडिल्लो. नंदून कितले खेपो 'म्हजो पांटलो घेतला मगो?' म्हूण ताका विचारिल्लें.

आनी पप्पान आज ताच्या पांटल्याक हात लायिल्लो. पप्पाक पोरसांत झाडां रोवपाची आवड! काल कितल्योशोच रोपयो हाडिल्ल्यो... गुलाबाचीं कलमांय हाडिल्लीं... त्यो रोपयो भायर गार्डनांत व्हरतना ताणें नंदूचो खेळ ओतोवन तो पांटलो घेतिल्लो... पांटल्यांत भरून रोपयो भायर व्हेल्ल्यो.

''नंदू, आज हांव पप्पाचेर रागार आं! हांव मगो, भितर किचनांत आशिल्लें... पप्पा तुजो पांटलो व्हरता तें हांवें पळोवंकच ना... नाजाल्यार हांव हात लावंक दितां म्हजे बायेच्या पांटल्याक?''

आवयचीं उतरां ल्हवू ल्हवू नंदूच्या कानांतल्यान काळजा मेरेन देंवलीं. तशें ताचें रडें कमी-कमी जायत थांबलें. आपल्या पांटल्याची ही अवस्था नीनीक खबर नासतना जाल्या; नीनीक खबर आसल्यार तें पांटलो पप्पाक व्हरूंक दिवचें नासलें हें ताका समजलें. पूण पांटल्याचेर नदर पडटकच तें परतें हिमट्यो काडूंक लागलें.

ताका थातारपाक कितें करचें तेंच नलिनीक समजना जालें. निमाणें ताणें म्हळें, ''चल नंदू, आतां आमी तुज्या पांटल्याक न्हाणोवन निर्मळ करया.''

नंदूची रड थांबली. दोगांयनीय मेळून पांटलो बाथरुमांत व्हेलो. नलिनीन शाबवाच्या उदकान तो धुवन नितळ केलो. पांटल्याचीं दोन वेळां सुटून आयिल्लीं, तींय सुतान बांदून आशिल्लीं तशीं केलीं.

नंदू तरिकय विरुसच आशिल्लें.

''पांटलो सुकतकीर मुगो, आमी तो तांबड्याच रंगान रंगोवया आनी चकचकीत तांबडोच करया.''

''खरें?''

''सामकें खरें!''

नंदूच्या पोटांत दुखतालें तें सामकें थांबलें. तें



परतें हांसूंक-नाचूंक लागतकच नलिनीच्या जिवाक सुशेग जालो.

''आज जेवण बी पडपाचें आसा काय ना आमकां ? काय दिसभर तो पांटलोच धुयत बसता ?''

पप्पाचीं उतरां कानार पडटकच नंदू ल्हवूच पांटलो घेवन आपले कुडींत गेलें.

नलिनीन मागीर राघवाक सारकोच वयर-सकयल केलो.

''तुका नंदूच्या पांटल्याक हात लावपाची कसली गरज आशिल्ली ? जाय जाल्यार म्हजे स्टिलाचे बालदेंत भरून व्हरच्यो आशिल्ल्यो रोपयो... ताची रड थांबयतासर म्हजो जीव काबार जाता... खबर ना ?''

''आगो, पूण असल्या गार्डनांतल्या कामाक पांटलोच वापरतात, स्टिलाच्यो बालड्यो न्हय...!''

''तशें जाल्यार एक पांटलो हाड आनी गार्डनांत दवर. तुमकां दादल्यांक म्हणून भुरग्यांचें मन कशें सांबाळचें तेंच समजना ! नंदूचो त्या पांटल्यार कितलो जीव ! ताचे आज्जेन ताका अपुरबायेन दिल्लो तो... ताचो खेळ भरपाक स्पेशल करून घेतिल्लो...''

राघवाक मागीर नलिनीचीं फकांडां मारपाची कूय आयली.

''हांव विसरिल्लों गो बाये ! 'तुजे' आवयन दिल्लो न्हय तो पांटलो ? मागीर तुजोय जीव आसतलोच त्या पांटल्यार...!''

''ओगीच कितेंय उलयनाका हां ! हांवें तुका इतलेंच सांगलां, भुरग्याचें मन राखूंक जाय...''

''आनी पोटांत दंत जाल्यात ते ? पोट कोणें राखूंक जाय भुरग्यांचें ? मेळटा तशें गोड-साकर दी ताका खावंक ! भुरग्यांचें आरोग्य राखूंक नाका... फकत मनां राखुंया भुरग्यांचीं...!''

''पोटांत खंय कोणाच्या दुखता ? आपल्या पांटल्याची दुर्दशा पळोवनूच ताच्या पोटांत चकनळ्ळें सामकें. ताका खंय सांगूंक कळटा ? पोटांत दुखता म्हळ्ळें ताणें...''

राघव आतां मात गंभीर जालो. फकांडां करपाचीं सोडून ताणें विचारलें, ''खरें काय कितें ?''

''आनीक !''

''तशें जाल्यार चुकलेंच म्हजें तर !''

''आतां तुजे चुकिची ख्यास्त तुका भोगचीच पडली.''

राघवाच्या तोंडावेल्या प्रस्नचिन्नाक जाप दीत नलिनीन हांसत म्हळें, ''सांजची म्हाका एक तांबडी वॉटरकलरची बाटली हाडून दी... पांटलो रंगोवपाक...''

''तशें कित्याक ? हांवच दितां ताचो पांटलो रंगोवन !''

आनी खरेंच, जेवन बी आड पडचे बदला राघव बाजारांत गेलो आनी रंगाची बाटली आनी ब्रश घेवन आयलो.

पप्पा आपलो पांटलो रंगयता हें पळोवन नंदू सामकें खुशाल जालें. पप्पाच्या फाटल्या-फुडल्यान नाचूंक लागलें.

''पप्पा, हांवय पांटलो रंगयतां... म्हाकाय दी ब्रश !''

''आतां तूं ओग्गी बस आं एका जाग्यार ! तुजो पांटलो हांव रंगोवन दितां...'' पप्पा ताचेर तापलोच.

नंदू मागीर इल्लेंशें तोंड घेवन नलिनी म्हऱ्यान गेलें.

''आतां परतें तोंड कित्याक गो वांकडें ? पप्पा रंगयता मगो तुजो पांटलो ?''

''पप्पा म्हाका पांटलो रंगोवंक दिना... आपूण एकलोच रंगयतलो म्हणटा... हांव म्हऱ्यांत गेल्यार तापता...''

आतां ह्या पप्पाक कशें समजावचें तेंच नलिनीक समजना जालें. पूण मागीर नंदूकच ताणें समजायलें.

''रंगोवं दी गो पप्पाक एकल्याकच ! आमी मागीर पांटल्याचेर बरीं फुलां आनी थिबके बी काडया... तुज्या स्कूल-बॅगार आसात न्ही, तशें. पप्पाक सांगूंच नये !

नंदूक वेंगेंत घेवन थापटीत नलिनीन ताका न्हिदयलें. सांजचें रंगोवपाचें प्रॉमीस उशाक घेवन तें न्हिदलें. ताच्या खुशालभरीत तोंडार नदर घाल्यारच समजतालें.

नंदूच्या आंगार पातळशें पांगरूण उडोवन नलिनी भायर गेलें. राघव शिळोणी घालीत सामको भुरग्यां मशेन पांटलो रंगोवपांत रंगून गेल्लो.

''पळय गो नीनी, काय बरो पांटलो रंगयला हांवें !''

''आतां तूंय लागलो 'नीनी' करून फकांडां मारपाक ? म्हजें नांव नलिनी...''

''पूण तुजे धुवेन तुजो परतो बारसो केला आनी तुका 'नीनी' नांव दवरलां तें विसरलें ?'' राघव ताका चाळोवंक लागलो.

राघव ताका सदांच 'नल्नी' करून उलो मारतालो. आनी वासंती – नलिनीची नणंद 'वैनी' म्हणटालें. नंदून उलोवंक येतनाच ताणीं शिकयल्लीं 'पप्पा' जावं 'मम्मी' हीं उतरां म्हणचे बदला पयलेंच उतर तोंडांतल्यान काडलें तें 'नीनी'. आतां सगळींच फकांडांनी ताका 'नीनी' म्हणटालीं.

''एऽऽ नीनीऽ, आतां तोंड कित्याक धरलां गो ?''

''हें पळय, तुका जाय जाल्यार आनिक दोन नांवां दवर म्हाका आनी उलो मार... पूण [illegible] मात म्हजें सामकें आयकून घे...''

''कितें तें ?''

''नंदूच्या मनाचो मातशी विचार कर.''

''आनी आनी हांवें कितें केलें ?'' राघवान अजापान विचारलें.

''नंदूच्या हातांत मातसो ब्रश दिल्यार तें जातलें आशिल्लें ?''

''जातलें आशिल्लें तर ! पांटल्या बरो [illegible] आंग-पांग तांबडेंच जातलें आशिल्लें.''

''मागीर ताका तशें समजावन सांगचें आशिल्लें. ब्रश कसो धरचो, आंगाक रंग [illegible] लागूक दिवचो न्हय हें ताका शिकोवचें आशिल्लें.''

''नल्नी, आतां मात चड जालें आं [illegible] आनी वासंती... भुरग्यांचें मानसशास्त्र शि[illegible] बसात... म्हाका शिकय नाकात तें वार[illegible] तशेंच. केन्नाय पळय, म्हाका भुरग्यांचें '[illegible]' [illegible] राखचें तें शिकयनात...''

''पूण, आपल्या पांटल्याक आपणेंच रंगोवपाची खोस कशी आसना, जाणा [illegible] म्हूं... आतांच पळय, तूंच कसो रंगलो पांटलो रंगोवपाक !''

''आनी, पूण भुरग्याक तातुंतलें कितें समजता ?''

''हंगाच चुकता तूं ! भुरग्यांचें मन [illegible] जाणटया मनशा परस चड तरबेज आसता... [illegible] नाकात...''

''पुरो !'' राघव आडेलो. ब्रश [illegible] दवरून दोनूय हात जोडून राघवान [illegible] नमस्कार केलो. म्हणलें, ''आतां कान [illegible] उठाबशा काडूं ? परतो म्हणून तुजे [illegible] वस्तूक हात लावचो नाशिल्लो !'' [illegible] धपाधप उठून गेलो.

नलिनीक हांसचें काय रडचें तेंच [illegible] जालें.

सांजची च्या घेवन लेगीत राघवा[illegible] तशीच आंख आशिल्ली. आतां हाका [illegible] बाटली हाडपाक सांगप म्हळ्यार... तूं [illegible] म्हळें मनांत ! नलिनीन आपणेंच वचून लागशिल्ल्या दुकानांतल्यान दोन रंगा[illegible] घेतल्यो – धवी आनी पाचवी.

मागीर सगळी सांज बसून ताणें [illegible] पांटल्याचेर पाचवीं पानां आनी धवीं [illegible] काडलीं. नदी नदी बरेः थिबके काड[illegible] पांटलो सामको सुंदरच दिसूक लागलो.

''आनी ह्या पांटल्याक माती लाव[illegible] पप्पा लेगीत भिरतलो.'' नीनीन म्हळें [illegible] निश्चिंत जाले.

दुसऱ्या आयतारा वासंती आनी अमेया
ग्लीं. वासंतीक कुळारा रावपाक तरी खंय
टालें ? तेंय नोकरीवालेंच ! केन्नाय आयतारा
अशें येतालें. सकाळीं येवन सांजचें परतें घरा
लें.

अमेया येतकीर नंदू सामकें खूश ! ताणें
याक आपलो रंगयिल्लो पांटलो दाखयलो.
ांय पांटल्याक बरोऽ वेळ तोखेलीं. मागीर
ांचोय खेळ सुरू जालो.

''अमी, हांव बाजारांत वचून चिकन घेवन
ां.'' नंदून म्हळें. आज दोगांनीय चिकन
पाचो बेत केल्लो. ''तूं शीत बी करून दवर.
यदनां बी घांस.''

अमेयान 'आं' म्हळें. पूण ताचो दोळो
शिल्लो मिकीचेर. ''पूण मिकीक फाटीर घेवन
यदनां घांसतां हाव.''

''ना ! ना ! मिकी म्हजे बरोबर बाजारांत
लो. तूं बार्बीक मांडयेर घेवन कामां कर.''

नंदू अमीक आपलीं सगळीं खेळणीं दितालें.
आपल्या मिकीक मात ताका हात लावूंक
ना आशिल्लें. मिकी म्हळ्यार नंदूलो माकोड...
फुल्ल ल्हंवेंचो आनी लांब शेंपडेचो. ताच्या
नय हातांक आनी पांयांक 'वेलक्रो' आशिल्लो
ण मिकीक फाटीर मारून ताचे दोनय हात
्यांत घालून चिकटावन भोंवंक मेळटालें. पांय
टार घेवन चिकटावंक मेळटाले. मिकी नंदूचे
टीर बसला, ताणें नंदूच्या गळ्याक हातांनी वेंग
रल्या, पायांनी ताच्या पोटाक खेंव घाल्या
नी शेंपडी लांबयत तो नंदू बरोबर भोंवता अशें
दांच दिसतालें. नंदूक तो जिवाक जाय
शिल्लो. खेळटना तें ताचे कडेन खबरी
रतालें. रातचें न्हिदतना लेगीत उशा कडेन
की ना जाल्यार नंदूक न्हीद पडनासली.

आनी ज्युस्त तोच मिकी आज अमीक जाय
ल्लो. ताका फाटीर मारपाक तें सामकें
लेतालें.

जेवणां जातकीर दोगांकय न्हिदोवन नलिनी,
संती भायर खबरी करूंक बसलीं.

नंदू न्हिदलें पूण अमीक न्हिदच पडना. तें
ून भायर आयलें आनी मिकी जाय म्हूण रडूंक
लें. नंदू न्हिदलां तें पळोवन राघवानच मागीर
कीक हाडून अमीचे सुवादीन केलो. म्हळें,
ाय तितलें खेळ, पूण रड थांबय.''

नंदू सांजचें उठलें. पळेत जाल्यार, म्हऱ्यांत
की ना. आतांच तर ताका उशा कडेन दवरून
व न्हिदिल्लें... अमीन बी हात लावंक ना मू ?
धांवतच हॉलांत गेलें. पूण आतें, अमी कोणच
लांत ना. तें नीनी म्हऱ्यांत गेलें.

''नीनी, अमी, आतें गेलीं ?''

''येदोळ गेलीं. तूं न्हिदिल्लें म्हूण उठयलें ना तुका 'टाटा' करपाक...''

''नीनी, म्हजो मिकी...'' नंदूचो गळो भरून आयलो. ''नीनी गोऽ, म्हजो मिकी खंय...?''

''तुजे खाटिरच आशिल्लो मुगो उशा कडेन...! चल, सकयल बी पडला जाल्यार पळय.''

नंदू मागीर धांवतच बेडरुमांत गेलें. खाटी सकयल बी सगळ्याक सोदून पळयलें ताणें... मिकी मेळ्ळोच ना.''

''नीनीऽ, म्हजो मिकीऽऽ'' तें रडूंक लागलें.

नलिनी बेजारलें !

''दिस्सभर रड हाची ! शेणला जाल्यार सोदचें ना आपूण... त्याय कामाक आवयच जाय ! बापूय तर आंग हालोवचो ना... धुवेचें कितेंय आयकल्यार...'' नलिनी बडबडत किचनांतलें उठून बेडरुमांत आयलें. पळेत जाल्यार नंदू सामकें आकूळ-पिकूळ जावन रडटालें.

''नाका गो बाय ! अशें रडचें न्हय गो !''

''नीनी गोऽ, अमी म्हजो मिकी आपल्याक जाय म्हणटालें.'' हुडक्यांतल्यान एक एक उतर काडीत नंदून नीनीक आपलो दुबाव सांगलो.

नलिनी चिंतूंक पडलें. येदो व्हडलो मिकी अमीन व्हेल्लो जाल्यार तें वतना म्हाका दिश्टी पडचो नाशिल्लो ?

''ना गो नंदू... ताचेर बाबड्याचेर आळ घालनाका. हांवें ताका 'टाटा' केलां न्ही वतना... ताच्या हातांत कांयच नाशिल्लें.''

''ताचे मम्मीच्या हातांत...?''

''फकत तांची कपड्यांचें बॅग...!''

नंदू परतें हुडकेवंक लागलें... चडच जोरान...

''कितें जालें आतां...?''

''नीनीऽ... म्हजो मिकी बॅगांत घुसमट्टलोऽ.''

इतल्यांत राघवच थंय आयलो.

''आज कितें रडपाचो आयतार काय कितें ?'' ताणें नंदूक वयर उबारत म्हळें. ''कितें जाय म्हजे बायेक ?''

''पप्पाऽऽ, म्हजो मिकी... खंय गेलो ?''

''तुजो मिकी ?... आं.. हय ! हय ! तें अमी रडटा म्हणून हांवें ताका खेळपाक दिल्लो...!''

''पप्पा ! तुवें...? म्हजो मिकी...?'' नंदूक सामकें भितरल्यान दुखलें तें ताच्या दोळ्यां वेल्यान समजतालें.

''तूं न्हिदिल्लें मुगो ? तें जागेंच आशिल्लें. तुजी भयण न्ही ती ? थोडो वेळ तें घेवन खेळ्ळें तुजो मिकी जाल्यार अशें रडटात ? ताणें खेळून जातकच दवरला जातलो खेळांत तुज्या. चल... पळय वचून !''

पूण खेळां भितर मिकी मेळ्ळोच ना.

नंदू भितरले भितर घुसमटूंक लागलें. 'कितें जाता गो बाय ?' म्हूण विचारल्यार सांगूंक लागलें, 'नीनी, म्हाका खांक येता.'' म्हण सर ''नीनी, म्हाका ओंकूक येता !'' म्हणूंक लागलें. शेवटाक, ''म्हाका मिकीची याद येताऽ'' म्हणून ताणें हांबेरच फोडलो.

नलिनीक हुस्को जालो. आतां कितें करूं ? वासंतीगेर फोनय ना. राघवाक धाडल्यार बरो ? पूण राघवान आयकूंक नाका ? तो वेल्यान नलिनीचेर तापलो. 'व्हेलाच मिकी जाल्यार हाडून दितलें वासंती फाल्यां' म्हणूंक लागलो.

रातचें नंदू जेवलें लेगीत ना. नलिनीन बळयां ताका दूद पिवयलें. पूण सगळें ताणें ओंकून उडयलें.

रातचो नंदूक सणसणीत जोर भरलो. जोरांत बडबडूंक लागलें. नलिनीन भियेवन राघवाक दोतोराक हाडूंक लायलो. दोतोरान इंजेक्शन दिलें तशें नंदू एकदम जागें जालें.

''दोतोरकाका...!''

''नंदू, कितें गो ? जोर आयला मुगो तुका ?''

''दोतोरकाका, म्हाका मिकीची याद येता...!''

मागीर दोतोरान वतना राघवाक कुशीक आपयलो.

''हें पळय राघव, तो मिकी आसा न्हय, ताका आफोवन हाड दोन दीस...!''

''दोतोर, तो मिकी म्हळ्यार खेळांतलो माकोड !''

''तशें जाल्यार तो हाडून दी ताका...'' दोतोरान वतां वतां सांगलें.

राघव सकाळचो ऑफिसांत वचचे पयलीं वासंतीगेर गेलो. सकाळीं फुडेंच राघवाक दारांत पळोवन वासंती अजापलेंच.

''कितें रे भाई, सगळीं बरीं मरे ?''

''नंदूक जोर आयला. ताचो मिकी शेणला''

''मिकी शेणला ? कोणें व्हेलो ? कालच अमी घेवन खेळटालें मरे.''

''नंदू अमीचोच दुबाव घेता.''

''ताका कितें जालां दुबाव घेवंक ? म्हजें अमी चोर काय कितें ? म्हजी देख तूं नकळ...''

''तें म्हाका खबर ना.''

''अमी हुजीर बी कांय म्हणुंनाका भाई ! भुरग्यांचें मन... एकदां परिणाम जाल्यार...!''

''तें हांव नकळ...'' राघव बेजारलो.

''अमीऽ, अमी हांगा यो गो तें...!''

अमी धांवतच भायर आयलें. फाटीर मिकी...!!

वासंती अजापान पळयतच उरलें. ताच्या तोंडांतल्यान उतर फुटना जालें. हो वेळ मेरेन ताका मिकी आपल्यागेर पावला हें खबरच नाशिल्लें.

''अमी, मिकीक कोणें हाडलो हांगा ?'' तें अमीचेर ताणशेलें.

''मम्मी, मिकीच आपूण येतां येतां म्हणूंक लागलो; म्हणून हांवें ताका बॅगांत घालो...''

''फट उलयनाका आं, म्हाका राग येतलो. मिकी तुजे कडेन उलयलो?''

अमीचें तोंड सामकें बावलें. तकली सकयल घालून ताणें म्हळें, ''ना गे! हांवेंच मिकीक विचारलें, आमगेर येता काय म्हणून... ताणें तकली हालयली, 'हय' म्हणून...''

''हें पळय अमी, दुसऱ्याची वस्त विचारी नासतना हाडप म्हळ्यार चोरीच! आतां तुवें मिकीक चोरून हाडलो...''

राघव सामकोच बेजारलो. ताणें ताकतिकेन म्हळें, ''वासंती, तें सगळें आसूं, भोंगूं आतां. एक काम कर. नंदूक जोर आयला... आनी ताचे नीनीक म्हजे कडेन झगडपाचो सामको जोर चडला. रातभर न्हीद ना म्हाका... तेन्ना तूं मातशें घरा वच... आनी मिकीक घरा पावय...!''

वासंती समजलें. सांजचो ऑफिसांतल्यान घरा पावतकच तरी भाईक मातसो सुशेग जाय...

''भाई, तूं चल ऑफिसाक. हांव सगळें सारकें करतां पळय!''

वासंती अमीक स्कुलाक पावोवंक भायर सरलें. मिकीक बॅगांत घालून बॅग खांद्याक लायलें. अमीक स्कुलांत पावोवन बद्द कुळारा गेलें. बॅल मारना बराबर सामकें दारांतच बशिल्ले भशेन नलिनीन दार काडलें.

''वासंती, मिकीक हाडलो?''

''हय वैनी!'' ताणें खांद्याचें बॅग दाखयलें. ''नंदू कशें आसा? जोर चड आयला?...''

''कांय विचारुंनाका...! चली बाये कसले शेळे राशिचें खबर ना! रातभर सतायलें गो...!''

''सॉरी वैनी, भाई सकाळचो घरा येयसर म्हाका खबर लेगीत ना, मिकीक अमीन उबारला म्हणून...!'' उलयतां उलयतां दोगांय बेडरुमा कडेन पावलीं.

बेडरुमाच्या दारांत नलिनीन वासंतीक आडायलें. ''नंदूक कितें सांगपाचें?''

''हांव सगळें सारकें करतां वैनी! पळयच तूं! हांव भुरग्यांचें मानसशास्त्र झरोवन पिलां सामकें! चल, या भितर...''

नंदू खाटीर दोळे धांपून पडिल्लें. पावलांचो आवाज आयकतनाच ताणें दोळे उकते केले. ''नीनी गोऽ, म्हजो मिकी?''

''आयलो गो बाये! म्हाका सामकें नाकापुरो केलें आं तुज्या मिकीन...! काल पयलीं आमगेर येतां म्हूण जीव खालो... हांवें नाका म्हळें म्हूण बॅगांत लिपून बसलो.''

''खरें?'' नंदूचे दोळे अजापान चकचकूंक लागले.

''मागीर कितें हांव फट सांगतां? रातभर न्हिदूंक दिवंक ना... नंदूची याद येता म्हूण... आनी सकाळच्यान फाटीक लागलो सामको, नंदू म्हऱ्यांत पावय म्हूण... बुरकिलें लेगीत म्हाका...''

नंदू उठून बसलें. ताचो जोर खंयचे खंय नाच जालोसो दिसतालो.

''खंय आसा मिकी?''

''खंय आनीक? हांवें नंदूगेर वतां म्हणून बॅग खांद्याक मात लायिल्लें, आपल्याक बॅगांत घाल म्हणून आयलो सामको... मागीर भरलो बॅगांत आनी हाडलो.''

उलयतां उलयतां वासंतीन बॅगाची चेन उगडून मिकीक भायर काडलो. नंदून एकदम मिकीक वेंगेंत घेतलो.

''मिकी, तूं घुसमटलो ना मरे बॅगांत? अशें करता रे? म्हाका सोडून दुसऱ्यांगेर वता?''

मिकीन कांयच जाप दिली ना. चुपूच रावलो.

''पळयलें मुगो? कसो ओग्गी रावला पळय आतां चोर! नंदू मेळ्ळें न्ही... खूश जालो!... वैनी, चल गे, म्हाका इल्लो च्या करून दी. ताळो सुकलो सामको...''

नलिनी वासंतीक घेवन किचनांत गेलें. च्या पितां पितां वासंतीन नलिनीक सांगलें, ''पळयलें मुगे, अशीं नाटकां करचीं पडटात. भुरग्यांचें मानसशास्त्र हेच खातीर शिकूंक जाय. भुरग्यांचें मन राखपाक तांकां अशें समजावचें पडटा. आतां पळय, मिकी आपूण जावन आमगेर आयलो हें खरें दिसलें ना नंदूक?... सगळें जाग्यार पडटलें आतां...! बरें वैनी, येतां हांव आतां. आज ऑफिसाक लेट मार्क पडटलोच!''


नलिनी ताका दारा कडेन पावोवंक उठलें. बेडरुमाच्या दारांत दोगांचींय पावलां आपसूक थांबलीं.

भितर नंदू मिकी कडेन सदचे भशेन बरी करतालें. व्हडा व्हडान...

''मिकी, आतें फट उलयता तें तुका कळ्ळें मरे? हीं जाणटीं मरे अशींच! नीनीय तशेंच... म्हाका सांगता, फट उलयल्यार पाप लागता म्हणून, आनी आतें सरळ सरळ फट उलयता तें मात आयकून घेता पळय! पूण मरे, ओगी रावचें पडटा... पप्पा कडेन, नीनी कडेन, आत्या कडेन... टीचरी कडेन लेगीत... जाणटीं सांगतात तें खरेंच दिसलां अशें दाखोवंक जाय! तांचें मन राखूंक जाय! अशें वांकडें तोंड करुंनाका रे तूं! आत्यान तुका चोर म्हळ्ळो मरे? पूण म्हाका खबर आसा न्ही, तूं वचून बसूंक ना बॅगांत... अमीच चोर... अमीनच तुका बॅगांत भरून व्हेल्लो... मिकी, तूं बॅगांत घुसमटलो ना मरे?''

मिकीक घट्ट वेंगेंत घेवन नंदू परती परती ताची पापी घेतालें.

आनी दारा भायर नलिनी आनी वासंती नंदून केल्ली 'जाण्ट्यांच्या मानसशास्त्रा'ची विसकावणी मोन्यांनी आयकतालीं. 

मुनबाय जिणेच्या निमण्या पांवड्यार पावल्या. आयज तीन चार दीस जाले, हांथुरण्यार पडून आसा. जगचेली बिलकूल आस्त ना!

बरीच आशिल्ली. खाताली-पिताली. घरांतलो, भाटांतलो वावर पळयताली. अचकीत किते जालें कळ्ळेंच ना! जेवपच सोडलें. पोटांत उंडीच वचप ना.

बेठोच पेजे निवळ, गोंड्या सत्व, ना तर मुगां उदक बीन पिवन रावप. पुणून, कोणाक एका उतरान आपूण बरी ना म्हूण सांगलें ना. आपले भितुरच कसलें कसलें झाडापाल्यांचें वखद करीत रावली.

घोवाक तरी सांगचें? आनी घोवाक सांगल्यार घोव करतलो आशिल्लो किते? म्हणटा आशिल्लो, 'अगो, तुका कांय जावचें ना! जाण्टेपणांत तशेंच जाता! एक दीस जेवण चलना! एक दीस आक्-शिंक्! एक दीस न्हीद पडना! आसाच तें! तूं किते नेण्टें आसा आतां?'

आनी घोवान 'चल दोतोरागेर वचुंया' म्हळ्यार, ती वयता आशिल्ली? शेऽ! आयजवेर ती केन्नाच दोतोरा लागीं वचूंक नाशिल्ली. दोतोरांल्या इंग्लीश वखदान आनी इंजेसांवान मनीस चड दुयेंत जाता, अशें तिका दिसऽ! तिचो बापूय नामनेचो झाडा-पाल्यांचो वखदळी आसलो. पोळ्यां मेट धरून कद्रेतोक मेरेन सगले लोक ताचे लागीं वखदाक येताले. बापायन धुवेकय सुमार इतलीं वखदां शिकयिल्लीं. तांचो उपेग करून कोणाकूय कितेंय चड-उणें जाल्यार, ती बरी करताली. निदान आपले पुरतें तरी तिगेलें स्वताचेंच वखद आशिल्लें.

तशी ती सब-सब दुयेंत पडपीय न्हीं. केन्नाय साठ-बाठ काळान जोर नातर हगवण. आनी हाचीं बेस बरीं वखदां तिचे लागीं आशिल्लीं. हरशीं ती घटमूट आशिल्ली. नेण्टेपणा सावन काम-धंदो करीत येयिल्ली. नेमाचो वावर, आनी नेमाचो आहार!

पिरायेची सत्तरी हुपिल्ली तरी, हालीं मेरेन ती घट्ट आशिल्ली, आंगान थाली कशी! तकलेचे हेवटेन तेवटेन चार-दोन पिकिल्ले केंस सोडल्यार, उरिल्ले पुराय काळेच आसले. पिराये मानान आंगाक सुरकुत्योय नासल्यो.

पुणून, फाटल्या दोन-तीन वर्सा साकून एकदमच तिचें आंग झडूंक लागिल्लें. आंगभर कातीक सुरकुत्यो पडिल्ल्यो. बारीक बारीक जायत सामकी आटून येयिल्ली. तकलेक एकूय केंस काळो उरूंक नासलो. नव्वद वर्सांची जख्खी जाण्टी कशी दिसऽ. आनी आतां तर, हांथुरणार हाडां आनी चामडीच उरिल्ली.

त्या मानान यमुनबायेचो घोव यशवंतबाब घट्ट. तकलेचें खरड आनी पिकिल्ले केंस सोडल्यार, तुकतुकीत आनी ताठ! लांब मनीस बेगीन आळटा म्हणटात, पुणून हें झंड अजूनय ताठ! पातलांगी, काळो, तुकतुकीत. अंयशीं वर्सांचो कसो दिसच ना. आतांय गडार बाजारांत वचून नुस्तें घेवन येता. सकाळीं उठून आपल्या शेतांत-भाटांत भोंवता.

यशवंतबाबालें कमयिल्लें आंग तें! हरशींय तो शेतकामत्यालोच पूत. पिरायेचीं सतरा वर्सां मेरेन शेतां-भाटांत हाडां मोडटासर घोळ घोळ घोळिल्लो. मागीर उठून मिलेट्री गेल्लो. रिटायर जावन येतकीर ओग्गी बसला? अजूनय आपल्याच्यान जाता तशे हात-पांय धाडायतां. आपल्या खाण्या-पिण्याचेरूय ताचें बारीक लक्ष, वेवस्थीत आनी नेमाचें!

ताका तशें कांय उणें ना. म्हयन्या-म्हयन्याक

कुळार

देविदास कदम

गडार वचून बँकेंतल्यान पॅन्शन घेता. ते भायर शेतां-भाटांची थोडीभोव येणावळ.

एक मात खरें, पाप्यान घरकान्नीक सूख म्हणटा तें फावो तशें केन्नाच दिवंक ना. यमुनबायेक व्हारडीक करून हाडत सावन, बाबडेक आपल्या शेतां-भाटांत घोळूंकूच दवरून घेयली. इतलोय गांव-देस माडयलो, पूण एक फावट सुदीक घरकान्नीक व्हरून एक गांव दाखोवन हाडलो ना. ती बाबडी नोकरे शिपायाली बायल आसून लेगीत गांवांतच किडयत उरली. खावूं-जेवूंक, आंगभर वस्त्रां, आनी आंगार चार भांगराचे दागिने सोडल्यार, हेर सुखां तिणें केन्ना भोगलींच नात! आनी तशी तिणें केन्ना तक्रारय केलिना, खेदय केलो ना!

तिका फकत एकेच गजालिचो खेद आशिल्लो, आनी तो म्हळ्यार, ह्या विशेक वर्सांत, तिका तिचें कुळार पयस जाल्लें.

खंयचे कुळारचे धुवेक आपल्या कुळारा वचन दिसना? चार दीस रावन, आपल्या बापायच्या घटणावेलो पेजे निवळ पिवचो दिसना? पुणून, आयज कितलिंशींच वर्सां यमुनबाय जिजाबाईची व्यथा मोन्यांनी भोगताली. चुकून लेगीत तोंड उकतें करिनासतना, ओग्गी!

ताका कारणय तशेंच आशिल्लें!

यमूनबायेचें कुळार कृष्णापूरा. व्हारडीक करून तिका देसायवाड्यार दिल्ली. कृष्णापूर आनी देसायवाडो पयस न्ही! फकत दोनेक किलोमिटरांचें अंतर. कृष्णापूरच्या विठोब-रुक्मिणी देवळांत ढम्म् ढम् वाजल्यार, देसायवाड्यार स्पश्ट आयकूंक येता, आनी देसायवाड्यार म्हामायेच्या देवळांत वाजल्यार कृष्णापूरांत!

यमुनबायेक, एका फाटल्यान एक, सुरवेक चलयोच जाल्ल्यो. एक आनी दोन न्हय, सेगीत पांच! यमुनबायेची मांय वाजेली. ती हरेक खेपेक आपलो घोव जल्माक येतलो म्हूण वाट पळेताली, आनी वाटी घेवन बसताली. पुणून, वाटी वाजोवप जायच नासलें. मागीर ती सगले कडेन म्हणूंक लागली, 'म्हगेली सून फकत पोली राशी पिकयता...! एक तरी कुळाक दिवो नाका? पुताक दुसरें लग्न केल्लें बरें दिसता!'

यशवंतबाबय आवय-बापायलो एकलोच पूत आशिल्ल्यान, घटणार दिवो लावंक कोण तरी जाय अशें सगल्यांकूच दिसतालें.

यमुनबायेलो बापूय तर घोर चिंतनांत पडिल्लो. निमाणे कडेन ताणें विठोब-रुक्मिणी लागीं सांगणी घाली, 'देवा, आमगेले धुवेक चलो-भुरगो जाल्यार, धुवेच्या आनी जांवयाच्या हातांनी तुजो अभिशेक करतां, तुका केळ्यां ताट ओंपतां, आनी चल्याक तुजें नांव दवरतां...'

आनी खऱ्यांनीच यमुनबायेक पांच चलयां फाटल्यान, सवो चलो जालो. सांगणे प्रमाणें ताचें नांव विठोबा दवरलें.

धुवेगेर पूत जातकीर, यमुनबायेल्या बापायक थोडी न्ही खोस भोगली. ताका मळब फकत दोन आंगळांच उरिल्लें. आख्ख्या कृष्णापुराक आनी देसायवाड्यार ताणें साखर वांटली.

बारशा दिसा पाळण्यांत घालतना तर, ताणें सगळ्यां हुजीर सांगून उडयलें, देसायवाड्या लागीं ताची पंदरा गुठे जमीण आशिल्ली, ती जमीण आयज सोडून म्हज्या ह्या धुवेल्या पुताक! हांव ह्यान फुडें ते जमणींत पावल लेगीत दवरचों ना! ती जमीण आतां म्हजे धुवेल्या पुतान वसोवची खावची!

हाचेर यमुनबायेल्या भावान पांडुरंगानय तेंको दिलो. आपले एकुलते भयणिल्या पुताक आपल्या बापायन पंदरा गुंठे जमीण दिली म्हूण ताका व्हडलेंशें दिसूंक ना. तांकां जायती जमीण आशिल्ली.

पुणून, पांडुरंगा बायलेक मात आपल्या मांवाली करणी मानवली ना. तिका दिसलें, आपल्याक दोग पूत आसात. जमीण कितें अशीच पडल्या? आयज जमणिचो वालोर कितें? अशें जायतें येवजून, तिणें मनांतल्या मनांत मांवाक जायतीं दुशणां दिलीं.

दिल्ल्या उतरा प्रमाणें यमुनबायेल्या बापायन ते जमणींत ताचे उपरांत पावल लेगीत दवरलें ना. ती यमुनबाय वसोवन खाताली.

यमुनबायेल्या बापायन धुवेल्या पुताक जमीण दिल्ली खरी, पुणून, ती नांवार करून दिवंक नाशिल्ली. तोंडी दिल्ली. आनी यमुनबायेनय ती नांवार करून दी म्हूण केन्ना सांगूंक ना. आपसांतलो घरगुती वेव्हार आशिल्लो तो. मोगाचो वेव्हार!

आनी हांगाच भानगड जाल्ली!

यमुनबायेलो बापूय भायर पडटकीर, पुराय आस्ती, बदीक यमुनबायेल्या भावाल्या नांवार जाल्ली. यमुनबायेनय आपल्याक कांय नाका म्हूण सय दिल्ली. खरें म्हळ्यार, ह्याच वेळार पांडुरंगान ती जमीण भयणिल्या पुताल्या नांवार, नातर भयणिल्या नांवार करचेली, पुणून केली ना. कित्याक केली ना, देव जाणां!

यमुनबायेलो घोवय तसो उणो आस्तीदार नासलो. एक व्हड नाल्लां भाट, आनी धा खांडयेची शेता जमीण आसली. पुणून, पांचय धुवांचीं लग्नां करता मेरेन, ताका तातुंतली सुमार इतली शेता जमीण विकची पडिल्ली. पांचय धुवांक बरे सुवातेर दितना, हुंडो जोतय तशीच दिवची पडिल्ली. यशवंतबाब पंदरा वर्सां मिलेट्री सर्वीस करून रिटायर जावन येयिल्लो. पेन्शन

तशी व्हडलिशी न्ही. एकादोगांक पुरची सारखी. प्रोव्हिडंटाचे बीन मेळिल्ले पयशे भुरग्यांल्या शिक्षणाक आनी हेर वेव्हाराकूच सोंपिल्ले. मागीर धुवांचें लग्न करूंक जमीण विकचो ना जाल्यार कितें करतलो? सगल्या धुवांचें लग्न करून, नाल्लां भाट आनी दोन खांडयेचीं शेतां तितलीं उरिल्लीं. आनी वांगडा हे मांवान दिल्ले पंदरा गुंठे!

यमुनबायेल्या पुताक – विठोबाक आपल्या मावळ्यागेरच्यान मेळिल्ले जमणीर भोव मोग आशिल्लो. सुरवेक तीं थंय शेत पिकयतालीं; मागीर विठोबा सर्व्हिसेक लागतकीर ताणें ते जमणिचें भांगर केल्लें. चौंय वटांनी पागोर काडून, भितर पुरती घालून कवथे नटिल्ले. सुपाऱ्या माडयोय लायिल्ल्यो. एक बरी बांय खणून, पंप हावज बांदून, वॉटर पंपय लायिल्लो. सुमार इतले पयशे ताणें ते जमणीर मोडिल्ले.

विठोबान केन्ना सपनांत सुदीक येवजूंक नाशिल्लें, फुडारांत हे जमणीर आपल्या मामाचे पूत हक्क दाखयतले म्हूण. मामाचे दोगूय पूत ताचेलागीं बेस बरे वागताले, भाव कशे! मामीय जिबेर गोड दवरून गोड गोड उलयताली. पुणून, तोंडांत साखर आनी पोटांत वाकर म्हूण ताका बाबड्याक खंय कळ्ळां? माम आपलो! मामीय आपली! मामाचे पूतय आपले! मागीर तो नाका जाल्लें येवजितलोच कसो? तांचे बद्दल ताच्या मनांत इल्लीय कोडुसाण नासली.

यमुनबायेक आपल्या कुळारचो अपरंपार मोग! कुळारच्या हरेक झाडा-पेडा कडेन, चिऱ्या-फातरा कडेन, मातये-चिखला कडेन, गोरवा वासरा कडेन तिचें माये मोगाचें नातें!

आवय-बापायली ती एकुलती धूव आनी व्हडलें अपत्य. भाव पांडुरंग तिचे परस पांच वर्सांनी ल्हान. दोगांयच भांवडां तीं. पांडुरंग दोन वर्सांचो आसतना आवय भायर पडिल्ली. तेन्ना यमुनबाय सात वर्सांचें. बापूय आपल्या भुरग्यांक सवती आवयचो दुस्वास सोंसचो पडटलो म्हूण पर्थून दुसरें लग्न जावंक ना. आपूणच रान्नी उजो पेटोवन चार गोटे शिजोवन भुरग्यांक घालतालो. आपल्याच्यान जाता तशें भुरग्यांचें करतालो. आनी यमुनबाय ते पिरायेंतय आपल्या बापायक हातभार लायतालें. आपल्याच्यान तांकता तशें घरांतलें, भायलें करतालें. भावाक हांडीर मारून ताणेंच ल्हानाचो व्हड केला. ताका भरयला. ताचें गू-मूत काडलां. राती कडेन मदींच कांचवेन आंग काडून उठल्यार आवयचे मायेन ताका थापटिला, आनी देखूनच ताका आपलो भाव म्हळ्यार मायेचो काळजाचो गोंड कसो दिसता. एकेक फावट पांडुरंग चिन्दान्न रडटालो. थोपना आशिल्लो. तेन्ना ताका उमथो पांयार घालून थापटीत व्हडा व्हडान ताणें म्हळां,

'कुरूं कुरूंक कान्हा, म्हश्यो गेल्यो रानां
आमुडण हाड रे मामा, गायो म्हश्यो.'

आपल्या भावाक ताणें केन्नाच नांवान उलो मारिल्लो कोणाक खबर ना. 'बाबा' म्हणच उलोवप.

ताची व्हारडीक जाल्ली तेन्ना तें सोळा वर्सांचें.

यशवंतबाब मिलेट्रींतल्यान रजेर येयिल्लो आशिल्लो. पयसुल्ल्या सोयऱ्यांतलोच तो तांगेल्या! दोगांयनूय एकामेकांक पळयिल्लींच! बापूय भायले भायर वचून सोयरीक जुळोवन येयिल्लो. 'बाय, हांव तुगेली सोयरीक जुळोवन येयलां, फाल्यां गोड-कातली खावंक येतले ते...' म्हण सांगतकीर, तें थोडें न्ही रडिल्लें. हामेऱ्यांनी आनी हुमेऱ्यांनी रडत ताणें म्हणिल्लें, 'बाप्पा, हांव लग्न जायना! बाब (भाव) अजूनी नेण्टो आसा. हांव गेल्यार तागेलें, तुगेलें करतलो कोण? घरांतलें-भायलें, शेतां-भाटांतलें, गोरवां-वासरांलें, पुराय पुराय आटपतां मेरेन तूं जाम जातलो. आनी दोन वर्सां रावतां रे हांव...'

पुणून, आयकता कोण? माटोवभर लोकांक पांय पडलें म्हूण बायल जातीक घोवालें घर चुकता? •

लग्न जुळिल्लें!

सोळा वर्सांची पिराय, ही चली भुरग्याली लग्नाची पिराय आशिल्ली त्या तेंपावेली!

व्हारडिकेच्या आदल्या दिसा भावाक, पांडुरंगाक यमुनबायेन एके कुशीक व्हरून वेंगयत म्हणिल्लें,

'बाबा, हांव चल्लें आतां! बरो करून राव! बाप्पाक सतायनाका! ल्हान ना तूं आतां! जाता जाल्यार ताका मदत कर! आई गेल्ली तेन्ना, हांव तुजे परस ल्हान आशिल्लें. म्हज्यान तांकता तशें हांव करतालें तेन्ना! शाळा चुकयनाका. चार बुकां शिकल्यार रोजेक वचूंक मेळटलें! आयकतलो मरे हांवें सांगिल्लें?'

'हय!'

'...आनी तुका कितेंय खावचें येवजल्यार, देसायवाड्यार यो. पयस ना तें घर हांगासल्ल्यान...'

इतलें सांगतासर ताच्या दोळ्यांत दुकां येयिल्लीं. आनी मागीर, 'तुका सोडून वचप म्हळ्यार, काळजाचो गोंड तुटयिल्ले वरी जाता रे भावा म्हज्या!' म्हण तें ताका घट्ट हड्ड्या कडेन धरून व्हडा व्हडान रडिल्लें.

व्हारडिके दिसा तर, व्हंकलेक भायर माटवांत हाडटना, ओपणी करतना, भावाक आनी बापायक वेंग मारून, रडून चार-चार फावटी सुद्सुम्रत वचून पडिल्लें.

व्हारडिके उपरांतचे सुरवेचे कांय दीस घोवा घरा ताका हात हातार पडना आशिल्लें. पुरायः चुकिल्ले चुकिल्ले वरी जातालें. पर्थून पर्थून भावाची, बापायची याद येताली, आनी दोळ्यांत दुकां उबीं जातालीं.

मागीर दनपारच्या जेवणा उपरांत, काडावडी येतकीर, बायलां शेंदरेर फाट तेंकयतात त्या वेळार, तें ल्हवूच पांयांत जोतीं सरकयतालें, मांयीक सांगून दनपारच्या भारा म्हारू लागिल्ले वरी कृष्णापूरा दिकेन चलूंक लागतालें. आनी भावाक, बापायक मेळून, तांची वास्तपुस्त घेवन धग मोव जावचे आदीं देसायवाड्यार पर्ततालें.

अशें चार-चार दिसांनी आशिल्लेंच!

फकत बापायले, भावाले ओडिनच तें अस्वस्थ जातालें अशें न्हय! कुळारच्या झाडां-माडांची, गोरवां-वासरांची, शेतां-भाटांची ओडय ताका अस्वस्थ करताली.

लग्ना आदीं कुळारा तें थोडें घोळ्ळां?

बापायगेर भाटांत कितलिंशींच झाडां ताणें आपल्या हातांनी रोयल्यांत. दरेका झाडा-माडाः आपल्या हातांनी उदक शिंपलां. गोरवां-वासरांचें चाकरी केल्या. शेतांत पुरो जाता मेरेन घाम गळयला. इतलेंच न्हय तर, आदलें भल्यावेलें पोरणें घर मोडून हे नवे सुवातेर नवें घर बांदतना, तकलेर फातर, चिरे, माती व्हांवयल्या माती कालयल्या. आनी देखुनूच घडये, कुळारच्या हरेक चिऱ्या-फातरा कडेन मातये-चिखला कडेन, झाडा-पेडा कडेन, गोरवा-वांसरा कडेन, शेता-भाटा कडेन ताचें सासणाचें नातें जुळिल्लें आसा.

फकत लग्ना आदींच न्हय, लग्ना उपरांतय ते कुळारा वचून घोळ्ळां. हुंवणे-न्हुंवणेर आपल्या घरचो वावर आटापुनय तें बापायगेर येवन बापायच्या वावराक हातभार लायतालें.

पुणून, भावाल्या लग्ना उपरांत, भावा बायलेक मात, नण्डेन हें अशें कुळारा येवन घोळप बिल्कुल मानवना आशिल्लें. तिका दिसऽ, नणंद येवन अशी व्हडा हक्कान घोळटा, फाल्यां हक्क सांगची ना मू? आपल्याकूय बापायचे आस्तेचो, बदकाचो हक्क आसा अशें दिसुनच नणंद हांगा येवन घोळटा, अशें तिका भोवन भोवन दिसऽ. जायते फावटी तिणें घोवाक हें म्हणिल्लेंय. मांवान धुवेल्या पुताक ती पंदरा गुंठे जमीण दिल्ली तेन्ना तर तिणें घोवा लागीं सरळ सरळ आरोपच केल्लो, 'बापायक भूलमंत्र मारून धुवेन जमीण हातासल्या. फाल्यां आनी कितें कितें मागता देव जाणां!'

हे जमणीक लागून भावजय सुमार इतलीं वर्सां भितरले भितर कुसताली. खंयचेय परिस्थितींत ती जमीण नण्डेल्या कट्ट्याक

तूंक दिवची न्ही, अशें तिणें थारायिल्लें. ते तीर, तिणें आपल्या दोगांय पुतांचीं कानां-मनां डियिल्लीं. पुतांनी घट्ट धरल्यार, बापायक ांचे विरुद्ध वचप शक्य जावचें ना, हें ती णा आसली. पांडुरंग तसो मोव, निर्मळ ाचो, भावार्थी! छक्के पंजे खबर नाशिल्लो! पल्या मनशांनी कितेंय पटोवन सांगल्यार खरें पी. आनी आपल्या मनाक पटना जाल्यार ीक घरकान्निच्या आनी भुरग्यांच्या मतां भायर प ताका शक्य नासलें.

पांडुरंगाले बायलेन म्हणचें, 'काय बरी रस्त्या ची जमीण, कित्याक म्हण फुक्या सवाय डची? आयज तेका लाखांशी रुपया किंमत! न बापायक भूलमंत्र मारून जमीण ाशिल्ली. बापूय पिसो जालो म्हूण, आमी त्याक पिशे जावया? नांवार करून काय दिवं न्ही!' तिच्या सुनांकूय तें ज्युस्त पटिल्लें.

निमाणे कडेन पुराय घर एक दीस एकठांय ल्लें, तेन्ना तांणी निर्णय घेयलो, जमीण ी मागून घेवचेलो!

आनी एक दीस वावटळ घेवन येयिल्ले ान, ती चीट घेवन पोस्टमन यमुनबायेगेर लो.

चीट विठोबाल्या नांवार आशिल्ली.

चेटयेंत पांडुरंगाल्या व्हडल्या पुतान ल्लें, 'म्हज्या आज्याक भूलमंत्र मारून, ु आवयन जमीण हाताशिल्ली. आजो पिसो ो म्हूण, आमी पिशे जावचे नात. ती जमीण ची, आनी आमच्याच नांवार आसा. ते ीर तुवें जायते पयशे मोडल्यात, हाची कां जाण आसा. तरी लेगीत, इतल्या ची येणावळय तुमकां मेळ्ळ्या हें विसरूंक ना. म्हणटकीर, ह्यानफुडें आमचे जमणींत पावल दवरनये. आनी दवरलें जाल्यार देशीर कारवाय करची पडटली.'

ो अपेक्षे भायली चीट पळोवन, विठोबा हीण जाल्लो. ताणें आवय-बापायक चीट यली.

मुनबायेक हें येवजणे भायलें आशिल्लें. , जमणिचें व्हडलेंशें पडूंक नासलें. आपल्या रा कडल्यान असलो प्रकार घडला हाचें चड दुख्ख आसलें. ती भोवन भोवन ताली, हें अशें घडलेंच कशें?

वजून येवजून निमाणे कडेन ती एका ार पावली. हातुंतलें म्हज्या भावाक, भावा क कांयच खबर नासुंये. खबर आसल्यार शें करूंक केन्नाच दिवचीं नाशिल्लीं. हें भायले भायर भावाल्या पुतालें! आनी बायलेच्या सांगण्यार!

दिसा तो चीट घेवन विठोबा मावळ्यागेर गेलो. घरांत मावळो आनी मावळ्या बायल दोगांयच आशिल्लीं. विठोबाक पळोवन, मावळ्या बायल तोंड काळें करून रांदचे कुडींत गेली. वासरेर मावळो एकलोच बसून उरलो. हरशीं विठोबाक पळोवन 'यो विठोबा, बस!' म्हणपी मावळो आयज ओग्गी आशिल्लो.

विठोबा आपुणच वचून कदेलार बसलो. चीट काडून मावळ्याक दाखयली. मावळ्यान 'मेळ्ळी तुका?' इतलेंच म्हळें, आनी चीट तशीच वाचनासतना परथून भाच्याक दिली.

'मामा, हें जाणां तूं...?'

'हूं!'

विठोबा कितें समजवचें तें समजलो. म्हळ्यार हें सगळें सगळ्यांच्या येवजणमंथनांतल्यानच जाल्लें तर!

'पुणून मामा, हांवें सुमार इतले पयशे ते जमणीर मोडल्यात...'

'हय रे! पुणून इतल्या वर्सांची येणावळ मेळ्ळी ना?'

'मामा, तुमी म्हाका ती जमीण दिल्लीच कित्याक?'

'हांवें दिवं ना न्ही! बापायन दिल्ली. म्हजेंय ताचेर कांय म्हणणें नाशिल्लें. पुणून म्हजे पूत, सुनो तयार नात न्ही! हांव कितें करूं? तांचें म्हणणें, तुमी कांय जमीण, भाट नाशिल्लीं मनशां न्ही. बेठीच कित्याक दिवंया?'

विठोबा हाचेर कितें उलयतलो? तो ओग्गी रावलो. मागीर ल्हवूच उठलो, आनी 'येतां हां...' म्हूण भायर सरून येयलो.

विठोबान थारायलें, ह्यान फुडें ते जमणीर पांय दवरप ना! पुराय कश्ट, हात सोडून मोडिल्ले पयशे, सगळें सगळें व्हाळांत गेलें.

हरशीं कूळ कायद्यान ही जमीण तांगेली जावं येताली, पुणून, अर्ज कोणी केला? करतलो तरी कित्याक? नात्यांतली गजाल. आनी कायद्यान ताचे आवयचो हक्क नाशिल्लो तर? तिणें दोळे धांपून सय दिवंक ना? तेन्नाच तिच्यान आडावं येतालें, ही बाप्पान दिल्ली जमीण नांवार कर म्हूण. पुणून तिणें तशें करूंक ना. फुडारांत हें अशें जातलें म्हूण कोणी येवजिल्लें? मायेमोगाच्या संबंधांत इतले खोलायेंत वचून कोण येवजिता?

विठोबान घरा येवन सगळें सगळें सांगलें.

यमुनबायेचेर आकांत!

आपलो भाव असो वागलो, हाचेर तिचो विस्वास बसच ना! तिणें फुरसद पळयली ना, तशीच उठून बापाय घरा येयली.

'बाबा, भावा म्हज्या, हें कितें चल्लां...?'

भाव ओग्गी.

'म्हाका कुळार पयस करचे ना मुरे तुमी...?'

'तुका कुळारा कोण येयनाका म्हणटलो?'

'तुमी अशें केल्यार म्हाका येयन दिसतलें...?'

भाव तकली सक्रयल घालून ओग्गी रावलो. ताका कितें उलोवचें म्हूण कळ्ळें ना.

'...पळ्या, येवजिया तुमी..!' इतलेंच उलोवन ती पर्थली.

वाटेर येतना तिका रडुंकच येवंक लागलें.

घरा येवन ती व्हडा व्हडान रडली.

दोन-चार दीस विठोब आवय लागीं उलयलोच ना. जशें काय आवयनच ताका सांगिल्लें, आपल्या बापायले जमणीर पांय दवरिनाका म्हूण! आवयन कितेंय सांगल्यार ओग्गी रावप.

'पुता, कित्याक उलयना तूं म्हजे लागीं...?'

'कितें उलोवं? तुज्या कुळारच्या लोकांनी फोंडांत घायलो न्ही गे म्हाका!'

'हांवें तशें कर म्हळें, पुता?'

'तूं व्हडली व्हडविकाय गायताली न्ही गे आपल्या कुळारची? अशें कित्याक केलें तर तांणी?'

'तें खरें. पुणून, आतां कितें करूं पुता हांव?'

'कितें करूं म्हळ्यार? तुका मात्तूय हक ना तर बापायगेरचो? वचून बस बापायच्या दारार! सांग, हो प्रस्न सुटावो जाता मेरेन अन्न-उदक सोडून दारांतच बसतली म्हूण! गोळ घेतां म्हण सांग दारार तुमच्या!'

पुतान अशें सांगलें म्हूण, यमुनबाय तशें करूंक शकता आशिल्ली? हरशींच ती आपल्या भावाक हार्टाचें आसा, मातसो सुदीक तकलेर पेज येयल्यार तो प्रेशर चडून बरो ना जावन पडटा, म्हूण हुसक्यान रावताली. आपल्या भावाचेर अशे तरेन पेज हाडप तिका मानवचेलो नासलो.

ती आतां सामकी जाणा जाल्ली, आपल्या कुळारच्या सगळ्यांनी मेळून हें कारस्थान केलां आनी आपल्या भावाक तातूंत ओडला. ताका पिसो केला. पूत सांगता तशें केल्यार हेरांक ताचें कांयच पडून वचचें ना, फकत आपल्या भावाचेरच पेज येतलो. तो मर्दी हुमकळटालो. देवा सायबा, ताका कितेंय जाल्यार...?

यमुनबाय सामकी कातरेंत अडचल्ली.

हे वटेन विठोब सारको खायना, जेयना आशिल्लो. कोणा कडेनूय चड उलयना आशिल्लो. येद्दी व्हडली दाडी वाडिल्ली. तो सामकोच निर्शेल्लो, शेळेल्लो. ताचीय चूक नासली. तो सादो एक पोस्टाचो कारकून आशिल्लो. आपल्या पगारांतल्यान थोडेंभोव पुंजयिल्लें ताणें हे जमनीर खर्च केल्लें. थोडें

न्ही, हजारांशी! मावळ्यागेरच्यान आपल्याक मेळिल्ली जमीण म्हूण व्हडा अभिमानान ताणें थंय साम्राज्य केल्लें.

पुताची ही अवतिकाय यशवंतबाबाच्यान तर अजिबात पळोवं नजो आशिल्ली. एक दीस तो मावड्ड्या गेलो. मेवण्याक आनी मेवण्या बायलेक पुराय उजरावन काडलीं. विचारलें,

'काडून घेवची आसल्यार, दिल्लीच कित्याक? कोण मागूंक गेल्लो? दिवचें मनांत नासल्यार तेन्नाच आडायलें ना कित्याक? ती इतली वसयता म्हळ्यार ओगी कित्याक रावलीं? ते जमणींत म्हज्या पुतान ओतिल्ले पयशे कोण फारीक करतलो? सोयरे-धायरे म्हूण वळखना जाल्लीं दोन तोंडांचीं माळुंडां तुमी! तुमकां सोयरे म्हणूंक सुदीक लज दिसता. हाचे उपरांत तुमी आमकां मेलीं, आमी तुमकां मेलीं! हाचे उपरांत तुमगेर आमी पांय दवरचीं नात, तुमी आमगेर दवरचीं नात! तुमकां जमीण जाय न्ही, म्हजे बायलेचोय हांगा हक्क आसा!... तुमकां कोर्टांत व्हरतां पळय...!'

तोंडाक येता तीं उतरां तो उलोवन येयलो.

फकत उलोवन येवंक ना, आदींच मरूंक तेंकिल्लें नातें सोमतेंच तुटोवनय येयलो.

अशे तरेन यमुनबायचें कुळारचें नातें तुटलें. तिचें काळीज मुळा सावन उसवलें.

कुळार पयस जालो म्हण, कुळारची माया पयस जाता? कुळारची ओड पयस जाता?

ती माया, ती ओड यमुनबायेक अस्वस्थ करताली. चार-चार दिसांनी कुळारा वचून येवचेलें आतां सामकें बंद जाल्लें. घोवान दबकायिल्लें तशें, हाचे उपरांत कुळारच्या बऱ्या-वायटाक गेल्यार ओगी रावचों ना! बापायच्या दारांत पांय दवरचें ना! थंय पांय दवरल्यार परतो घरांत घेवचों ना!

यमुनबायेक दिसऽ, घोवा घरा आनी कुळारा मदीं वितुश्ट येवप हाचे सारको अस्तुरेचो दुसरो कर्मभोग ना.

आपूण जावन वचचेलें बंद जाल्लेंच, हरशीं सणा-परबां निमतान आपोवंक येवचो भावय बंद जाल्लो. व्हारडीक जायत सावन, बापायगेरच्या खंयच्याय सणा-परबेक अडचणेच्या निमतान सुदीक केन्नाय वचनासतना राविल्ली तिका याद ना. आदल्या दिसा वचप, आनी गडगड घालीत पुराय पुराय वावर करप.

निदान बावाल पुनवे जात्रेक तरी भाव आपोवंक येतलो, अशें तिका खूब दिसऽ. तिका दिसऽ, भावान येवन म्हणचें, 'बाये, जालें तें जालें! सगळें विसरूंया आमी आतां. तुमी करा ती जमीण! आमचो मार्गा मार्ग तसोच चालू दवरूंया!' पुणून ना! भाव आपोवंक येयलो ना! गळ्यांत जीव हाडून ती भावाली वाट पळयताली. भायर कोणालींय सटसट पावलां वाजल्यार, भावच येयलो म्हूण समजून, बेगोबेगीन भायर येताली. जात्रेचो दीस उजवाडलो, तरी कोणच आपोवंक येयलो ना. तिका दिसलें, निदान कोणा कडेनय सांगून तरी धाडचें आशिल्लें भावान म्हज्या, तितलीच समादान दिसता आशिल्ली.

कृष्णापूरच्या विठोब-रुक्मिणी देवळांत ढम् ढम् ढम् ढम् करून वाजयिल्ल्या धोलाचो आवाज स्पश्ट आयकूंक येतालो. तिचें काळीज आकुळ-पिकूळ जातालें. तो ढम् ढम् आवाज खंय तरी खोल खोल तिच्या काळजांत रिगतालो. दिसतालें, त्या आवाजान काळजांत कोण तरी घुस्मट्टा, आनी त्या धोला भाशेनच भितरल्यान काळीज बडयता.

हे जात्रेक कुळारच्यो धुवो, तसलेंच अडचणेचें कारण आसले बगर, येनासतना रावनात. सगुण, अमृतें, आनंदें सगळ्यो सगळ्यो आंगभर भांगर, माथेंभर फुलां माळून येयल्यात आसतल्यो! देवा, विठोबा, म्हज्याच नशिबांत हें कितें हाडलें तुवें?

मुखावेल्या रस्त्यान खाजेकार, फुगेकार पें पें पों पों करीत जात्रेक वयताले. यमुनबाय खीणभर तांकां पळयत रावली.

हे जात्रेकूच तें! यमुनबाय तेन्ना आठ-णव वर्सांचें आशिल्लें, आनी भाव चार वर्सांचो! भावाक हाताक धरून जात्रेक घेवन गेल्लें. कृष्णापूरचे विठोब-रुक्मिणी जात्रेक लोकांची खेटाखेट जाता. सेगीत पांच वर्सां हे जात्रेक गेल्यार पंढरपूरा गेल्याचें भाग्य मेळटा असो एक समज आसा. आनी देखून लोक हे जात्रेक ही गर्दी करतात. मुयेक लेगीत फिरूंक सुवात आसना. देवाक मेळूंक लोकांच्या लोंड्यांत उबें रावल्यार पुरो, आपलेंशेंच लोक धुकलूनच भितर व्हरतात, आनी भितरल्यान भायर हाडटात. देवाक मेळून, भाव-भयण भायर सरतालीं, दारांत लोकांले खेटाखेटींत भावाक धरिल्लो हात सुटलो आनी दोगांयची चुकामूक जाली. भाव एके वटेन, आनी भयण एके वटेन! यमुनबायेचेर आकांत! 'बाबा, बाबा, भावा म्हज्या, खंय गेलो तूं? येऽ म्हजो भाव शेणलो, म्हजो भाव शेणलो! बाबाऽ, बाबाऽ'. लोकांल्या बोवाळांत कोणाचो आवाज कोणाक आयकता? एके वटेन देवळांतलें वाजप, दुसरे वटेन लोकांलो बोवाळ. मदींच पेंऽ पोंऽ पूंऽ तरतरेचो आवाज, तातुंतच खाजेकार बोवाळटाले. 'ताजें ताजें गोड गोड खाजेंऽऽ', आनी ह्या बोवाळांत यमुनबाय 'बाबाऽ, बाबाऽ, खंय आसा तूं?' म्हणत, वाट मेळत ते दिकेन भावाक सोदीत भोंवतालें. पुराय पुराय देवळाचो वाठार सोदूनय भाव मेळना. तें रडूंक पावलें. फाटले तळये कडेन बी पावूं ना मू? हे गच्चेंत खेटाखेटींत तळयेंत बी पडत...! देवा सायबा! तें तशेंच तळये कडेन गेलें. थंय कांय मागमूस ना! आतां ताका दुबाव, भावाक कोणेंय उखलून बी व्हरूं ना मू? तें रडुंकूच लागलें. ताणें विठोब-रुक्मिणीक सांगणी केली,

'विठोब-रुक्माये, म्हजो भाव मेळूं म्हाका! तुका केळ्यां ताट दितां. भावाक घेवन एकशें आठ प्रदक्षिणा काडटां!' आनी खऱ्यांनीच, ताका रोखडोच भाव मेळ्ळो. थंयच एका खाजेकारा कडेन कुक्कुटोन उबो आशिल्लो. खाजेकारान सांगलें, '...म्हजी भयण, म्हजें बाय शेणलां म्हूण रडत येयलो. हांवें सांगलें, तूं हांगा राव. भयण सोदीत येतली. आनी येना जाल्यार हांव व्हरून पावयतां...' यमुनबायेक गेल्लो जीव परतो येयिल्ले वरी जाल्लो. आनी मागीर भावाक वेंगोवन, ताचे उमे घेवन घेवन, हुंडके दीत तें रडिल्लें.

असोच एक दीस भावाक जोर चडलो. बापूय जोताक वयतना भाव बरोच आशिल्लो, अचकीत आंग तापलें. यमुनबायेन मळावेलें कोडूल बी झरोवन दिलें. जोर उणो जायना. आंग चडच तापूं लागलें. हें भियेलें. बापायन भळ्याखंयच्या शेतांत जोत बांदिल्लें. बापायक आपोवंक म्हण धांवतालें, वाटेर कोणेंतरी शेलीफातर हाडून उडयिल्ले. पांय हादळण पडलें. कपाल एका फातरार आपटलें. सण्ण जालें. खीणभर कांयच कळ्ळें ना. दोळ्यां मुखार काजुले धुंवले. तशेंच उठलें. कपलाक घट्ट धरून बापाय कडेन धांवत सुटलें.

'बाप्पा, बाप्पा, बेगीन यो!'

'कितें जालें पुता? कपाल कशें फुटलें?'

कपलाक कोंक पडून रगत व्हांवतालें.

'कांय ना, येतना हादळण पडलें! मातरशें लागलें! बेगीन यो, बाबाक जोर चडला!'

तेन्ना तें धा-बारा वर्सांचें आशिल्लें. बापायन येवन पुताक वखद दिलें. धुवेची कोंक धुयन, ताकाय वखद लायलें. ते मेरेन कपल सुजून येद्दें व्हडलें जाल्लें. तकली उसळूंक लागिल्ली. पुणून, ताका तार्चें पडूंक नासलें. तें रातभर भावाक बापाय वांगडा उदका घडी घालत बशिल्लें. भावाचो जोर देवूं म्हण विठोब-रुक्मायेक सांगून घेतालें.

अजुनय ते कोंकिचो माग यमुनबायेच्या कपलार आसा. तो माग पळयतकीर तिका हे घडणुकेची याद जाता.

आनी तोच भाव आयज ताका विसरिल्लो.

भाव विसरलो म्हूण, तिचो भावावेलो मोग इल्लोय उणो जावंक नासलो. केन्ना केन्नाय

मुखावेल्या रस्त्यान भाव सायकलीर गडार वयतना तिका दिश्टी पडटालो. ती मागीर धांवत धांवत गेटी कडेन येताली. भाव पयस दिश्टी आड जाता मेरेन्, ताका पळयत रावताली. तिका तो बेठोच भागलोसो दिसऽ.

एक दीस तिका कोणें तरी सांगलें, भाव बरो ना जावन ताका गोंयांत व्हेला. भावाचे दोगूय पूत गोंयांत रावताले. बापूय बरो ना म्हूण कळटकीर, पूत येवन बापायक आनी आवयक दोगांकूय घेवन गेल्ले.

आयकून यमुनबायेचो आवरोच हुडलो. देवा, किते जालें काय म्हज्या भावाक? तिणें मेळटा ताका विचारलें, पुणून कोणेंच सारकें कांय सांगलें ना. हार्टाचें वाडलें काय? काय आनीक किते जालें! मन सामकें थतरवितर जालें. पर्थून पर्थून भाव दोळ्यां मुखार येवंक लागलो. हात हातार पडना जातकीर, तिणें निमाणें थारायलें, कितेंय आसूं, भटाक वचून विचारचें. भावाले गिराय बी वायट आसत!

भावालें जल्म नांव 'थाकू' आनी 'मीन' रास म्हण ती जाणा आसली. तिणें भटाक वचून विचारलें. भटान पळोवन सांगलें, 'अडेच वर्सां मेरेन ऱ्हू वायट आसा.'

'आतां कितें करप? उपाय कितें?'

'कांय ना, ईश्वराची प्रार्थना करप. हांव एक चीट करून दितां, व्हरून बांद ताका.'

'भटमाम, म्हजें आनी भावाचें बरेपण ना! हांव वचना कुळारा...!' आनी तिणें भटाक सगळी सगळी गजाल सांगली.

भट खीणभर तिचें तोंड पळेत उरलो. ताणें सांगलें, 'हांव देवील्या आशिर्वादार एक चीट करून दितां, आनी देवीलो मळ दितां. भावाक पळोवंक गेलें अशें करून ती चीट आनी मळ कशें करून भावाल्या घरांत उडोवन यो. खंयूय खाचींत, मुल्यांत दवरून यो. थोडो तेंप उरल्यार पुरो ती थंय. भावाक पळोवन येतां म्हळ्यार, घोव वचूंक दिवचो ना?'

'भटमाम, घरा ना तीं तुर्ताक. गोंयां गेल्यांत. दार बंद आसा.'

'तशें जाल्यार बरें जालें. घराच्या पाडसाराक व्हरून ही चीट बांदल्यार उत्तम. मळ दारांत फुंकून यो. जनेलांतल्यान भितर उडोवंक जाता जाल्यार भितर उडय.'

भटान दिल्ली चीट आनी मळ घेवन, ती घरा येयली. घोवाक बेठेंच विठोब-रुक्मिणी देवळांत वचून येतां म्हूण सांगून, भायर सरली.

सुमार वर्सांनी ती कृष्णापूरांत येताली. भावाकडेन वायटपण येत सावन, कृष्णापूर तिका पयस जाल्लें.

कृष्णापूरचो वाठार नदरे सामकार येतकीर, तिका घळ घळ जालें. दोळ्यांत दुकां येयलीं. तिका दिसलें, तें भळ्या कडचें शेत, तो भळो, ते सागवानी रूख, तो म्हाल म्हातारो जांबळीरूख, तीं आंब्याझाडां, तें विठोब-रुक्मिणी देवूळ सगळीं सगळीं तिका विचारतात, 'यमुनबाय, खंय गो तूं? कितल्या वर्सांनी? आमची याद येना तुका?'

वाटेर मेळिल्लो जण एकलो यमुनबायेक पळोवन अजापतालो. 'यमुनबाय, बरें मुगो? यो, आमगेर यो' म्हूण हाताक धरून पाचारतालो. पुणून ती कोणागेरूच गेली ना. थेट विठोब-रुक्मिणी देवळा कडेन गेली. तळयेंत पांय धुयन देवळांत येयली.

'देवा, म्हाज्या भावाची गिराय, पिडा कितेंय आसल्यार पयस कर! ताका आयुश्य दी!'

देवाचो तीर्थ-प्रसाद घेवन थंयच्यान थेट बापाय घरा येयली. आंगणांत पावल दवरनाफुडें तिका हुंडको फुटलो. घरा दार बंद आशिल्लें. कवडेक येद्दें व्हडलें कुलूप हुमकळटालें.

आंगणांतले तुळशीमांडेक तिणें हात जोडले.

हीच ती तुळशीमांडी! नेण्टे पिरायेर आवय नाशिल्लें यमुनबाय हेच तुळशीमांडेक आवय समजून, वेंग मारून, भितरले भितर रडटालें. आपलें दुख्ख सांगतालें.

तिणें म्हळें,

'तुळशीमाये, म्हजी भावा बायल तुका कुकूम फूल करता, तुजे मुखार दिव्या जोत लायता, तिचो कुकूम अखंड राख!'

मागीर ल्हवूच तिणें पिशवेंतल्यान ती चीट आनी मळ काडली. जनेलां कवडां खांचींतल्यान भितर उडोवंक जाता काय पळयली. पुणून ना! आतां पाडसारा चीट बांदुया म्हळ्यार हात पावनात!

तिचो वाड्यावेलो बापोलभाव विश्राम थंयच वंय बांदतालो. ताका आपयलो. तो ऊंच, पातलांगी. ताका सगळी गजाल सांगली. ताचे कडल्यान पाडसारा चीट बांदून घेयली आनी 'बाबा, हें कोणाकडेनूय म्हण्णाका हां...' म्हूण बजावली.

उपरांत कांय खीण ती बेठीच सोप्यार बसून रावली. तिणें मनांत म्हळें, 'देवा, हाचेफुडें ह्या घटणार येवन केन्नाय चार दीस रावंक मेळटलें काय म्हाका? ह्या घटणावेलो पेजे निवळ केन्ना पडटलो काय म्हज्या ताळ्यार?'

ती थंयच्यान उठली, आनी बागभर भोंवली. आपणें शिंपून व्हड केल्ल्या झाडां-माडांचेर मायेन हात भोंवडायलो. होच तो तोंकावेलो म्हालम्हातारो आंब्यारूख. भाव नेण्टो आसतना खावूं-जेवूंक हट्ट करतालो, तेन्ना यमुनबाय ताका हांडीर मारून हांगा घेवन येतालें. आंब्या रुखार बशिल्ल्या कावळ्यांक, घोणीक दाखोवन ताका भरयतालें.

रित्या गोठ्यार नदर पडनाफुडें तिचें मनय रितें रितें जालें. आपल्याच्यान गोरवांचो वावर जावचो ना म्हूण भावान सगळीं गोरवां विकून उडयिल्लीं. ह्याच गोठ्यांत एका तेंपार तिणें गोरवांची सगळी सगळी चाकरी केल्ली. व्हितां केल्लीं, दूद काडिल्लें.

सुमार वेळ ती थंयच गणमणत रावली. रावन-रावन कितलोसो वेळ रावतली? निमाणे कडेन जड पावलांनी भायर सरून येवचेंच पडलें.

यमुनबाय कृष्णापुरा वचून येयिल्ल्या सात-आठ दिसां नंतरची गजाल.

अचकीत यमुनबायेली भावा बायल गेटी मुखार येवन व्हडाव्हडान हात हेळयत खेपूं लागली.

'म्हज्या घराच्या पाडसाराक, आमी नाशिल्लीं पळोवन, चीट हाडून बांदता? जमीण मेळूं जाय म्हण देव-देवसपण करता? बरें जावचें ना तुजें! तुज्या देवसपणाक लागुनच म्हजो घोव बरो ना जावन पडलो...'

एक न्हय दोन, हजार तरांनी ती उलयली!

यमुनबायेन भायर येवन तिका कितले सांगचे यत्न केले, पुणून ती मानुंकूच तयार ना जाली.

घोवानय यमुनबायेक थोडी उलयली ना.

'तुका थंय वच म्हणिल्लेंच कोणें? बऱ्याक वचून खोरें घालून घेता...'

पाडसारा चीट बांदून घेयिल्ल्या त्या बापोलभावान वचून आपले बायलेक सांगिल्लें आनी तिचेच कडल्यान यमुनबायेल्या भावा बायलेक वचून चिटिची गजाल कळिल्ली. तिणें ताचो भलतोच अर्थ लायिल्लो.

एक फावट खंयचीय गजाल खंय कुसूंक लागल्यार, ल्हव ल्हव पुराय कुसत वता. यमुनबायेक दिसलें, आपल्या बापायक ती जमीण दिवची बुद्दी खंयच्या अवचित्र वेळार जाली काय? ते जमणीन कुळारच्या आनी घोवागेरच्या दोनूय घरांचीं तोंडां दोन वटेन केलीं.

आयज कितलिंशींच वर्सां तीं दोन वटेन जाल्लीं तोंडां तशींच उरिल्लीं. ती खंत, ती व्यथा यमुनबायेक भितरले भितर जळयताली.

घोवागेर तरी समादानाचें जिणें आसलें?

तुज्या कुळारच्या लोकांनी विस्वासघात केलो, म्हूण घोव सदांच उठून कोंचयतालो. पुतय थोमणे मारतालो.

आनी हें सगळें तिचे भितर शिजतालें.

सांगतली कोणाक?

सांगून उपेग कितें?

आपले भितरलो घायो भायर उकतो करून दाखोवपांत कसलें व्हडपण? ती ही खंत

काळजांत घेवन जियेली.

पयर अचकीत बरी ना जाली. ल्हव ल्हव सामकीच जाम जाली. यशवंतबाबान पुताक, सुनेक अंकोल्या सावन आपोवन घेयलीं. धुवांकय कळोवन आपोवन हाडल्यो. पुतान आनी धुवांनी कितलें पाराथलें, दोतोरा आपोवया, आस्पत्रेंत व्हरुंया! ना तें नाच्च!

म्हणूंक लागली, 'दोतोरालें वखद जल्मांत खावूंक ना, आनी आतांय खावचीं ना! देवान नशिबांत बरयिल्लें तितलें आयुश्य मेळटलें. आतां आनी म्हगेलें कितें उरलां? दोळे धांपचेच आतां!'

हांथुरण्यार पडिल्ले कडेन तिका आतां उठून बसूंकय जायना आसलें. पूत, धुवो धरून उठोवन बसयताली. कितेंय पातळ आहार दितालीं. तेवूय दोन घोटां वयर न्ही.

त्या दिसा, तिका एकदमच स्वास घेवूंक तरास जावंक लागलो. जीवय ओडिल्ले भाशेन जावंक लागलो. यमुनबायेक कळ्ळें, आपूण आतां निमणे घडयेर पावल्यां. तिणें ल्हवूच पुताक आपयलो. म्हळें,

'पुता, म्हजें एक काम करता?'

'सांग आई...'

'म्हज्या भावाक पळयन दिसता. आपोवन हाडशी?'

विठोबाक घळ घळ जालें.

'हय आई!'

'सांग, हांव वांचना आतां! येतना बापायल्या घटणावेलो इल्लो पेजे निवळ घेवन यो म्हण! बेगीन घेवन यो...'

विठोबान ताकतीक केली. स्कुटर घेवन तो सोमतोच कृष्णापुरा येयलो. हरशीं मावळो वाटेर मेळ्ळ्यार, तोंड फिरोवन वचपी विठोब आयज सगळो राग-रूस कुशीक दवरून, मावळ्याक व्हरूंक येयिल्लो.

मावळो आनी मावळ्या बायल सोप्यार बशिल्लीं आशिल्लीं.

विठोब आंगणांतल्यान बोवाळ्ळो,

'मामा, ऊठ! आई बरी ना! तुका वथरेता!' आनी तो रडुंकूच लागलो. 'मामा, आई बरी ना रे! वयता ती आतां...!'

'आं? कितें जालें म्हजे भयणीक?'

पांडुरंगान कांचवेन म्हळें. पांडुरंगाची बायलय भियेली. कितलेंय जालें तरी नातें! नात्याचीं दावां कितलींय हुमटोवन उडयलीं तरी एक-दोन उरतातच!

पांडुरंगान ताकतिकेन मुस्तायकी चडयली.

'इल्लो पेजे निवळ हाड म्हळा!'

दनपारची वेळ. मडकेंत पेज आशिल्ली. पांडुरंगा बायलेन ताकतिकेन एका डब्यांत इल्लो पेजे निवळ ओतून घोवा कडेन दिलो.

मामाक घेवन विठोब घरा येयलो.

घरांत दारांत वाड्यावेल्या लोकांची खेटाखेट जाल्ली.

माम आनी भाचो ताकतिकेन भितर संरले.

पांडुरंग सुमार तेंपान भयणिगेर येतालो. भावोजीन दारांत पांय दिवं नाका म्हणिल्लें, पुणून तें येवजुचेलो हो वेळ नासलो.

विठोब मावळ्याक हाडूंक गेल्ल्या फाटल्यान, यमुनबायेक चडच जाल्लें. स्वास चडच खोल वचूंक लागिल्लो. उतरांय लुबडीं पडटालीं. एक फावट तर धुवांनी 'आवय गेली' म्हूण बोवाळय मारलो. बोवाळ आयकून वाड्यावेले सगळे लोक जमिल्ले. धुवांनी आवय भोंवतणीं कवंडाळें केल्लें.

यशवंतबाब ओग्गी तकली सकयल घालून, कुशीक एका कदेलार बशिल्लो.

पांडुरंगान बास्केट उकतें करून, भयणी मुखार वचून म्हळें,

'बाये, हांव येयलों. हो चय, पेजे निवळ हाडला तुका...!'

इतलो वेळ निस्तेज पडून आशिल्ले यमुनबायेन भावालो आवाज आयकनाफुडें दोळे उकते केले. जीव गळ्यांत दवरून ती भावाली वाट पळयताली.

भावाचेर नदर पडनाफुडें तिच्या दोळ्यांत दुकां उबीं जालीं.

आशिल्ली नाशिल्ली पुराय शक्त तिणें जिबेर हाडली, आनी म्हळें,


'बाऽबा... भावा म्हज्या... निऽऽवळ दीऽऽ.' आनी तिणें मान लवंडयली.

पुतान, सुनेन आनी धुवांनी आकांत केलो. भयणीक दिवंक हाडिल्लो निवळ भावाच्या हातांत तसोच उरिल्लो!



चंद्रकोर

प्रकाश पर्येंकार

रमें गांव दोंगराच्या मुळसांत वसला. हो दोंगर सुळको कसो उबो आशिल्ल्यान ताका उबो तेम ह्या नांवान वळखतात. उब्या तेमाक लागून हेर दोंगरांच्यो रांगो पयस मेरेन गेल्यात. दनपारचो सुर्या अस्तमते अर्दान लकतकच ह्या उब्या तेमाची सांवळी गांवाक पयलीं आफुडटा. पावसांत उब्या तेमार साकून घालून घेवपी व्हाळ गांवाचीं दोन अर्दां करता. व्हाळाचे पलतडीं आनी आलतडीं मेळून चाळीस-पन्नास घरां भरतात. माय म्हयन्यांत लोक ह्याच व्हाळाक दोबरे मारून उदक खातात. व्हाळाचे पलतडीं एका उपऱ्यार सांतेरीचें देवूळ आसा. ह्या देवळा मुखार सर्दें शेत पयस मेरेन पातळ्ळां.

उब्या तेमाच्या माथ्या उंच सुर्या पावला तो पळोवन यमुन्यान ताकतीक केली. 'दीस खंय पावलो बग. मार्जी आजून घरांतलीं कामांच सोपानात' अशें म्हणत ताणें कडाशेचो कोयतो काडलो. दांडये वयलो तुवालो खांदार उडयत तें चंद्रयाच्या घरा मुखार वचून उबें रावलें. सुपारेची खीर दाडमणार दवरीत ताणें चंद्रयाक उलो मारलो.

'चंद्रयाऽऽ, ये़यना गोऽऽ? दीस खंय पावलो बग.'

'चलात राव... बायूक पाळण्यांत न्हिदयतां आनी येतां...'

बारकेल्या चेडवाक मांडयेर घालून चंद्रें यमुन्याचीच वाट पळयतालें. चेडूं न्हिदलां तें पळोवन ताणें ताका ल्हवूच उखल्लें आनी पाळण्यांत व्हरून दवरलें. तें तशेंच भायर आयलें. पोरसांत हेर भुरग्यां वांगडा खेळपी राघूक ताणें उलो मारलो.

'राघू... बारकेलें बाय पाळण्यांत न्हिदलां रे... उठत जाल्यार धर तेका. मी लाकडांक वचोन रोकडेंच येतां.' चुंबळ आनी कोयतो घेवन चंद्रें भायर सरलें.

सात-आठ दीस जाले, यमुनें आनी चंद्रें सांजेच्या मायत्याक लाकडांक वचपाक भायर सरतात. तशें पळोवंक गेल्यार ह्या दिसांनी गांवांतलीं सगळींच बायलां लाकडांक वतात. काजींक आतांच फोकां पडटालीं. कांय जाणांच्यो काजी खंय खंय लागपाक सुरवात जाल्ली.

ऱदां काजिंचो भार जातकच कामा फुडें
ाकडां पुंजावपाक फुरसत मेळना. काजी
ागता म्हणसर पावस कोंसळपाक लागता. ह्या
गांयनी मेळून अर्दीं अदीक लाकडां जमयल्लीं.
दूं तांकां लाकडांय बरीं मेळिल्लीं. वाड्या
ार्ली बायलां तांच्या ह्या लाकडांक पळोवन
ावडो घोट्टालीं.

'हेंकां इतलीं निव्वळ लाकडां मेळ्ळीं तरी
य?' असो तांकां प्रस्न पडटालो. एक दीस
ाबोल्यान चंद्रयाक विचारलें,

'आगो चंद्रया, तूं हीं लाकडां हाडटा तरी
यसून?'

'खंयसून म्हणजे? रानांत घे म्हणो लाकडां
ासात. तूं येता जाल्यार यो...' गांवांतलीं हेर
बायलां उब्या तेमार लाकडांक वच नासलीं. भरो
माथ्यार घेवन उब्या तेमाचें पालसण देंवता
म्हटल्यार पांयांक कांपरी भरताली. पांय घसरलो
जाल्यार भरो आनी तूं... घळणाक वचपाचें...
चंद्रें आनी यमुनें मात एखादया मानाया वरी
माथ्यार भरे घेवन सरसरून सकयल देंवतालीं.

उब्या तेमार वयर वचपाक काजींतल्यान वाट
गेल्या. यमुनें चंद्रयाची वाट पळयत देवळा
मुखावयले आंबुल्ले तळा पान-सुपारी चाबडायत
बसलेलें. चंद्रें लागीं पावलें तशें यमुनें पींऽऽच्
करून थुकी भायर मारीत म्हणपाक लागलें,

'इतलो वगत काय करी गो? भावडीक बी
पाळण्यांत न्हिदय नासलें मुगो?'

'तुका आनी म्हणात तेन्ना फकाणां येवजता
हां. दुसऱ्याच्यो केमण्यो काडपाची खोड केन्ना
वयतली देव जाणां. सुपारी वांयच दी तूं आतां.'
उब्या तेमाची वाट चलतां चलतां यमुन्यान
चंद्रयाक सुपारी दिली. यमुन्यान तोंडांतलें
चामाळ भायर उडोवन आपणेनूय सुपारेची खीर
तोंडांत उडयली.

गांवच्या लोकांच्यो काजी फाटी पडटकच दाट
रान लागता. तीं दोगांय सदचे वरी रानांत
रिगलीं. ह्या दोंगरार मोठीं मोठीं सांगवानी झाडां
आसात. गांवचे लोक हीं झाडां मारून चिरपाचें
नेगोस करतात. चिरपा खातीर मारिल्ल्या
झाडांचीं लाकडां घेऽ म्हण ह्या दोंगरार मेळटात.
यमुन्याचो घोव चिरपाचें काम करता. अमके
कडेन लाकडां आसात म्हण ताणेंच यमुन्याक



सांगिल्लें. आयजूय तीं दोगांय हणोन घातलेल्या झाडांक सोदपाक लागलीं. फाटले सात-आठ दीस लागीं आसलेलीं लाकडां तांच्यांनी घरा पावयल्लीं. लाकडां सोदीत सोदीत तीं दोगांय रानांत बरींच भितर पावलीं. रान दाट आशिल्ल्यान सुर्याचीं किर्णांय जमनी मेरेन पावनासलीं. सगळे कडेन कशें शितळ थंड... कांय वेळान तीं दोगांय दोन वटांनी गेलीं. यमुनें लाकडां हणटा तो आवाज चंद्रयाच्या कानार स्पश्ट सादतालो. आजून चंद्रयाक मना सारकीं लाकडां मेळूंक नासलीं. चंद्रें आतां बरेंच वयर पाविल्लें. थंय ताका सुकलेले खांदे दिश्टी पडले. तशें तें खोशी जालें. तें सपासप खांदे तोडपाक लागलें. पळयतां पळयतां वेंगभर लाकडां ताणें तयार केलीं.

'यमुन्या गोऽऽ', चंद्रयान एकूच बोब मारली... लाकडां थंयच सोडून तें यमुन्याचे दिकेन धांवपाक लागलें.

'काय जालां गो... चंद्रया...?' चंद्रयान मारिल्ली हुयेल कानार पडनाफुडें यमुनें शादूर जालें. खंय कितें घडलां तें यमुन्याक कांयच कळ्ळें ना. चंद्रयाचे फाटीक गांजीलमूस बी लागूंक ना मूं, यमुन्यान दुबाव उक्तायलो. चंद्रें भयभीत जावन आडवणा वयल्यान सकयल धांवत येता तें ताणें पळयलें.

'अशें धांवता कित्याक गो... काय जालां तें तरी सांग', चंद्रें सैरभैर जावन धांवत येता तें पळोवन यमुन्यान चंद्रयाक प्रस्न केलो. चंद्रें आपटत धपटत यमुन्या म्हन्यांत पावलें. चंद्रयाक लागलेली धांप पळोवन यमुनेंय भियेलें.

'आगो, जालां तरी काय?' चंद्रयाचे नदरेक नदर भिडयत कितें जालां तें जाणा जावन घेवपाक यमुन्यान चंद्रयाक प्रस्न केलो.

'थंय दादलो मनीस आसा!'

'आसल्यार काय जालो?'

'तेच्या आंगार धड कपडे पासून नात... काळो कुळकुळीत आसा... माथ्यार वजेंभर केंस... म्हाका तो वांकून बगतालो...' धांप लागिल्ल्या चंद्रयान एका दमान सगळें सांगून सोंपयलें. आंगार कपडे नात म्हण आयकतकच यमुन्याच्या काळजांत कच्च जालें.

'चल... या आमी घरा... लाकडां आमंचीं फाल्यां व्हरों येत.' दोगांय थंय खीणभर लेगीत रावलीं नात. वाट फुट्टा ते वटेन तीं दोंगर देंवपाक लागलीं. दोंगर देंवतना मदींच तांचो पांय घसरतालो. कापड एखाद्या शिरांट्याक लागून पिंजतालें. पूण ताची तांकां पर्वा नाशिल्ली. गांवांतल्या देवळा कडेन एकदां जीव पावल्यार पुरो अशें तांकां जाल्लें. रान काडून दोंगरा सकयल्ल्या काजिंनी पावतकच तांच्या मनांतलो भंय इल्लो कमी जालो. मात्शें सकयल देंवतकच गोयनआपा आपल्या काजिंची बेणकट काडटा तो तांकां थायो पडलो. गोयनआपा दिश्टी पडटकच काळजांत भरिल्ली धडधडणी इल्ली कमी जाली.

'आपो, आपोऽऽ, हांगा मात्सो यो...' यमुन्यान गोयनआपाक पयसुल्ल्यानच उलो मारलो. दोगांय आपले वटेन धांवतूच येतात तीं पळोवन ताचेंय काळीज कच्च जालें.

'आगो जालां तरी काय?' तांचीं भियेल्लीं मुखामळां पळोवन ताणें तांकां प्रस्न केलो.

'आपो... वयल्या तेमार ह्या चंद्रयाक एक काळो कुळकुळीत मनीस दिश्टी पडलो... आंगार कपडे बी कांय नात... चंद्रयाक बगून तो तेच्या आंगार येयलो खंय!' चंद्रयान तोंड उगडचे पयलींच यमुन्यान घडिल्ल्या प्रसंगाची जाणविकाय करून दिली.

'वयल्या तेमार...! आनी काळो कुळकुळीत मनीस...? तोवूय नागडो! च्येऽऽ, चंद्रयान कोणाक बगला कोण जाणा...'

'सांतेरीच्यान तर. माज्या दोळ्यांनी बगला मी. तेच्या माथ्यार भीस कशे केंस आसात.' गोयनआपाक पटोवन सांगपाक चंद्रयान सांतेरीचो सोपूत घेतलो.

'चलात, म्हाका दाखयात.'

'आमी येयनात. आमकां बाये भंय दिसता.'

'तशें जाल्यार तुमी हांगाच रावात. मी तेका बगून येतां.' हातांतलो कोयतो आकडेक लायत गोयनान तेमार वचपाची इत्सा उकतायली.

'नाका, तूं एकटो वचों नाका.' यमुन्यान गोयनआपाक आडायलो.

'तो जिवान आकांताचो आसा.' चंद्रयान त्या मनशाचो देह दोळ्यां मुखार हाडून गोयना मुखार उबो केलो. तशें जाल्यार एकटो वचप बरोबर न्हय अशें चिंतून गोयनान मुखार घातिल्लें पावल फाटीं काडलें.

'बरें तर. आतां आमी सकयल या आनी गांवाच्या कानार ही गजाल घालुया', गोयनान वयर वचपाचो बेत बदल्लो. तीं तिगांय नेटान पांय उखलीत गांवांत येयलीं.

गोयनान चार-चौगांक जमयले आनी घडिल्ली खबर सांगपाक सुरवात केली.

'उब्या तेमार एका खापऱ्यान चंद्रयाच्या आंगार हात घातलो खंय. तेच्या वांगडा यमुनें आसलें म्हण बरें जालें. नाजाल्यार...'

'चंद्रयाचेर हात घातलो!!' जमिल्ले लोक अजापले. सगळ्यांच्यो नदरो चंद्रयाचेर थिरावल्यो. चंद्रयाचे केंस विस्कटिल्ले, शिराट्यांक लागून ताचें कापडूय हांगा थंय पिंजिल्लें. भंयान ताचें तोंड बावून आयिल्लें. म्हणटा म्हणसर सगळो गांव चंद्रया भोंवतणी एकठावलो. चंद्रयाचो घोव सातूय येवन ते गर्दैंत भरसलो. आपले बायलेचेर परक्या दादल्यान हात घातला हें आयकून तो पिशांतूर जालो. चंद्रयाचो ताका दोळे फुटून राग येयलो. दांत-ओंठ चाबत तो ते गर्दैंतल्यान वाट काडीत मुखार आयलो. ताणें चंद्रयाच्या कानसुलार दो फुलयलीं. ते बराबर चंद्रयान एकूच किळांच मारली...

'तुका इतल्या दूर लाकडांक कोणें वोचोंक सांगलेलें... राणूल खंयचे कडलें.' चंद्रयाक धुकलिल्ले वरी करून तो ताका गाळी घालपाक लागलो. गोयनान सातूक आडायलो. यमुनें आन हेर दोग तीग बायलो चंद्रयाक घेवन घरा गेलीं. चंद्रयाचो घोव सातू शिडशिडीत आंगलोटाचो. सोरो पियेतकच ताच्या तोंडाक कोण एक लागनात.

'आरे, आतां करपाचें तरी काय तें सांगात मरे.' सगळे ओगी आसात तें पळोवन गोयनान प्रस्न केलो.

'पूण हो मनीस तरी कोण? आनी ह्या रानां पावलो तरी कसो?' पांडल्यान आपल्या मनांतले प्रस्न उबे केले.

'पिसो बी आसतलो', गुरून आपलें मत मांडलें.

'पिसो बी कोण न्हू तो. असोच कोणूय चांडाळ आसतलो. चंद्रयाक रानांत एकटेंच हेरू तेणी तेचेर हात घातला आसतलो. विडयेचो मारिल्लो दम नाकाचे पुडयेंतल्यान भायर सोडी पांडल्यान आपलें मत उक्तायलें.

'हय रे हय, तशेंच आसतलें. ना जाल्यार ह रानांत आनीक कोण आसतलो?' गोयनान पांडल्याचें मत उखलून धल्लें आनी पांडल्या कडेन विडी मागपाक लागलो.

'पुर्तुगेज काळार लांडी अशेच बायलांक उकलून व्हरताले आनी बाटयताले.' इतलो वेळ सगळ्यांचें म्हणणें मोन्यानी आयकुपी जाण्टेलो झिपरोदाद उलयलो.

'तशें जाल्यार हो कोण तो वचोन बगुकच जायो. आयज चंद्रयाक भश्टयलां... फाल्यां आनी कोणाचेर हात घालतलो. हेका आतां अस सोडूंक उपकाराना.' पांडल्यान त्या मनशा विर्श तिडक उकतायली.

'पांडलो बाबू म्हणटा तें बरोबर. तेका आमी सोदून काडूंक ना जाल्यार गोरवां वांगडा तशेंच लाकडा-बडयेक भोंवतल्यांच्या मनांत कायमचो भंय उरतलो.' विठ्ठलान हुस्को उक्तायलो.

'आतां गजाली कसल्यो करतात कर्माच्यो... दीस उब्या तेमा सकयल पडलो. तेचे सोदीक या जाल्यार बेगीन भायर सरात...' बोमडो

जाल्यांचेर तिडकलो. बोमड्यान आवाज वायतकच उब्या तेमार वचपाक सगळेच फुरले. तरणाटे सगळ्यां फुडें उड्डणां मारूंक लले.

हात झेलयत काय वयतात... उब्या तेमाक भंडीच काडात.' रिकाम्या हातांनी वयतात तें पावन गुरून तांकां सुचोवणी केली. तांकां ही सुवणी पटली. सात-आठ घरांतल्यान तुबकां भर सरलीं. वीस-पंचवीस जाणांचो एक पंगड भंडी काडपाक भायर सरलो. जाण्टे-नेण्टे तत्र भुरग्यां बाळांच्या मनांत आतां उत्सुकताय जो जाली. चंद्रयाच्या आंगार हात घालपी मनस आतां मेळटलो हें येवजून कांय लोक भतल्या मनांत सुखावले.

उब्या तेमाच्या मुळसांत पावतकच कोणें कोणें खच्या अर्दान वचचें तें थारलें. आवाज करीसतना सगळ्यांनी उब्या तेमाक पयलीं घेरो घालप आनी कुकारे सोडले उपरान्त उबो तेजागयत वयर वचप अशें सगळ्यांक सुपलें. हातुंतल्या चडशा जाणांक भोंवडेचो अभव आसलो. सावदां कशीं उठोवप... सदांक उठयतकच तांकां आडावप कशीं... चार बसून फार कसो मारप... हें तांकां ज्युस्त खर आसलें. आख्ख्या दोंगराक सरभोंवतणी तेर पडटकच सगळ्या जाणांनी बोवाळ घालितूच नजागोवपाक सुरवात केली. दोंगराच्या नुलांतल्यान ते इल्ले इल्ले वयर सरपाक लले. तांच्या बोवाळान सगळें रानूच नणपाक लागलें. सुकणीं सावदां भुजपाक नलीं. तो मनीस आतां आपले तावडेक नडटलो हें येवजून सगळेच भुल्लुसून गेल्ले. अर्दो अदीक दोंगर चडून जालो तरी त्या ाचो खंयच पत्तो नासलो. दोंगर चडटां दां पांडल्याक राशीक मारिल्लीं लाकडां दी पडलीं.

हांगाच चंद्रयाक तेणी घट धल्लां जावंक ा' अशें येवजून पांडलो हातांतलें आर्म रीत आडे कुशीक नदर भोंवडावंक लागलो. ताका थंय कोणूच दिसलो ना.

तो आजून रावला ह्या रानांत? तो पळ्ळो तलो. हे गजालीक जालो आतां कितलो पांडल्या वांगडा आशिल्ल्या विठ्ठलान लें मत उकतायलें. इतल्यान...

येयात रेऽऽ धांवात... बेगीन येयात...' अशो च्यो तरी आड्डी आनी मागीर कुकाऱ्यार रे आयकुपाक येवंक लागले. तांची ती आयकून वांगड्यांनी कुकारे सोडून यांक जागयले. खिणांत सगळें रान गलें. सगळे आवाजाचे दिकेन वाट काडीत ाक लागले. एकएकटो करून सगळे काजऱ्याच्या मुळांत एकठांय जाले.

'हो बगात खापरी वयर बसला', सगुणान काजऱ्याच्या झाडार बोट दाखयलें. सगळ्यांच्यो नदरो वयर गेल्यो. काळसार कातिचो एक मनीस त्या झाडाच्या खाकोळांत आंग आंवळून बशिल्लो. दाव्या खांदाक धनुष्य जाल्यार ताच्या उजव्या हातांत बाण आशिल्लो. झाडा पोंदा जमिल्ल्या लोकांक पळोवन तो भंयान थरथरपाक लागलो. चोरयाणे नदरेन सकयल्या सगळ्यांक नियाळपाक लागलो.

'हो वानरमारो मरे... येऽऽ खापऱ्या सकयल देंव...' बोमड्यान आपलो आवाज चडयलो.

'आरे! तेचे कडेन धनुष्यबाण आसा मरे... हो शेर्त वानरमारोच.' गोयनान तेका बारीक नदरेन सांसपिलो आनी आपलें मत उकतायलें.

'हय रे हय...' सगळ्यांच्यो नदरो त्या वानरमाऱ्याक सांसपुपाक लागल्यो. हरशीं झाडाचे तेंगशेर आशिल्ल्या वानराक आपल्या अचूक तिरान सकयल देंवोवपी ह्या वानरमाऱ्याची गत एखादया वानरा वरीच जाल्ली. रागान आनी तिरस्कारान पेटपी तांच्यो त्यो नदरो आपले वटेन बाणाचे गतीन येतात अशें ताका दिसपाक लागलें. ताच्या आंगाक थरथरणी भरली.

'हेदिच्या मळार वानरमारे येवन रावल्यात. तेतूंतलोच हो आसतलो.' वानरमाऱ्याक बारीक नियाळीत विठ्ठलान आपलें मत मांडलें.

'येऽऽ वानरमाऱ्या... देंव सकयल...' पांडल्यान नेटान धेकणो घातलो. पांडल्यान घातिल्ल्या धेकण्यान सगळ्यांकूच नेट चडलो. आतां सगळेच ताका आपआपले परीन आवाज चडयत धेकणे घालपाक लागले. जण एकलो उतरांचो मारो दिता तो पळोवन ताची भंयान गुळी जाली. ताणें आपल्या आंगाची आवळून बारीक पोटली केली. तो लेप कसो काजऱ्याच्या झाडाक दसलो.

गिमाच्या दिसांनी वर्सान वर्स वानरमाऱ्यांचो एक पंगड हेदिच्या मळार येता. थंय ते झाडांच्या ताळयांच्योच ल्हान ल्हान खोंपी बांदून देड-दोन म्हयने राबितो करून रावतात. सकाळच्या मायत्याक हे वानरमारे रानांत वानरांचे शिकारेक वतात. शिकारेक गेल्ले कडेन एक-दोन वानर मेळ्ळे जाल्यार तांचीं पेंगटां निखळावन भाजून खातात. आयजूय तांचो हो पंगड वानर मारपाक भायर सरिल्लो. वानरांचो सोद घेतां घेतां ते उब्या तेमार पाविल्ले. ह्या तेमार तांकां वानरांचो कळप दिश्टी पडलो. तांचो वास येतांच ते वानर हुप्पऽ हुप्पऽऽ करून ह्या झाडा वयल्यान त्या झाडार उडक्यो मारीत पळपाक लागले. ह्या कळपाक आडावन धरपाचे तांच्यानी खूब प्रयत्न केले. पूण ते माराक कशेच रावनात जाले. झाडां दाट आशिल्ल्यान ते जळीं मळीं पळपाक लागले. ह्या वेळार वानरमाऱ्यांचो पंगड फुटलो. आतां एकटो एकटो बाण घेवन तांचे फाटल्यान धांवपाक लागलो. ते एकामेकां पसून बरेच पयस पावले. तांची चुकामूक जाली. हो वानरमारो ह्या रानांत एकटो पडलो. हेरांक सादोवनूय ताका परती जाप मेळ्ळी ना. त्या अटंग्या रानांत ह्या वानरमाऱ्याक परतणेची वाट मेळ्ळी ना. वाट सोदतां सोदतां कोण तरी त्या रानांत हणटा तो आवाज ताच्या कानार पडलो. तो आवाज आयकून ताका सूऽऽ जालें. तो त्या आवाजाचे दिकेन सकयल देंवपाक लागलो. ह्या लाकडां हणप्यांक विचारल्यार आपल्याक वाट मेळूं येता अशें येवजून तो चंद्रयाचे म्हऱ्यांत वचून उबो राविल्लो...

'आरे, सकयल देंवता काय ना... काय घालूं गुळी?' तिडकल्ल्या पांडल्यान तुबकाची मुकटी मळबा वटेन केली आनी चाप ओडलो... तुबकांतलो फार सुटना बराबर सगळें रान कणकणलें. सगळ्यांच्यो कानठळ्यो बसल्यो. सुकणीं पांखाटे फडफडावन मळबांत हुडलीं. तो वानरमारो आतां ल्हायो कसो कांपूंक लागलो. एके हातीन धनुष्यबाण सांबाळीत थरथरतूच तो सकयल देंवपाक लागलो. कांय खिणां भितर तो सरसर करून सकयल देंवलो. आनी मान सकयल घालून तांचे म्हऱ्यांत उबो रावलो. सगळ्यांनी ताचे भोंवतणी एकूच बोवाळ घातलो. सगळें मळबूच आपले मुठींत आयिल्ले वरी तांकां खोस जाली.

कातीन काळो... माथ्यार वजें भर केंस... आंगा-पांगान भल्लेलो... भावळ्याक आनी गळ्यांत तावीज... कमराक लुंगेचो कुडको वेडायल्ल्या त्या वानरमाऱ्याक पळोवन सगळे ताच्या देहाक अजापान पळोवंक लागले. कांय जाण ताच्या धनुष्यबाणाक तोखेवपाक लागले.

'हात घट बांदात रे तेचे...' बोंबड्यान ऑर्द सोडिना फुडें कोणें तरी सरपाटी वेल ओडून काडली आनी ताचे हात फाटले वटेन करून घट्ट बांदले.

'पात्राम.. पात्राम... आमी कांय करूंक ना पात्राम... वाट चुकून ह्या दोंगरार पावली पात्राम...' तो वानरमारो काकुळटेक येवन तांकां विनोवपाक लागलो. पूण ताचें म्हणणें आयकुपाचे मनस्थितींत कोणूच नासलो.

'कांय करूंक ना? लोकांच्या बायलांक घट धरूंक बरें कळटा...' गोयनान ताचेर एक सणसणीत फुलयलें आनी आपलो राग उक्तायलो. गोयनान हात उखलतकच दोग तीग जाणांनी ताचेर सडासड दोनचार फुलयलीं.

'आरे हांगा मारूं नाका. आमी तेका घेवन

सकयल या.' गुरून सगळ्यांक आडायले. गुरूचें म्हणणें सगळ्यांक पटलें. 'वानरमाऱ्या कूयऽऽ कूयऽऽ, भोंकांत गेली मूयऽऽ मूयऽऽ' असो बोवाळ घालीत ते त्या वानरमाऱ्याक घेवन देवळा कडेन आयले.

सादय नासतना सगळो गांव देवळा कडेन जमलो. आपले भोंवतणीं जमिल्ली गर्दी पळोवन वानरमाऱ्याक शेळो घाम फुटलो. हे लोक आतां आपलें कितें करीत तें सांगूं नज अशें येवजून ताच्या काळजांत भंयाची धडधडणी भल्ली. ते गर्दीचेर नदर भोंवडावपाचें धाडस ताका जालें ना. तो सकयल मान घालून मोन्यांनी उबो रावलो. मदीं मदीं नदर वरशी करून तो आपले आपणाकूच धीर दीत आपल्या धनुष्यबाणाचो थाव घेतालो. पूण ताचो तो धनुष्यबाण ताका खंयच दिसलो ना. कांय भुरगे घोळके करून त्या धनुष्यबाणा कडेन खेळटाले. गर्दी वाडली... लोक ताका धुकलतात ते वटेन तार्ची पावलां पडपाक लागलीं. ताका धुकलीत धुकलीत देवळा मुखावयले आंबुल्ले तळा व्हेलो आनी आंबुल्लेक बांदून घातलो.

हे गर्दींत चंद्रेंय आशिल्लें. ताणें त्या वानरमाऱ्याक सारको पळोवन घेतलो. लाकडां हणटना अकस्मात उबो राविल्लो तो काळो कुळकुळीत मनीस आनी आतां आपले मुखार आशिल्लो मनीस एकूच काय? ताच्या मनाक प्रस्न पडलो. रानांतलो तो मनीस विचित्रूच सो दिसतालो... ताका पळयतकच चंद्रयाच्या आंगा-पांगांत एक भंयाचें ल्हार फुटिल्लें. पूण आतां! धडधाकट आंगलोट... तिकतिकीत कातिच्या त्या दादले मनशाक पळोवन चंद्रयाच्या मनांत दयेचें ल्हार फुटलें. यमुन्यानूय त्या वानरमाऱ्याक नदरेन सांसपिलो. इतल्यांत ते गर्दीतल्यान वाट फोडीत पियेवन तर्र जाल्लो चंद्रयाचो घोव मुखार आयलो. फाटफुडो पळेनासतना पांयांतलें जोतें काडून त्या वानरमाऱ्याक शेपलायत रावलो. कोण तरी मार घालता काय म्हण वाट पळोवपी कांय तरणाट्यांच्याय हातांक खाज सुटली. बोंबडो, पांडलो, गोयन अशे एक एकलो ताका मारून कुशीक सरपाक लागले. ताणें हूं न्हय सूं केलें ना. तो मोन्यांनी मार सोंशीत रावलो. आयल्लो गेल्लो त्या वानरमाऱ्याक मारतात तें पळोवन चंद्रयाक थरथरणी भल्ली. ताचें काळीज धडधडूंक लागलें. थंय कितें चल्लां तें ताच्यान पळोवं नज जालें. ताणें मान सकयल घाली. ते भिरकेंतूच तें केन्ना घरा पावलें ताकाच कळ्ळें ना.

'आरे तेका मेल्ल्या मड्याक असो मारतात काय? मरात जाल्यार गांवाचेर अपसरण येतलें.' झिपऱ्या दादान मुखार सरून सगळ्यांक समजायले. त्या वानरमाऱ्यान मान आडवी उडयल्ली. ताच्या त्या काळशा पोल्यांक आतां तांबशी सया मारताली. ओंठ फुटून तांतुंतल्यान रगत व्हांवतालें. इतलो वेळ मजा पळोवपी कांय लोकांक ताची आतां काकुळट येवपाक लागली. कोणें तरी ताच्या तोंडार उदक मारलें. उदक दोळ्यांर बसनाफुडें तो बिटी बिटी करून पळोवपाक लागलो. कळसुलेंत उरिल्लें उदक झिपऱ्या दादान ताच्या माथ्या वयल्यान ओतलें. आंगार उदक पडनाफुडें ताका मात्शें बरें दिसलें.

'चलात आपापल्या घरा', झिपऱ्या दादान जमिल्ल्यांचेर धेकणो घातलो. पूण ताच्या धेकण्याक कोणेंच दाद दिली ना. लोक दोन पावलां फाटीं सरले आनी आसले तशे एकठावले.

'सोडयात तेका आनी चंद्रयाची चूक मागूंक लायात. वचोनी बाबड्याक घरा...' झिपऱ्या दादान गुरू कडेन पळयत सगळ्यांक सांगलें.

'चंद्रयाक अशें फुडें हाडात. वानरमाऱ्याक चूक मागूनी तेची.' गुरूची नदर चंद्रयाक सोदपाक लागली.

'आत्तां हांगा आसलें. खंय गेलें तें?' यमुनें ते गर्दीत चंद्रयाक सोदपाक लागलें.

'घरा गेलें शें दिसता.' कोण तरी गर्दीतल्यान उलयलो.

'एकटो कोणूय वचात आनी आपोवन हाडात तेका' झिपऱ्यादादान अशें सांगना फुडें एकटो भुरगो धांवतूच चंद्रयागेर गेलो आनी कांय वेळान धांवतूच परतून आयलो.

'दादा, चंद्रें मावशी घरा कडेन ना रेऽऽ', अर्दे वाटेर आसतनाच त्या भुरग्यान चंद्रें घरा कडेन ना म्हण सांगलें.

'तशें जाल्यार आतां काय करुया?' गुरून झिपऱ्या दादाक प्रस्न केलो.

'आसुनी तेका असोच... फाल्यां तेचो वास काडीत हेर वानरमारे हांगा पावतलेच.' बोंबड्यान आपलें मत उक्तायलें.

'असो रातभर हांगा उरल्यार थंडेन कुडकुडटलो आनी भुकेन मरचोना तो?' त्या वानरमाऱ्याची काकुळट करीत गुरून सगळ्यांक प्रस्न केलो.

'थंडी बी कांय लागना ह्या वानरमाऱ्यांक. भायर अशेच न्हिदतात ते. आनी भुकेन मरोंक हरशीं काय खातात ते? वानर मेळ्ळो जाल्यार चाबडायतात. नाजाल्यार पोटार हात घेवन उपाशीं न्हिदतात...'

'चलात रे घरा या. आसुनी तेका हांगा', गोरवांक आमुडचीं तशीं सगळ्या लोकांक आमडीत बोंबडो गांवा वटेन वचपाक लागलो.

झिपरोदादा आनी गुरूय ह्या वेळार कांय उलयनात. तांकांय बोंबड्याचें आनी पांडल्याचें म्हणणें पटलें. काळोख दाटून येतालो. उदेन्ते वटेन चन्द्रकोर आतांच वयर सरताली. त्या वानरमाऱ्याक थंयच सोडून सगळ्यांनी आपापल्या घरची वाट धरिल्ली.

मध्यान जाल्ली. भायर दाट धुकें पडिल्लें. झाडां वयल्यान दंवांचे थेंबे टप टप करून सकयल पडटाले. सगळो गांव थंडेन कुडकुडटालो. थंडी हाता-पांयांक एक सारकी बोंचताली. ताका लागून जण एकलो पांय पोटा कडेन आंवळून न्हिदिल्लो. चंद्रयाच्या दोळ्यांत आजून न्हीद दाटून येनासली. तें परत परत कूस परतितालें. ताच्या दोळ्यां मुखार त्या वानरमाऱ्याची काळशी म्हूर्त परत परत उबी रावताली. तो वानरमारो दोळ्यां मुखार उबो रावतकच तें येवजितालें... 'म्हाका लागोन त्या वानरमाऱ्याक बेश्टोच मार खावंचो पडलो. तेणी गुन्यांव कसलो केल्लो? खऱ्यानीच तेणी म्हाका घट धल्लेलें? यमुन्यान आनी गोयनआपान एकाचें चार करून गांवच्या लोकांक खुबळायले. म्हाका ह्या दोगांयनीय उलोवंकच दिवंक ना. आनी मी बी अशें पिशें कशें? तीं सांगता तितलेंय फट अशें सांगोंक म्हाज्यान कित्याक जालें ना? हय, चुकलेंच तें... म्हाजीच चूक ती... पूण कोण जाणां इतलें जायत म्हणो... देवळा कडेन सगळे तेका मारतात आनी मी तोंड उकतें घालून तेका मारता तें बगतां... खरें काय आनी खोटें काय तें मी तेन्नाच गांवाक सांगोंक जाय आसलें...' चंद्रयान आपल्याकच दुशण दिलें. ताका आपलोच दोळे फुटून राग आयलो. आपणें मोठो अपराध केला ही भावना ताच्या काळजांत धिक्या धिक्यान दाटपाक लागली. ताचे दोळे दुकांनी भरून आयले. ताचें मन अस्वस्थ जालें. तें भितरले भितर घुस्मटपाक लागलें.

चंद्रयाचो घोव कांबळ पांगरून भायर पडवेर न्हिदिल्लो. आयज तो बरोच पियेवन आयिल्लो. ताका चलपाक तारणपण नासलें. 'वानरमाऱ्यान तुका बाटयलां... आतां चलोंक लाग तेच्या फाटल्यान...' घरांत येवचो येवन चंद्रयाक ताणें गाळिंनी सोंपयल्लें. आपलो घोव आपल्याचेर नाका जाल्ले आरोप करता हें पळोवन ताच्या आंगांतली आशिल्ली नाशिल्ली शक्तूच गळून पडिल्ली. पूण दुसऱ्या खिणाक पांयांची तिडक मस्तकाक पावताली. ह्या हाडकुट्या घोवाक थंयचे थंय चेंचावंचो अशें ताका ते घटकेक दिसलें. ताची ती सदचीच बडबड जाल्ल्यान चंद्रें दांत ओंठ चाबून वगी राविल्लें.

वानरमाऱ्याची काळी पाशाण म्हूर्त चंद्रयाच्या

ोळ्यां मुखार परत एकदां उबी रावली. इतल्यान ाऱ्याची एक थंड झोत घरांत भितर सरली. तशें ंद्रयाचें आंग शिरशिरलें. चंद्रें उठून हांतरुणार सलें. थंडी बरीच पडल्या. वानरमारो आंबुल्ले ोंदा कुडकुडटा आसतलो. ताणें वगत केलो ना. ादर आंगाक रेवाडीत तें दार उगडून पडवेर आयलें. ताचो घोव कांबळी पोंदा इल्लीशी गुटली करून न्हिदिल्लो. ताणें घोवाचेर एक अळंग नदर ोंवडायली. पडवेचीं सोपणां देंवन तें आंगणांत आयलें आनी माटवा पोंदा कांय वेळ उबें रावलें.

चंद्रकोर उब्या तेमा वयर पाविल्ली... हय हयशा चान्यांत दोंगराच्या पालसणांनी दाटिल्लें ुकें स्पश्ट दिसतालें. चंद्रें आंगणा भायर आयलें आनी नेटान पावलां उखलीत देवळा वटेन ालपाक लागलें. व्हाळ काडून देवळा कडेन ावतकच ताच्या पावलांची गती मंद जाली. आंबुल्ले कडेन पावतकच कांय खीण तें त्या ानरमाऱ्याक पळयत उबें रावलें. कोणाच्या तरी ावलांचो आवाज आयकून तो वानरमारो भियेल्ले वरी जालो. दोगांयनीय एकामेकांचो थाव ेतलो. चान्यांत कोण तरी अस्तुरी उबी आसा पळोवन तोवूय अजापलो. आपल्या दोळ्यांचेर ाका विस्वासूच बसना जालो. चंद्रें ल्हवपीक ावलांनी आंबुल्ले पोंदा गेलें. दोरयेन घट ांदिल्ले ताचे हात पांय ताणें कश्टान सोडयले. आपल्या आंगा वयली चादर ताच्या खांदार घालपाक तें ताका तेंकून आयलें. चादर ताच्या खांदार घालतना ताचे हात शिरशिरपाक लागले. ह्या वेळार थंड वाऱ्याचो झोत तांच्या आंगांक आफडून गेलो. त्या थंड झोता बराबर चंद्रयाचें आंग शिरशिरलें. ताका कुडकुडो खावन आयलो. आतां ताचें सगळें आंग-पांगूच थरथरपाक लागलें... आपले आपणाकूच सांबाळीत ताणें त्या वानरमाऱ्याचीं भुजां घट धरलीं. आनी मागीर... नकळटां तें ताच्या गोपांत विसावलें... चंद्रयान ताका आपल्या हड्ड्या कडेन आवळून घट धरलो. दोगांयच्या काळजाचे ठोके इल्ले इल्ले वाडत गेले... आतां ताच्याय मनगटांचो विळखो चंद्रया भोंवतणी अरणपाक लागलो. तीं एकामेकांक चिप्प दसलीं. दोगांयच्या आंगांपांगांत आतां उबेचीं केणां झडपाक लागलीं. एकामेकांक विसरून तीं कांय खीण तशींच उबीं रावलीं.

दोनूय वाड्या वयलीं सुणीं एका सुरांत भोंकतालीं. सुण्यांचो भोंकपाचो आवाज कानार सादतकच चंद्रें भानार आयलें. ताका आतां आपलीच लज दिसपाक लागली. आपले आपणाकच ताच्या विळख्यांतल्यान सोडोवन घेयत तें पयस जालें.

'चल. वच तूं हांगासरलो. हांगा असो उल्लो जाल्यार फाल्यां तुका दवरचे नात ते. चल वच तूं...' अशें म्हणत चंद्रें आंबुल्ले पोंदचें भायर आयलें. चान्यांत उबें आशिल्लें चंद्रें ताका आतां सपनसुंदरे भशेन दिसपाक लागलें.. तो चंद्रयाच्या म्हऱ्यांत येवपाक लागलो. वानरमारो आपले कडेन येता तो पळोवन चंद्रें चार पावलां फाटीं सरलें. ही अस्तुरी आपले पसून पयस वता ती पळोवन तो थंयच उबो रावलो. वानरमाऱ्यान चंद्रया वयल्यान अळंग नदर भोंवडायली आनी ताणें आपले हात मुखार केले...

'ना. आतां वच तूं... चल आतां वगत करूं नाका', चंद्रें ताका विनोवपाक लागलें. तो कांयच उलयलो ना. खूंट कसो थंयच उबो रावून ताणें चंद्रयाक आपल्या दोळ्यांत भरून घेतलें. खांदा वयली चादर ताणें आंगाक घुस्पटायली आनी तो तसोच फाटीं परतलो. तो सर्दा वटेन चलपाक लागलो. वतां वतां ताणें दोन तीन फावट चंद्रयाक वळून वळून पळयलें. चंद्रेंय दोळ्यांची मलपी हालयनासतना ताका पळयत रावलें. तो बरोच मुखार पावलो आनी हय-न्हयशा काळखांत विरगळून गेलो...

चंद्रकोर उब्या तेमा सकयल देंविल्ली. सगळो गांव काळसो-निळसो जाल्लो... वानरमारो नदरे आड जातकच चंद्रयाक सूऽ जालें. पूण वानरमाऱ्याक सोडून कोणें घातलो ह्या प्रस्नाचेर फाल्यां गांवात कितें घडटलें हें येवजीत चंद्रें भितकुऱ्या पावलांनी घरची वाट चलपाक लागलें...

❀ ❀ ❀

एक आवय मोनजातिची

मंगला शिवदास



“चिनूलें गोदू मेलें...”

“कितें? गोदू मेलें? कशें? केन्ना? आरेऽ रे...”

आयज दोन म्हयन्यां उपरांत हांव कुळारा आयिल्लें. जेवता आसतना आईन गोदूल्या मरणाची खबर सांगतकीर तोंडांतली उंडी तोंडांत आनी हातांतली हातांत हे अवस्थेंत भरिल्ल्या दोळ्यांनी हांव आईचें मुखामळ पळयतूच उरलें.


‘जातस्य हि ध्रुवो मृत्युः’ – जल्माक आयिल्ल्याचें मर्ण अटळ, हें जिणेचें शाश्वत सत्य म्हाकाय खबर आसा. पूण म्हाका सदांच दिसतालें, गोदूचे बाबतींत तरी हें अटळ सत फट थारचें. हांवें केन्ना केन्नाय म्हणचें लेगीत, आनीक कोणूय मेल्यार उपकारता. हांव लेगीत, पूण गोदू मात मरूंक फावना. ताका व्हड आयुश्य मेळूंक जाय.

गोदू मेलें म्हूण तशें कोणालेंच कांय सरचें नाशिल्लें. कोणालें कांय अडचें नाशिल्लें. कोणाच्याच दोळ्यांत दोन दुकांय येवचीं नाशिल्लीं. संवसाराचें चक्र कसलेच आडखळी बगर घुंवता तशेंच घुंवतलें आशिल्लें.

गोदू कोणालें कोणूच नाशिल्लें. गोदूलो फुडें फाटीं कोणूच नाशिल्लो. तरूय गोदू मेलें जाल्यार केदो आकांत कोसळटलो आशिल्लो तो म्हजे नदरेक दिसतालो.

कोण हें गोदू? खंयचें गोदू? कोणालें गोदू? गोदू – चिनूलें गोदू! चिनूली आवय! गोदू फकत एकल्या चिनूलीच आवय नाशिल्ली. अशा कितल्याशाच चिनूंली ती आवय आशिल्ली. चिनू म्हळ्यार रस्त्यावेलें बेवारशी भोंवपी एक कोल. आनी गोदू असल्या चिनूंक थारो दिवपी ह्या समाजांतली एक पतिता! हय, हेंच मोल आशिल्लें गोदूचें समाजाचे नदरेन! समाजाचे नदरेन गोदू आपले कुडिचो धंदो करून जियेवपी फकत एक वेश्या आशिल्ली.

म्हजे नदरेन मात ती पतिता नाशिल्ली. ती निराधारांची आवय. ही आवय ह्या संवसारांत सासणाची उरची अशें म्हाका सदांच दिसतालें.



ल्हानपणासावन हांव गोदूक वळखतालें. आमी भुरगीं जे एके व्हडले मेकळे सुवातेर खेळूंक वतालीं ते सुवाते मुखावेल्यान रेल्वे लायन धांवताली. ते रेल्वे लायनिचे पलतडीं, रेल्वे लायनीक तेंकून समांतर अशी धा पंदरा घरांची – घरांची कसली, खोपिंची – वस्ती आशिल्ली. ती वस्ती कोणाली आनी थंय कितें चलता तें समजुपाची आमची ती पिराय नाशिल्ली. पूण आमी तसले वायट सुवातेर खेळूंक वचचें न्हय म्हूण आमचे घरचीं सदांच आमकां तापयतालीं, मारतालीं. तरूय खेळपा खातीर दुसरी बरी सुवात नाशिल्ल्यान आमी थंयच खेळूंक धांवतालीं. घरचीं मनशां आमकां थंय वचूंक कित्याक दिनात, अशें थंय आसा तरी कितें हें जाणा जावन घेवपाची आमची उमळशीक वाडटाली. खेळपाच्या निमतान त्या खोंपिंनी जीं कर्तुपां चलतालीं तांचीय आमी बारीकसाण घेतालीं.

समजुपाची आमची पिराय नाशिल्ली तरूय थंय चलतल्या कर्तुपांचो अदमास आमकां लागतालो तेन्ना भिरांतेन आनी वीट दिसून आमच्या आंगार कांटो उबो रावतालो.

सोरो, जुगार, मारामारी, वेश्याव्यवसाय असलें सगळें थंय चलतालें. आनी, थंयच एक दीस एके खोंपींत, अचकीत, चिखलांत साळीक उदेवचें तशें सोबीत सुंदर अशें गोदू उदेल्लें.

एकशिवडें, गोरें गोरें पिट्ट, पान खाल्ले भशेन तांबडे गुंज ओंठ, चिरपूट मारल्यार टच्च् करून रगत उसळून भायर सरचें अशे तांबशे तांबशे पोले, काळे काळे रसमी सळसळीत धोंपरा मेरेन पावपी केंस, नाकांत पिली, कानांत डूल, कपलार मोठ्ठो तांबडोच कुकुम, गळ्यांत पिड्डुकांचो मणी, हातांत पांचवी कांकणां आनी पांच वारी पांचवे साडयेंत पयलेच खेपे हांवें गोदूक पळेलें तेन्ना गोदू ऐन वयावेली तरणी ताठी, आंगान भरिल्ली सुंदर बायल आशिल्ली. नवे ताल्ल व्हंकलेक लग्ना माटवांतल्यान पळोवन हाडून ह्या रेब्यांत कोणें बुडयली ना मू? सर्गलोकांतली सोबीत सुंदर अप्सरा कोणाल्या तरी स्रापान ह्या नर्कांत पावली ना मू? कोणा पाप्याचो उद्धार करूंक ही अप्सरा हे नर्क नगरींत अवतरूंक ना मू? कितलेशे प्रस्न तेन्ना म्हाका पडिल्ले.

दीस वचूंक लागले, वर्सां सरूंक लागलीं तश्यो गोदूचे जिणे विशिंच्यो तरेकवार काणयो आमच्या कानार पडूंक लागल्यो.

गोदू वाडी, तळावलेचें. दोन वेळचें जेवण मेळपाची मारामार असल्या एका गरीब घरांतलें चली. हुंडो दिवंक तांकना, पयशे नात म्हूण ताच्या बापायन, ताचे इत्से विरुद्ध ताचे परस दुपेटीन व्हड आशिल्ल्या एका जाण्ट्या मनशा कडेन ताचें लग्न करून दिलें. लग्न जावन धड आठ दीस लेगीत जावंक नासतले, ताच्या घोवा घरा शेजरा रावपी एका तरणाट्यान फूस लावन गोदूक घेवन पळ काडलो. थोडो तेंप गोदूक घेवन तो हांगा थंय भोंवलो आनी उपरांत थोड्याश्या पयशां खातीर ताणें गोदूक विकून उडयलें. अशे तरेन खंय गोदू ह्या रेब्यांत पाविल्लें.

परिस्थिती मनशाक खंयचे खंय व्हरून पावयता. गोदूचेंय तशेंच जाल्लें. संवसाराचें सूख मेळावपाच्या नादांत ताणें एक पावल वांकडें घाल्लें आनी तें सासणाचें वांकड्यांत पडिल्लें.

घोवा घरा परतें वचूंक ताका तोंड उरूंक नाशिल्लें. आनी लग्ना वेळारूच कुळारचीं दारां बंद जाल्लीं. जीव दिवपाचें धाडस ताचे मदीं नाशिल्लें. गरिबीक लागून ताचें शिकप सवरपूय जावंक नाशिल्लें. कुडिचो धंदो करून जीव तगयले बगर दुसरो मार्ग ताचे मुखार उरूंक नाशिल्लो. आनी तें ह्या चिखलांतूच चिखोल जावन भरसून गेल्लें.

आपले कुडिचेर झोंपय घालपी मनशां ताका रानवटी जनावरां परसूय पाश्ट दिसतालीं जावंये. तांचे विशीं गोदूल्या काळजांत तिरस्कार भरिल्लो जावंये. देखुनूच ताणें मनशां मदीं रावुनूय मनशां कडेन खाशेली अशी इश्टागत केली ना आसूं येता.

गोदून इश्टागत केली ती मोनजाती कडेन. गोदून नातीं जोडलीं तीं सगळ्या तरांच्या मोनजातीं कडेन. आयज कितलिंशीं वर्सां जालीं, ते वाटे वेल्यान येतना वतना गोदूली आगळी वेगळी खोंप सदांच म्हजी नदर ओडून घेता. सगळ्या तरांच्या मोनजातिंनी भरिल्ली ती अप्रूप खोंप!

लोकांक ज्या कुत्र्या माजरांच्या पिलांचो भार जातालो आनी जीं बेवारशी जावन रस्त्यार पावतालीं, तीं गोदूले घरचीं जावन पडटालीं. खंयूय कोणेंय सोडिल्ल्या माजरा सुण्याच्या रडपाचो आवाज गोदूल्या कानार पडना फुडें, हातांतलीं कामां सोडून गोदू थंय धांवतालें आनी आवयचे मायेक पयसाविल्ल्या त्या जिवाक वेंगेंत काडटालें. घरा हाडून दूद बी घालून ताका आपल्या घराचो आलाशिरो दितालें.

खंयूय रस्त्यावेलें कोल वियेवन ताणें पिलां काडल्यांत म्हूण गोदूक वास लागना फुडें त्या बाळकांची आनी बाळांतिणिची जतनाय घेवंक गोदू थंय पावलेंच म्हूण समजुपाचें. तांकां उदक, जेवण घेवन वचप, तांची कुयदाद करप. तीं पिलां उपरांत व्हड जालीं म्हणटकीर शेंपडी हालयत गोदू फाटल्यान चलत घरा पावतालीं. मागीर सासणाचीं गोदूलीं पोरां जावन बसतालीं.

रस्त्यार भोंवपी घरदार नाशिल्लीं गोरवां आपल्या पोरा-बाळांक घेवन हांबेत पावतालीं तीं ज्युस्त गोदूल्या दारांत! रस्त्यार मोटारी पोंदा पडून वळवळपी मोनजातीक धांवत वचून उदक घालचें, तांकां वखद विर्सद करचें जाल्यार तें गोदूनूच!

गोदूली आतां पिराय जाल्ली. तागेले गोरे कातिची तिकतिकसाण अजुनूय तशीच आशिल्ली. पूण आतां ताच्या आंगाचो तट्टट उणो जाल्लो. आंगाक सुरकुत्यो पडिल्ल्यो. इतलीं वर्सां कानांत तेच डूल घालून कानाच्यो पाळयो तुटपा कडेन पाविल्ल्यो. केंस पिकिल्ले, खरखरीत जाल्ले, तांची लांबाय उणी जाल्ली. मुखावेले चारूय दांत पडिल्ले आनी सकयले दांत वेल्या ओंठां मेरेन पावन भायर दिसताले. तागेलें पुराय सौंदर्यच मिरयेल्लें.

इतलीं हीं सगळीं वर्सां ताणें कितलें जोडलें खबर ना. पूण तागेलो मोनजातिंचो परिवार वाडटालो तितली ताची मोड मात वाडत आशिल्ली. ताका भुरगीं-बाळां नाशिल्लीं. ताणें तीं मुद्दामूच जावंक दिवंक नाशिल्लीं जावंये. पूण आपलीं मोनजातिचीं भुरगीं ताका आशिल्लीं. तांकां ताणें पोटापाणयाक केन्नाच वळवळायलीं नात. कितलेंय म्हारग नुस्तें आसूं, सदां बाजारांत वचून आपल्या 'भुरग्यां' खातीर तें नुस्तें हाडटालें. ल्हान ल्हान पोरां खातीर दुदाच्यो पोतयो घेतालें. दारांत तणाची वरण घेतालें, गोरवांक चाबडावपा खातीर! आनी सगळ्यां खातीर हांडीभर शीत घालतालें.

गोदूल्या घरांतल्या सुण्या-माजरांचीं, पाडकां बोकडांचीं भरिल्लीं तट्टटीत पोटां पळोवन ती धादोशी दिसतालीं.

दर एकल्याक ताणें नांव दवरिल्लें. रेल्वे येवपाचो वेळ जातकीर सगळ्यांक नांवांनी उलो मारून रेल्वे लायनी वेल्यान तांकां पेल्यान काडटा म्हणसर गोदूचेर व्हडलो आकांत येतालो. पूण ताचीं तीं पोरांय भोव शिटूक. ताच्या एका उल्या वांगडा तीं सोमतींच ताचे म्हऱ्यांत पावतालीं. तें बांयचेर उदक हाडूंक गेलें म्हणटकीर दोन-तीन सुणीं, दोन-तीन माजरां ताच्या फाटल्या फुडल्यान यो वच करूंक आसत्तालींच.

निराधार मनशांक आधार दिवंक फुडें सरपी जायत्यो संस्था आसतल्यो, लोक आसतले. पूण आपलें निजाचें दुख्ख कुशीक दवरून बेवारशी मोनजाती खातीर आपणाली अख्खी जीण ओंपपी गोदू सपसप जल्माक येना हाची जाणविकाय म्हाका आसताली. देखून हांव सदां गोदू खातीर देवालागीं खूब आयुश्य मागतालें.

समाजाचे नदरेन पतिता आसुनूय गोदून

आपले जिणेंत कमयल्लें हें पुण्य अजोड आशिल्लें. देखून ताका मर्ण लेगीत भाग्याचेंच येतलें अशेंय हांव केन्ना केन्ना म्हणटालें.

आईन सांगिल्ली गोदूल्या मरणाची गजाल आयकून तर हांव सामकेंच तटास जालें.

त्या दिसा गोदून विसवण हाडून बरें घोस्ताचें जेवण रांदलें. पयलीं आपल्या सगळ्या पोरांक वाडलें. कसायाच्या चपक्यांतल्यान वाटावन पोशिल्ले बोकडेक वाडली. गोरवां मुखार चार दवरली. पयस खंय तरी एका कोलान पिलां काडिल्लीं, तिका जेवण उदक व्हरून पावयलें. निमाणें आपुणूय जेवलें. भायर येवन ताट घांसलें. आनी भितर वतना फकत हुमऱ्याक आदळ्ळें आनी शेंवटून पडलें. तकली फातराक आपटली. हाय ना हूय ना, बोब ना हुयेल ना. ताट हातांत घेवन फातराचें उशें करून न्हिदिल्ले वरी तें जें सुस्त न्हिदलें तें परतें उठलेंच ना. ताचीं सगळीं पोरां-बाळां ताचे भोंवतणीं जमून कूंय कूंय, म्यांव म्यांव, बँ बँ, हम्मा हम्मा करीत ताचे हात पांय तोंड चाटीत रावलीं. तें उठना तें पळोवन ताचे भोंवतणीं कवंडाळें करून बसून रावलीं. गोदूक मात कसलीच चत्राय नाशिल्ली. माया-मोग, सुख-दुख्ख ह्या सगळ्या जाणविकायां पलतडीं गोदू पाविल्लें.

अटळ मर्ण गोदूकय चुकलें ना. पूण फाटीं फुडें कोणूच नाशिल्लें गोदू जाण्टेपणांत हांथरुणार पडून उरलें ना. हाच्या ताच्या तोंडा कडेन पळयत ताका दीस काडचे पडले नात. गोदू चलता भोंवतना सोंपलें. ताका भाग्याचें मर्ण मेळ्ळें. ताच्या मर्णाच्या दुख्खांतूय म्हाका मात्शेंशें सूख भोगलें तें हें!

सांजवेळा गोदूले खोंपी मुखावेल्यान हांव बेठेंच पासय मारूंक गेलें. पळेत जाल्यार ताचीं सगळीं पोरां-बाळां अन्नाच्या गोट्या खातीर हाच्या ताच्या दारांत भोंवतात. लोक तांकां दारांत उबीं करिनात. खोंटायतात, धांवडायतात, फातर मोखतात. तीं किंळचत पयस धांवतात. गोदूचे खोंपी भायर दीन जावन बशिल्लीं ताचीं कांय पोरां पळोवन तांचे वरीच गोदूले यादीन हांवूय दीन जालें. म्हज्याय दोळ्यांतल्यान दुकां व्हावंक लागलीं.


पोरां खातीर तरी गोदूक परतें जल्मा घाल अशें पिशावरी देवालागीं मागीत हांव जड पावलांनी घरा परतलें.



दिवली

शंकर रामाणी

म्हज्या
घरांतले ल्हानशेच वासरेंत
फाटलीं कितलिंशींच वर्सां
देवाऱ्या लागसार अखंड पर्जळटले
दिवलेंतली एकली
एंकसुरी वात
एक दीस मध्यानेर आपशींच
वारें-वादळ नासतना वाडवली;
तेन्ना सावन
पयसशा भोंवतणीं फांकारिल्ल्या
जर्मन जरिची जिगजिग जागयतल्या
काळखाच्या उजवाडांत हांव
म्हजें उरिल्लें-सुरिल्लें आयुश्य नितळ
न्हाल्ले-धुल्ले नदरेन
वाचीत रावलां...
नवी दृश्टी फुटपाची उर्बा –
उमेद भितल्ले भितर पोसून,
निकतेच वाडवलेले पोन्ने दिवले कडेन
एकसारको पर्थून
पर्थून पळेत...



यादी

भालचंद्र गांवकार

१.


यादींक फुट्टात फागूर हांगा
जाता...
फागूर-पिशी जीण
मोन्या दर्यांत
तांडटां व्हडें
काडूंक तुजो शीण.

२.

यादिंचे देगेर
तुज्या सपनांचीं कोंगरी ल्हारां
नदरेचीं पावलां करून
अळंग भिजयताना...
दीस खिणयाळे!
केन्ना धारेले कळ्ळेंचना!
आतां...
रातिच्या पांदऱ्यांत
दोळ्यांतलीं कुपां फोडून
कळंतर मेजतां!

३.

वाटेवयले
आंकटि कशे...
एक एक याद हुंपताना
वाट सोपत आयली!
तरीय...
आकार्टे आजुनय आसात.



४.

यादी...
आशाडांतल्यो दडको जावन
जेन्ना... अचकीत रकतात!
तेन्ना...
आतां तरी
आसोर जातलो अशें दिसता!
पूण हांवेन पळयलां
ती
निकतीच सुरवात आसता.

५.

यादिंच्या रानांत
शेणिल्लो
चंदनाचो रूख!
कितल्याशाच पावसाळ्यां उपरांत
काल
अचकीत दिसलो
आनी
आख्खें रान
खंयचे खंय
नाच जालें!

चार कविता

प्रकाश पाडगांवकार

१. मनीस झूज

म्हजो दृष्टांत वसुधैव कुटुम्बकमाचो...
हो कितें रचयला खेळ मनशान रानटीपणाचो
सोंपोवपाक दुसऱ्या मनशाक!
मनीसकायेचे सरहद्दीर पृथ्वीचे फाटीर खंय खंय
दिसपट्ट्यो पातळिल्ल्यो आसतात मड्यांच्यो राशी
हेवटेन आनी तेवटेन!
हे मरून पडिल्ले अनवळखी तशे खंय आसतात
एकामेकांचे दुस्मान? वा इश्ट?
ते थारिल्ले आसतात बळी मनशाचेच विचारसरणिचे!

अशो दोन देशां मजगतच्यो सरहद्दी
जातात उज्याचीं आगटीं
आनी हांव मनीस झुज झुजत घायाळ जावन
सरहद्दीचे हेवटेन आनी तेवटेन
मरत आसतां एकसारको.
म्हजे सारको एक एक मनीस मरता तेन्ना
येता आकांत ताच्या घरच्यांचेर
ताच्या सोयऱ्यांचेर, ताच्या गांवाचेर
ताच्या देशाचेर.

सर्वेश्वर पृथ्वीवेल्या सगळ्या धर्मांच्या मुखान उलोवन
मांडलां ताणें एकूच सार, एकूच तत्त्व:
''एका मनशान दुसऱ्या मनशाक
हात दिवन वयर काडपाचें.''
तरी आमी वर्सां संकिनी काळाक बलांडून
शतमानांक गवाय दवरतात
मनीसघाण्या करण्यांनी
मनशाक मनशा पासून पयस व्हरून.

मनीसजातिचो प्रवास क्रमा क्रमान
अमिबा पासून पारदर्शक नदर आशिल्ल्या
दिव्य मनीस जावपा मेरेन साकारत रावपाचो
पृथ्वीचेर घडोवन हाडपाक मनशा मनशा मजगतीं
कृतार्थ, साक्षात्कारी, दिव्यजिणेचो
चिरस्थायी आविश्कार
हे पृथ्वीकच घडोवंक
''वसुधैव कुटुम्बकम्''

२. जाती महात्म्य

सुर्या भशेन स्वतेजान लखलखून
भांगराचो पावस शिंवरीत
मनशान आपुणूच आपलो धर्मगुरू जावन
समानतायेचो वर्षाव करपाक जाय.
कारण जण एका मनशांत आसा आसपाविल्लो
ब्राह्मण, क्षत्रीय, वाणी, शुद्र, म्हार, चामार, भंगी.

एक मनीस ब्रह्म विचाराची पोसवण करता
तेन्ना तो जाता ब्राह्मण
तोच संरक्षणा खातीर छातयेची ढाल करता
तेन्ना जाता क्षत्रीय,
चरितार्थ चलोवपाक दिवपा-घेवपा-विकपाचो
वेव्हार करता तेन्ना तोच जाता वाणी,
तोच हलकें फुलकें काम करता
तेन्ना जाता शुद्र.

घर आंगण, कोयर उश्टें काडून
भोंवतण निवळ करता
तेन्ना तोच जाता म्हार,
आपले पांय सुगूर दवरूंक
पांयतणां आपणायता
तेन्ना तोच जाता चामार.

जेविल्ल्या अन्नाचो विलो लावपाक
आपलें पोट झोळयो आनी
कुडिचीं भौ मोलादीक णव दारां
अंतरंगांत ब्रह्म जागोवपाक
नितळ निवळ करता
तेन्ना तोच जाता मूर्तिमंत भंगी.

एका मनशांतच जंय
ताचे सदचे जिणेंत
साबार जातिंचो आसपाव दिसता
थंय ताच्या भोंवतणच्या समाजांत
कोण ऊंच आनी कोण उणाक?

जो गांव वाठार भोंवतण
झाडून पुसून निवळ करता,
दुसऱ्यांचे पांय सुगूर उरपाक
आपूण पांयतणां घडयता
गांवा, शाराचीं, देशाचीं गटारां
निवळ करून व्हांवतीं दवरता
ते समाजाचे खरे आदरणीय मुकुटमणी
हें नव्या सहस्त्रकाचो, नव विचारी तरनाटो
जगाक पटोवन दितलो.

३. एक धर्मस्थान मनीसकायेचें

तिरिचेर प्रत्यक्षांत रुपकाराक येवपाक
ज्या अंतरात्म्यांत साकारता
क धर्मस्थान मनीसकायेचें
प संवसारभरचे मनीसकायेक भुकेल्ले मनीस,
ीस म्हूण एकवट्टात
त्रपाक नवो अर्थ-आयाम मनीसकायेक

धर्मस्थान सताड उकतें नासून वण्टी दारां
चरांत ऋतू-चैतन्य पातळावपी
र्ग थंय महाधिपती
ल्या सुवर्ण-अग्नीच्या ध्यानांत मग्न
ळि मनांतल्यान सगळ्याक पर्जळायत
न-पर्मळ समजिकायेचो
जूंत प्रकट महोत्सव काळाचे अजरंवर

धर्मस्थानाचे नेम घडोवपाक
रतात थंय संवसारभरचे
धर्मांचे फुडारी, मनीसकायेचे पुजारी
वंक मनीसजातिच्या उत्कर्षाचो आदर्श
परिसंवादा वरवीं
धर्मांच्या रितिरिवाजांचो, पाथावळिंचो
नेसळेन समन्वय घडोवन हाडपाक

चल्ल्या भासाभास:
ो मनीस दुसऱ्या मनशाक समान लेखना
कसलो मनीस अर्दोकच्चो भरीक भार कसो?
ो धर्मफुडारी मनशां मनशां मजगतीं
कातिंचे, गोत्रपंथांचे पांवडे घालून
पंगड मातयता
सलो धर्मफुडारी?
कसलो ताचो धर्म कपळफुटको?

ा धर्मफुडाऱ्याक सगळ्या धर्मांचो मूळ स्तोत्र होलमना
देवाधर्मांच्या नांवान मनशा मनशाक वेगळावप
ा विश्व-ब्रह्मांड निर्मात्याचो
न म्हूण समजना
कसलो हक्क आंगार धर्माचीं प्रतिकां आभुषणां चडोवन
र्माच्या नांवान मिरोवन घेवपाचो?
असल्या फालतू धर्माधिपतिंचो मतलबी धर्म
तारूंक शकतलो मनीसकायेक?



ह्या धर्मस्थानांत उदेतले भक्तीभावनेन भिजिल्ले
जाय जाय कशे दिसपी एक एक भाग्याचे दीस
जंय विश्व-ब्रह्मांड निर्मात्यान पर्जळायिल्ल्या
अलौकीक, ईश्वरीय उजवाडाच्या ध्यानान तद्रूप जावन
आपल्या अस्तित्वा सयत विचारसरणी पर्जळायत
एक मनीस दुसऱ्या मनशांत पळयतलो आपलेंच अस्तित्व,
दुसऱ्या मनशाच्या काळजांत पळयतलो आपलेंच बिंब.

हें धर्मस्थान केंद्रबिंदू अनंततायेचें,
कृतार्थ मनीस जिणेच्या आदर्शाचें
ताच्या संपर्कांत मनीस जातलो
परिपूर्ण जागृत भरिल्लो कळसो कसो उजवाडाचो
आपल्या प्रभावान
आशीकुशिचे अज्ञानाचे, संकुचित विचारसरणेचे पड्डे
सटासट हुमटावन भायर मारून पातळायत
योगसिद्धिची स्तब्ध शांतताय परिपूर्णतायेची
ईश्वरी संकेताचे दिश्टावे घडयत.


४. हांव आसां सोदांत

हांव आसां सोदांत
शुद्ध ब्रह्म-स्वरूपी परिपूर्ण सत्-पुरुषाच्या
जो सामान्यां सारको सामान्य आसून-दिसुनूय
जाची विचारसरणी भेदून राविल्ली
आदी अनादी अनंततायेक
जसो पयल्या-वयल्या आद्य ऋषिच्या काळजांत
सिद्धिचो पयलोच वेदमंत्र विस्फोटून
प्रकाश वर्सांचीं पावलां उदेल्लीं मनीसकायेची
बुन्याद घालपाक.

ह्या सत्पुरुषाच्या
गुरुत्वाकर्षणी मायेपासान उत्तेजीन जावन
नवनिर्माण कर्तुत्वी
उत्क्रांत पिकां काडपी ताचे विचार
झरून, झिजून, ग्लानी आयिल्ले वांजुड्डे विचारसरणेचेर
प्रतिभेचें ज्वलंत सारें घालून
सामर्थ्याचीं नवीं वैचारीक पिकां
रूपकाराक येवचीं.

असो हो सत्पुरूष महावृक्ष कसो
सगळें आसपावन घेवपी
चिरंजिवी, अजरंवर मुळाव्या विचारांचो
जाच्या पांयां कडेन बसतकच
जात, पंथ, भास, वेश, देशाचो
विसर पडून जण एकल्याक दिसचें
आपूण बसलां कसो
प्राणवायु प्रसवपी चिरस्थानी स्तोत्रालागीं

अशा दिव्य साक्षात्कारी मनशाचें
अस्तित्वच सगळ्यांक जावंचें
जलाशय कृतार्थतायेचें
पांचवी जिवसाण जिणे वाटेर तरतरावपी
आनी काळ-माचयेवेली
वता-सावळे भशेन पुसून वचपी
मनीस जिणेच्या पावलांची वास्तवताय होलमून
जण एकल्यान म्हणचें:
''हो जिवाभावाचो मनीस
आसा म्हजेंच अस्तित्व.''



आठ कविता

काशिनाथ शांबा लोलयेकार

ोग

ाली बायल
ालीं भुरगीं
ालो पुनरजल्म
च जल्मांत

च जल्मांत
व जालों कांदो
ठयलीं दुकां
ळ्यांतल्यान

ळे पळय
ळ्यांत पळय
र्गाचो देखाव
ळ्यांपार

रां उगड
नेलां उगड
गड तुजें घर
नी सारकें

ोनी आनी योगी
ोगांयचेंय मिलन
ोगली आवयक
ावयच्याच गर्भान.

ज्ञान

म्हजो मेंदू म्हळ्यार एक सफरचंद
— हेचें ज्ञान जालें म्हाका
तेन्नाच कळ्ळें म्हाका
कितलो हांव अज्ञानी आसलों

पूण ह्या ज्ञानाचो कितें फायदो
सफरचंद मातयेभरवण जाले उपरांत
ज्ञान शून्यांत जमा जातलें

मागीर ज्ञान जोडूंक जाय तरी कित्याक ?
मेले उपरांत शरिराचो गोबोर जावंक जाय तरी कित्याक ?
ही वंशपरंपरा चलोवंक जाय तरी कित्याक ?

हांवूच तो आदाम हांवूच ईव्ह
हांवूच सांतान हांवूच सफरचंद
हें कळ्ळे उपरांत ज्ञानूच मर्ण
आनी मर्णूच ज्ञान.



कविता

चर्र कोणाक जाता
फकत काळीजवंताक
बाकिचे आपले भाकरी भाजून घेवंक पळयतले
चर्र तव्याचेर
तेंचे खातीर ही कविता न्हूंच

कविता वाचपाक काळीज जाय
तें आसता थोड्यांच कडें
बाकिच्यांनी आपलें काळीज दवरलेलें आसता
बँकेच्या सेफ डिपॉजीट लॉकरांत

तेंकां कळचिना कवीन मारलेली उडकी
उज्यावेले
खतखतपी तेला-कायलींत

कविता बरयताना
कवी फुलोन येता चकचळट्या तेलांत
पुरये भशेन धवोफुल्ल
पुनरजल्म जाल्ले सारको

पळयत राव!

पळयत राव!
हांव मेले उपरांत तुका लोक मेळपाक येतले
तेंकां सांग हांव कसो-कसो मेलों तो
तुका खबर ना जाल्यार आतांच पळोवन घे
हांव कसो-कसो मरतां तो

तुका वाज येतलो
परत-परत तेंच-तेंच सांगून-सांगून
ते खातीर तुजें भाशण दवर
टेपरेकॉर्डरार टेप करून
कोणूय येयलो की फकत टेप चालू करपाची
ओगीच त्रास पडचे नात तुका उलोवपाचे

संवसारांत लोक जल्मत आसात
मरत आसात
कोणा कोणाचें कोंत दवरतले आमी?


हें खरेंच!
तशें जाल्यार हांव मेले उपरांत
तुका जे लोक मेळपाक येतले
तेंकां तूं कांयच सांगूं नाका म्हजे विशीं
उलोवंच नाका
टेपरेकॉर्डरूय नाका

फकत पळयत राव लोकांच्या तोंडाक
लोकांच्या तोंडार घामा सारक्या फुटलेल्या मर्णाक.

आमली

हो बुराक कसलो?
बोमलेचो.
बोमलेक सुटला वास
आमलेचो

आमी चिड्डल्या
तुजे
म्हजे
मर्दी



कर्ण

सुखाक लागली भूक
आनी दुख्खाक लागली तान
म्हाका जाय कितें
एक तुळशीचें पान

हरण भोंवता रानांत
वाग भोंवता मनांत
रान-मन एक जालें
धांवता कोण कानांत


धांव धांव धांवलो
तारीकडें पावलो
जिणेचो अर्थ फकत
शबयचो बावलो

पूण हांगाच सोंपना जीण
हांगाच सोंपना मर्ण
कवचकुंडलां दिले बगर
कोण थरना कर्ण

कर्ण आनी द्रौपदी
म्हज्या मनांत पदोपदीं
ह्या कृश्ण-अर्जुनाचीं
आडमेळीं मात मर्दीमर्दी

मर्दी कांय ना
सकयल कांय ना
आसा तें भितर भितर
वयर कांय ना

कांय ना म्हणू नाका
आसा म्हण जाय म्हण
जिचीं लुचलीं थानां, दांबलीं थानां
तिकाच माय म्हण.



दीस

दीस भरले त्या जाण्टेल्याचे
दीस भरले ते गुरवारणीचे

हांगा सतत जाता जल्म
— मर्णाचो
आनी मर्ण घेता ध्यास
— जल्माचो

म्हज्या पोटांतले आंतडेचे लांबाये इतलो
म्हजो जिणेचो प्रवास

वास येता मसालेदार
सर्णार जळिल्ल्या मांसाचो

हो वास ओडून घेवचो घट्ट वेंगेंतल्यान
संभोगाच्या पानार बसताना.

तरीय

सांग सांग सांग
कितें कितें कितें

सांगूं नाका सांगूं नाका सांगूं नाका
कितेंच कितेंच कितेंच

गुपीत गुपीत गुपीत
प्रीत प्रीत प्रीत

जल्म-मर्ण जल्म-मर्ण जल्म-मर्ण
जिवीत जिवीत जिवीत

सगळें सगळें सगळें
गुपीत गुपीत गुपीत

तरीय तरीय तरीय
प्रीत प्रीत प्रीत

दोन कविता

निलबा अ. खांडेकार

रण


व्यथेंतलो तो वड
भर शिंपडला म्हज्या पूर्वजांच्यो यादी घेवन
ही तिनसांज गायत आसा आर्त
खांचीं अभंग गितां
शब्दांच्यो सांवळ्यो
मेरेन फांकल्यात
च्या कणा कणांत पोरव्याचे भाटीचें एकसूरपण
री दडून आशिल्लो अंतरंगांतलो सुर्या
ांच्या पातकड्यांचेर देंवता
तल्यान भायर आयिल्ले भशेन
ांज शिरशिरता काळखांतल्यान
खांदये-खांदयेर
च्या हाताच्यो रुद्र कुरवो
क कुरू नियाळटना शिरंतरांत बसत रावता
ाचो एक-एक तिजुलो, गप् गप् करून

मनांत फकत गुपाट काळोख
पार धुकलून आतां वेताळ आयला
म्हज्या सपनांचें मडें घेवन
वेळान म्हजे सर्ग-खीण
डाचे खांदयेक लांबतले

हांव एका सारको पळयत आसां
च्या पातकड्यांवेल्या सुर्याच्या प्रतिबिंबांत
जिवितांतल्या सपन-खिणांचें सरण.



सत्य



१९४८ : स्वतंत्र भारतांतलो पयलो जीप घोटाळो
१९५१ : सायकल मेकळे पार्टस् प्रकरण
१९५६ : बनारस विद्यापीठ नोंदी प्रकरण
१९५८ : एल्.आय.सी. गुंतवणूक प्रकरण
: तांदूळ विकते घेवपांतलो घोटाळो (केरळ)
: हिशोब प्रकरण (प.बं.)
१९५९ : एल्.आय.सी.च्या पैशांचो अपहार
१९६० : बोट कंपनी प्रकरण
१९६४ : पेट्रोलियम आनी खनीज खात्यांतलो घोटाळो
१९६५ : कर्लींग ट्यूब प्रकरण
१९७१ : नगरवाला प्रकरण
१९७४ : मारुती गाडी प्रकरण
१९७६ : तेल विकतें घेवपाचें प्रकरण
१९७९ : जनरल इन्शुरन्स कंपनी प्रकरण
१९८१ : सिमेंट घोटाळो
१९८२ : स्किपर कन्स्ट्रक्शन प्रकरण
: चूरहाट बालकल्याण प्रकरण
१९८६ : सेंट किटस्
१९८७ : बोफोर्स
१९९१ : हवाला
१९९२ : पामोलीन तेल प्रकरण (करुणाकरन)
: शेअर घोटाळो
: थापर समूह प्रकरण
१९९३ : फाल्स कागदां दाखोवन लुबाडणी
: कल्याणकारी योजना प्रकरण
१९९४ : लखूभाई पाठक लांच प्रकरण
१९९७ : चारा घोटाळो
१९९६ : झारखंड लांच प्रकरण
: इंडियन बँक रीण प्रकरण
: सुखराम लांच प्रकरण
: वैद्यकीय उपकरणां प्रकरण
: परकीय चलन नियम भंग प्रकरण
: निवास स्थानां वांटप प्रकरण
: सहकारी सोसायटी प्रकरण
: युरिया आयात प्रकरण
१९९७ : सी.आर.बी. कंपनी प्रकरण
१९९८ : रोमेश शर्माच्या ५०० कोटींचें प्रकरण
१९९९ : शुगर गेट
: गंव घोटाळो
२००० : मॅच फिक्सींग
: आयुर्वेद घोटाळो (उ.प्र.)

तरीय उजळ फुडाराचीं सपनां आमच्या तोंडार बसतात
भ्रष्टाचाराक शिष्टाचारांत रिगयतना
दुबळ्यांक नागयतना
पिडितांक फटयतना
म्हणुनूच वास्तवतेची जाण मात हांकां केन्नाच
पेलली ना
येदी व्हडली प्रगती आमी साधूंक पावले फकत
स्वातंत्र्या खातीर बलिदान दिवन
हें येदेंच प्रमाण सत्याचें
आतां सत्याक सुणें लेगीत झंवता खंयीय आड घालून
चार चौगांत लेगीत
म्हूण विचारतां आई भारती!
तुजो मुखावयलो राबितो खंय आसतलो?
तुजें मुक्तपणान गौरवगान गावपाक
म्हाका थंय जल्माक येवं दी.
वंदे मातरम्!

काश्मीरांतल्या म्हज्या भावा

आर. एस्. भास्कर

काश्मीरांतल्या म्हज्या भावा
तूं बरो मरे
''हय बरो
बरायु खदाह[1]!''

उपचाराचीं तुजीं उतरां
निराधारी आनी समजुतपणी
कोण आसा नकळो
तूं अस्वस्थ म्होण.
काश्मीराच्या हरद्याक
तलवार तोंपून आसा
निडळा मुखार
बंदूक उबें आसा
तुका सूख ना
तुका समाधान ना.

एक पावट
तुवें म्हळ्ळें –
भयण तुका
सेणली अशें
बोकड्यांक चेरेवूंक गेल्लेली पाप
परतून मागीर येवंकच ना
घळींत मेळ्ळी
बर्फांत गोठिल्ली कूड
सिंपडून पडिल्लो –
पिंजिल्लो सलवार
पिंजिल्लो कमीज
आनी धवो लेंस.





मागीर तुजी
विचित्र खबर –
घरांत तूं नासतना
घर तुजें लुटलें
आईचो अब्रु लुटलो
आईचो प्राण लुटलो
रुखाच्या खंद्यार
लांबयलें मडें –
माथें सकल
आनी पांय ऊंच.

एक वेळा
तूं बरोबर वांचलो
तळांत शेळेंत
लिपून रावलो
साळकाच्या देंठांतल्यान
स्वास घेतलो
घुस्मटो सुवाद वळखून
जीण स्वता सांबाळ्ळी.

आमी मरे
मनयली होळी –
नाचले आमी
गायले आमी
तांबडें फापुडलें
पाचवें फापुडलें
रंगयाळी होळी
आनंदीत न्हाल्ले
तुजी पूण जाली
रक्ताची होळी –
अनंतनाग[2] गांवांत तुज्या
तेन्ना बंदूक हाल्लें
रक्ताचे व्हाळ
झरझरीत व्हांवले
तरण्या तरण्या मनशांच्या
हुनहुनीत रक्ताचे.

आज तुका –
भयण ना
आई ना
सपन ना.
तुजो जाला
रक्ताचो सूर्य
तुजें जालां
रक्ताचें चान्नें
रक्ताचें फूल
रक्ताचें फळ
दिवदोर[3] तुका
रक्ताचो रूख
डल[4] तुजें
रक्ताचें तळें
शिवालिक तुका
रक्ताची दोंगुल्ली
अख्खें काश्मीर
तुका रक्ताचें घळ
हांव मरे भाव तुजो
राखणाक तुज्या पावूंक नाशिल्लो.





१. बरायु खदाह : देवाचे कृपेन
२. अनंतनाग गांवांत २००० वर्सा होळी दिसा उग्रवाद्य
   ३५ गांवकारांचो खून केल्लो.
३. देवदार
४. दाल



गोरीपान


परेश नरेंद्र कामत


काळे, काळे शायेचो एक कृश्णावतार
धव्याफुल्ल, कोऱ्या कागदार
अक्षरांचो.

तूं यो पंचमहाभुतांक घेवन बांसरेचे धुने वरीं
तरल जावन अमृता वरी
मनांतल्यान अरळ जावन

यो कागदार; धुंवाधार...
बस काळजाच्या सुखासनार
शेंवटून उडय बऱ्या-वायटांचे
समज-गैरसमज.
वेंगय निरामय, निरागस मोगाचें विश्वरूप.

तापिल्ल्या कृश्णाक न्हिवोवपाक
जाय एक
गोरीपान राधा
हें एक निखळ वैश्विक सत्यच!







मंत्री येता

राजय रमेश पवार

मंत्री येता, घे तूं मागून जें जें मागूंक जाय रे
ते आर्दी इलेसांवांत मात्सो, घोळ जावन मानाय रे

पुंजायात हो हांकां तांकां, मंत्री दितलो सगळें तुमकां
कुड्ड्याक दोळे, भेऱ्याक कान, थोंट्याक मेळटलो पांय रे

कितली म्हारगाय गे सायबिणी, संवसार कसो करचो आमी
थांबयात ही फुगडी तुमची, देंवतली म्हारगाय रे

इलेसांवां धाडी गाडी तुमकां, आंवचे खातीर कोक-लिम्का
आसचो ना गांवांत तेन्ना, तुमचे सारको राय रे

शाय दाखय बोटाची आनी हाय भागय रे पोटाची
बोट, नोट आनी पोट हांचो तीन कलमी उपाय रे

घोळ तूं कमर मोडसर, झर झर तूं काम जायसर
मागीर मेळटली मागनासतना, अनंत काळ थाकाय रे.

जैताचें कॉफीन

राजश्री सैल

कोण येतात मळब माडयत चार जाण
दनपारच्या वोता भारार
लखलखीत जैताचीं फितां भुजार
हुबयत कोणाचें कॉफीन खांदार

कोणाच्या बाय व्हंकल पदरार
रगताचो हो कंवळो दाग
कित्याक मरण हातांत तिच्या
घटापाटार
काळो श्वास
दारामेरेर
काळो निश्वास


कोण गायता काळखा कुवाडीं
भर उजवाडाच्या कडार
कोणाचो जळ्ळो संवसार फारपेटार
  दोन थेंबे दुख्खाचे
  दोन उस्वास कळ्याचे
  पयस त्रिकाळ
  दिगंत पारार

कोणाचें कंवळें भुरगेपण
हालेटी मारून उठलें
सपन रंगल्ले न्हिदेंतल्यान
आनी चिड्डून माड्डून गेलें
मरणगतेच्या भारान

तिची सराद मोडून सराद जिखिल्लो
तो एक हुतात्मो
हांसता हुतात्म्याचें मरण कॉफिनांत
ती मात एकेक शिरंगार देंवयता
फुटक्या कपलाची विधवा जावंक
झुजाक नांवां खूब आसात, मात
तिणें दिल्लें नांवच त्रिकाळसत्य.

बैल

सखाराम गोविंद शेणवी बोरकार



बसिच्या ड्रायवरान
कच्च करून ब्रेक मारलो
आनी म्हजी तनरी भंगली.

बसिच्या जनेलांतल्यान
भायर पळेत जाल्यार
धा-बारा धवे फुल्ल बैल
रस्त्यार मर्दीच उबे!

एक घांटी चाबकाचो
ठो-ठो आवाज करीत
त्या बैलांक
रस्त्या कुशीक काडटा.

आमचे बसिचो ड्रायवर
त्या घांटयाक आवय वेल्यान
एक सणसणीत गाळ संवीत
बस फुडें व्हरता.
आनी हांव त्या बैलांचें
येवजीत उरतां.

ते धा-बारा धवेफुल्ल बैल
खरीक लागिल्लीं तांचीं पोटां
बरगड्यांचें हाडान हाड मेजूंक जाता
अशी तांची अवस्था!

जुवानपणांत त्या बैलांनी
त्या घांटयाची खूब सेवा केल्ली आसतली
वर्सां संकिंनी तांचीं शेतां
नांगरून दिल्लीं आसतलीं.

पूण आतां ते म्हातारे बैल म्हळ्यार
'अन्नाक खार आनी धरणीक भार.'

आतां त्या घांटयाक बैलांचो
कांयच उपेग जायना आनी
कामा शिवाय फुकट पोसुंकय
आतां ताका परवडना.

गोंयांत बैलांच्या मांसाक
मोल चड म्हूण
त्या बैलांक घेवन तो घांटी
गोंयांत आयला
तांकां कसायाक विकपा खातीर!

मालक आपल्याक
कसाया कडेन विकपाक व्हरता
हाची सुलूस हो अनवळखी वाटार पळोवन
त्या बैलांक लागल्याशी दिसता.
जड अंतस्करणान ते ल्हवू-ल्हवू
रस्तो चलतात.


तो घांटी आतां
त्या बैलांक कसायाक विकतलो
दुडू घेवन मागीर तो
आपल्या गांवघरा वतलो.

आनी फाल्यां,
ज्या बैलांनी त्या घांटयाची
आजल्म सेवा केल्ली
त्या बैलांच्या मांसाचे कुडके
कसायाल्या 'कोंकाक' हुमकळटले!

मागीर म्हाका त्या बैलांच्या जाग्यार
मनीस दिश्टी पडटा.
मनशालेंय तशेंच.
आपल्या भुरगेबाळां खातीर
जिवीतभर त्रास काडपाचे
तांकां वयर काडपाचीं.

आनी म्हातारपणांत त्याच भुरग्यांच्या हातांत
सुण्यापाश्ट जिवीत जगपाचें.
पयशे मेळत जाल्यार भुरगीं
आपल्या म्हाताऱ्या आवय-बापायंक
कसायाक विकपाकूय तयार!

पूण कसायाक विकतलीं म्हळ्यार
मनशाचें मांस कोण खाता?!



तूं

नयना आडारकार

हालींसरा
तुजें अशें ज्युस्तूच येवप
हांव बसतना जेवंक
आनी म्हज्या वाट्यांतलें तुका दिल्लें
अचळय व्हरून कुट्टूकुट्टू खावप.

आनी तुजें अशें ज्युस्तूच येवप
तेन्नाय
जेन्ना पयस मळबांत शेणिल्ल्या
म्हज्याच मनशांच्या यादिंनी
काळजाक वचून उस्तरें
जीव घुस्मट्टकच.

हो निखटो योगायोग?
मागीर तूं येतांच जनेलार
म्हाका कित्याक दिसता
म्हजे फाटीर भोंवतासो
मायेचो हात?
दिकादिकांतल्यान घुमता सो
माये मनशांचो साद?

तूं येतांच जनेलार
काळीज म्हजें कित्याक हांबेता?
दोळे अशे कित्याक पानेतात?
कोण तूं म्हजो?
कितें तुजें म्हजें नातें?
म्हाका कळना.

तरीय
ज्युस्त त्या त्या वेळार
तुकाच आशेता
मन म्हजें पिशें
सांग तुका हांव
कावळो म्हणूं कशें?



ॲबोर्शन


आर. रामनाथ

— आनी परतून काळोख गर्भार जालो.
कितल्यावो गुरवाचार हो, खबर ना
सदचेंच जालां हें
एका बाळंटेरा उप्रांत
एक नवो गुरवाचार...
मागीर हिशेब कसलो
कपलाचो दवरतलों ?

आतां कांय तेंपान
बाळंतपणाच्यो वेणो सुरू जातल्यो
सहनशिळतेचो अंत पळयत
संवयेप्रमाण एक बिण्ण काळोख जल्मतलो
आनी परतून काळोख गर्भार जातलो...


पिराय सोंपत आयली
तरीय हें चक्र चालूच आसा.

ना, हे खेपे
हांव काळखाक जल्मूंक दिवंचों ना
हांव ॲबोर्शन करतलों
पूण हे खेप उजवाड जल्मलो जाल्यार ?



म्हजी माती खंयची ?

हर्षा शेटये



केन्ना केन्नाय
म्हाका प्रस्न पडटा,
खंयची काय माती म्हजी ?
जे मातयेंत हांव किल्ललें, ती ?
पूण ना
ती कशी आसतली
म्हजी माती ?
होलमूंक लागत सावन
कानार पडलां —
ही न्हय तुजी माती
तूं नाका रुजूंक हांगा
नाका पातळावंक पाळांमुळां
रुजचें आसा तुका
दुसऱ्या जाग्यार

आनी एक दीस
वाजत गाजत म्हाका
दुसऱ्या जाग्यार रुजयलें
अशींच वर्सां गेलीं
सोंशीत रावलें
उटंगाराचीं वादळां
पावसाचे हुंवार
आनी वोताचे रखरख
घट्ट रुजयलीं पाळांमुळां
सान रोपयेचो
जालो एक व्हड रूख
खेळयलीं आंगाखांदार फुलांफळां

आनी अचकीत
एक दीस
म्हजे बियेच्या रोपुल्यान
सांगलें म्हाका –
नडटा तुजी सांवळी म्हाका
आतां निखळाय तुजीं पाळांमुळां
म्हाका हांगा रुजूंक जाय...
हिवूय माती म्हजी न्हय तर ?
मागीर
खंयची काय माती म्हजी ?

साय रूख

सुजले देव भावे

परतून तसोच पावस पिसो
घरा-दारार शिंवरला
यादिंचो रूख एक
मना-मनार चंवरला.

उसपिल्ल्या उगडासांत
आक्रेल्यात कंवळे घाय
स्रापांच्या भासाची
काळजा मेरेर जमली साय.

उमाळ्यांच्या हुंवारांत
व्हांवलीं सुखां, गळ्ळीं दुकां
आकुळ-पिकुळ आशाढ उल्यान
सपन मोराक फुटलीं पांखां.

पलतडची वाट ओली
सांगता वळख मोडून मान
शितळेल्ले मातयेचेर
पावलां चल्लीं सुटून भान.

भारतांतली अणकार

कारणां आनी उपाय

मूळ हिन्दी : अशोक रा. केळकर
अणकार : माधवी सरदेसाय

 णकार म्हजे आवडिचो एक विशय. म्हगेल्या कांय बरपांचे अणकार जाल्यात. हांवेंय कांय बरपांचे अणकार केल्यात. अणकार हांव वाचतांय बी. म्हळ्यार, तीन तरांनी हांव अणकार-कार्यांत रस घेतां – मूळ बरोवपी म्हूण, अणकारपी म्हूण आनी अणकार-वाचपी म्हूण. देखून, अणकार-कार्याची आमच्या देशांतली अवतिकाय पळेतां तेन्ना हांव खंती जातां.

ज्या प्रमाणांत आमच्या देशांत अणकार जावंक जाय आशिल्ले त्या प्रमाणांत ते जायनात. जातात तांतल्या चडश्या अणकारांचो दर्जो व्हडलोसो आसना. बरे अणकार जाले जाल्यार तांकांय व्हडलोसो कोण लेखिना. अणकार-कार्याक हांगा प्रतिष्ठाय ना आनी ताचे मानदंडूय आमी थारावंक पावंक नात. हाका लागून आमी अणकाराची उवेखणीच करीत आयल्यांत. अणकारा विशीं लागणुकेची भावना आमचे लागीं भोव उणी आसा. थोडे भितर सांगचें जाल्यार, आमच्या देशांत अणकार-कार्याची परिस्थिती भोव वायट आसा.

तशें पळोवंक गेल्यार हेंवूय एक अजापूच म्हणूंक जाय. भारत एक भौभाशीक देश. हांगचे चडशे लोक भौभाशीक म्हणपाचें आमची लोकमेजणीच दाखयता. भारतीय समाजाचे संस्कृतायेचो इतिहासूय भोव गिरेस्त आनी समृद्ध. जिवितार्ची कितलिंशीं आंगां हांगा चंवरल्यात-वाडल्यांत, विकसीत जाल्यांत. तरी, अणकार-कार्याचे नदरेन भारताक अर्दुकुटो – 'अपूर्णच' देश मानचो पडटा. अशें कित्याक? आमी आमकांच विचारचें पडटलें.

अणकार-कार्याचे अवतिकायेचें एक आंग आनी ताचें कारण

शेंकड्यांनी वर्सां फाटीं संस्कृत आनी पाली ग्रंथांचे चीनी आनी हेर उदेंते कडल्या भासांनी अणकार जाल्यात म्हणपाचें आमी व्हडविकायेन सांगतात. संस्कृत ग्रंथांचे अरबी आनी फारसी भासांनी तशे अस्तंते कडल्या भासांनीय बी पुर्विल्ल्या काळांत अणकार जाल्यात. इतिहासाच्या कांय जाणकारांक हांवें विचारलें, खंयच्याय चीनी, अरबी वा फारसी ग्रंथांचो संस्कृत भाशेंत केन्ना अणकार जाला व्हय? असले अणकार नाशिल्ल्यांतूच जमा, म्हाका जाप मेळ्ळी. आमकां व्हडवीक दिसपा सारकी गजाल न्हय ही. संस्कृताये विशीं आमचो समाज सामको आत्मसंतुश्ट इतलेंच ही स्थिती आमकां दाखोवन दिता. आमकां दिसता, आमचे कडेन भरपूर आसा. दुसऱ्यां कडल्यान कितेंय घेवपाची आमकां व्हडलिशी गरज ना. जाय जाल्यार आमीच हेरांक कितेंय दिवं येता. इकराव्या शतमानांतलो अरबी विचारवंत अल्-बीरूनी आमकां हे स्थितिची वळख दिता. भारतियां कडेन जायती विद्या आसा, पूण दुसऱ्यांले विद्ये विशीं मात तांकां कांय बारीकसाण ना, जिज्ञासा ना म्हणपाचें आपणाले भारत-भोंवडेंत अल्-बीरूनीन पळेलें. ह्या आत्मसंतुश्टपणाक लागून अल्-बीरूनी भारतियांची काकुळटूय करता.

ही जाली भारतियांनी भारता भायल्या लोकांची केल्ली उवेखणी. आमगेल्या आत्मसंतुश्टपणाचें आनिकूय एक रूप आसा.

भारत ल्हान ल्हान गांवांचो देश अशें आमी म्हणटात. गांवांत रावतल्यां भितर एकामेकां विशीं आपलेपण आसता आनी गांवा भायल्या मनशां विशीं तांच्या मनांत परकेपण, जायते फावटीं दुबावूय आसता. चड करून शारांतलो वा हेर भायल्या वाटारांतलो कोणूय गांवांत येता तेन्ना हो दुबाव अदीक वाडटा. भारतीय आत्मसंतुश्टपणाचें हें थळावें रूप म्हणूंक जाय. आपल्या आपल्या वाटारा भितरूच आमी खोशी आसतात. हेर वाटारांतल्या भारतियांचे संस्कृताये विशींय आमकां कांय बारीकसाण, जिज्ञासा ना.

शेंकड्यांनी वर्सां फाटीं संस्कृत आनी पाली ग्रंथा चीनी आनी हेर उदेंते कडल्या भासांनी अणक जाल्यात म्हणपाचें आमी व्हडविकायेन सांगता संस्कृत ग्रंथांचे अरबी आनी फारसी भासांनी त अस्तंते कडल्या भासांनीय बी पुर्विल्ल्या काळ अणकार जाल्यात. इतिहासाच्या कांय जाणकार हांवें विचारलें, खंयच्याय चीनी, अरबी वा फार ग्रंथांचो संस्कृत भाशेंत केन्ना अणकार जाला व्हय असले अणकार नाशिल्ल्यांतूच जमा, म्हाका ज मेळ्ळी. आमकां व्हडवीक दिसपा सारकी गज न्हय ही. संस्कृताये विशीं आमचो समाज साम आत्मसंतुश्ट इतलेंच ही स्थिती आमकां दाखो दिता...

हुस्को करपा सारकी गजाल म्हळ्यार, शेंकड्यांनी वर्सां फाटीं आशिल्लें तशें आयजूय बी हें दोनूय तरांचें आत्मसंतुश्टपण आमच्या समाजांत दिश्टी पडटा. असल्या आत्मसंतुश्ट समाजांत अणकार-का कशी म्हूण प्रतिश्ठा आसतली?

अणकार-कार्याक प्रतिश्ठा जोडून दिवपाचो उपाय

अणकारांक इनामां, दुडवांचो पालव बी मेळोवन दिवप, अणकारप्याचें अणकार-प्रभुत्व मानून घेवप, हे तरेचे उपाय आसातूच. पूण म्हज्या मत्तान इतलेच हे उपाय घेतले म्हूण भागना. मराठीचे एक व्हड कवी, 'कबीर-सन्मान' जोडिल्ले भौ. विंदा करंदीकर म्हणटात, मराठीचे मा

कार्याची अवतिकाय

आमगेल्या आत्मसंतुश्टपणाचें आनिकूय एक रूप
मर्ता...
आपल्या आपल्या वाटारा भितरूच आमी खोशी
सतात. हेर वाटारांतल्या भारतियांचे संस्कृताये
वींय आमकां कांय बारीकसाण, जिज्ञासा ना...
हुस्को करपा सारकी गजाल म्हळ्यार, शेंकड्यांनी
र्ग फाटीं आशिल्लें तशें आयजूय बी हें दोनूय
चें आत्मसंतुश्टपण आमच्या समाजांत दिश्टी
टा. असल्या आत्मसंतुश्ट समाजांत
कार-कार्याक कशी म्हूण प्रतिश्ठा आसतली ?

पी म्हूण आमचीय एक लागणूक आसा – आमच्या जिवितांत
-तीन बऱ्या बरपांचे आमी मराठींत अणकार करूंक जाय. हे
णुकेक खासा करंदीकरांनी पाळो दिला – शेक्सपीयरच्या 'किंग
र' नाटकाचो आनी ॲरिस्टोटलच्या 'पोएटिक्स' ह्या शास्त्रग्रंथाचो
ी मराठींत अणकार केल्लो. ज्ञानेश्वराचो 'अमृतानुभव' हो दर्शनग्रंथ
ी पोरणे मराठींतल्यान आर्विल्ले मराठींत हाडला. करंदीकरांली ही
णी आनी करणी हेर अणकारप्यांक उमेद दिले बगर रावचिना.
कार करप हें ल्हान – सादें, फिरकोळ काम न्हय म्हणपाचें
कार-वाचप्यांक आनी मूळ बरोवप्यांकूय दिसले बगर रावचें ना.
मराठी विशयाच्या पाठ्यक्रमांतूय मूळ मराठी बरपां वांगडा हेर

देशी-विदेशी भासांतल्यान आयिल्ल्या अणकारीत बरपांचो आसपाव करूं येता. हातुंतल्यान मराठी साहित्याच्या विद्यार्थ्यांच्या आनी शिक्षकांच्या अणभवाचें आनी साहित्याच्या गिन्यानाचें क्षितीज रुंदावतलें. ही गजाल हेर भारतीय भासांकूय लागू जाता. इंग्लीश साहित्याच्या पाठ्यक्रमांतूय इंग्लीशींतल्या अणकारांचो आसपाव करूं येता.

एम्.फिल्. वा एम्.लिट्. ह्या पदव्यां खातीर प्रबंध बरोवन दिवचे पडटात. समाजविज्ञान, तत्त्वगिन्यान, साहित्य हे सारकेल्या विशयां खातीर प्रबंधांचे सुवातेर एक दुसरो मार्ग आपणावं येता. ह्या विशयांत इंग्लीश, फ्रँच सारकेल्या विदेशी भासांनी बरयल्ल्या मुळाव्यां निबंधांचे विद्यार्थ्यां कडल्यान हिन्दी, मराठी सारकेल्या भारतीय भासांनी फावो थंय विसकावण्यो दिवन अणकार करून घेवं येतात. असले बरे अणकार उजवाडाय हाडूं येतात.

अणकार-कार्याचे अवतिकायेचें दुसरें आंग म्हळ्यार मानदंडांचो अभाव. हाचो प्रतिश्ठेच्या अभावा कडेन संबंद आसा. अणकाराक प्रतिश्ठाच नाशिल्ल्यान अणकारपी कशाय कसो अणकार करूंक फाटीं-फुडें येना. वेवसायीक पांवड्यार, पयशे जोडपा खातीर अणकार करतनाय वेवसायीकपणाचे जापसालदारकेक पाळो दिवप आपणाली लागणूक अशें अणकारप्याक दिसना. मराठींत हालिंच्या काळार केन्ना केन्ना असलेय अणकार वाचूंक मेळटात जांकां अणकार हें नांव लेगीत फावना.

अणकार-कार्याचे अवतिकायेचें दुसरें आंग आनी ताचें कारण

संस्कृत भाशेंत 'ट्रान्स्लेशन' ह्या उतराक पुरायेन लागपी उतर ना. 'अनुवाद' – अणकार करप म्हळ्यार खंयचोय मजकूर आपणाल्या उतरांनी परतो सांगप. 'अनुवाद' – अणकार **समभाशीक** – खंयचे एके भाशेंतल्यान परतो तेच भाशेंत केल्लो आसूं येता, तसो **अन्यभाशीक** – एके भाशेंतल्यान दुसरे भाशेंत केल्लो – आसूं येता.

भारतांत अणकाराची परंपरा मर्यादितूच म्हणची पडटा. रामायण आनी महाभारत ह्या 'इतिहास-ग्रंथां'क आनी पुराणांक श्रुतिंच्या न्हय तर स्मृतिंच्या पांवड्यार मान्यताय आसा. देखून, हे ग्रंथ संस्कृत भाशेंत आसून लेगीत ते वाचून आपणालो विकास घडोवन हाडपाचो भौसाक अधिकार आसा. ह्या ग्रंथांचीं आख्यानां, उपाख्यानां भौसाच्या भासांनी अणकारीत करप हें मध्ययुगांतल्या कविंचें एक मुखेल कार्य आशिल्लें.

हे अन्यभाशीक अणकार खरे. पूण ते रुपकाराच्या म्हळ्यार अडॅप्टेशनच्या पांवड्यारूच उरतात. मूळ आशय-सुत्रांतल्या वास्तवांत आनी चरित्रां भितर बदल करप वा, समकालीन चित्रण-कथन मूळ आशय-सुत्रांत जोडप वा नव्या प्रतिमांची, नव्या देखिंची मुळांत भर घालप – हातूंत उत्तरकालीन कवी भोव फिशाल आशिल्ले. तुलसीदासाचें **रामचरितमानस** मूळ **रामायणा** कडेन प्रामाणीक ना, भक्ती आनी समकालीन सामाजीक नीती-नेमांचे वेवस्थे कडेन तें प्रामाणीक आसा. (वाल्मीकिचे सीतेचो आनी तुलसीदासाचे सीतेचो मेळ बसना.)

हे फाटभुंयेर इकुणिसाव्या-विसाव्या शेंकड्यांतले, भारतीय प्रबोधनाच्या काळांतल्या संस्कृत विदग्ध साहित्याचे (देखीक, 'शाकुंतल') वा इंग्लीश आनी हेर येवरोपी साहित्याचे (देखीक, शेक्सपीयराचीं नाटकां वा अठराव्या शतमानांतल्यो कादंबऱ्यो) अणकारूंय रुपांतराच्या पांवड्यारूच उरल्यात.

हे स्थितींत जंय अणकारांत प्रामाणीकपणूच भोव मर्यादीत प्रमाणांत आशिल्लें थंय अणकाराच्या मानदंडांची थापणूक कशी म्हूण जावंक पावतली आसली ?!

अणकार-कार्याचे मानदंड-थापणुकेचे उपाय

सुरवेक, **अणकाराची आलोचना** आनी **अणकाराची समिक्षा** हातूंत आमी फरक करचो पडटलो. अणकारांत जो रस घेता (तो मूळ बरोवपी आसूं येता वा अणकारपी आसूं येता वा अणकार-वाचपीय आसूं येता) तो आपले आपले नदरेन अणकाराची फकत **आलोचना** करता. देखीक, मूळ बरोवप्याक दिसतलें, अणकार मूळ बरपाची तश्या तशी कॉपी आसूंक जाय – दोगांयच्यो भाशीक कुडीच फकत वेगळ्यो, आत्मो एक आसूंक जाय. अणकारप्याक दिसतलें, अणकारांत अणकारप्याची भाशेची कुशळकाय दिश्टी पडूंक जाय. अणकार-वाचप्याक दिसतलें, अणकार अणकारा वरी दिसुंकूच फावना, तो स्वतंत्र कृती दिसल्यारूय उपकारता. ही अणकाराची आलोचना. ती अणकार-कार्याक पुरायेन न्याय दिवंक पावना. ताका पुरायेन न्याय मेळटलो जाल्यार अणकाराची समिक्षा गरजेची. अणकाराचो समिक्षक मूळ बरोवपी, अणकारपी वा अणकार-वाचपी हांचे भितरल्या कोणाय एकल्याचो पाखो घेवचो ना. अणकार करप म्हळ्यार कितें करप – हें कसले तरेचें गिन्यान – हाचेर अणकाराचे समिक्षेक विचार करचो पडटलो. अणकार-कार्या संबंदान कांय मुळावे, मौलीक प्रस्न तिका विचारचेच पडटले. एक प्रस्न अणकार-कार्याच्या हेता संबंदान आनी दुसरो ताचे रिती संबंदान आसतलो. ह्या प्रस्नां वरवींच आमकां अणकाराचे समिक्षेचे निकश थारावचे पडटले.

अणकाराचो मुखेल हेतू – उद्देश कितें आसूं येता? दोग जाण वेगळ्यो वेगळ्यो भासो उलोवपी मनीस एका दुभाश्याच्या वा अणकारप्याच्या आधारान एकामेकां कडेन संज्ञापन वा कम्यूनिकेशन साधतात, अशें मानुंया. अणकारपी आयकुप्याक आधार करता आसत जाल्यार आयकुपी ताका विचारतलो, उलोवपी कितें म्हणटा? ताच्या मूळ पाठ्याचो अर्थ कितें? हाची जाप म्हूण अणकारपी जें प्रतिपाठ्य आयकुप्या मुखार दवरतलो तो मूळ पाठ्याचो **छाया-अणकार** – छायानुवाद आसतलो. (उगडास आसचो, प्राकृत भासांतल्या पाठ्यांच्या संस्कृत अणकारांक संस्कृत भाशेंत **छाया** म्हणटात.) उलोवपी कितें सांगता तें आयकुप्याक समजावन सांगप – आयकुप्याचे मागणेक पाळो दिवप – हो अणकाराचो हेत आसता तेन्ना छाया-अणकारूच खरो, समा अणकार जाता. हाचे उरफाटें, अणकारपी उलोवप्याक आधार करता आसत जाल्यार उलोवपी ताका सांगतलो, म्हजें हें हें म्हणणें – अमकें अमकें पाठ्य अणकाराचे भाशेंत जशें मांडूं येता तशें मांड. हे मागणेक पाळो दिवन अणकारपी जें प्रतिपाठ्य आयकुप्या मुखार दवरतलो तो मूळ पाठ्याचो **भाव-अणकार** – भावानुवाद आसतलो. (उगडास आसचो, कसल्याय पाठ्याचो सामान्यतायेन जो अर्थ काडूं येता ताका संस्कृत भाशेंत **भावार्थ** म्हणटात.) हांगा, उलोवप्याचे मागणेक पाळो दिवप अणकाराचो मुखेल हेत आसता. तेन्ना भाव-अणकारूच खरो, समा अणकार जाता.

आतां अणकाराचे रितिचो प्रस्न घेवंया. अणकार सारको आनी बरो जातलो जाल्यार अणकारप्यान दोन वटांनी प्रामाणीक रावंक जाय – मूळ भाशेंतल्या पाठ्या कडेनूय ताणें प्रामाणीक रावंक जाय, आनी अणकाराचे भाशे कडेनूय प्रामाणीक रावंक जाय. देखीक, 'उस ने सिर पर टोपी रखी और गले में माला' ह्या मूळ हिन्दी पाठ्याचो इंग्लीशींत अणकार करतना 'He put a cap on his head and a garland in his neck' अशें आमी म्हळें जाल्यार, प्रतिपाठ्याच्या पयल्या वांट्या विशीं कांय प्रस्न आसचो ना. पूण *गले में* चो 'in his neck' हो अणकार समा जाता व्हय? छाया-अणकार हो अशें म्हणुनूय ताचें आमच्यांनी समर्थन करूंक जावचें ना. हो अणकार मूळ पाठ्या कडेनूय प्रामाणीक ना आनी अणकाराचे भाशे कडेनूय प्रामाणीक ना. हांगा *गले में* चो सारको अणकार 'round his neck' असोच जाता – मागणी छाया-अणकाराची आसली जाल्यारूय आनी भाव-अणकाराची आसली जाल्यारूय.

तरी, केन्ना केन्ना, मूळ पाठ्या कडेन आनी अणकाराचे भाशे कडेन वांगडाच प्रामाणीक रावप शक्य आसना. केन्नाय मूळ पाठ्याक अग्रक्रम दिवचो पडटा, प्रतिपाठ्य अणकाराचे भाशेचे सभावीक रिती भायर गेलें जाल्यारूय. हाका आमकां **परायत्त** वा **सालंब अणकार** म्हणचो पडटलो कित्याक, असलो अणकार आपणाक अणकार म्हूण जाहीर करता, मूळ पाठ्याचेर तो अवलंबून आसता आनी गरज पडटा तेन्ना अणकाराचे भाशे कडेन तो मेकळीक घेता.

देखीक,

मूळ पाठ्य : म्हजे दोळे निळे

इंग्लीश प्रतिपाठ्य : My eyes are blue.

केन्नाय अणकाराचे भाशेक अग्रक्रम दिवचो पडटा, प्रतिपाठ्याचो मूळ पाठ्या कडेन ताळमेळ जुळ्ळो ना जाल्यारूय. हाका **स्वायत्त** वा **निरालंब अणकार** म्हणचो पडटलो. कित्याक, हे तरेचो अणकार अणकार कसो दिसना, तो मूळ पाठ्याचेर अवलंबून आसना आनी गरज पडटा तेन्ना तो मूळ पाठ्या कडेन मेकळीक घेता.

देखीक,

मूळ पाठ्य : म्हजे दोळे निळे


इंग्लीश प्रतिपाठ्य : I have blue eyes.

अणकार-पाठ्याचें मूळ पाठ्या कडेन दोन तरांचें नातें आसूं येता. मूळ पाठ्याचें शब्दांकन आनी अर्थांकन – दोनांय कडेन प्रामाणीक रावप म्हत्वाचें दिसता तेन्ना अणकाराची रीत परायत्त वा सालंब आसता. अणकार-भाशेच्या सभावा कडेन प्रामाणीक रावप म्हत्वाचें दिसता तेन्ना अणकाराची रीत स्वायत्त वा निरालंब आसता.

अणकार-कार्या कडल्यान कसले तरेची मागणी आसा, तें अणकार-समिक्षेंत आमकां पयलीं थारावचें पडटलें. मूळ पाठ्याचो भाशा वेव्हार कसले तरेचो? मूळ पाठ्य काव्याक अदीक लागीं जाल्यार अणकारा वरवीं ताचें अनुसर्जन कशे तरेन करप अदीक समा? मूळ पाठ्य विचार करूंक लावपी पाठ्यांत मोडटा जाल्यार अणकारा वरवीं ताचें अनुसर्जन कशे तरेन करप अदीक समा? ह्या विशयांत अदीक खोलायेंत वचनासतना सुत्राच्या रुपान हांव इतलेंच म्हणन – साहित्याचें अनुसर्जन परायत्त भाव-अणकारान जातलें आनी वैचारीक बरपाचें अनुसर्जन स्वायत्त छाया-अणकारान जातलें.

भारतीय समाजांत अणकार-कार्याक प्रतिष्ठा मेळटली जाल्यार फावो त्या अधिकारा सयत अणकार करप आनी अणकार-कार्याक फावो तें म्हत्व दिवप भोव गरजेचें. आमच्या देशांत अणकार-कार्याचे मानदंड स्थापीत जातले जाल्यार फावो त्या निकशांचेर उबी आशिल्ली निष्पक्ष अणकार-समिक्षा भोव गरजेची. तेन्नाच देशांतली अणकाराची स्थिती सुधारतली.

* * *



घोड्या गाडयेंतल्यान् उमेदीन देंविल्ल्या तरणाट्यान गंभीरतायेन विचारलें,

'एय, मिस्टर! हांगा रावची तजवीज आसा व्हय?'

मागलान हात बांदून माथें बावगोवन लेक लेकून चक्कर काडचो गोवंटो थोर आशिल्लो होटल-कारभारी सहन करच्याक जायनातिल्लें धूवन चोयलो. उजव्या हाताच्या बोटां मद्दें धुंवरचें सिगरट आनी दाव्या हातांत दांबून धरल्लें गोल्ड फ्लेकाचें टीन घेवन गंभीरतायेन दीग जावन रावल्ल्या आधुनीक तरणाट्याक पळयलो. ताचे मुये दोळे विसकळ्ळे. ताच्या वांटकुळ्या तोण्डाचेर मिरयां सयत मंद्रस्मित पातळ्ळें. गल्लींत हॉटलाचे मुखार, गाडयेर आशिल्ली चामा पेट, व्हड हांतूण, दीग बिजली दिवो – हें सामान देखच्याक ताचें हर्दें धडधडलें.

'आसा, सर. बरें कूड. सर्वय वेवस्था आसा, सर. येवचें. बैसचें सर!'

कुंकडा गदी ताणें गोंदळ केलो. हॉटलाकडे रावल्ल्या सामान व्हांवतल्याक हुकूम दिलो —

'आरे त्यो पेटो आनी हांतुणां सग ऊंच हाड. जल्दी कर.'

ताणे तरणाट्याक वाट दाकयली. मुखार मागलान जावन उंचावेले माळयेर चडले. गल्ली मुखार आसचें ल्हान कूड उकतें केलें. भितर सर्न दारांर जनर्लां सग एक एक कर्न उक्तायलीं. जय पावलो अशें तरणाट्याक पळयलो.

'सर! हें कूड कशें?'

तरणाट्याक तें कूड भो पसंद आयलें. चांग वारें आनी उजवाड आसा. दृश्टी पावंचे पर्यंत ऊंच ऊंच मकानां. जनांगेल्या गोंदळाच्यो गल्लीयो, सार्वजनीक पार्क, आकाशार ऊंच वचून धुवर ओंकूच्यो कारखान्यांच्यो धुवरा नळीयो, विशाल तार-सडक एकाचे मागलान एक अशें वचीं मोटोर कारां, जायत्या लोकाक घेवन वच्च्या ट्राम गाडीयो, एकमेका मागलान अंवसरान वचो मनीशा समूह – सग ताका दिश्टी पडता. शाराचो गोंदळ; अनेक सास गांजीलमूसांचें रण्णें. ताका व्हड उत्साह जालो. तोण्डार उजवाड आयलो. एक कदेल वडून काडून ताचेर बैसलो.

'हें पुरो.'

तो तृप्त जालो. आशेवन कूडाच्या दारार प्रतीक्षेन रावल्ल्या सामान व्हांवतल्याक एक रुपया दिलो. ताका व्हड संतोष जालो. होटल व्यवस्थापकाचें हर्दें लासलें. ताणें चिंतन केली. खंयचोय दामेल्याचो पूत जावंयेत. ताणें ताचे लागीं खालपणान विचारलें:

'सर, कोल्ड-डिंक्स कांय जाय?'

'एक चाय पुरो, बळकट.'

व्यवस्थापकान वण्टीवेलें एक बटन दामलें. सकल एक अस्पष्ट घांट वाजली. एक समर्थ चेडो हाजीर जालो. कूडार चाय हाडुक व्यवस्थापकान ताका हुकूम दिली. तो नव्या सोयऱ्या मुखार येवन बैसलो. नाटकशाळो, सिनेमा, सार्वजनिक चौक, अजबखाना, देखच्याक योग्य दुसरे जागे, वच्याक योग्य जागे – सग वर्णन कर्न यथायोग्य माहिती दिली. मनोरंजक रितीन तरणाट्यान तें सग आयकलें. चेड्यान हाडलेली चाय स्वल्प पीवन मेजार

जीणेचे सावळेचीं खतां

मूळ मलयाळम : वायकम मुहम्मद बशीर
आकार : आर. के. राव

दवली. टिनां साकून एक सिगरेट काडून,
मॅनेराक दिवंच्याक गेलो. थोर गुडे बोटांनी ताणें
एकाडलें. कुशळतायेन ताचें नांव वाचून
धानेन जळयलें. धुवर वर्तुळाकार भायर
सोन तरणाट्याक सकल साकून ऊंच पर्यंत
निळ्ळो – एक पूर्ण चौकशी केली. ऑक्सफोर्ड
क्री तांबश्या रंगाचें दीग तोंड, विस्कळ निडळ
विसि जागोवंचे दोळे.
घे, हें. परतून बाकी दिवूंक जाय.'
ऑटेल मॅनेजरान मुखार मेजार दवरलेलें धा
का नोट काडून गोंदळून म्हळें,
नाका सर, अंवसर नाका. एकसानी हितान
दिया पुरो.'
मंद हास हासून तरणाट्यान नोट परतून
घेतें आनी थैलींत दवर्न कोटाच्या भितरच्या
शांत दवरलें. स्वस्थ रितीन व्यवस्थापकान
सिगरट वोडून धुंवर सोडलो. तो उटायलो.
हांव वतां, सर. गरजे वेळार बेल दांबल्यार
पु कसल्याकय कांयच कश्ट जावंचिना.'
ताचें फुगल्लें धोलयें पोट घेवन तो सकल
देंन गेलो.
सिगरट ओंटांचेर दांबून धर्न भोंवयो वयर
वडून तो उटावन ट्राऊसराच्या दोनीय खिशांनी
हात घाल्न गल्लींत पळेवन रावलो. गल्लीच्या
वयर घडिळायाचेर वरां वाजलीं. दावो हात उबार्न
चोयलो. हाता घडिळायाचेर वरां चार
न्यांत.
'न्हाण जावन येवन पेट उक्तावन ताणें
लेलीं वस्त्रां काडलीं. न्हेशिल्लीं कोनशांत
ल्यांत. नवीं न्हेसून आरशे मुखार येवन
लो. मंदहास हासून कोटाचीं बतामां घालीं.
ों केस वळयलो. पाउडर घाल्न तोण्ड दोनीय
ांनी परसून सम केलें. शाराचो गोंदळ... इत्सा
र्न आयल्यो. ताचें मन खोशी जालें. तोण्डार
ळकाय आयली. त्या सुप्रधान हाटलांतलो
आपणालो गौरव वाडयतलो. व्हड शार न्हय
? आशेक सारखे चांग जिणेचें दार
तावनातिल्लें रावची ना. ताणें दार बंद केलें.

चटपटा निसणी मेटां देंवलो. लोकांनी माथें उबार्न पळयलें. एका मंदहासान होटल व्यवस्थापन ताका स्वागत केलें.

'खंय की?'

मनां कांय नातिल्लें तो भोंवतणी चोयलो. सिगरट-केस उक्तावन, एक काडून जळयलें. धुंवर सोडलो.

'एक सिनेमा देखया.'

दोन

ऊंच दर्जेर ताणें जीवन आरंभलें. बेड कॉफी, कापणी, न्हाण, वस्त्र परतप, चाय, समाचार पत्र वाचप, जेवण, नींद, सांजेची भोंवडी, सिनेमा – असो ताचो नित्यक्रम चलतालो.

प्रतिदिन समाचार पत्रांतले 'जाय' स्तंभ आशेन पळयतलो. परिक्षा योग्यता, श्रेष्ठ कुलजल्म, आनी दुसरे गूण दाखोवन दीग प्रार्थना पत्र (मागण्यो) धाडतालो. सर्वय तशें क्रमान केलें; फुडल्या काळाक पळोवंचो श्रेष्ठ अधिकाराचो जागो – ताका अनुसरून आसच्या ऐश्वर्यांत दीस चलयले.

एक दोन म्हयने जाले.

ताचें सान्निध्य प्रतीक्षा करच्यो जापो आज येतल्यो, फाय येतल्यो अशे आशेन समय गेलो. दीस तशे कांय नातिल्ले गेले. ते दोन माळयेच्या घरांत ताका जाय जालेलें कांय आयलेंना. प्रतिक्षा कर्न कर्न तो त्रास पावलो. थैलेची दाटाय पातळ जाली. हर्द्या भितर एक लासप. तो घपघपवूंक लागलो.

मनाची दृढतकाय सडळ जाली. व्हड व्हड परिक्षा योग्यता घेतली, फळाक कांय आयलिना. दोन माळयेच्या उंचार साकून मन आसा, ना जावन तो सकल देंवन आयलो. गल्लींतल्या मनीशांलो गोंदळ आयकून तो निराश जालो. विद्यावंत आनी श्रेष्ठ कुळांत जल्मल्लो तो, ताणें नोकरेक मागणें करचें?... हॉटल मॅनेजरान काणसे दोळ्यांनी पळयलो. ती दृष्टि, तो चेरो ताका पसंद जाले ना. दांत किरडून तो सकयल आयलो. जना हिंडांचे गल्लींत. गल्लेचे वाटे वयल्यान साधारण जनांचे मद्दें मेळ्न आशेन तो मुखार गेलो.

तीन

एक व्हड कार्यालयाचो मुखावयलो भाग.

तो रावलो. ल्हवू भितर सरूंक तयार जालो.

'एय!'

तो थडथडलो. चौकीदारान ताका निर्दय दोळ्यांनी रावयलो. खाल पावला साकून ऊंच माथ्या पर्यंत एक चोयलो. कितले उत्साही तरणाटे ताणें देकल्यात! माथें हालोवन चौकीदारान म्हळें: 'वच्या नज.'

ताका अजाप दिसलें. आपणाक अटकायता. गंभीर जावन ताणें जाणयलें: 'व्यवस्थापकाक मेळूंक जाय, चौकीदारान माथें उबार्न ताचो प्रताप दाकयलो.

' 'नो वेकन्सी' चोय, बोर्ड पळयना व्हय?'

ताणें पळयलें. व्हड अक्षरांनी, ताची थंय गरज ना म्हण बरोवन लांबयल्लें बोर्ड! ताच्या हृदयाकाशाचेर मोड पातळ्ळे. ताचें तोंड स्वल्प बावलें.

तो परतलो. जायत्या कार्यालयां मुखार गेलो. तोच अणभव. तो घुसपलो.

एक आखेरची परिक्षा. चौकीदार थंय कुर्वन्ता.

कुशळकायेन तो भितर सरलो. राकून रावल्ल्या ताका आखेर कार्यालयाच्या व्यवस्थापका मुखार व्हेलो. मनांत उसकलो. व्यवस्थापकान व्हडान म्हळें:

'फालें जाल्यार कितल्या जनांकडे सांगचें? काम! काम! वचून गळफांस घे!'

तो हुमेलो. ताचो चेरो धवो जालो. व्यवस्थापकाक ताचेर दया दिसली.

'जागो खाली ना, मिस्टर. मागण्यो सास येवन आसात. हांवें कितें करचें? क्षमा पावूंक जाय.'

ताचें माथें हून जालें. हूम पुसून हॉटलांत गेलो. निराशा पातळ्ळेलो चेरो. होटल मॅनेजरान बऱ्या रुपान पळयलो. दामल्ले दोळे विसकळ्ळे. नाकटां चाबून चिंतन करूंक लागलो.

चार

दीस एक, दोन, तीन – तशे गेले. रात येता, दीस येता. आशेची वाट कांय दिश्टी पडना. सग वाटेनय निराशा. ताणें कापणी काडचें चुकलें. न्हेसच्यांत क्रम ना जालो. समाचार पत्र वाचप बंद जालें. सगटांतय एक बेपरवाय. कोणेय नेणतां सिगरटा कुटके काडून लावन ताण्डतलो!

उत्साह सग गेलो. उकत्या लान दारांतल्यान

खांब्या वरी रावून गल्लींत पळयतालो. तो गोंदळ, जनां प्रवाह, तें धामधूम – ताच्या हदर्यार कांय प्रभाव घालना. कांय खुशालकाय जागयना. कसलो अर्थ? निपट अर्थशून्य संवसार. ताका आळसाय जाली. जिवितांत झुजप!

कोणेकी दारार मारलें. बेपरवायेन ताणें दार उकतें केलें. बील घेवन हॉटलांतलो चेडो. ताणें तें उगडून वाचलें. एक व्हड संख्या धाडून दिवच्याक आशिल्लें बील!

खाण-जेवण. पीवप आनी रावप!

तो आठोवंच्याक लागलो. तो चटपटलो. कडकडच्या हातान ताणें एक चीट बरयली.

'कांय दीस जावो. क्षमा पावूंक जाय.'

चीट घेवन गेल्लो चेडो एकदम परतून आयलो. आज पर्यंत आशिल्लो बाकी पैसो लेक पुराय कर्न जल्दी दिवूंक जाय. एक व्हड संख्या. तो थैली उक्तावन चोयलो. दोन रुपया आनी कांय चिलवाण! तो सकयल आयलो. मॅनेजर हाल्लो ना. एक अपराध्या वरी तो ताचे मुखार रावलो.

'माजे कडे दुडू कांय ना. लागींच काम मेळतलें. तेन्ना मेरेन क्षमा पावूंक जाय.' ताणें मागणी केली.

'ऊंहूं! मॅनेजरान शांत रुपान माथें हालयलें.' मेजाचेर विस्कळून आशिल्ल्या पुस्तकांत लेक लेकून समकी कर्न म्हळें:

'कठीन आसा. लेक पुराय कर्न आज संख्या मेळूंक जाय.'

'रुपया ना. हांवें कितें कर्येत?'

'घराक टॅलग्राम धाडुयें?'

घराक टॅलग्राम! ताचें हर्दें लासलें. सर्वस्वय विकून पुताक शिकोवन काम मेळच्याक विदेशांत धाडून आशेन दीस मेजचे आवय-बापूस हांकां टॅलग्राम! ताका उसरमेट आयली.

'शक्य ना.'

हॉटल मॅनेजरान साध्य केलें. भो मोल आशिल्लीं ताचीं पदार्थां सग धाणार घेतलीं.

तो आकांतलो. फळां आनी पाले रुखारसून काडून खान्दे कवरे मात्र बाकी उरले. एक कांबळ कवळून काडून दाव्या खांद्यार दवर्न, हुमेन न्हावन, धव्या चेऱ्या सयत हालच्यां मनान, कडकडच्या देहा सयत तो गल्लींत देंवलो.

शारांतलो गोंदळ भारी व्हड जालो. ताणें कान धांपले. दिसाच्या उजवाडान दोळ्यांक विसविसायले.

ताचो लोक गुडगुडून गेलो.

पांच

गल्लिच्या मागलांचे खांची गदी अळशिकेचें एक कूड – हांत तो रावता.

सडकाक चोवन जायतीं घरां. तांत बायलो चड. कांचे कुटक्यांचे भितरच्या नागड्या स्वरुपां गदी सण्ण वस्त्र न्हेसून अर्द नागड्या रुपान आग्रहान जीवन करच्यो बायलो. भिन्न पिरायेच्यो. भिन्न वेशाच्यो. भिन्न भासांच्यो. भिन्न जातिंच्यो.

मोगऱ्याचो परमळ उत्तेजक वातावरण उपजायता. मनांत दामून भर्न आशिल्ले आग्रह. हांगा कितें?

ताका कांय समजलें ना. रगताचे ओंट ताचे मुखार विस्कळले; दांतां फांत्यो झळकल्यो. अनेक दोळे ताका पळोवन मंद हास हासले. थोर गुळगुळी वाडकुळे जायते हात ताका उलो दीवन आपयताले.

हा! कसलें जीण!'

एक आगपेटिचे उंचार जळची एक सोपूर मेणावात कुडांत स्वल्प उजवाड पातळायता. दोनीय हात गोंवटे खाल दवर्न तो उदारो पडला. अरुंद कुडाचे पोरणे वण्टीर तागल्या इगळ्यांतय ताचे सकलचे रांदणींतय पळोवन तो धूवन पडलो. बीडीचे कुटके आनी आग पेटींतल्यो काडयो – हीं ते शेळ भूंयचेर विकर्न पडल्यांत. कोणेकी वोडून घालेले एक व्हड बीडयेचो कुटको ताणें काळकांत शोधून काडलो. जळ्न उणे जालेले मेणावातीचेर तो जळयलो. एक दोन फांतां वोडलो. एक आवाजान मेणावात गळ्न खाल पडली. ती सन्तु जाली. काळूक चड जालो. भयानक काळकांत जळच्या बीडी कुटकाचे तलवाचो अस्पश्ट उजवाड मात्र आसा. जीवनाक गिळच्याक आयल्ल्या कळकारुपाच्या राक्षसाच्या तांबड्या दोळ्यांगदी तो जळ्ळो. बायलां खुतखुतचो हास आनी उलोवप आनी उलो दीवप. हें सग ताणें आयकलें. ती बीडीय सोंत जाली. कांय आश्रय नातिल्लें तो नीदलो. शेळवतांत कडकडवन तो फाल्या फाल्यार उटायलो. सण्डासांत वचून तशेंच उटावन आयलो. न्हावंच्याक पायपाकडे गेलो. जागो भर्न बायलो आसात. हर्दें ऊंच आयल्ल्यो थोर वाडकुळ्यो बायलोय, सोपूर बायलोय, दोळे फोंडां वचून गाल पातळून केस गेलेल्यो बायलोय – बायलांचे जिणेचे सर्व भागय थंय दिसतात.

कांय जाणं दांत घांसतात. बाकी कांय जाण तोण्डांत बोट घाल्न ओंकार काडटात. कांय जाण न्हातात. दुसरीं कांय जाणं वस्त्रां उंबळतात. एक सोपरेल्ली गजब दिश्टीन ताका चोयली. तिचे विस्कळ दोळे ताचे मुखार ऊंच काळ्ळे. एक मंद हास त्या दोळ्यां भंवतणी खेळतालो. तो कूडांत परतलो. अर्द घण्टो थंय रावलो. पायपा भोंवतणीचो गोंदोळ ना जावंच्याक तो गेलो. ती सोपरेल्ली मात्र थंय आसा. लजेन ती दूरा सरली. ताकाच पळोवन ती थंय रावली. ताका लजा जाली. पायपाक आनी तिच्या चेऱ्याक द्वेष दिश्टीन चोयलो. तिकाय समजलें. एक लान मंदहास हासून ती लजेन तिच्या कूडांत गेली.

न्हाण इत्यादी जावन तो कूड बंद कर्न गल्लींत देंवलो. सडकाचो वांकडो भाग धुवंच्या[illegible] तो परतून चोयलो. मंदहास हासून ती ताका चोवन दाराकडे रावल्या.

कित्याक ती चोयता? कोण ती?

स

सांज जावंच्याक सदांवरी तो निराशा सयत परतलो. जनां भो उणे आशिल्ले ते गल्लींत आतां जनां चड जाल्यां. सडकाक चोवन आशिल्ल्या घरांत दीवे जळ्ळे. ताका लागून ता[illegible] मुखार हे दोन दोळेय उजवाडले. वळवन उपरां[illegible] मोगरीं माळ्ळेलीं माथीं, पाउडर घाल्न धवीं केलेलीं तोण्डां विसकळेले दोळे, गोरे तांबडे ओंट, वाडकुळे भरलेले मोमे – तशें फांतीन रावलीं. मोगरीं, जायो, गुलाब बी फुलांचो परमळ, धूपद्रव्यांचो परमळूय मेळो. आधुनीक वस्त्रां न्हेशिल्ले तरणाटेय, केस पिकल्ले म्हान्तारेय ते गल्लींत भरले. हास, तमाशो आ[illegible] गोंदळ चड जालो. माथ्यार वस्त्र घाल्न चेरो निपोवन गल्लीच्या मागलांचान थोडे जाण भित[illegible] सरतात. बाकी कांय जाण समच वतात. लागीं वचून भितरसून खेदान कांय जाण परततात. कांय जाण उलोवन गोंदळ करतात. दोळ्यांचीय ओंटांचीय – बायलांच्या शरीराची एक सांत ती. काळ्का आड थांगाचो व्यापार चमकता. तीं जिणेचो सुवाळो प्रसिद्ध करतात. भयान कुडांत सर्न ताणें दार बंद केलें. रात दोन वरां मेरेन आवजय गोंदळय ताणें आयकलो. पोलीस चौकीदार येवच्याक सग चुप. थकल्लो संवसार निंदला. तो निंदलो.

सात

फांत्यार निस्तेज चेऱ्यां सयत बायलो सग पायप[illegible] भोंवतणी येवन पावल्यो. सगटांचेय गदी तीवय[illegible] तोण्डांत हात घाल्न ओंकली. तिचे दोळे भरले. निडळ हुमलें. थकून ती भूंयचेर बैसली. दुसऱ्यो बायलो तिका पळवन परिहास करतात. तिरस्कार आनी तिटकार दिसून तो परतून गेलो. तें व्यक्त करची ताच्या चेऱ्याची मुद्रा तिणे पळयली. तिचे विस्कळ दोळे कलूशीत जाले. तिणे एक दीर्घ श्वास सोडलो. कांचेच्या कुटकाचे आड स्पश्ट जावचें तें नागडेपण, सुन्दर चेरो, आकर्षक दोळे, वाडकुळे मोमे, धवे वाडकुळे हात-पाय, भूंयक अशेंय तशेंय चलोवंचें चमकण[illegible]

-जा नातिल्लें बायलपण. दामा खातीर सर्वय
या करच्यो वेश्या – ताका तांचें भय आसा.
हं तिटकार आसा. हृदय नातिल्ल्यो राक्षसियो.
ग्रआनी भरोसो तांकां निपट ना. दया माया हे
बालांचे गूण तांकां सोडून गेले. खून आनी
गबाजी – ओहो नाशाच्यो गुहो! भयानक रोग
ग्रान दीवन जिणेक नाश करच्यो भयानक
ालो.

ुसवा उज्यांत पूरन घालेल गदी दिसलें.
अक्रूर वातावरणांत दीस काडच्याक ताणे
ऱ्द केलें ना. कितें करतलो? तो सदां तांकां
देतालो... तिका एक अनास्था, एक उजवाड
ाल्ली स्थिती. अस्पश्ट दृष्टि. ताका
ब्याक वेळार ते दोळे विसकळटाले. चेरो
स्ट जातालो. ती कितेंकी सांगच्याक
असरताली. तिरस्कार आनी तिटकार दोनीय
ेन तो चेरो घुंवडायतालो.

ती मायेन ताका पळयतली. मंद हांसतली.
प्रकटायतली... हें काय ताचे खातीर न्हय.
ेा बायलो! तांचो स्वभाव. कितल्या जाणांक
ेन ती हासली आसतली? कितल्या जाणांक
ा दिलोलो आसतलो? कितल्या जाणांक
ो...! ते दोळे धांपून रावलो.

ताचीं वस्त्रां मलीन जावन जीर्ण जावूंक
ालीं. एकांतूय एक क्रम ना. जीण तशीच
ार वता. निस्तेज दिसय काळक्यो रातीय
गेल्यो. अनंत वातावरणांतल्यान उबून घूवन
चे पांखाटे मोडलेल्या पक्षावरी निराशेच्या
ाध फोण्डांत तो पोन्दाक पोन्दाक गेलो.

ाठ

य दीस जाले ताका तशें दिश्टी पडना. ती
ीं लागीं ताच्या कुडांत पळयताली. ताचें
ाड आड केलां. दनपार जाले. ती खांब्या
ून रावल्या.

कोपान घरा धन्नी ताच्या कुडांत गेलो. तिणे
न दिलो:

'कितें गा! आतांय भाडें दिवंच्याक जालेंना
?'

'काम कांय मेळ्ळें ना. आनी कांय विकच्याक
'

'हांवें पयलेंच आठयलें. वचून माग. काम!
ज भाडें दिलें ना जाल्यार भायर पडका
तलें. आयकलें व्हय?'

'आयो! स्वल्प क्षमा करुक जाय. हांवें
हारं खावन तीन दीस जाले. माका
वच्याक सरी जायना...'

'तें कांय माका कळना. सांजे दीवंक जाय...
तिका आश्चर्य जालें. घरा धन्नी काळो चेरो
भायर गेलो. तिणे ताका उलो दीवन कांय
मंतरसलें. घरा धन्नी उजवाड मनान भायर
देवलो.

ती संत संत दाराचे खांचींतल्यान कुटूंब
चोयली. ती थडथडली. परतून तिच्या कूडांत
गेली...

मोगराचो नवो परमळ थंय भोंवतणी पातळ्ळो.
ताचीं नाका पूडां विस्कळ्ळीं. परमळ भितर
ताण्डून ताणे दोळे विसकळायले.

ती!

दाव्या हातांत ऊंच धरलेलें एक आयदन;
उजव्या हातांत एक गिलास चाय. आळशायेन ती
रावल्या. तो उटावन बैसलो; चकीत जावन
चोयली. तिचे विशाल दोळे हासले. तांबडे गाल
हासले. रगता वोंट विसकळ्ळे. दांतां फान्तियो
उजवाडल्यो. मंदहास चेरो सग पातळ्ळो. तिणे
आयदन सकल दवरलें. लजेवन म्हॉवा उतरांनी
म्हळें:

'क्षमा करूंक जाय. थोडी चाय आनी खाण
आसा.'

तोण्डाचेर रगता रंग दिश्टी पडलो. दोळे
अस्वस्थ जाले. ताचें माथें धुंवरलें. उमदा
स्वभाव, आनी अभिमान हांणी माथें उबारलें.
एक चेडी! हे अवस्थेंतय फटवंचाक येता?
मनाची ही ईर्ष्या दामून दांत किरडून ताणें
विचारलें: 'हें कित्याक?'

तिचें तोण्ड बावलें. चंद्रमाक मोडान निपयलो.
थडथडावन तिणे विचारलें, 'हें खेल्यार कितें?'

'खेल्यार म्हणता?' बरें. म्हाजे कडे पैसो
ना. हांव गरीब. हे परिस्थितींतय तुमकां
मनीशाक साबाव सोड न्हयकी? वच! म्हाका हें
नाका!'

तिचो चेरो धवो जालो. उदास जावन तिणे
म्हळें:

'हांव दामा खातीर आयली न्हय. म्हाका
तुमचो पैसो नाका!'

उंगट्यान तिणे भूंयचेर बरयलें. अडखळत
दूरा सर्न वण्टी लागून रावली. ताच्या रागान
फणा विस्कळायली. भयंकर रीतीन तो टुकटुकी
चोयलो.

'दामाक न्हय की? मागीर कित्याक?
उन्मत्त करच्याक? दाम जातर काडूं न्हय?
दुश्टयो. वच!'

ताणे हात उबार्न कवडाक बोट दाकोवन
म्हळें. तिचे दोळे भरले. उदका थेंबे दोळ्यां
पातियांतल्यान मोतियां गदी भायर आयले.

'वसंतकुमारी, वसंतकुमारी!'

एक आवाज भायरसून आयलो. तो मागिरीय
आयलो. कपडा तलवान तिणे दोळे पुसून चंद
उतरांनी म्हळें:

'म्हाका उलो दितात. म्हाका गैर समजूं
नातिल्लें हें खायात. हांव येवन उलयन.'

दुखान ती मंद हासली. लजेवन भायर गेली.

भूख, थकणी, जाळकाय, राग हांच्यान तो
जळ्ळो. व्हड कश्टांत जालो. वांचलो ना
जाल्यार नाश जातलो. अवंसरान तो उटायलो
आनी वस्त्र न्हेसलो. वसंतकुमारीन हाडलेली
चाय आनी खाण थंय अनाथ पडल्यां.

कवड बंद करून तो गल्लींत देंवलो.

णव

मोड कांय नातिल्लें आकाश. क्रूर जावन सूर्य
मद्दें मळबार रावला. लोक निश्चळ. एक सावळी
सरी हालना. जीवाजंतू सावळ्यांत थकावणी दूरा
करतात. जळच्या सडका वेल्यान चमकून
चमकून तो थकलो. भयानक भुके मुखार सग
विसरलो – उच्च शिक्षण, कूल, श्रीमंती,
संस्कृताय... तो भो बावगलो. एक वेळ खाण
खावंच्याक कांय जाणांक मागलें. फाटी लागिल्लें
पोट परसून उन्मत दोळे विसकळावन, सुक्या
ताळ्यांतल्यान कडकडच्या आवाजान ताणें
मागलें:

'म्हाका भूख लागल्या. कांय दीवंक जाय!'

निर्दयेन जनानी ताका एक सास पावटीं
आंबडून धांवडायलो.

'बलवंत एक तरणाटो मागता की...? बरें!
चांग धंदो जालो. वचून कांय काम करच्याक
नज की?

काम? मागून मागून ताची जीब थकली: तान
लागून बेजार जालो. निपट बेजार जालो. कांय
वाट ना. उदका खातीर मरुस्थलाचेर भ्रमण!
ताचें माथें नीट रावना. हातपाय थकूंक लागले.

उदक आटून सुकल्या सरोवरा लागीं एका
मशणाचे ऊंच वण्टीक लागून आशिल्ल्या एका
चिंचे रुकाक तेंकून बैसला तो. जीणेच्या
मत्सराचो गंभीर आवाज –शाराचो गाजोवाजो –
अस्पश्ट मात्र आयकच्याक पडता. ते मशणाचे
शांतीन ताका स्वल्प धीर दिलो.

नशिबाचें निष्ठूरपण आठोवन तो दूख पावता.
विशाल संवसार कितलो संपन्न! कितलो आहार
ते लासून भस्म करतात! कितलो न्हंयत
व्हळयतात! ताका मात्र कांय ना. उदकांक
उतावळच्या चातक सवण्या गदी ताणे दोळे
मळबार विसकळायले.

निपट रितो जागो! अनंत अगाध रिकामो...
हाय! जीवन कितलें भयानक जालां! भुकेच्या
होमकुण्डांत पडून लासता. बाळपण कितलो
आनंद आसलो! उपयोग नाशिल्लो विद्याभ्यास!
कितलो पैसो खर्चलो! कितले आग्रह वाडयले.
तेन्ना सर्वय सुलभ आशिल्लें. बरें वस्त्र, चांग
आहार! आज तरणाटपणाच्या कठोरपणांत निपट

उपास. पडच्याक जागो ना. पिवंच्याक उदक ना. आवय-बापूय कितले कश्टांत आशिल्ले जायत. कितलो त्याग सहन केल्लोलो आसयेत! कितें सगय जालेलें आसयेत. तांचीं आग्रहाचीं सपनां! सग वाऱ्यांत कापसा गदी उबून गेलीं. वरिश्ट जीवन. व्हड आशा – सुखाचीं निपट सपनां!

धा

वाटेरसून कोणेंय नेणतां शोधून काडलो सिगरेटा कुटको हातांत आसून हुमेवन गळूंक लागलो. निराश जावन तो ताणें दूरा विन्दलो. वेळ चार वरां जालीं. सावळ्यो दीग जावंच्याक लागल्यो. तरीय कसली हुनसाण? न्हयची देग धवी रेंव पातळिल्ले वाटे वरी दिसता. दोनीय करावळींचेर वाडचे रूक आनी वाली ल्हवू ल्हवू हालतात. न्हंयच्या उंचार दीग सांकवा पोन्दाक फातरा खांब्याचे लागी माण्ड घाल्न बैसून तुरपानी खेळतात. दुसरे कांय लोक न्हंयचे देगेर खणून केल्लेल्या फोंडांसून उदक काडून वस्त्रां धुयतात. धवे आनी तांबडे न्हेसवणे सारीयो रेंवेर लकलकतात. एक खांक आयकून तो घूवन चोयलो. एक भीकमाग्रो. पिंजून पोरणे जालेलें वस्त्र! वेजू पळेली एक तुरकी तोपी. दुर्बळ जावन तो त्या मशणांत सरलो. भोंवतणी पळयलें. कोणेय ना. चिंचे रुका पोन्दाक सरलो. खांदार लांबचें वजें सकल दवरलें. पायाचेर बांदल्यो दोन तीन गांटयो मेकळून दूरा घाल्यो. स्वल्प समयाक विश्रांती घेवन वज्यां साकून ब्रेडा कुटके, बालाव जालललो निंबूवो, फळां बी एक एक कर्न काडून खावूंक लागलो. वण्टीर उंचार बैसून सकल पळवंच्या ताच्या तोण्डांत उदक आयलें. अधाशीपणा सयत तो टुकटुकी चोयलो. भिखमाग्र्याली भूक निवली. वस्त्रार हात पुसून थैलीं साकून एक बीडी शोधून काडली. पिंजून बोंतर जालेल्या चोग्या खिसां साकून एक आटपेटीय. तो बीडी लावन धुंवर सोडून चिंचेरुकार तेंकलो. उगडासांत बुडलो. काय वेळ जालो. बीडी सोंतु केली, आनी कुटको काना खांचींत खोयलो. थैलींत हात घाल्न एक लुगटा पोटली.काडली. अस्वस्थ जावन चारीय तांत चोयलो. ल्हवू ल्हवू ताणे ती निसरायली. दामाचीं नोटां, रुपया आनी दुडू.

ताच्या हर्द्यांतल्यान विद्युत प्रवाह आयलो. भिखमाग्रो भोवन भोवन पैसो लेकता. ताच्या खिसांत आशिल्ले कांय दुडूय ताचे लागीं भोवन सग मेळ्न पोटली कर्न दुसरीय थैलींत दवरली.

तो स्तब्ध जालो. यथार्थताय दांत दाकोवन ताचे मुखार हांसूंक लागली. पिंजून बोन्तर जालेलें वस्त्र न्हेसून संवसारांत लोकां मुखार दुर्बळ जावन चलच्या मनीशा कडे जायतो दाम! आनीकय ताका मागून घेवं येत!

व्हड गाजप ताच्या मनांत आवाज करतालें. रगत सग माथ्यांत चडलें. तो विद्यावंत, तरणाटो, लोका मुखार मानादीक! उपास पडून कश्ट भोगता. हाय! भिखमाग्रो कोण? तो स्तब्ध जालो. ताणें चिंतन केली. एक वागा सारकी उडकी मार्न वचून ताका चिरडून जीवनाशी मारल्यार कितें? वचूंक जाय. उडकी मार्न वचूंक जाय. कोणेय देखचिना. भूख वचू पर्यंत कांय घेवन खावूंक जाय. तरनें हर्दें पिडपिडेवुंक लागलें. श्वासोच्छ्वास बंद जालो. कोणेय ना. एक पान सरी हालना. चांग वेळ. पूण परतून चिंतन करच्याक लागलो.

'छे! भीखमाग्र्या सावन उपून काडचें? कितलें नीच काम!' ताच्या पावला पोन्दाचे रेवें पाशीय सकल जावूंक जाय. भयानक अध:पात. हाय! तो भिखमाग्रो. कितलीं वोतां घेतलीं आसुंक जाय? कितलो पावस तिमलो आसतलो! कितलो उपास काडलेलो आसतलो. कितलीं आंबडपां घेतलीं आसतलीं. कितल्या काळाची भीख आसतली ही?

ताका सहन जायना. दोनीय तांतल्यान ओडून पिंजतात. ताका उसरमेट आयली. ओहो, फटवण! खून! तो आतां सडकार उडकी मार्न आयलो. खंय म्हण कळनातिल्लें चमकलो. सावळ्यो हालच्याक लागल्यो.

एक शेळ वारें आयलें. ताणें दीर्घ उच्छ्वास घेतलो.

इकरा

सर्वय कडे फटवण. फटींगपण. रानटी प्राणी आनी निष्ठूर जनावर. सत, नीत, दया, मनीशपण – सर्वय फटवण. निपट पोकळ उतरां! जिणेच्या म्हासागरांत, हुसक्याच्या पाळांत, पोंवच्या रुका गदी तो अशें तशें व्हळो! चमकून चमकून शाराचें गोंदळ उणे जालेले एक गल्लींत पावलो. बेजार जावन एका घराचे जगलेर बैसलो. एक व्हड अस्वस्थताय, कांय खावूंक जाय. वाट कितें? कांय ना. मुखावेल्या घरां साकून एक चेडो देंवन येता. ताच्या हातांतलो दुडू 'चक्र' घुंवडावन खेळ्न खाणावळी होटलाच्या मुखार वता. ताचे हातां आशिल्लें 'चक्र' गडगडवन ताचे मुखार आशिल्ले खळयेंत, चिकलट उदकांत पडलें. तो बऱ्या रुपान चोयलो. लान एक दुडू! ताणें थांगा सग शोधलें. दोनीय हातांनी दोळे घश्टीले, रडून भो वेळ चोयलो. तो हाल्लोना. दोळ्यांतल्यान उदक व्हळवन चेडो घराकच परतलो. ताणे उटावन तो दुडू शोधून काडलो. व्हड आशेन तोवय सयत शिजयल्ले चणे घेवन खावंच्याक सीधा चमकलो.

'एय!'

एक आवाज. कठोर प्रतिध्वनी जाली. स्तब्ध जावन तो घूवन चोयलो; खाकी रंगाच्या पोशाकांत एक पोलीस.

ताचें तोण्ड धवें जालें. तो स्तब्ध जालो. पागाराचेर 'लकलक' लांबचीं खाण्डीं, आनी पिंगार्त आनी हातबेडयो देखून तो थडथडून रावलो. पोलीसान ताका गोवंटे धर्न धिंकळून चडयलो.

'समकी राव रे' हें हुकूम दीवन ताच्या पोट एक मूष्टि दिवंच्याक तो सारखो रावलो. पोलीस इन्स्पेक्टरान माथें उबारलें. पोलीसान माहिती दिली. इन्स्पेक्टरान दांत किरडले. 'तुजें नांव कितें रे?'

'मुहम्मद अब्बास.' भंयान ताणें सांगलें.

इन्स्पेक्टरान विचारलें: 'कितले फांतां तूं फारलेलें आसा रे?'

'ताच्या दोनीय दोळ्यांतल्यान उदक व्हळे दुर्बळ जावन ताणें म्हळें: 'हांवें केदप फारलें भुखेन पसावत हांवें केलें.'

इन्स्पेक्टराच्या हासाची थंय प्रतिध्वनी जा ताणे हुकूम ठारायलें: 'आरे २१७! हाका विचार.'

२१७ पोलीसान अर्द वराक ताका विचारले अब्बासाच्या हर्द्यार आनी फाटीर साकून प्रश्न प्रतिध्वनी जातालीं. 'मारनाका, मारनाका' हें दुखाचें रण्णें मात्र ताका जाप आशिल्ली. प्रश्न निमित्तीं ताचे हात थकच्याक ताणें इन्स्पेक्टर कळयलें: 'तो एक दुबळ म्हण दिसता, यजमानो...'

अब्बासाक इन्स्पेक्टराचे मुखार हाडलो. वाडकुळे कर्न तो गाजलो.

'उसळ रे... तुका हांगा खंय आनी देकच्य पाडना. उसळ! ऊम...'

मद्रात जाली. सार्वजनीक पार्काच्या बंका शेळवतांत कडकडवन पडलेल्या ताका चौकी पोलीसानी उलो दीवन उटकरायलो. मनीशाचे गूण निपट सोडून वचनातिल्ले तांणी ताका लार्गिचे इगर्जेंत धाडलो. लकून लकून वचून इगजेंचे जगलेर पडलो.

हालोवन हालोवन ताका कोणेंकी जागयलो सुजल्ल्यो दोळ्यां पातियो विस्कळावन तो चोयलो. वेळ फालें जाल्यां. भोवंतणी लोक आसा. कोपाचीं तोण्डां. ताका एक काफीर लेकून एकलान विचारलें:

'तूं कोण रे?'

अब्बास उटावन बैसलो. दोळे घश्टून ताणे म्हळें: 'हांव एक विदेशी.'

'विदेशी! कसली जात?'

'हांव एक मुसलमान.'

जनपदाक शंका जाली. ते मुरमुरले.
'मुसलमान? हरवी फटी! सांग रे कली.'
ताणें म्हळें: 'ला इलाह, इल्लल्लाहु
हम्मदुर्रसूलिलाह!'
तांकां विश्वास जालो. ताणें खबर सग सांगलें.
कल्यान अजापान म्हळें: 'लाहौला, देखच्याक
फ़ीर म्हण दिसलें मू. समय गेलेली वाट!'
दुसऱ्या एकलान हुकूम दिलो: 'जावो! देवन
च. हो पडच्याक आशिल्लो जागो न्हय.
मजलें?'
ताका समजलें. लकून लकून तो भायर गेलो.
वल्प दूरा वच्याक कोणकी ताका उलो दिता
ी दिसलें. तो घूवन चोयलो. इगर्जेंतलो एक
हातारो. चितळाचे धवे शेंपडेच्या केंसा सारकें
वें दीग खाड. दया आनी मोग हांच्यान
सविसवंचे दोळे...
एक रुपया दाकोवन ताणे म्हळें:
'पूता! घे, हें आसो.'
ताणें हात नीट कर्न तो घेतलो. दोळे भरले...
ंय दिश्टी पडना. हरकत दामून, दुखां पुसून
पकार सांगच्याक तयार जालो. म्हातारो
णशो घूवन गेलो. तो स्वल्प वेळाक स्तब्ध
वलो. चार पांच दुखांचे थेंबे सडकार पडले.
ा रब्बुल आलमीन!' ताच्या मनांत प्रतिध्वनी
ाली. परमेश्वर!

ारा

ो एक होटलांत चडलो. शेळ उदकान हात पांय
ुले. दोन आण्याक (बारा पैसा) आहार घेवन
ेलो. जायतें उदकय पिल्लो. मागीर भायर
वलो. चौदा आणे बाकी आसात. शांत जावन
शें चमकलो. वाऱ्यांतल्या कापसागदी प्रति
ल्लींत भोंवलो.
वरां चार जालीं. दिसाची भयानक हुनसाण
णी जाली. गल्लींत दादल्यांचो गोंदोळ चड
ालो. ताका एकल्यान धर्न रावयलो. एक
हातारो. काळो कोट, काळी तोपी. कोटाच्या
ंचार रोमेची तांबडी कम्बळ. हृष्ट पुष्ट मनीश.
ोळ्यांक मात्र स्वल्प थकावट आसा.
'ऊम! कितें जाय?' अब्बासान विचारलें.
ाळो कोट घालेल्यान दयादृष्टीन पळयलो. पांय
डून ताणें म्हळें: 'भावा, हांव विदेशी. आहार
ावन तीन दीस जाले. ही कांबळ विकच्याक
त्न केलो. कोणेय घेना...'
अब्बासाचे दोळे भरले. ताका दया दिसली.
क व्हड त्याग करच्याक तयार जालो.
हानुभूती दिसून चार आणे दिल्ले. काळो कोट
ालेल्यान ते खुशीन घेतले, पांय पडून चल्लो.
पार्का साकून एक गीत आयकलो. दुखाच्या
याक आपडून आयलो एक शेळ गीत...

अब्बास पार्कांत एक खाली कोणशाक बैसलो. भिन्न भिन्न रंगाचीं परमळाचीं फुलां. सुंदर तणा पातळसाण. थंय संतोषाचो गोंदळ. हाता हात धर्न चलच्या प्रेमी युग्मांचो खेळ-हास. निपून पळोवंच्यो छात्रियो. तणाच्या मैदानाचेर भोंवतणी बैसून उपहास करच्यो विद्यार्थिनियो – पार्कांतल्या दृश्यांत कांय ताका मन धावले ना. दूख भरलेल्या खंयच्या की मनांक लागून येवच्या त्या शोकगितांनी ताचेर प्रभाव घालो. तो चिंतातूर जालो. भूख लागून पडलेल्या वेळार ताची मदत करच्याक आयिल्ले ते चेडियेक ताणे उगडास केलो. वसंतकुमारीचें तें सुंदर रूप ताचे मुखार उबार्न आयलें. तिगेलें लजेवप, तिची अडचण, सग तो पळयता. जिणेच्या जनेलांतल्यान कोणकी पळयता म्हण ताका दिसलें. प्रेमान भरलेले दोन दोळे... विसकळ्ळे तांबडे ओंट... लकलकच्यो दांतां फांतियो... तें हासचे चान्दणें! निंदेलो आत्मो जागो जालो. त्या विशाल दोळ्यांत दिश्टी दवर्न मुखार लार्गी सरता... तो आंग काडून जागो जालो. हुमेलो. हृदयाची दरिया खवळता!

तें शीतळ गीत सोंपलें. रेडियो आतां वेगळें एक गीत म्हणता. धुवरेच्या सिगाराचो परमळ. कोणकी बांकार येवन बैसलो. कापणी काडनातिलो चेरो. ग्रीस तेल लागल्लें बुरशेल्लें वस्त्र. अब्बासाक तिटकारो दिसलो.

आयलल्यान श्रद्धेन पळयलो.

'तूं ह्या गांवचो न्हय?' ताणें विचारलें. अब्बासाक हें व्हड पसंद जाले ना. उलवंचाक मन येना.

'न्हय.'

उपरांत तो हाल्लोना. अब्बास पार्कांतलीं दृश्यां एक एक कर्न देखतालो. हाता-हात धर्न खुतखुती हासून भोंवतल्या ॲंग्लो इन्डियन जोडयो, वाटेन वतल्या तरणाट्यांक निपून निपून पळोवंच्यो सोपूर दाईयो, भिसरावंची वाक्यां व्हडान उलो दीवन धावन भोवन पत्र विकतले लान चेडे – हांकां रुका बावल्या गदी तो पळवन रावलो.

अब्बास तुरंत उटावन बैसलो. करुणास्पद रुपान एका तरणाट्याक अडचण कर्न, पार्काच्या दारार साकून, ते पचीस पैसे दिल्ललो मनीश उलयता. तीच काळी तोपी, काळ्या कोटाचे उंचार रोमेची तांबडी कंबळ. लागी बांकार बैसल्या मनीशाक अब्बासान जिज्ञासेन विचारलें:

'चोय, त्या मनीशाक तूं ओळखता?'

तो चोयलो. मनीशाक ओळखलो अशें समजून.

'ओळखतां. कित्या, तुका फटयलो की?'

'फटयलो म्हण?... ऊम?' अब्बासान अजापान विचारलें. लागी बैसल्यान मंद हासून म्हळें:

'ताका तेंच धंध. सोर पिवूंक जाय. भांग पिवूंक जाय. विदेशी लोकांक पळयल्यार लागीं सरतलो.'

ताणें म्हळें: 'चोय, थंय दिश्टी पडचें 'अंबिका' मिल – थांगाचो एक वावराडी हांव. म्हजें नांव जब्बार. ताची बायल थंय काम करता. स आणे पगार मेळतालें. अर्द चडच हो घेतलो. सोरो आनी भांगी घेवंच्याक ते नुपुरो. देकून...'

'ओ! हो!'

विद्युत लागल्या गदी जालें. म्हान त्यागाचो परिणाम अशें की? ताका अजाप जालें.

'तुमी?' अब्बासाचें चेऱ्यार पळवन जब्बारान उत्सुकतायेन विचारलें.

अब्बासान इतिहास पुराय सांगून आयकयलो. जब्बारान काकुळतायेन तें सग आयकलें. सहानुभूतीन ताका आश्वासन दिलें.

'मिलांत तुमकां एक वावर तयार करूं. आमकां वच्या घराक.' प्रांजळ संतोष सयत आशिल्लें तें आमंत्रण ताणें स्वीकार केलें.

'वच्या.'

ताणें 'हां' म्हळें. ते दोगय गल्लींत देंवले. एक अजापान शारांतले कोटी दिवे जगमगले. ताचे जिणेचो मार्ग उजवाडाचो जालो.

नव्या उत्साहान पोरण्या काळ साकून आशिल्ल्या दोस्तां गदी ते मुखार गेले.

तेरा

मोड आनी काळबाण दूर सर्न जिणेचें मळब निर्मळ सुंदर जालें. एक नवो उत्साह ताच्या चेऱ्यार दृश्टि पडता. विशाल मानव समाजाचो एक वांगडी आसा. ह्या संवसाराक संपन्न करचो एक वावराडी! ताका व्हड धाडस दिसता. राष्ट्राचो जीव तो. महासाम्राज्याच्या शीरांतल्यान व्हांवच्या रगताचे न्हंयतलो एक थेंबो तो. घडणुकेचे म्हयने दोन जाले. पोरणो उत्साह आनी ताकत परतून आयली. तो वावराड्यांल्या संघाचो सचीव जालो. उत्साहाचें जीण. तरीय एक प्रकारची अस्वस्थकाय केन्नाय एक चिंता. ती ताच्या मनांक केन्नाय दूख दिताली. एकलोच बैसल्या वेळार ताका कश्ट दिताली. ते दोनीय विस्कळ दोळे केन्नाय काकुळतकायेन ताका पळयताले... ताच्या चेऱ्यार दुख पातळतालें. कसल्याकय जीव ना शी ताका दिसतालो. दिसाक उजवाड ना; वाऱ्याक शेतळवत ना. फुलांक परमळ ना. निस्तेज चन्द्रम. लकलकप नातिल्लीं नक्षत्रां खंयीय पळयल्यार एक दुखाची सया. ताचें हर्दें भर्न येता.

'एक अस्वस्थकाय कितें? घराक कांय धाडून दिल्लें ना की?' जब्बारान विचारलें.

'धाडून दिलें.' निर्जीव रुपान अब्बासान म्हळें.

'आनी कितें?' ताणें अंवसरायलो. आपणाकडे साकून कितेंकी निपोवन दवरता म्हण जब्बाराक दिसच्याक लागलें. ताणें बलात्कार केलो. 'सांग अब्बास. दुख कितें?'

सांजवेळ आशिल्लो. मळबार तीळयागदी नक्षत्रां भर्न आशिल्लीं. शेळ वारें ल्हवू ल्हवू मारतालें. संघाच्या कार्यालयाच्या उंचार माळयेर टरस्सार दोन आराम कुरस्यांचेर ते बैसल्यात. एक बीडी लावन ताण्डून अब्बास दीर्घ श्वास सोडून सांगूंक लागलो. 'एक घडणूक, एक चित्र. तें म्हाका दूख दिता. केन्नाय माजे मागलान येता. स्नेह भरलेले दोन विशाल दोळे...'

जिज्ञासेन जब्बारान 'ऊं' म्हण आयकलें. मनांत तो हासतालो. 'कोणाचें चित्र?' ताणें ल्हवू विचारलें. अब्बासाक सांगच्याक भंय, लजा. जब्बाराचो बलात्कार चड जालो. अब्बासान म्हळें: 'एक चेडियेचें...'

बीडी वाडवोवन (सोंत करन) पुराय काणी अब्बासान ताका आयकयली. जब्बाराक कायरीं समजलीं. ताणे उपदेश दिल्लो. 'व्हड ना. तिका बायल म्हण स्वीकार कर!'

अब्बास स्तब्ध जालो. एके चेडयेक बायल रुपान स्वीकार करप? तें ताच्यान जावना. अडचणां एक सास आसात. ताणें विरोध केलो.

'कितल्या जाणांनी तिका वेंगयलें आसयेत? कितल्या जाणांनी तिका चुंबन केल्लें आसयेत? कितल्या जाणांक तिणें तिचें बायलेपण विकलें आसयेत? कितले...'

दोस्तान अडचण घालें. ताणें गंभीर रुपान म्हळें: 'मनान तिणें तें केल्लें आसचेंना. जिवंत आसच्याक दुसरी वाट आसल्यार चडान चड बायलो चेडयो जावना.'

ताणें म्हळें: 'चडान चड भूख सोडच्याक जायनातिल्ल्यो जिणेच्यो गरजो. हांणी तिका एक चेडी केल्ली आसयेत. तिचे कठीन भुकेन कोणाकय तिणे उमो दिल्लो आसयेत. तिच्या स्त्रीधर्मान तें काय केल्लें आसचेंना. म्हाका दिसता, तिचें मन प्रेमा खातीर तान काडटा म्हण. एक तुमी चिंतन करात. गरीब, अनाथ तुमीं ते . पोरणे खोंपींत कश्ट भोगचे देकून मदत करच्याक तिणे कित्याक मुखार येवूंक जाय? कितें पळोवन तिणे तुमकां मोहपाशांत घालूंक प्रयत्न करचाक जाय? हाय! प्रेम-भरलेलें तिचें मन तुमकां आर्पण करच्याक हाडलें. तुमी तें स्वीकार केलें ना.'

'हांवें कितें करच्याक जाय?' अब्बासान विचारलें.

'आमी तिका पळोवंया. मागीर...'

एक आयतारा तयार काडून ते गेले. चेडयांचे गल्लींत पावले. अब्बास भायर रावलो. ताणे दाकयल्ल्या घरांत जब्बार गेलो.

एक काळका कूड. बावन पडल्ल्या एका कमळा देंटा समान वसंतकुमारी एका मांच्यार पडल्या. तिचे दोळे मात्र आतां परजळतात. सकल तिका वारें घाल्न एक म्हातारी बैसल्या. जब्बाराक देखच्याक ती ल्हवू उटायली. ताणें म्हळें:

'हांव आयल्लों, मागलांच्या कूडांत रावल्या तरणाट्या पासून...'

ताणें सांगून सोंपयलेंना. वसंतकुमारी खोणस काडून रडूंक लागली.

वर्सांनी बावगल्ले ते म्हातारेन तिका समजायली. हर्द्यार हात दामून धरन ती खणसां काडून रडली. तो सहानुभूती सयत चोयलो. म्हातारी गल्लीचे मागलांचें कवड उक्तावन परतून चोयली. तोवय गेलो. तीं भायर आयलीं. बंद कूड उक्तावन म्हातारी भितर गेली. जब्बार भितर गेलो. सोपोर जाल्यारीय साफ सुथरी कूड.

'पळय. हाका आजीय ती भाडें दिता.' म्हातारेन म्हळें. 'तो वचतसून तिका स्वस्थकाय ना. ती थकता वता. कांय तिणे म्हाजेकडे सांगलें ना. अशेंच रडतली. मागीर तिणें म्हाका म्हळें. आज येतलो, फाय येतलो, अशें हांवें तिका समजायली.'

ताणें मदें विचारलें: 'तुमची धूव ती?'

म्हातारी सांगच्याक तयार जाली ना. ताणें गरज दाकयली. म्हातारेन भंयान ताच्या तोण्डाक पळयलो.

'सांगात. भियेवं नाकात.'

'न्हय, हांवें घेवन वाडयल्ली. आस्पत्रांत साकून मळ्ळेली.'

ताणें अंवसरान म्हळें, 'हांगा रावात. हांव ताका हाडतां.'

भायर वचून दोस्ताक सर्वय सांगलें.

'तुमी वचात. हांव पोरण्या कूडांत बैसन.' अब्बासाक धाडलो.

ताचें हर्दें धगधग जालें. पाय ताणें नेणतांच कुडां भितर चल्लो. पाया नाद आयकून तिणें माथें उबारलें. खोणस काडून रडून पिटपिटेवन उटायली. रावच्याक जायनातिल्लें एक तांत बावगली. वाऱ्या गती गदी अब्बास मुखार सरलो. हातांनी धरली. मांच्यार बैसलो. दोन दोळ्या उदकांचे थेंबे तिच्या चेर्यार पडले. ल्हवू ल्हवू तिणे दोळे विसकळायले. प्रेमान भरलेले चार दोळे एकामेकांक चोयले. एक उजवाड पातळ्ळो. दोगंय हांसलीं.

'वसंतकुमारी, क्षमा पावंका', ताणें ल्हवू म्हळें.

तिचें हर्दें हालचें चड जालें. श्वास बेगीन चल्लो. ताचें शरीर कडकडलें. मनोवेगा निमित्तीं चेरो बावगलो. तिचे दोळे बंद जाले. तांबीडसाण भरलेल्या तिच्या विसकळिल्ल्या ओंटांचेर ताचो चेरो दामलो.



मतदात्री सावित्रीबाला

मूळ बंगाली: बनफूल
कोंकणींत हाडपी: माया खरंगटे

नांवच विचित्र आशिल्लें. रिपुनाश. ताच्या व्हल्या भावाचें नांव तमोनाश. पूण दैवाचीं चांच अशीं आसात, दोगूय कोणाचोच नाश करूंक पावले नात. खासा आपुणूच ना जावन गेले. तमोनाशाच्या जिवितांत मातय उजवाड पडलो ना. अ, आ, इ, ई लेगीत तो शिकूंक पावलो ना. तो सामको अक्षर शत्रू आसलो. ब्राह्मणाच्या घरांत जल्मल्ले म्हूण तांकां संस्कृत नांवां दवरिल्लीं. तांचो बापूय त्या वाड्याचो पुरोहित आसलो. तर्कतीर्थ मोहनाश. लोक तांकां 'ग्रहनपंडित' म्हणटाले. हालीं समाजांत संस्कृत पंडितांक खंय मान आसता? तो सामको गरीब आसलो. भटपण करतालो. तो मेलो तेन्ना तमोनाशाची पिराय स वर्सांची आसली आनी रिपुनाश तीन वर्सांचो आसलो. लोकांच्या घरांनी जेवण रांदून दिवन तांची आवय संवसाराचो गाडो ओडटाली.

सोळाव्या वर्साच तमोनाश 'सज्ञान' जालो. भोंवत फिरूंक लागलो. ताणें गुंडांची एक टोळीय तयार केली. टोळयेंत ताचें नांव आसलें तमना. गुंडगिरी करून तो थोडेशे पयशे मेळयतालो. त्यातले थोडे हाडून आवयक दितालो. बाकिचे आपल्या फोल्गांनी वगडायतालो. पूण हें चड दीस चल्लें ना. गुंडगिरी करतनाच एक दीस कोणें तरी ताच्या पोटांत सुरो तोपलो आनी तो मेलो. थोडो वेळ ताचें प्रेत फुटपाथाचेर पडून आशिल्लें. मागीर मेले उपरांतची तपासणी करपा खातीर प्रेत पुलीस घेवन गेले. दोतोरांनी प्रेत फाडल्लें. निमाणें लोकांनीच तें मागून घेतलें. तमोनाशाचे आवयन प्रेत मागलेंच ना. च्यार लोक जमोवन प्रेत लासपा पासत जे पयशे लागतात ते तिचे कडेन नाशिल्ले. चारय वटांन रिणांचो दोंगर तिचे भोंवतणी उबो आसलो. तातूंत आनीक भर घालपाची तिची इत्सा नासली. मांगांनी तमोनाशाच्या प्रेतांतल्यान हाडां काडून निवळ केलीं. मागीर तीं ॲनटमीच्या विद्यार्थ्यांक विकून थोडे पयशे मेळयले. तमोनाशाची जिवीतकाणी हांगाच सोंपली. तमोनाशाचे आवयन – सावित्रीन व्हडलेंशें दुख्ख केलें ना. तिच्या दोळ्यांत आनी तोंडार सुप्त इंगळे रसरसताले.

सावित्री जांच्या घरांत काम करताली त्या घरांतल्या यजमानान तमोनाशाच्या मरणा उपरान्त तिचो पगार दोन रुपयांनी वाडोवपाची तयारी दाखयली. पूण सावित्रीन तें मानून घेतलें ना. तिणें फकत इतलेंच म्हळें, 'कांय गरज ना.'

रिपुनाश रस्त्यार हेडटालो. ज्या कोणाक घरांत जागो नासता, ताचें जिवीत रस्त्यार हेडत-हेडतच वता. कसलोय खेळ, कसलीय घडणूक, कसलीय गर्दी ज्या लोकांचें मन ओडून घेता तसलेच लोक रिपुनाशाचे इश्ट आसले. ताचे टोळयेंत ताका रिपने म्हणटाले. पूण रिपने तमना वरी घसघशीत आंगलोटाचो नासलो. बारीक शी कूड आनी काकुळटेचो चेरो बाजारांत हेंडटालो, हमाली करून थोडे पयशे मेळयतालो. तो विडी ओडपाक शिकिल्लो. सदांच विडयेचें एक बंडल विकतें घेवन उरिल्ले पयशे आवय कडेन दितालो. अशे तरेन ताचें काम चलिल्लें. रिपने सोळा-सतरा वर्सांचे पिरायेचो आसतना एक घडणूक घडली. पांटल्यांतल्यान चोपड्यांचो गठ्ठो हाडून एका सायबाचे मोटारिच्या कॅरियराचेर चोपड्यो दाळटालो. तेन्नाच ताच्या ताळ्या कडेन कितेंशेंच जावन ताका खांकेची

उमळ आयली. मोटारकार सायब ताच्या भाड्याचे बारा आणे दिवन गेलो आनी तो थंयच फुटपाथाचेर बसून खांकूंक लागलो. खांकतां खांकतां थुंकये वांगडा रगत पडलें. रिपने थोडो वेळ एके नदरेन त्या रगता कडेन पळोवंक लागलो. मागीर उठून घरा गेलो. सावित्री ताका त्या वाड्यावेल्या दोतोरागेर घेवन गेली. ताची छाती आनी फाट तपासून ताणें सांगलें, क्षयरोग जाला. उपरान्त ताणें अशेंय सांगलें, म्हाका म्हजी फी नाका. पूण वखदां आनी इंजेसांवां घेवचीं पडटलीं. तांतयां, मांस, नुस्तें, फळां, लोणी आदी खावंक दिवचें पडटलें. सावित्री दोतोरा कडेन फकत पळेत रावली. तिच्या दोळ्यांतले आनी चेऱ्यावेले धगीन दोतोराच्या मनाक खंय तरी हात घालो. 'तुमच्यांनी जायना जाल्यार खंयचेय आस्पत्रेंत दवरप योग्य जातलें. हांव एक पत्र बरोवन दितां. तें घेवन आस्पत्रेंत चलात.' पत्र घेवन एक सातोळेंभर सावित्री आस्पत्रेंतले गर्दैंत धक्के खायत रावली. पूण कांयच उपयोग जालो ना. एका पिडेस्तान सांगलें, पयशां बगर कांयच जायना. लांच दिवची पडटा.'

हें आयकतच सावित्रीन परतें म्हणून आस्पत्रेच्या दारांत पावल दवरलें ना. इतले पयशे हाडप खंयच्यान? उपाय करी नासतनाच ताचे दीस वताले. रिपने परतोय रस्त्यार हमाली करूंक लागलो. एक दीस ताच्या एका इश्टान ताका म्हळें, 'हें पळे, म्हजे तकलेंत एक विचार आयला. तुवें कशेय करून स म्हयने अलिपुरचे बंदखणींत काडले जाल्यार तुजो क्षयरोग बरो जातलो.'

'हें कितें उलयता? बंदखणींत गेल्यार क्षयरोग बरो जाता?'

सुरवेक रिपनेचो इश्टाच्या उलोवण्याचेर विश्वासच बसलो ना.

इश्टान सांगलें, 'हरू बंदखणींत वचून बरो जावन आयला. ताकाय क्षयरोग जाल्लो. थंय बरी आस्पत्री आसा. फुकट उपचार करतात. तूं बंदखणींत वच.'

थोड्याच दिसांनी ट्रॅमींत बॉल्स कातरतना माला सकट रिपनेक धरलो. पयलीं लोकांनी ताका बरोच मार घालो. मागीर पुलिसां कडेन दिलो.

न्यायालयांत न्यायाधिशान म्हळें, 'तुका तुजो बचाव करपा पासत वकील करूंक मेळटा. तितली तांक तुका नासत जाल्यार आमी तुजे पासत एक वकील दितात.'

रिपनेन हात जोडून म्हळें, 'नाका मायबाप. म्हाका वकिलाची गरज ना. पुलिसांनी सांगलां तें खरें. चोरी करपा पासतच हांवें त्या मनशाच्या बोल्सांत हात घाल्लो.'

न्यायाधिशान निकाल जाहीर केलो. 'पन्नास रुपये दंड; दिलो ना जाल्यार एक म्हयनो बंदखण.'

रिपनेन हात जोडून म्हळें, 'मायबाप, दंडाचे पयशे भरप म्हाका कशेंच जमपाचें ना. पूण म्हयन्याच्या जाग्यार म्हाका स म्हयन्यांचे बंदखणिची ख्यास्त दियात.'

न्यायाधिशाक अजाप जालें.

'स म्हयन्यांची बंदखण तुका कित्याक जाय?'

'म्हाका क्षयरोग जाला. अलिपुरचे बंदखणींत क्षयरोगाचेर बरो उपचार करतात अशें आयकलां. स म्हयन्यांत हांव बरो जातलों.'

पूण न्यायाधिशान निकाल बदल्लो ना. बंदखणिंतले आस्पत्रेंत थोडेशे उपाय जाले. पूण क्षयरोग गेलो ना. म्हयन्या उपरांत रिपने खांकत खांकत बंदखणींतल्यान भायर आयलो. ते उपरान्त तो साधारण म्हयनोभर जितो आशिल्लो. एक दीस मध्यानरातची ताका आकांताची खांक आयली. आनी निमाणें आवयच्या पांयांर रगत ओंकून बाबड्यान ह्या संवसाराचो निरोप घेतलो.

सावित्री घट्ट बसून रावली. तिचे दोळे जळटाले. दुकाचो एक्कय थेंब तिणें गळयलो ना.

ते उपरान्त दोन म्हयन्यांनी वेंचणुको आसल्यो. सावित्रीबालेकय मताचो हक आसलो. मत मागपाक एक नामनेची व्यक्ती तिच्या दारांत येवन उबी रावली.

जळजळीत दोळ्यांनी ताचे कडेन पळोवन सावित्रीन म्हळें, 'तुमकां मत दिवूं? कित्याक? तुमी म्हजें कितें बरें केलां? तुमचें राज्य आशिल्लें तेन्ना म्हजो विद्वान असो घरकार एकाद्र्या भिकाऱ्या वरी मेलो. म्हज्या व्हडल्या पुताक हांव शिकप दिवंक शकलेंना म्हूण तो तवनास जालो आनी निमणें सुरो तोपून ताका मारलो. धाकल्या पुताक क्षयरोग जालो. ताका वखद-विर्सद मेळूंक पावलें ना. सगळेच लांच मागतात. हांवें कित्याक म्हणून तुमकां मत दिवचें? हांव कोणाकच मत दिवचिंना'

मत मागपी सांगूंक लागलो, 'पूण हें पळयात, गणतंत्रांत...'

पूण सावित्रीन ताका पुराय उलोवंकच दिलें ना. तिणें किळांच मारून सांगलें, 'चलात, चलूंक लागात हांगच्यान.'

तो मनीस सट् करून थंयच्यान भायर गेलो. आनी सावित्रीन घड्ड करून दार धांपलें.


❀ ❀ ❀



— केद्यो केद्यो ऊंच बिल्डिंगो बांदल्यो आमी, व्यक्तित्वां मात आमचीं गिड्डींच उरलीं.
— रस्ते केदे रुंद केले, नदर मात आकुंचितूच दवरली.
— व्हड घरांनी रावपाक लागले, कुटुंबां मात ल्हानूच जालीं.
— शिक्षण खूब घेतलें, शाणेपण मात साप होगडावन बसले.
— तज्ञ खूब निर्माण केले, प्रस्न मात घुसपायत रावले.
— वखदां तरांतरांचीं तयार केलीं, आरोग्य मात होगडावन बसले.
— संपत्तिचे गुणाकार केले, मुल्यांचे भागाकार करीत रावले.
— चन्द्रार वचून आयले, दुसऱ्या धर्माच्या शेजाऱ्या पसून मात मैलांचे मैल पयसूच रावले.
— परमाणुचें विभाजन केलें, पूर्वग्रह मात तशेच घट दवरले.
— जोड खूब वाडयली, नीत मात साप देंवयली.
— फोल्गां खूब वाडयलीं, आनंद मात साप उणो करीत गेले.
— भायर सगळे कडेन झगझग पातळायलो. काळीज मात गुपाट काळखांत दवरलें.

तूं सुधारपाचें ना!

ळ हिन्दी : सुधा अरोरा
णकार : प्रियदर्शिनी तडकोडकार



एक

सोपूत घेतला दिसता तुवें – तीन फावटीं बॅल वाजले बगर दार उकतेंच करप ना म्हूण? अशो कसल्यो कामाच्यो राशी पडल्यात तुजे मुखार? ऑफिसांतल्यान पुरो जावन येवप आनी अर्द अर्द वर दारा भायर तिश्टत रावप!...

"..."

आवयस्! हें घर काय आनीक कितें गो! हांगा कपड्यांच्यो राशी, थंय खेळण्यांचो पसारो! ह्या घरांतली एकूय कूड वेवस्थीत दवरूंक जायना?

"..."

श्शी! हे खाटीर बसप म्हळ्यार खातसाणी सामक्यो! बाबूचे मुताचे पोळेर गादयेर पडिल्ले आसतात दीसभर. निदान गादयो तरी ओतांत उडोवपाची अक्कल आसपाची! पूण तुजें नाक बाराय म्हयने चोंदिल्लेंच आसता. तुका खंयची येतली खातसाण!

"..."

दिसयभर तूं हेंच करता काय कितें? केन्नाय पळे, भुरग्यां मदीं. म्हजे आईनय सात भुरगीं काडलीं आनी वाडयलीं. पूण आईचें घर कशें चकचकीत – टापटीप. निवळ. तुका दोनच सांबाळचीं पडटात जाल्यारूय घर इतलें बुरशें, अस्ताव्यस्त. क्रिकेटिचे पुराय टिमीन घरभर धुमशेणां कांडिल्ले वरी दिसता पळेल्यार...

"..."

पर्थून तेंच लिंबाचें सरबत! तूं जाणां, म्हजो ताळो पडला म्हूण. आनी तरी तेंच थंडगार सरबत हाडून दवरलें? मात पूण अक्कल वापरची मनशान आपणाली! चल. म्हाका च्या हाडून दी. आनी हाचे मुखार लक्षांत दवर, भायल्यान येना फुडें थंड सरबताचो ग्लास हाडप ना. येन्नाच दुयेंत पडप म्हाका अफोर्ड जायना.

"..."

दिसूयभर घरांत मुंगरून पडिल्लें आसता. मात्सो वेळ थंड मेकळ्या वाऱ्याक वचून येवचें! टापटीप कपडे करचे. आनी केंस सारके वळोवंक येनात जाल्यार मोटवे कापून तरी घे ते! तोंड तितलेंच मात्शें सोबतलें! शेजरा पाजरा आतां इतल्यो हुशार, सुंदर बायलो आसात तांगेर येवचें वचचें तरी... तांचे कडल्यान नव्यो कसल्योय फॅशनी बी शिकून घेतल्यार जाता!

"...".

बाबूक जेवण दिलें? कितले फावटीं सांगलें तुका, बाबाक वेळार जेवण दी म्हूण! कळाव जाल्यार ताका मागीर जेवण सारकें पचना. त्रास जातात! जेवलो तो? मागीर मात्शें तोंड उगडून सांग मगो. घुमें कशें उबें रावल्यार म्हाका कशें कळटलें?

"..."

तें म्हजें पुस्तक खंय दवरलां? मेजार सगळ्याक सोदलें. शॅल्फार पळयलें. तुका खंयचीय वस्त सारकी जाग्यार दवरूंक येना गो? म्हजेंच चुकलें. हांवें तुका पुस्तक वाचूंक सांगलें. आतां तें पुस्तक ह्या जल्मांत तरी मेळटलें? तुमच्या बायलांचो होच प्रॉब्लेम आसता. लग्न जालें, एकदां भुरगींबाळां जालीं की जालें. मागीर पुस्तकां कोनशाक मारून रात्री पोल्लांत चल्लीं तुमी. वाचन, चिंतन, मनन, चर्चा, मिटिंगो – सगळें गेलें तेल लायत!

''...''

हें कसलें जेवण! सद्दां उठून तेंच – शीत रोस आनी वांयग्याची ना जाल्यार भेंड्याची भाजी. तुका बरें रांदुंकूय येना गो? आनीक कांयच करना जाल्यार जेवण तरी बरें रुचीक रांदचें! जाय जाल्यार म्हयनोभर कुळारा रावन यो तुजे आई म्हऱ्यांत. आनी तिचे कडल्यान शीक रांदपाक. कांय रेसिपीज बरोवन हाड तिचे कडल्यान. तुजी आई कितली बरी सुवादीक रांदता. तुका कांयच शिकोवंक ना तिणें? केन्ना चायनीज, केन्ना कॉन्टिनेन्टल – जेवणांत व्हरायटी आसूंक जाय. ना जाल्यार सदांच दाळ आनी शीत! वांयग्याची ना जाल्यार भेंड्याची भाजी! आरे, सवसारांत हाचे बगर आनीक कांयच ना?

''...''

तें पुस्तक सोदून दवर आं! ना जाल्यार म्हणशीत मागीर, विसरलें म्हूण. नाय जाल्यार तुका कांय याद उरना. सामकें भजर तूं. पूण म्हाका तें पुस्तक परतें दिवपाक जाय.

''...''

आतां तीं दोगांय न्हिदल्यांत न्हय? मागीर आतां तरी यो मगो म्हजे म्हऱ्यांत. आब्बा! म्हजे खातीर तितलोय वेळ तुजे कडेन ना?

''...''

म्हाका सांग... म्हाका आयिल्ल्या इतल्या सोयरिकां भितर, इतल्या व्हंकलां भितर तुकाच हांवें कित्याक पास केलें? तूं शिकिल्ली सवरिल्लें आशिल्लें. ते भायर संगीत विशारद. भावगितां बी गातालें तूं. आनी हांव तुमगेर आयिल्लों तेन्ना तुवें केल्ले सोबीत लॅण्डस्केपस् तुमगेल्या घराच्या वण्टींचेर आशिल्ले. आनी आतां कितें गो ही तुजी अवस्था? चार चार पुस्तकां वाचपाक हाडून दिलीं जाल्यार तातुंतल्या एकाकय हात लावन पळोवपाक तुका वेळ ना! असल्याच बायलांचे दादले मागीर भायल्या स्मार्ट बायलां फाटल्यान धांवतात. आनी तुजे सारक्यो बायलो मागीर दुकां गळयत बसतात. पूण आपणाक सुधारपाची अक्कल मात नासता तांकां.

''...''

तुज्या कपड्यांक बेबी फूड आनी बेबी पावडराचो वास मारता मुगो. ऊठ. वच आनी न्हावन यो. कपडे बदलून यो म्हणटकीच तुकाय फ्रॅश दिसतलें. आनी म्हाकाय बी... आरे, हांव बडबडटां आनी तूं घोरेता! निकतींच साडे धा जातात आनी न्हिदलें तूं? इतले बेगीन जालो तुजो न्हिदपाचो वेळ? घरच्या कामांनीच तुका इतलें पुरो जाता आनी दुसऱ्या खंयच्याच कामाची तांक उरना तुजे लागीं...''

मदीं धा वर्सांचो काळ.

दोन

तूं केन्नाच सुधारपाचें ना. पंदरा वर्सांत तुका अजून अक्कल येवंक ना की घोव कामा वेल्यान पुरो जावन येता तेन्ना ताका पयले बॅलीकच दार उकतें करचें. जंयच्यान उठून येवपाक इतलो वेळ लागता असले कोनशाचे कुडींत वचून बसता तूं! हांव ऑफिसांतल्यान घरा येवचेल्या वेळार तूं हांगा दारा मुखार सोफ्यार कित्याक येवन बसना?

''...''

हें घर काय गोठो? टेबलार ॲश ट्रे ना. बाथरुमांत नॅपकीन ना. घरभर पुस्तकांच पुस्तकां. टेबलार, शॅल्फार, डायनिंग टेबलार, किचनांत! आतां कितें पुस्तकांच हांथरपाचीं, पांगुरपाचीं? आनी पुस्तकांच न्हेसपाचीं, जेवपाचीं?

''...''

आनी इतले पेपर्स कित्याक ते हांगा? शारांत जितले पेपर्स येतात तितलेय घेवन वाचता काय कितें तूं? सगळ्या पेपरांतल्यो बातम्यो एक सारक्योच आसतात. तुका कित्याचीच सुमरत उरूंक ना. घराचो गोठो जाता काय कितें – तुका कांयच पडून वचूंक ना. भुरगीं खंय तर?

''...''

हो कितें च्या पियेवपाचो वेळ? उजो इतलो वाडला! आनी येना फुडें हो खतखतीत च्या मुखार. आगो घरांत लिंबू, रसना, कोकम सरबतां बी कांयच नात? भोंगूं तें, पाड पडूं. आतां जेवणाचें तरी बेगीन कर!

''...''

हें जेवण? सद्दां उठून तेंच तें – ब्रेड, सूप आनी बॉइल्ड वेजिटेबल्स. घरांत कित्याक हें हॉटेला भशेन खाण! आनी इतलें न्यूट्रिशन कॉनशियस जावपाची व्हडलिशी गरजय ना. केन्ना सादी शीत कडी, भाजयेचें घरावें रांदप करपाक जायना? मनशाक घरांत जेवता कशें दिसपाक जाय. हालिंच्यो बायलो वेस्टर्न जेवणाची कॉपी करपांत घराव्या जेवणाची रूच आनी मसाल्याचो घमघमय विसरून गेल्यात...

''...''

आरे! आयजय म्हजे बूट सारके करून हाडपाक जालें ना तुका? लायटिचें बिलय फारीक करपाचें आसा. तुका तसो घरांत थार आसल्यार न्हय तें! शाळेंत नोकरी करता ती ए पुरो न्हय? वेल्यान आनी ती सोशल सर्व्हीस कित्याक? कितें आसा त्या सोशल वर्कांत! सगल्या हिपोक्रेट बायलांचो कवकव निखटो. तु कितें मेळटा? एक दमडी लेगीत ना. वेल्यान आपणाले पदरचे पयशे मोडून येवपा वचपाचो खर्च करता आसतलें! मूर्ख!

''...''

आतां म्हजे कडल्यान भुरग्यांचो होमवर्क घेवपाची अपेक्षा बाळगूं नाका आं... पयलींच कामावेल्यान पुरो जावन आयलां. तूं येदें व्हडलें स्कॉलर... एम्. ए.क गोल्ड मॅडल मेळिल्लें. आन आपणाल्या भुरग्यांचो अभ्यास घेवपाक जायना तर तुका? बरें, तें नवें गणीत जायना जाल्यार ट्यूशनां लाय तांकां. आतां तूंय जोडटा. तुजो पगार समाजसेवेंत घालचे परस आपणाल्या भुरग्यांचेर खर्च केल्यार कितें जाता? दोगांय दीसभर टीवी मुखार बशिल्लीं आसतात.

''...''

इतले मोटवेशे केंस कापून घेतले? म्हाका एका उतरान तरी विचारचें आसलें! तुका कितें दिसता, मोटव्या केंसांनी तूं सुंदर दिसता म्हूण! यू लुक हॉरिबल. आपणाक सोबलें ना जाल्यारूय तुमकां बायलांक फॅशन जायच.

''...''

आतां हातांतलें पुस्तक सकयल दवरता काय ना तूं! बारा जायत आयलीं. तुका न्हिदपाचें ना जाल्यार दुसरे कुडींत वचून वाच. तो दिवो पाल आनी म्हाका न्हिदूं दी. बरेंच वाचप चल्लां हालीं... पयलींच सांगतां, म्हाका राग आयलो जाल्यार ह्या घरांतलें एकानएक पुस्तक जनेलांतल्यान भायर शेंवटून मारतलों... मागीर पळोवया कशें तें.

''...''

आरे! बरें मगो! हांव उलयतां आनी तूं कान केंस काडून बसलां? अशें कितें आसा त्या पुस्तकांत जें वाचलें ना जाल्यार व्हडलो घात जातलो तुजो? असल्याच स्कॉलर बायलांचे दादले मागीर हेर, घर सांबाळपी बायलांच्या मोगांत पडटात.

''...''


वाच वाच. घे वाचून जाय तितलीं पुस्त... पूण म्हूण तुजे अकलेंत भर पडटलीच अशें ना निमाणें तूं बायल ती बायलच उरपाची...



ज्ञानेश्वरी

णववो अध्याय (होंवयो १-६३)

अणकार : सुरेश गुंडू आमोणकार



आतां जावचें एक चित्त। मगे फावो जातलें सगलें सुख।
दितां तुमकां म्हजें उतर। तुमी सम आयकात ॥१॥
आगा, हें उलयना हांव बडायेनु। तुमचे जाणट्यांचे सभेंतु।
दिवंचें सम अवधानु। अशें विनयलें सलगीन ॥२॥
अपुर्बायेचो लाडकायो जातात। मनांतुल्यो इत्सा फळटात।
जर कुळार आसत गिरेस्त। तुमचे भशेन ॥३॥
कृपादिश्टीच्या ओलाव्यान तुमगेले। प्रसन्नताये मळे फुलयले।
लोळटां सुखान ते सांवळे-। खाला सायबा थकिल्लों हांवु ॥४॥
प्रभू, तूं सुखामृताचो डोह। म्हूण जाय तशी घेवंची थंडाय।
पूण सलगी करूंक भिले हांगाय। तर न्हिवचेलें खंय ? ॥५॥
भुर्ग्याचे लुडबे बोल। वा वांकडें आड्खळपी पावल।
कौतुकाची ताची चाल। रिझयता जशी आवयक ॥६॥
तसो तुमचो संतांचो मोग। कसोय क़रून आसचो म्हजेर।
अशे इत्सेन खर। ही म्हजी सलगी ॥७॥
खरेंच हांवु ना उलोवपाकु पात्र। तुमी जाणकार आयकुपी सामखार।
कितें सरस्वतीचो पुत्र। शिकता कित्तो गिरवनु ॥८॥
पळे, आसुंदी काजुलो व्हडलो। सुर्या फुडें कितें झगझगतलो।
वा अमृता ताटांत कसलें वाडटलो ?। गोडशें ॥९॥
चंद्राक वारो घालप । नाद्रब्रह्माकु गीत आयकुवप ।
अळंकाराक़ अळंकारप । हें घडत केन्ना ? ॥१०॥
सांगा, कितें हुंगचेलें परमळानु। खंय व्हांवचेलें सागरानु।
आसपावतलें हें गगनु। अशें आसा कितें ? ॥११॥
तशें तुमचें चित्त तुश्टतलें। आनी तुमी तुस्त करतले।
आनी तुमी धादोस जातले। असो उलोवपी कोण ? ॥१२॥
तरी विश्व उजवाडायतल्या सुर्याकु। ओंवाळचें न्ही आरतीनु ? ॥
वा चूळभर उदकानु। दिवचें न्हय अर्ग ? ॥१३॥
प्रभू, तुमी शंकर मुर्तीमंतु। पुजतां हांव दुबळो भक्तु।
म्हजो बोलु जरी निर्गुडी पानु। तरी घेयात तें ॥१४॥
भुर्गें बापाय ताटांत जेवता। मगे बापायकूच तें भरयता ।
तोय खोशयेन करता। तोंड मुखार ॥१५॥
ते परी हांव जरी तुमचे कडेन। बडबडटां भुर्गेपणान ।
तरी तुमी तुश्टतात खोशेन। अशी तुमची प्रेमातरा ॥१६॥
आनी त्या आपलेपणा मोहान। तुमी संत गेले भारावन।
म्हूण म्हजे लाडकायेन। तुमचेर ना वज्याभार ॥१७॥
आगा तानुल्याचे ढुशीन। आवय पानेता कुशीन।
मोग दुणावता रूसव्यान। लाडक्याच्या ॥१८॥
म्हूण म्हज्या लेकरा बोलान। तुमचें न्हिदिल्लें कृपाळुपण।
जालें जागें हे जाणोवन। हांव उलयलों अशें ॥१९॥
कोण पिकयता चान्नें आडींत ? कोण दिता दिशा वाऱ्याक ?।
आगा घालप गा कशी गगनाक। गिंवसण ? ॥२०॥
करचें लागता उदक पातळ ?। वा घुसळचें लागता लोणी पर्थून ॥२१
तशें व्याख्यान गेलें लजून। हांव सांगतना गीतार्थ ॥२१॥
वेद जाचे शय्येवयरी। न्हिदले थकिल्ले वरी।
तो गीतार्थ सांगपाक अधिकारी। कितें हांव मराठींत ? ॥२२॥
पूण हातुंतूय म्हाका धीर। तो फुडले एके आशेर।
धिटायेनु तुमचे मुखार। जावंचो लाडकुलो तुमचो ॥२३॥
तरी आतां, जें न्हिवयता चंद्राहून। जीण दिता अमृताहून ।
अशें तें दिवन अवधान। वाडवचें म्हजें मनोरथ ॥२४॥
कुर्पा दिश्टी तुमची वर्सत। तर बुद्धींत सर्वय अर्थ पिकत।
हरशीं आंकुरिल्लें ज्ञान सुकत। अवधानाविणें ॥२५॥
वक्तृत्वाच्या सवण्याक जर। मेळ्ळी अवधानाची चार।
तरूच पेलतलें अक्षर। धोनां सिद्धांतांची ॥२६॥
पळेना अर्थ शब्दा वाट। वियेता अर्थाकु अर्थ।
भावफुलां चंवरतात। बुद्धीचेर ॥२७॥
संवादाचो शीतळ वाव व्हांवत। हृदय आकाश सिद्धान्त कुपांनी भर।
श्रोत्यांचें अवधान जर ढळत। उडट्लो रसरंग ॥२८॥
आगा, चंद्रकांत मणी पगळटा। ती हातवटी चंद्राचीच आसता।
म्हूण वक्तो तो वक्तोच नासता। श्रोते नासल्यार ॥२९॥
पूण आतां आमकां गोड करचें। अशें तांदळांनी कित्या विनवचें ?।
कळ्यां बावलेन कित्या प्रार्थुचें। सूत्रधाराक ? ॥३०॥



तें बावल्यांबऱ्याक नाचयी। आपली कुशळायु तो दाखयी।
आमकां ह्यो उठाठेवी। सांगल्या कोणे ? ॥३१॥
गुरु म्हणटा, बरें जालें। हें सगलेंच आमकां पावलें।
आतां सांग जें उलयलें। नारायणान ॥३२॥
निवृत्तिदास संतोशून। हां सायबा, म्हळें उर्बेन।
कात, अशें श्रीकृष्ण। लागलो उलोवंकु॥३३॥

श्रीभगवंतान म्हळें

गुढांतलें गूढ हें ज्ञान   विज्ञानासयत सांगितां।
समजूनु निर्मळा तें तूं   सुटशी तूं वायटांतुल्यान ॥गी.१॥

ना, ज्ञानबीज हेंच। सांगतां फुडें तुकाच।
तस्कर्णांतुलें गुपीत। जिवाच्या ॥३४॥
जिवा अंतरीचें गुपीत उक्तें। कित्या म्हाका हो सांगता तें ?।
तुका सहज दिसलें। मनांत जरी; ॥३५॥
आयक गा प्रज्ञावंता। तूं मूर्तीमंत श्रद्धा, आस्था।
ल्ल्याची अवज्ञा। नकळ करूंक ॥३६॥
गुपीत आमचें मोडूं। नुलोवंचें तेंयु उलोवणें घडूं।
म्हज्या जिवीचें पडूं। तुज्या मनांतु ॥३७॥
, खरेंच थानांतुलें दूद गूट। पूण थानाक तें लागना गोड।
रूं, पूण जातलें लेकरूं तृप्त-। जावंचें अशें इत्सी माय ॥३८॥
तल्यान बीं काडलें। नांगरिल्ले भुंयीं ओंपलें।
तें सांडलें-हुबलें। म्हणचे कितें ? ॥३९॥
बऱ्या मनाचो शुद्ध बुद्धीचो। कोणा निंदिना, एकनिश्टतायेचो।
गूट मनाचो। सांगचो सुखान ॥४०॥
आतां आशिल्लो हे गूण। तुजे बगर ना हेर कोण।
हें गुपीत तुजे पसून। लिपावचें न्ही ॥४१॥
हें गूढ सांगचें कशें भौन भौन (तशें जातलें तें तुका कठीण)।
सांगतां सहज तुका ब्रह्मज्ञान। प्रपंचा सयत ॥४२॥
तेंच वेंचिल्लें। जशें खरें-खोटें भरसल्लें।
चें वेगळें वेगळें। पारखून ॥४३॥

दूद-उदक आपल्या चोंची-चिमट्यान। जशें वेगळावचें राजहंसान।
तशें ज्ञान विज्ञान। तुका दिता वांटून ॥४४॥
पूण वाऱ्या झोतान। जशें पोल वता हुबून।
आनी आपशींच धान। पडटा राशीर ॥४५॥
तशें जें जाणिल्ल्या खिणाक। जल्म-मर्णा संवसारा घालून गांठ।
पाटार बसयता जाणप्याक। मोक्ष लक्ष्मीच्या ॥४६॥

राय तो विद्यां-गुढांचो   फळऽ प्रत्यक्ष उत्तम।
धर्माचें अविनाशी तें   पवित्र नी सुखा तशें॥गी.२॥

जाका सगल्या ज्ञानांच्या गांवीं। मेळटा जेश्ट आचार्य पदवी।
जे गुपितांतु स्वामीपद भुशयी। जे रायु पवित्रांचे ॥४७॥
आनी जें धर्मा नीजधाम। जें उत्तमांतलें उत्तम।
जे मेळटच रावना काम। पुनर्जल्माचें ॥४८॥
तें गुरूमुखांतल्यान मात्रशें दिसता। तें हृदयांत स्वयंभू आसता।
तें अणभवा प्रत्यक्ष येता। आपशींच ॥४९॥
सुखा सोपणां चडून। वचचें जाचे भेटे म्हणून।
तें भेट्टां, वता सरून भोगपूय ॥५०॥
उबो ज्ञान प्राप्तीचे आलतडये मेरेर। चित्त सुखान भरून।
अशें तें सुलभ सोंपें ज्ञान। वयल्यान जें परब्रह्म ॥५१॥
आगा त्या ज्ञानाचे आनिकूय गूण। मेळटकीच तें अक्षय जाण।
उणें जायना तें अणभवून। आनी विटनायु तें ॥५२॥
तर्ककुशळ तूं अर्जुन। दुभावीत जायत तुजें मन।
अशी ही वस्तु लोकां हातसून। सुटली कशी ? ॥५३॥
एका टक्क्या लाभा प्राप्ती। दिसतांच उज्यांत उडी घेती।
तें सहज आपल्या सुखा गोडी। सोडटले कशे ? ॥५४॥
जें ज्ञान पवित्र नि सुंदर। जें मेळटाय सुखान।
जें अणुकूल धर्माक, दिवपी सुख। मेळटा आपलेच ठांय॥५५॥
सगलेंच अणुकूल अशें। तरी लोकां हातसून सुटलें कशें ?।
दुभावा जागो आसा हें खरें। पूण धरचो न्ही तुवें ॥५६॥

लोकु भावार्थ नाशिल्ले   ह्या धर्माचेरू अर्जुना।
घेतले वीण म्हजी भेट   मर्णा संवसार भोगि ते ॥गी.३॥

पळे दूद पवित्र नी गोड। तें लागींच काती पदरा आड।
पूण तें सोडून ते गोचिड। रगतूच पियेनात ? ॥५७॥
वा कमळा कांदो आनी बेबकेची। नंदणूक तर एकाच घरची।
भोंवर चाखता परागा रुची। दुसरो चिखलाची ॥५८॥
वा दळडिऱ्या घरांतु। हजरांनी म्होरो पुरल्यातु।
पूण उपाशीं तो त्याच घरांतु। वा भोगता दळ्डीर ॥५९॥
तसो हृदयांतु हांवु रामु। आसतनां सर्वय सुखां आरामु।
तरी कित्या भ्रांत लोकांकु। इत्सा विशयांचेरी ॥६०॥
मृगजळाक पळोवन। अमृता घोंट गिळटना उडयलो थुकून।
तोडलो बांदिल्लो परीस गळ्यांतसून। शिंप्रये॰चकचका लाभान ॥६१॥
तशें हांव, म्हजें हे गडबडीं। म्हजे ठांयीं पावनात हीं बाबडीं।
म्हूण जल्मा मर्णा दोनूय तडीं। हे बुचकळटातु ॥६२॥
हरशीं हांव तरी कसो ?। मुखावयलो सुर्या जसो।
केन्ना दिसऽ केन्ना दिसना असो। ना हो उणाव म्हज्यांत ॥६३॥



‘गीतांजलीं’तल्यो दोन कविता


मूळ बंगाली : रवीन्द्रनाथ ठाकूर
अणकार : माधव बोरकार


याद

आवयची याद ना म्हाका.
ण केन्ना केन्ना खेळटा आसतना अचकीत ओगीच
कसलोसो सूर गुणगुणटा कानांत म्हज्या,
आनी आवयचे शब्द जातात एकरूप
जशे काय म्हज्या खेळांत.
आई गीत गायत आसताली जायत
पाळण्याक म्हज्या झोके दितां दितां
आई तर गेली, गीत वतना फाटल्यान दवरून.

आवयची याद ना म्हाका.
गात आश्विनांत फुलता फांतोड जेन्ना शेफाली वनांत
वां थेंब्यांनी ओलो जाल्ल्या वाऱ्यार लागता पर्मळूंक फुलां वास
कळटां तेन्ना आवयचो विचार कित्याक काय
लागता उफेवंक म्हज्या मनांत.
तेन्ना आवय त्याच फुलांची परडी हाडटाली आसत
देखून परमळ पुजेचो येता आवयचो पर्मळ जावन.

आवयची याद ना म्हाका.
गात न्हिदपाचे कुडींत जेन्ना बसतां हांव
मळयतां जनेलांतल्यान पैस निळ्या मळबांत –
दिसता म्हाका,
[illegible] म्हाका टक लावन
केन्ना केन्ना ती घेवन मांडयेर म्हाका नियाळटाली
दवरल्या फाटल्यान तिणें तीच नदर
सगलें मळब व्यापून.





जपाची माळ

हांगा येरादारीच्या रस्त्याचे कडेक हांव एकलोंच बसलां, जांणी सकाळच्या पारार म्हजें गीतांचें व्हडें प्राणाचे तडीक हाडून लायलें, त्या उजवाड-सावळेचे नित्याचे रंग माचयेर सांजवेळ ल्हव ल्हव विलीन जायत आसा.

आज तांणी येवन म्हज्या सपन लोकाचें दार घेरलां
सूर शेणोवन बशिल्ल्यो सगल्यो व्यथा आपलें एकतारीक सोदीत भोंवत आसात.
काळखाच्या दर एका शिरंतरांत जावपी नीरव जपमाळेचे ध्वनी
हांव बसलां थंयच मेजीत आसां.

फाल्यां मेलों जाल्यार

मूळ पुर्तुगेज : आंतोन मारीय (ब्राझील)
अणकार : र. के.

जियेवंक कित्याक जाय आशिल्लें
इतलीं वर्सां, असल्या संवसारांत, जंय
कोण म्हाका आपलो मानिना,
कोण म्हाका आपलो दिसना...

फाल्यां मेलों जाल्यार
कोणाक कांय दिसपा ना
कोणाक फाल्त जावपा ना.

पुरतले व्हरून शेजारी म्हाका
मेल्ल्या सुण्यां माजरांक पुरतात तशे
खंयचेय सिमितेरींत
दोळ्यांतल्यान एक्क दूक
काडी नासतना

आयजूच कोण म्हाका
मेळूंक येना
कोण चीट बरयना
कोण खबर घेना

फाल्यां मेलों जाल्यार
कोण आशिल्लों, कितें आशिल्लों
कोण उगडास काडपा ना.



मार्गरिट एटवूड हांच्यो तीन कविता

मूळ इंग्लीशींतल्यान कोंकणींत हाडपी: सु.म. तडकोड

१९७०च्या दसकांत कॅनडांत वैचारीक आनी तात्वीक संघर्शाचें होमखण पेटलें. ह्याच काळांत केनेडियन साहित्याच्या मळार मार्गारिट एटवूड हें नखेत्र घिसघिसलें. सामाजीक आनी मानसशास्त्रीय प्रस्न हाताळपी एटवूडांची प्रतिभा वाचप्याक साहित्यीक भाशेच्या सगळ्यांत वयल्या पांवड्यार व्हरपाकूय फाटीं उरना. एटवूडांचे सात-आठ कवितां झेले उजवाडा आयल्यात. केनेडियन साहित्याच्या मळा वयली एक व्हडांतली व्हड कवयित्री म्हूण तांची नामना आसा.

— अणकारपी

१. वाटतीट

थंय सारकेपणां आसात
हांव तेळटां: त्यो दोंगुल्ल्यो
ज्यो दोळ्यांक समतळ वर्ण्टीं भशेन एकजीव भासतात
सगळ्यो-साबार, उकत्यो जातात हांव मुखार सरकतकच
वचूंक दिवंक म्हाका;
जाता उत्तर अमेरिकेंतली अंतहीन शेतोड; तशेंच
ती रुखावळ एकशिवडी, आसात तांचीं पाळां
सदांच रेबटांत; आनी हो दीन वांठार
सुळको कसो खडबडीत
हें हातां बगर ना कोणाकच खबर, देखून आसता दुष्कर
ही भोंवडी मौजेची न्हय. गजाल एका पेण्या सावन
दुसऱ्या पेण्या मेरेनची.
थिबक्यांची वळ मानचित्राचेर रचिल्ली चौखण भूंय
पूण खांद्यांची गदळ सरता मुखार, चोंयवशिंनी
हवेचें ज़ाळेंच आळयेपाळयेन
उजवाड-काळखाचें, सदचे भशेन
सोडून खंयच नाशिल्लें ठाणें कशें!

आसा थंय अंतर
अर्थांतूच; विश्वासी म्हायतीपत्रांचें उणेपण
चड म्हत्वाची गजाल म्हळ्यार बारीक तपशिलाचो घुस्पागोंदळ
फुलांच्या रोंप्यांतल्यान वचपी पांयतणां
आसतात कदेली पोंदा जंय तांणी आसूंक फावना;
झळाळपी अळमीं धवीं आनी चाकू
रांदचे कुडींत, एक वाक्य चिंब लाकडा भशेन
म्हजे वाटेर आडव्यान
जाणां हांव काल गेल्लें हांगसून

(खऱ्यांनीच पर्थून
हांव वर्तुळांतल्यान चलत आसां काय कितें?)
साबार दिकांनी कपट आसा चडशें;
खूब जाण हांगा आयले पूण
निर्बाध पावले पर्थून थोडेच जाण.
कम्पासाचो कांयच ना उपेग, तशेंच
सुर्यविल्यान दिको आजमावपाचे येत्न
चुकिचेच;
पोक्या निर्जन वाठारांत
उतरांचे उले हे निर्थकच

कितेंय करपाचें जाल्यार
जाय हांव साबुद्दीर, जाणां हांव
हेर थळांपरस हांगसर म्हजी वाट चुकप
सामकेंच सोपें...

२. राबितो करपी

पयलें तारूं तडीक लागनाफुडें
पळभरांत
थंय झटापट जाली
कस्स् जाल्ले वरी बारीकशी
आनी थंय उपरांत राबितोय जालो

(थंय खऱ्यांनीच तड नाशिल्ली;)
उदकाची भूंय जाल्ली कांय पदार्थ उसळटकच
केल्ले तातुंतल्यान मार्ग आनी
वयांचें जाळें बारीक व्हड

आनी आमी व्हांवतासतना जांकां
फाटल्या कितल्याश्याच निळ्या-पांचव्या शेंकड्यांनी
वर्सां उखलून घेताले शार्क, तांकां दिसलें
भुंयेर शिरकून पडिल्ले आमी
आमच्या जुंव्याची व्याख्या करतासतना

आमचे मोने हाडावळी वेल्यान
(इतलो तो
भरसून गेल्लो की जशी एक मेल्ली कूड)
कोलसुणींच समजताले ते आमकां

तांणी आमकां पुरले
वज्रांफातरांनी घटबीट
जंय आमच्या हाडावळिंचेर चडलें पर्थून मांस
आनी आयली रुखावळ तशेंच करड.


आजूनय
आमी म्हळ्यार मिठाचो दर्या
सांबाळटा ही भूंय

आतां थोडे खातात चरव
बरींचे वयें भितर, आनी
धांवतात भुरगीं पांचवोचार हांसो घेवन
(कोण जाणां खंयचो म्हणून!)

आमच्या मेकळ्या हातांचे शेतोडेंतल्यान.

३. सावदांच्या देशांत

त्या सावदांच्या देशांत सावदांक
मुखामळां आसात मनशांचीं
उत्सवांतलीं माजरां
मारगाचेर चलयतात शेक



धतरि कडेन कोलो विनयान धांवता, भोंवतडेन
ताचे नटिल्ले कासादोर बस्त्याचे
(वेलबुट्टिचें) संस्कारशील कापड न्हेसून)

तो बैल भरला
रगताच्या भरतकामान (कस्त्यान) आनी
ताचे वांगडा मर्णाची
तुतारी ताच्या नांवान

करता कुडिचो जयजयकार
ताचेर दसयतात ते निशाणी जैतिवंताची
(जेन्ना तो रेंवेंत लोळ्ळो, तेन्ना
ताच्या काळजाची तरसाद, ताच्या
निळ्या तोंडांतले दांत
सगळें मनशालें आशिल्लें)

तो खऱ्यांनीच एक मनीसच आशिल्लो
तें कोलसुणें
रानांतल्या दंतकथांतले नादपुराय
संवाद सांगतालें...

ह्या देशांत सावदांक
मुखामळां आसात मनशांचीं

मोटार गाडयांच्या उजवाडांत
तांचे दोळे एकूच फावट लिकलिकले
आनी गेले

तांचीं मर्णां नात इतलीं सोबीत
तांकां कोणाचींच मुखामळां नात.